330

बायनेट फायटींग


महाबळेश्वर सैल




KONKANI BHAS ANI SANSKRIT PRATHISTAN (R)
330
Navaratna
Palace
K.S. Rao Road
Mangalore-1

बायनेट फायटींग

महाबळेश्वर सैल





बिम्ब प्रकाशन
पर्वरी

बायनेट फायटींग
महाबळेश्वर सैल

Bayonet Fighting
Short Stories by
Mahabaleshwar Sail

प्रकाशन क्र. २८

पयली आवृत्ती
फेब्रुवारी २००५

छापणावळ
इम्प्रेशनूस
बी-२, 'अक्षर आर्केड'
३३६०/४, गोंधळी गल्ली,
बेळगांव - ५९० ००२

अक्षर जुळणी
बिम्ब प्रकाशन

दर्शनी चित्र
गिरीश नंदा बोरकार

प्रकाशक
दिलीप बोरकार
बिम्ब प्रकाशन
जी.एस.बी.३,
हावसिंग बोर्ड कॉलनी,
पर्वरी - गोंय

मोल : २००/-

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या प्रकाशन पूर्व अर्थीक आदार येवजणेखाला छापलां.

एकुणिसशे पासश्टच्या झुंजात हुसेनीवाला (पंजाब) रणभूंयेर हुतात्मे जाल्ले ‘सेंकड मराठा लायट इन्फन्ट्रीचे’ म्हजे एकवीस सांगाती - तांकां सगळ्यांक



मांडावळ

बायनेट फायटींग

आर्डरलीन चावे कोप तिपायेचेर खळ्ळ करून दवरिल्ल्या आवाजान सुभेदार रामशिंग जागो जालो. दोळे उकते करून चयल्यार उजवाडाची मोंवीं किर्णां जनेलावयल्या हारशांतल्यान भितर सरल्यांत. आपूण इतलो उसरां मेरेन न्हिदून रावलों म्हण सुभेदार आपले भितरच शरमेलो. सकाळीं क्वार्टर गार्डर रिवालीचो बिगूल वाजिल्लो तेन्नाय आपणाक कशी जाग येयली ना ! आनी आज तर आपल्या स्कीट प्लाटूनाची बॅनेट फायटींगची परिक्षा ! वांगडा म्हजीय परिक्षा म्हणूं येता !

अठ्ठेचाळीस वर्सांची पिराय म्हटल्यार तशें जाण्टेपण न्ही हें खरें. पूण सत्तावीस वर्सांचे फौजेचे नोकरेंत कितले दगदगे सोसले, कितलीं झुंजां मारलीं, हिमालयांतल्या बर्फांत, आसामाच्या अटंग्या रानांत, रण आंक कच्छच्या रेंवटांत वर्सां काडलीं. हेर सवंगड्यां वांगडा शंबर शंबर मैलांचो पेडमार्च केला. फाटीर दोन दोन मणांचें वजें घेवन सगळ्या मुखार सडसडीत धेंपां मारीत चलतालो. आतां फौजेच्या नदरेंतल्यान तशें हें म्हातारपणच. तायट रावन चलतलों म्हटल्यार धोपरां कट कट वाजतात. पि.टी. वेळार प्लाटूना वांगडा जोर लावन धांवतलों म्हटल्यार खरस मारता. तरीय एक फौजी अधिकारी म्हण आपूण थकला, भागला, बावगला अशे लिप्प दिसूंक फावना. तायट रावंक जाय, तायट! तायट आनी सदांच सावधान ! ना हार घेवंचो हांव !

आज म्हजें प्लाटून बायनेट फायटिंगांत पास जावन मुखार सरूंक जाय. ड्रील टेस्टा उपरांत गेल्ले बारा आठवडे पोरांनी खूब कश्ट घेतल्यात. कुडिचो पिठो केला. केन्ना खर सरावांत घुंवळ येवन पडटाले पूण खिणांत परत उठून 'तानशस्त्र' मारताले. चाऽऽर्ज करून दुस्मानार झुडोन वयताले. बायनेट खोपूंक दुस्मानार हुडी मारताना जशे वाऱ्यार हुडटाले.

मागीर ताका बेठेंच दिसूंक लागलें, आपूण आतां जाण्टो जालों म्हणून आपणाक सरहद्दी वयल्यान हाडून ह्या प्रशिक्षण केंद्रांत उडयलो ना मूं! ना, तशें नासुंये, पयर कमांडींग ऑफीसर म्हयन्याच्या मेळाव्यांत सांगतालो, 'म्हज्या फिशाल, शिटूक साथिदारांनो, फौजेन आमचेर एक खूब व्हड जबाबदारी घातल्या. खेड्यांपाड्यांतल्यान आयिल्ल्या अडांगी, अन्नाडी, नेणार तरनाट्यांतल्यान झुजामळार छातयेचे कोट करून झुजपी पाटांगडे जवान आमकां घडोवंक जाय. दर एका फातरांतल्यान एक मूर्त कोत्रावन काडूंक जाय. ही जापसालदारकी खूब मोलाची.

सुभेदारान सकाळचीं कामां सडसडीत आटापलीं. तो परेडीच्या मैदानार वचची मुस्तायकी आंगार चडोवन तयार जालो. टेबलावयल्या शंकराच्या फोट्याक नमस्कार घालून तांणी प्रार्थना केली. 'आयज म्हज्या प्लाटूनाची बायनेट झुजाची परिक्षा. ते पास जावंक जाय. प्लाटून कमांडर म्हणून म्हजी लज राख. तेंची एकेक हुडी मळबाक तेंक दी.'

प्लाटून नितळ, तायट मुस्तायकी घालून परेडी मैदानार वचून बराकीफुडें लायनबंद जाल्ले. मुस्तायकीचो चकचक आनी तेंची शिस्त पळोवपा सारखी आशिल्ली. बुटांच्या टोत तोंड दिसतलें इतले ते लिकलिकताले. कांजी घाल्ले कपडे कडक जावन आंगांत उबेच आसात अशें दिसतालें. तकलेवयल्या जंगल हॅटाचेर कॅमाफ्लोजच्यो जाळयो चडयिल्ल्यो. खांदाक आर्मां लायिल्लीं.

हवालदार मोरे प्लाटूनाचे फुडें उबो आशिल्लो. फाटल्यान नाईक घाडगे आनी लान्सनाईक जगदाळे. तांच्या हातांत बायनेट स्टिक्स आशिल्ल्यो. ताणींय आपआपल्या मुस्तायकीची बरी तयारी केल्ली. ह्या प्लाटूनाक शिकोवपी मास्तर म्हणून दर खेपेक तांकांय कठीण परिक्षेंतल्यान वचचें पडटालें. एक फावट थोडी हयगय जाल्ली म्हणून एका हवालदारालीं तिनय फितां परेड मैदानाचेरूच उतरावन ताका सादो जवान करून शिमेर खंय तरी धाडिल्लो.

हवालदार मोरेन प्लाटुनांतल्या तिसय रिक्रुटांली मुस्तायकी एक फावट सारकी तपासली. खंय कितें उणें ना मू. मागीर ताणें प्लाटून परेडी मैदानाचे बाजून मार्च केलें. फाटल्यान सेक्शन कमांडर्स घाडगे आनी जगदाळे पावलांक पावलां जुळयत चलताले.

थोडें मुखार वतकीर मर्दींच एका रिक्रुटान किळांच मारली. 'सार्जंटजी, नरेशान एका खांदाक बॅजच लावंक ना!'

मोरेन हुकूम करून प्लाटून जाग्यारच ठप्प थांबयलें. नरेश हो रिक्रूट बोवाळांत एका खांदाक रेजिमेंटाचें बॅज लावंकच विसरिल्लो. तशें तें लायलें नाशिल्ल्यान तो एक कानकापो बैल कसो दिसतालो. मोरेन ताका परतो बराकींत धांवडायलो. तो परतो येयमेरेन प्लाटून थंयच कदमताल करीत रावले. मोरे केन्नाच प्लाटुनाक मेंगे, सुस्त रावंक दिनाशिल्लो.

नरेश धांवत गेलो आनी धांवतच येयलो. हवालदारान ताका म्हटलें, "दळदिऱ्या, तुज्या ह्या अरवळपणान अख्ख्या प्लाटुनाक तूं नापास करून उडयता आशिल्लो. कमांडींग ऑफिसर कितलो कडक शिस्तीचो मनीस जाणां तूं. ताचे नदरेंतल्यान कांयच सुटना." आता तेज 'दौड के चल' करूनच प्लाटून मैदानार हाडले.

पूण कितें जाल्लें! मळबांत धुंवराचो खबडळसो साचिल्लो. ओली शी लांब सावळीशी पडिल्ली परेडी मैदानावटेन. मैदानार उब्यो केल्ल्यो 'डमी' दंवात भिजता तश्यो दिसताल्यो.

प्लाटून परेडी मैदानार पावले तेन्ना सुभेदार रामसिंग वाट पळयत आशिल्लो. नेमिल्ल्या हेर जवानांनी परिक्षेक जाय जाल्ले आडमेळे, दुस्मानांची बुजगावणी बी फाव त्या जाग्यार तयार करून दवरिल्लीं. फायरींग रेंजाचेर कार्तोशी तयार आशिल्ल्यो. आयज ह्या तीन नंबर प्लाटुनाची परिक्षा आशिल्ल्यान हेर खंयचेंय, प्लाटून बायनेट झुजाच्या मैदानार नाशिल्ले. सगळें मैदान लिप्प मेकळें आशिल्लें. हेर प्लाटुनां सरावाक पयस पयस मैदानार गेल्लीं. थंयसान फक्कत तांचो आड्डल्लो आवाज आयकूंक येतालो.

कुशीकच आशिल्ल्या व्हडल्या ड्रील मैदानार नव्या प्लाटुनाचे ड्रील चलताले. परेडीचें संचालन करपी म्हालगडे आवाजाक बरी चड दिवन ताळो फुटसर आज्ञा दिताले. रिक्रुटांचीं भिरीं सामकीं शिस्तींत चलतना, फिरतना, धांवतना

सोबीत दिसतालीं.

प्लाटून मैदानार पावनाफुडें ताचो ताबो सुभेदारान घेतलो. तांची मुस्तायकी तपासली. कोणकोणाच्या फाटीर हात भोंवडावन, पूण कडक उतरांनी तांकां स्फूर्त दीत ताणें म्हळें, "परेडीच्या मैदानार नापास जावप म्हळ्यार एक झूज हारप. झुजा मळावयल्यान बिजुडाभशेन पळून येवप. झुडून वचात. तुमच्या तरण्या रगताची शक्त दाखयात, आंगातलें उदक दाखयात. तुमचें दर धेंप, दर एक हुडी जैताची जावं दी."

सुभेदार जाणा, ह्या प्लाटुनाची शिस्त बिगडल्यार, शिक्षण इबाडल्यार आपणाकच जबाबदार धरतले, प्लाटून कमांडर म्हणून. पूण भिरांत ना. भुरगे तशे शिटूक आसात.

सारकें णवांक दोन मिनटां आसतना कमाडींग ऑफिसर आपल्या ऑफिसामुखावयली देंवती देंवन येतना दिश्टी पडलो. बराबर तागेलो तायट कपड्यांतलो खाशेलो आर्डली, तांचे फाटल्यान रेजिमेंटचो ट्रेनिंग ऑफीसर. तो लवाजमो पळोवन प्लाटून कांय खीण तटास जाले. परिक्षेची घटका लागीं पावली तर!

कमांडींग ऑफिसर म्हच्यांत पावतकीर शुभेदारान प्लाटुनाक सावधानची कडक आज्ञा केली. जोगूल मारिल्ले भशेन सगळे प्लाटून ठप्प सावधान जाले. सुभेदार खूब्ब हुरूपान तीस चाळीस धेंपां टाक् टाक् चलत वचून कमांडींग ऑफिसराफुड्यान थाल्लो आनी एक कडकडीत सेल्यूट केलो. कमांडींग ऑफिसरानय तसोच परतो सेल्यूट दिलो. सुभेदारान रिपोर्ट केलो. "भौमानेस्त, एक जे. सि. ओ, तीन एन. सि. ओज आनी तीस रिक्रूट्स बायनेट फायटिंगचे परिक्षेक हाजीर आसात."

कमांडींग ऑफिसरान त्याच आवाजान परतें फर्मायलें, 'चल, सुरू कर.'

सुभेदार परतो फिरलो. तांणी प्लाटुनांतलीं तिनय सेक्शनां विंगडविंगड काडून फाव त्या जाग्यार फाव त्या फॉर्मांत उबीं केलीं. दर एका सेक्शनां वांगडा मोरे, घाडगे, जगदाळे हे तीन सेक्शन् कमांडर.

आतां परिक्षेक सुरवात जाली. लागींच उबो रावन कमांडींग ऑफिसर रिक्रुटांल्यो हालचाली बारीक तेळटालो. मदींच कितेंय सुचना म्हच्यांत उबो आशिल्ल्या ट्रेनिंग ऑफिसराक दितालो.

तिनय सेक्शनांत मुखार आशिल्ल्या तीन रिक्रुटांक उब्या बुजगावण्यांचेर सुरी मारूंक सुभेदार आज्ञा दिता. तिगय च्यार्ज अशी हुयेल मारून आर्मां मुखार मोखून तानशस्त्र घेतात.

अवचीत कितें जाता कोण जाणां, एका रिक्रुटान आर्माच्या माथ्यार बसयिल्लें बायनेट निखळटा आनी खाला मातयेंत पडटा. सुभेदाराक कच्च जाता. सगळेच जाण हे विपरीत घडणुकेकडेन कांचवेवन पळयत रावतात. सुभेदार जैसे थे करून आर्मां सकयल घेवंक फर्मायता. बायनेट आर्मांवयलें सुटलेंच कशें - सगळ्यांकच अजाप. घडयेक तें बसयता आसतना त्या रिक्रुटाली चूक जाली आसुंये. बायनेट परतें आर्मार बसयतकीर परिक्षेक सुरवात जाता. पूण कितें जाल्लें आज ! हवाय दमसार जाल्ली. मळबांत कायसो खबदळ. सुर्यय दिश्टी पडनासलो.

परिक्षा परती सुरू जाता खरी, पूण रिक्रुटांमदीं फाव तशी उमेदच नासली. सगळेच फेंगडे, मेल्ले वारीचे कशे तानशस्त्र घेताले, धांवताले, सुरी मारताले, आवाजांतूय भेश्टावणी ना. कमांडींग ऑफिसर बारीक पळयतालो तो पुराय अस्वस्थ. पूण सुभेदार गळ्यांत जीव हाडून हुकूम सोडटालो. तांकां उमेद येवंक जाय म्हणून मैदानार नाचतालो. पूण झुजाक रंगच चडना जाल्लो. तो मनांत म्हणटालो, खंय गेली ह्या रिक्रुटांची शक्त, उमेद ! कितें चल्लां, कितें आडयलां हांणी !

उब्या बुजगावण्यांक, आड पडिल्ल्या बुजगावण्यांक सुरी मारून जाता. उजवो मार आडाय, दावो मार आडाय हेंवूय जाता. पूण खंयचेकडेन जीवच ना. मागीर आडमेळें हुपून प्लाटून गुळयो मारूंक फायरींग रेंजार देंवतात. नेमून दिल्ल्यो कार्तोशी जण एकलो मारता. पूण सद्दां एका इंचांत चोम्यान फायर करपी रिक्रुटाल्यो गुळयो लेगीत टारगेटाचेर फापसतात. टारगेटां पळयतकीर कमांडींग ऑफिसराक तिडक मारता. तो आड्डता. "बंद करात फकाणां. कितें चल्लां हें सुभेदार सायब! तुमी फाव तशे कश्ट घेतिल्ले दिसनांत. म्हाका समादान जावंक ना. आनी बरी तयारी जावंक जाय. दोन आठवड्यांनी हांव परती परिक्षा घेतलों." तो रागानूच फार्टी फिरलो आनी सडसडीत चलूंक लागलो. खिणांत सगळ्या प्लाटुनाचेर वीज पडिल्ल्याभशेन निर्शेणी पातळ्ळी. कोणच कांय वेळ कांय उलयलो ना. पूण रिक्रुटानी पळयलें, सुभेदार सायब खूब्ब चलबिचल जाला. ताच्या दोळ्यांत दुकां उबीं रावल्यांत. तो घोगऱ्या ताळ्यान म्हणूंक लागलो.

“पोरांनो, आमी नापास जाले. आता रेजिमेंटांत आमची शी: थू: जातली. जिणेंत हांव असो केन्नाच हारलों ना. आनी म्हज्या तरनाट्या इश्टांनो, तुमीय अशे हारूंक फावनाशिल्ले. हांवें एक दीस शिमेर झूज मारिल्लें. गुळी लागून आंतकडी भायर आयिल्ली. तरीय ती तशीच दामून धरून घुंवळ येवन पडसर हांव झुजत राविल्लों. पळयतले?”

ताणीं पट्यांतल्यान आपलें खोमीस वयर काडलें आनी आपलें पोट दाखयलें. पोटार तायटायेदें काळें चवन आशिल्लें. तें पळोवन सगळ्या रिक्रुटांचें आंग शिरशिरलें.

दुसऱ्याच खिणांत सुभेदार वागान गरड मारिल्लेवरी आड्डलो, “ना अशें जावंक फावना. आजून नेट लायात. आंगांत त्राण आससर झुजत रावात. आयज आमी अर्दे अदीक तरी घुंवळ येवन मैदानार पडले बगर मैदान सोडचें न्हय. आयज मैदानार रणखेव मातूंक जाय.”

ताणें परतें दर एक सेक्शन कमांडरांच्या ताब्यांत दिलें. परती परेड सुरू जाली. परती परती सुरी मारप, मार आडावप, आडमेळे हुंपप चलिल्लें. सुभेदार आरते परत्यान दर एका सेक्शनाकडेन भौन भौन वेतालो. तांकां मेंगे, भिजूड, मेल्लेवारीचे म्हणून तिडायतालो. जखमी वागा भशेन चवताळत सगळें मैदान चाळटालो. मर्दींच सगळ्या रिक्रुटांक मैदानाक चक्कर मारून येवंक सांगतालो. तांचे बरोबर आपुणूय नेटान धांवतालो. कोणाक खिणाची फुरसत घेवंक दिनाशिल्लो.

परेड सुटपाचो वेळ जावन हेर सगळीं प्लाटुनां बाराकींत गेल्लीं. पूण हांचे बायनेट झुजाच्यो बोबो चालूच आशिल्ल्यो. ते बोबेन रेजिमेंटाचो सगळो वाठार हालतालो....चाऽर्ज, धोपो, खेचो तानशस्त्र...

आयज चड वेळ कमांडींग ऑफिसर ऑफिसानच आशिल्लो. दनपारच्या देडाक तो हातांतली बडी घुंवडायत चलतच ऑफिसर मेसान वचूंक भायर सल्लो. ताच्या वांगडा सकाळसान सावळेवरी चलतल्या आर्डलीक तेणे वचूंक सांगलें. त्या नापास जाल्ल्या प्लाटुनाक खर ख्यास्त भोगवंची अशें दिशिल्लें. वांगडा तो वाऱ्याभशेन मैदानार नाचपी सुभेदार दोळ्यां मुखावयल्यान हालनासलो.

वाटभर ताका बायनेट झुजाच्यो बोबो आयकूंक येताल्यो. ताका भिरभिरी मारली. एक वराचेर परेड लिप्प बंद करून रिक्रुटांक बराकींत व्हरूंक जाय असो

कडकडीत हुकूम आसतना इतलो वेळ ही परेड चलताच कशी? खंयचें हें प्लाटून बेशिस्त, मदांत !

तो ऑफिसर मेसांत पावतकीर, कॉरिडोरांत बशिल्ले हेर ऑफिसर बेगीबेगीन उठले. ताणीं चेपीं काडून तकली बागोवन ताका येवकार दिलो. कमांडींग ऑफिसरान अडज्युडंटाक रागानच विचारलें.

"इतलो वेळ ते मैदानार कोण आसात? हांवें फर्मायिल्लें न्ही, एका उपरांत मैदानार कोण दिसूंक फावना म्हण !"

अडज्युडंटान नमळायेन सांगलें, "सुभेदार रामसिंगाचें प्लाटून. ते आयज बायनेट झुजाचे परिक्षेंत नापास जाल्ले. तो थार दिना आसतना परेड घेवंक लागला."

नापास जाले म्हणून ताणें मैदानारच मरचें थारायलां कितें. हाराकिरी करता!

ताणें मेसांतल्या एका कामदाराक आपयलो आनी मैदानार धांवडायलो, "वच म्हणून सांग प्लाटूनाक घेवन बेगीन बराकींत."

तो कामदार पि.टी. मैदान, ड्रील मैदान पार करून पांच मिनटांनी बायनेट झुजाच्या मैदानार पावलो. पूण सुभेदार तागेलें कांयच आयकून घेवंक तयार ना. उलटें ताका धपकायलो आनी परतो धांवडायलो. ताचेर चडिल्लो खेव कसोच देंवनासलो.

सेक्शन् कमांडर बावडे सामके थकिल्ले. ते थकिल्ल्या रिक्रुटांक पळोवन अनमनूंक लागले तेन्ना सुभेदार आपूण स्वता हुकूम दिवंक लागलो.

प्लाटून तानशस्त्र

च्याऽऽर्ज

प्लाटून एक पाईंट, पाईंट.

च्याऽऽर्ज, धोपो खेचो, तानशस्त्र

प्लाटून दोन पाईंट.

च्याऽऽर्ज, धोपो खेचो, धोपो खेचो तानशस्त्र.

कामदार तसोच हात हालयत परतो येयिल्लो पळीवन कमांडींग ऑफिसरालें रक्त उसळ्ळें. तेचो तांबडो चेरो अदीकच तांबडो गूंज जालो. स्वताच वचूंक ताणें सडसडीत धेंपां मारलीं. म्हणूंक लागलो. "ह्या मस्त्या सुभेदाराक सामको उजरावन काडटांच. खांदावयलीं तेचीं नखेत्रां देंवयतां." तो वचूंक लागतकीर अडज्युडंटय तेच्या फाटल्यान येयलो.

कमांडींग ऑफिसर अडज्युडंटाक घेवन येता तें सुभेदारान पळयलें. तेचेर चडच सांवार.

कमाडींग ऑफिसरान पळयल्यार बायनेट फायटिंगाच्या मैदानार एक आकांत गिरगिरें घुंवता. झुजाचो सांवार उडयलो. तेजिस्ट मर्दानी झुजा सुवाळो ! तेंचो 'च्यार्ज' केल्लो आवाज जसो आवाज मळबाक तेंकून परतो येवन कानार पडटा. तेगे झुजामळ कांडून कांडून कुंडो केला आनी सगळी धूळ हुडटा. हो सगळो झुजाखेळ ताच्या आंगार लखून येयल्लेवरी जालो.

कमांडींग ऑफिसर लागीं पावतकीर सुभेदारान प्लाटून तटास सावदान केले. नेटान पावलां मारीत वचून परेडिचो रिपोर्ट केलो. "भौमानेस्त, एक जे. सि.ओ. तीन एन. सी. ओज आनी तीस रिक्रूट बायनेट फायटिंगच्या टेस्टाक हाजीर आसात."

कमांडींग ऑफिसराक आतां कितें दिसलें नकळ. तेणे त्याच घडघडीत आवाजांत फर्मायलें, "सुरू करात".

सुभेदारान तिनय सेक्शनां विंगड विंगड दुस्मानाल्या डमी बुजाज्या सामकार घेतली. परिक्षा सुरू जाली.

आता रिक्रूटांची एकेक हुडी चारचार वागांची जाल्ली. ते बायनेट डमीचेर खोपतना वाग कशे झुडोन वयताले. उपरांत बायनेट स्टिकांचो डावो मार उजवो मार चुकयतना स्टिक दाखोवपी सेक्शन् कमांडटाल्या आंगाचेर राकेस कशे धांवन वयताले. ताका चुकोवंक सेक्शन कमांडटांक नाका जीव जातालो. आडमेळे हुपताना ते वाऱ्यार हुडटात अशे दिसताले. सुभेदारय काय वेळ तटास पळयत राविल्लो.

बायनेट फायटिंगातले सगळे हात खेळून जातकीर प्लाटून फायरींग रेंजार गेले. येदोळ जांच्यो गुळयो टारगेटार वेत वेत फासपल्ले, ताच्यो गुळयो आता एका इंचात चोमो जाल्ले. बलेश्वर म्हूण रिक्रूटाले तर गुळयेतल्यान गुळयो गेल्ल्यो पळोवन कमांडींग ऑफिसरान व्हडान 'शाबास' म्हटलें.

परिक्षा सोंपले उपरांत प्लाटून कमांडींग ऑफिसरा सामकार 'लायनबंद' जाले. कमांडींग ऑफिसरान सांगलें, "तुमची अशी उमेदीची कामां पळोवन हांव खोशी जालां, भोव खोशी जालां. तुमी मानान पास जालात. अशीच उमेद उल्लास दवरात. प्रत्यक्ष रणातय फाल्यां हीच उमेद आनी शूरपण दाखोवंक जाय."

उपरांत ताणें सुभेदार रामसिंगाक हात दिवन म्हटले, "खांपो पटांगडो तूं.

म्हज्या हातांत आशिल्लें जाल्यार हांव तुका एक वीरचक्र दिवपाचो." सुभेदार ताचेसरी ताठ मानेन पळयत रावलो. मागीर ल्हव ल्हव ताच्या तोंडार हाशें फुललें.

कमांडींग ऑफिसर वयतकीर सुभेदारान प्लाटून मैदाना भायर एका झाडाचे सावळेंत घेतले. सगळ्यांच्या आंगावेलीं वस्त्रां हुमेन चिप्प भिजिल्लीं. ते इतले थकिल्ले खंयच्याय खिणाक कोणय घुंवळ येवन पडटलो अशें दिसतालें. ताणे तांकां सावळेंत कवंडाळे करून बसयले. सोता मात सामकार उबोच रावलो.

"पोरानो हांवें तुमकां खूब रखडायले न्ही. खूब त्रास भोगले तुमकां. वायट धरूं नाकात. एक सांगता तुमकां, मनशान जिवितांत हार केन्नाच घेवची न्ही. आमी फौजी जवानानी तर केन्नाच न्हय. ते परस रणमैदानार मरण पत्करचे बरे !"

***

मीर्गवाल

आईन पातें सुटिल्लो घुरमो सारको करतां करतां म्हटलें, “मिर्गाचें आनी गर्भाचें कोणाच्यान सांगूंक जायना म्हणटात. पूण ती पळय आंकवारी मिर्गाची खबर घेवन येयल्या, मिर्गेवाल फुलून पेरांब्याचो रथ जाला. आतां पावलो मीर्ग लार्गी.”

“खंय गे आई फुलल्या मिर्गेवाल? म्हाका दाखयी.” सुनंदान उमळशिकेन म्हटलें.

आईन शेतांतल्या एका बांदा वटेन हात दाखोवन म्हटलें, “ती पळय पेरांब्यार.”

सुनंदान पेरांब्यार पळयलें. काल मेरेन थंय एक वाल रूखार चडून आसा हें खबरच नासलें. पूण ती आज बारीक धव्याधव्या फुलांनी चवरून रूख व्यापून आसली. खरोच पेरांबो रथ कसो सोबतालो. सुनंदान एकदम ते वटेन धांव मारली. आईन आडायत म्हटलें, “आगो खंय वयता तूं? थंय न्हंयसरी बीन वयशी.”

“आई ल्हान गे हांव आतां, तूं अशी भियेवंक?”

“ल्हान न्ही म्हणच हुस्को म्हाका. दिसभर न्हंय धड्यांनी ना तर झाडाझोपांनी हेडत आसता. पयर घराकडेन फाटल्यान सोरोप घेवन येयल्लें तूं.” तरीय सुनंदा शेतावटेन धांवलेंच. आई चिंतूक लागली, अशें कशें इतलें अवजाळी फुलगें हें चेडूं. सोळा सोंपलीं तरीय भुरगेपणां वचनांत. धा-बारा दिसां फाटीं अशेंच मळब

भरून येयल्लें. पयलो पावस येतानाच वारो आनी मोड घेवन आयल्लो. वारो सगळें वयर सकल करीत सोशेंतालो. मळब तटतटांयच वाजतालें. विज्ज आरपार झगझगताली. विज्जेचे लोळ मळबा माथ्या वयल्यान भूंय मेरेन सूर मारिल्ले वरी येवन पावताले. सगळो लोक भिवन आसऱ्याक गेल्लो पूण हें चेडूं विज्जे वांगडा शेतांत नाचतालें. कानातोंडांत उजवाड भरिल्ले वरी उकत्या शेतांतल्यान धांवतालें.

अशें कशें हें चेडूं! आवयल्या पोटांत पिकिल्लें न्ही तर फुला वालीर फुलून येयल्ले वरी करता. सदां रानांवनांनी, फुलां वालीर, झाडार हुमकळत होटी फुलांनी भरून घेत आसता. खंयच्याय झाडार चडून बसल्यार पानां तळो खंयचो आनी चेडूं खंयचें कळना.

पेरांब्या वटेन वयतना वाटेर शिवरामाल्या पोरसांत हो व्हडलो धवो दुदी वालीर लांबतालो. बारीक दुबळी वाल, तिका लांबपी व्हडलो दुदी. तो पळोवन सुनंदाक याद येयली, आई आज्जी केन्ना केन्ना म्हणटात, "वाली फळ वालीक जड न्ही." आतां ते वालिची सुनंदाक अपुरबाय दिसली. तें वयर चडलें. हात लांबोवन तो दुदी पोशेवंक लागलें. ताचें आंग शिरशिरून येयलें. पयसुल्ल्यान कोणें तरी 'हडत्' केलें. ताणें सामकी पेरांब्या सरीं मिर्गेवाली वटेन धांव मारली.

नाजूक बारीक बारीक आंगाची मिर्गेवाल. तिका माणकुलीं वाटकुळीं पानां. वाल बारीक धव्या फुलांनी पुराय भरिल्ली. तांकां निकतेच न्हाविल्ले ओले मातयेचो कसो परमळ येतालो. तीं बारीक धवीं फुलां मिर्गा पावसाच्या झडट्या थेंब्यावरीं दिसतालीं. फुलां रूखार बरींच वयर आसलीं. हुडक्यो मारूनय हाताक लागनासलीं. तें फुलां सरीं पळयत कांय वेळ रावलें. तें चिंततालें, हीं फुलां केन्ना फुलिल्लीं? केन्ना बावतलीं? केन्ना झडटलीं?

ताणें घरा येवन आईक विचारलें, "आई, तीं फुलां बेगीनच बावतात गे?"

"ना धुवे. तीं मिर्गाची वाट पळयत रावतात. मिर्गा पावसाच्या एकेक थेंब्या वांगडा सकल भुंयेर येतात."

घराच्या आंगणा भायर पानांनी गडगंज भरिल्लो एक करमला रूख आसलो. थंयच्या आंब्या रूखाची एक खांदी अशी वाडत सकल सकल येत करमला रूखा मेरेन येवन पाविल्ली. तें सट्‌करून हुडी मारून आंब्याचे खांदयेर बसलें. मळबांत एकच काळें कूप दोंगरावेल्यान हुडकी मारून कशें वयर सरिल्लें. पांखां फुटिल्ले वरी तें काळीं आंगां सोडयत वयर वयर चडटालें. सुनंदान मनांत म्हटलें, हट्, जोर

ना ह्या कुपांत. हें कितें मळब चडटलें आनी पावस झडयतलें ! ताका अशें दिसूंक एक कारण आसलें, त्या कुपाचे कुशिकच कूप चुकयत सो सांजचो सुर्या पुराय उजवाडा सयत झगझगतालो. एके वटेन काळें कूप, दुसरे वटेन सुर्याचीं भांगरा किर्णां. त्या किर्णांनी त्या कुपाक भांगरा कड दिल्ली. सुनंदा तो कुपांचो, सुर्याचो, भांगरा किर्णांचो मळबावयलो खेळ पळयत कांय वेळ तातुंतच बुडून गेलें. मागीर ताणें पळयलें, तीं भांगरा किर्णां मुखावयले न्हंयत देंवन येयल्यांत. उदका वांगडा खेळटात. आतां तें न्हंयचो पुराय वाठार तानेल्ले वरी दोळ्यांत भरून घेतालें. न्हंय धडये वयलो सुपुल्लो रूख आदींच धंवशा आंगाचो. आतां तो सांजच्या भांगरा वोतांत न्हाविल्लो न्हंवरो कसो दिसतालो. आजी सदांच बाबाक, दादाक म्हणटा, 'सुनंदाक एक न्हंवरो पळयात रे.'

आतां हांव आजयेक सांगतलें, म्हाका सुपले रूखावरीच गोरसो, वोतान हासतो न्हंवरो जाय म्हण. तें आपणा भितरच इल्लें लजलें.

शाळा केन्नाच सुटिल्ली. हट्, ही कसली वण्ट्यो घातिल्ली शाळा म्हण णववी जातकीर ताणेंच शाळा सोडिल्ली.

खरें म्हटल्यार न्हंयेतडी वयल्या ह्या रूखापोंदां तें खेळतच वाडिल्लें. शिगम्याकडेन सुपले रूखापोंदाक खुब्ब सुपल्यो पडटाल्यो. त्यो पोशांत घेवप आनी फू फूंक मारून वाऱ्यार सोडप. सुपल्यो पिसोळ्यो कशो वाऱ्यार हुडटाल्यो. सांवरी कापसाच्यो म्हाताऱ्यो वाऱ्यार हुडूंक लागल्यो म्हणटकीर तें थापटां वाजयत फाटल्यान धांवतालें. धांवतां धांवतां घस्स करून पांयो न्हंयच्या उदकांत पडटालो.

न्हंयसान घरासरीं येताना वाटेर एक आंब्याचो रूख आसलो. तो खेंजट कसो पुरूसबरच वाडिल्लो. सारखी वाडच जावंक नासली. खडबडीत गिड्डें खोड, विसकळ ताळयो. ताका केन्ना एक तोरय धरूंक नासलें. लोक म्हणटाले, ताच्या मुळांत तळप आसा. तो तळपार वाडला म्हण ताची वाड जायना. ताका फळ धरना.

सुनंदाक फातर, तळप म्हटल्यार उबगण येताली. तें फातरांकच भियेतालें. आजी केन्ना म्हणटाली, "म्हाका जिवाक बरें ना गो बाये, हड्ड्यार फातर दवरिल्ले वरी दिसता." घरा फाटले दोंगुल्लेर चडून वयताना मुळासाक वाटेर धा पंदरा वांव फातरा तळप लागताले. ताका त्या तळपांतल्यान चलचें नाका दिसतालें. जीव गेल्ले वरी पावलां उडयत तें तळप पार करून वयतालें. पार करून गेलें म्हणटकीर

ताका सू जातालें. मगेर एकदम तें हरव्या, जित्या तट्टीत झाडां झोपांनी भरिल्ल्या रानावटेन धांव मारूंक लागतालें. केन्ना सपनांत तळप आंगार गडगडून येता अशें दिसतालें आनी तें घुसमट्टालें.

...सांज जाता. सांजची काळखे सयेची गूढ शांतताय ताच्या काळजांत, मनांत भरता. तें मगेर आज्जेसरी वयता. आज्जेक म्हणटा, आज्जे काणी सांग...

आज्जी काणी सांगता. एक आशिल्ली राणी. तेंचें घर भरून दार ओंततालें. भाट बागांत केळ कवाथो, झाड माड, आंबो कुंबो, नारींग तोरींग, फूल कळो, दसण चाफो, बेल वाल गच्चून भरिल्ली. पूण तेंकां नाशिल्लो राजकुंवर...

आयकून सुनंदाक कशेंशेंच जाता. काणी आयकुचेली ताची उमेदच मरता. तें सट् करून म्हणटा, “कसलो गे तो राजा कपळफुटको.” आज्जी कांय वेळ ताचेसरीं पळयता. मगेर आज्जेचीं उतरां ल्हव विसकळ जायत वयतात.

तसोच चार दिसान मीर्ग झडूंक लागता. मिर्गेवाली वयलीं फुलां मिर्गाच्या एकेक थेंब्या वांगडा भुंयेर येतात. मिर्गेवाल परत आंग कवळून घेता.

हरन्नारी आनी शिरन्नारी पावस. न्हंयचें उदक पावलां पावलांनी चडत वयता. तें कोणाक सांगिनासतना न्हंय वटेन धांव मारता. तरीय ताका दिसता, हो न्हंयचो हुंवार कांय सारखो भरून ओतपी न्ही. तें आठ णव वर्सांचें आसतना एक जगबुडिचो हुंवार आयिल्लो. तडी वयल्या घरांतलो लोक बोबो मारीत उदकांतल्यान सोताक ओडून घेत दोंगुल्ले वटेन धांवतालो. तडीवयलीं सगळीं घरां पडिल्लीं. धडेवयल्या पिंपळा रूखाची एक सत्री जाल्ली. सुनंदाक आतां निश्ठूरपणानशें दिसूंक लागता, आतांय तसोच एक फावट हुंवार येवंचो. सगळें बुडून वयचें. हांवें दोंगरार वचून बसचें आनी हुंवार पळोवंचो.

तडीर उबो रावन गरय घालून बशिल्ल्या काशील्या रामान व्हडान उलो मारून सुनंदाक बेगीबेगीन म्हऱ्यान आफयलें. न्हंयतल्यान एक व्हडलें लाकडाचें नाट व्हांवन वयतालें. अर्द बुडिल्लें, अर्द उदका वयर. ताचे वयर एक व्हड नागसर्प फाडें काडून बशिल्लो. पुराय आंग ताणें नाटार सोडयल्लें आनी फाडें बचक येदें वयर केल्लें. तो नाटा वांगडा उदका धारेर ल्हव ल्हव व्हावन वयतालो. सुनंदा ताचे सरीं थीर पळयतालें. भितरल्यान एक अंतरीक आनंद. ताका सदांच अशें नागाचें फोडें, कोंब्याचें शेंकर, ताळयेर धोलपी तांबडे दसणिचें फूल पळोवंक आवडटालें.

...न्हंयच्या वयल्या मोडणार मर्दींच एक ल्हान जुंवो आसलो. जुंव्यार चोंय वटेन रानटी झाडां आनी मर्दीं इल्लें शेत. थंय एक घर नासलें. एक खोप नासली. फकत झाडांनी वेडिल्लें चार पांच एकर शेत. येद्दी व्हडली सागर कशी न्हंय. मर्दीं तो जुंवो. आनी हांव तर इल्लें येद्‌देंशेंच. ताका दिसलें, ह्या हुंवाराच्या भारार न्हंय बळाटची आनी जुंव्यार पावचें !

...जुंव्यावयल्यान कोण एकलो व्हडें व्हलयत, न्हंयची धार कापीत पलतडचे तडीर वयतालो. सुनंदान मनांत म्हटलें, कोण हो, कोणाचेर असो सांवार येयला हुंवाराचे व्हाणींत व्हडें घालूंक? सुनंद वळखलें तरीय ताणें रामाक विचारलें, "कोणें रे तें जुंव्यावयल्यान व्हडें काडलां? व्हड्यासयत न्हंयच्या भंवऱ्यांत घुंवतलो तो. तळाक पावतलो."

"आगो तो पलतडचो वासू. जुंव्यार रोवणी चलता आसतली. ताका आनी वारें व्हाण लागता? मोडावांगडा झगडपी तो."

वासून व्हडें पलतडचे तडीक लायलें. व्हडें थंयच्या एका झाडाक बांदून तो तडीर वचून उबो रावलो. हातांत व्हल्ल्या काठी आनी आंगान सामको उकतो. ताणें कमरेर कास्टी मारल्या काय मोटवी इल्ली चेड्डी न्हेसल्या कांयच कळनासलें.

सुनंदा वासूक बरेंऽ वळखतालें. पलतडच्या गांवांत लग्न करून दिल्ले तेगेले व्हडले भयणील्या वाड्यावयलोच तो. केन्ना सुनंद भयणीगेर गेल्यार तो तेका पळोवन दोळ्यांत, मिशांतच हांसतालो. तो असो हांसलो म्हणटकीर तो आपल्या आंगाक हात लावंक आशेता अशें ताका दिसतालें. तातूंत आनी सदांच आंगान उकतो. कमरेर इल्ली विंच्चभर चेड्डी, मुंजी मेरेन कवळल्ली. उलोवप सामकें उणें. फकत दोळ्यांत हांसप. एक दीस तो उलयलो. भयणील्या कानांतच तो फुतफुतलो. "व्हनये, हांव तुगेले हे बारकेले भयणीकडेन लग्न जातां."

पूण भयणीन मात खूब व्हडल्यान घणघण घातलो. "आगो सुनंद, हो वसवसो वासू तुजेकडेन लग्न जाता खंय. मागीर तुमी जुंव्यार घर बांदचें आनी उकत्या आंगानच भोंवचें. हो आंब्यारूखार वयर ताळयेर चडून तुका पिक्को आंबो काडून दितलो."

सुनंद लजलें पूण धांवन गेलें ना.

पूण तें लग्न कांय जालें ना. तें मुखार कोणें व्हयलें ना. शेतकार, व्हडेकार, कास्टेकार वासू. आनी संवसार तर सामको पावला पावलार बदलूंक लागिल्लो,

धावंक लागिल्लो. तांचे जातिचीय एक गांठ पडिल्ली आसली. तागडी इल्ली वयर जाताली. वासूलो बापूय तांचेच जातिचो आसलो पूण तो एके देवळणी कडेन लग्न जाल्लो. सुण्याच्या नाकान जातिचो वास घेत भोंवपी हो लोक आनी लग्नाचें उलयतलो?

एक दीस गांवांत एक मुंबयकार घराबो येयलो. आपल्या पुर्वजांल्या म्होडक्या घरांत कांय दीस रावलो. तांचो झकपक पळोवन सगळे भुल्लुसले. मुंबयकार म्हटल्यारच आदी वोर्र. तातूंत ते आपलेच जातिचे. गांवचो लोक वास घेतालो. मुंबयकार तांच्या एका चल्याक आपलेच जातिची सोयरीक सोदताले.

गांवांत पिसो म्हादू पिनकरी घालून भोंवतालो. तो आदीं एका परक्या जातिच्या चेडवाकडेन मोग करतालो अशें म्हणटात. पूण तें तडीक गेलें ना. तो पिसो आतां केन्ना केन्ना व्हडाव्हडान म्हणटा, "आपलेच जाती मदीं लग्न जावप म्हटल्यार भाव भयणीन लग्न जाल्लेवरी." एक दीस ताचे तकलेर कोणेंतरी फातर मारलो. ती कोंक बरेच दीस व्हांवताली.

आपलेच जातिच्या मुंबयकारान लग्नाक मागणी घातल्या म्हणटकीर कोणाले पांय भुंयेर तेंकना जाले. मुंबयकाराकडेन लग्न जावन सुनंद न्हंय तडीवयल्या सुपले रूखा पोनांतल्यान सोमतेंच मुंबयत पावलें.

मुंबयत गाडये वयल्यान देंवतकीर सुनंदाक कांय प्रस्न पडले. हांगा शेतांभाटां नात आनी हे लोक खातात कितें? हांगा न्हंय बांयो नात आनी हे लोक उदक पितात खंयचे. हांगा रस्तोभर धुंवर भरला आनी हे लोक श्वास घेतात कशे? मुखावयल्या ऊंच इमारतींक पळयतकीर तेका दिसलें, आत्तां कोण तरी वयल्यान निसरून पडटलो आनी सकयल आपटतलो. चोंयवटेनचो घो घो आवाज कानार पडटकीर सुनंदाक दिसलें, ह्या सगळ्या लोकांच्या कानांचे पड्डे फुटल्यात आनी ते 'हा हा' आवभाव करूनच उलयतात.

सुनंदान एक फावट घोंवासरी पळयलें. तो विडी सिगार ओडिना तरीय ताचीं ओटां काळीं जाल्यांत. तो रातभर न्हिदला तरीय दोळे तांबडे जावन व्हांवतात अशे दिसतात. तो इतलो नेण्टो तरीय कमरेन, फाटीन बागवल्ले वरी दिसता. वासू जरी हाच्या हातांत व्हलें दिल्यार कितले वांव व्हडें व्हलयत काय हो? सुनंदान चोंय वटेन पळयलें. ताका दिसलें, चोंय वटेनचीं हीं अपंगूळ कशीं मनशां. फकत आंगार आंगभर वस्त्रां घालून धिगी दिल्ले वरी उबीं आसतात. तीं भायल्यान

भितरल्यान ताठ नात. मातशें धुकल्ल्यार तीं भुंयेर ओमथीं पडटलीं.

घरा येयल्यार घर म्हणटा तें एक तळपाचें राकेश भुंयार. जिवीतभर ज्या तळपाक फातरांक तें भियेतालें तेंच पांया पोनांत आनी वयर तकलेक आपटूंक येयल्ले वरी राविल्लें. रानांतल्या खडबडीत फातरा परस ताका हे शिमिटाचे गुळगुळीत फातर चड भिरांकूळ, चड उबगण दिवपी अशे दिसूंक लागले. वासून आपल्या जुंव्यार एक खोप बांदल्यारूय ती हेचेपरस कितली बरी जावचेली !

एका अजापाच्या फातरान, डांबरान, लोखणान उबो केल्ल्या संवसारांत येवन तें पडिल्लें आनी ते सगळे अजस्र सांगाडे पळोवन ताका थरथरो भरतालो. तें मनांत चिंततालें, हांणी रूख केन्ना पळोवंक ना, तरीय ते आंबे खातात, न्हंय बांय केन्ना पळोवंक ना तरी उदक पितात, शेतभात केन्ना पळोवंक ना तरीय शीत जेवतात. मूळ खबर नाशिल्ले कसले हे कर्मकट्टे लोक.

तें रावता ते बिल्डिंगे सकयल लागिंच्यानच एक रूंद उकतो गटार व्हांवतालो. केन्ना तें बारीक नदर लायल्यार, हातुंतल्यान उदक तर व्हावना. व्हांवता तरी कितें हें? केन्ना डांबर व्हांवता सो दिसप. केन्ना रेबो व्हांवता सो दिसप. वाऱ्यार केन्ना कुसड वास आंगार येयलो म्हणटकीर तातुंतल्यान मडीं व्हांवतात अशें दिसप.

पूण एक दीस त्या गटाराचे देगेर बसून कांय बायलो वस्त्रां उमळटाल्यो. उपरांत आपल्या हड्ड्यावेलो पिनको पदर सकयल सोडून उकत्या हड्ड्यानच त्यो गटारांतलें 'उदक' न्हावंक लागल्यो तें पळोवन सुनंदालें काळीज धंवळिल्ले वरी जालें. ताणें हीं मनशांच काय शारांतली हेर कोणय मोनजात बी न्ही म्हूण तांचेसरी बारीक पळयलें. ना तांकां मनशाले आवयवरीच हड्डें, मोमे, चिंवा आशिल्लीं. हय, ह्यो मनशाकच जल्म दिवपी आवयो!

ताची जिवितावेली श्रध्दा गेली आनी वानसाय गेली. गांवच्या न्हंयांनी हुंवारांनी उदक व्हावन वयताना हांकां आंगार उडोवंक एक तांबयोभर नितळ उदक मेळचें न्ही? काय बरे हरवे ताजे गांव आसतना कित्याक हे रस्ते, इमारती बांदून गच्चेन रावतात?

आतां आतां ताका आपले गांवचे न्हंयची खूबच याद येवंक लागली. सपनांत दिस्टांत हुंवारांत बुडिल्ली पिंपळा रूखाची सत्री दिसूंक लागली. दोंगुल्ले वयले तांबडे पिटकुळे फुलाचे घोंस दोळ्यांमुखार हालूंक लागले. मोगापावसाचो मोगाळ दुदाळ शिंवर झडूंक लागलो. पूण दोळे उकते करून पळयल्यार कांयच

ना. चोंयवटेन फातराचीं सुकीं भुंयारां, काळे रस्ते, मोटारिंची खेटाखेट, मनशांची खातोड, धांवपळ, धुंवर, बोबाट, मारामाऱ्यो !

तेंवय आतां ल्हवल्हव सुकत गेलें. ताची कूड, ताची जुवानी, ताची गर्भपिशवी भितरले भितर आंवुळिल्ले वरी जाली. ताका केन्ना दिसतालें, गांवचो घराफाटलो भरिल्लो रूमडी रूख दिस्टीक पडल्यारूच हांव परत फुलून येन. म्हजो गर्भ तरतरून येत !

शारांत पाविल्ल्या एक दोन वर्सांत शारांतलो सगळो उजो, धुंवर, कानाचे पड्डे फोडपी कर्कशपण, गरिबीचें हळशीक बुरशेपण ताचे भितर पुराय रिगलें. सगळ्यो मनसंवेदना अपंगूळ जाल्ले वरी जाल्यो. गर्भपिशवेची ओलसाणच सोंपिल्लेवरी जाली, रूतूचक्रय राविल्ले वरी जालें. ताका परत परत दिसतालें, गांवचे शिमेर उबें रावन घराफाटली पुराय दोंगुल्ली दिठयेंत भरून घेतल्यारच म्हजे कुडीर कळे परत फुलतीत !

लग्नाक तीन वर्सां जालीं तरीय ताका गर्भ रावनासलो. कुडिचो सडो जाल्ले वरी जाल्लो. ताका आतां गांवच्या त्या तळपार वाडिल्ल्या खेंजट आंब्यारूखाची याद जाताली. जाण्टेले म्हणटाले ते खरें. 'तळपार वाडटकीर फळ आनी कशें धरतलें?'

एक दीस मांयन म्हटलें, वंशाचो दिवो उजवाडाक घालूंक तुका लग्न करून हाडिल्लें. पूण तूं हें अशें वांजूट !

सुनंदाक शिट्ट जालें. ताणें म्हटलें, "शारांतल्या ह्या धुंवरान सगळ्याक मार पडल्या. तुज्या पुताचे कुडितले जीव मेल्यात."

अशें कशें उलयलें हें सूनचेडूं तें मांयक कळ्ळेंच ना. सुनंदाक दिसतालें, म्हजे कुडीक गर्भ धरचेली शक्त आसा. पूण म्हाका ह्या धुंवरांतल्यान, फातराच्या राज्यांतल्यान भायर काडूंक जाय...भुरगेपणाक तें दर पयलो पावस चिंब भिजतालें. पयल्या पावसांत किल्लल्ली आंब्याची, काजुची, पेरिची, फणसाची, मोगें चिबुडांचीं रोपां एकठांय करून हाडटालें आनी बागांत सगळेकडेन पुरून दवरतालें. एकादें किल्लल्लें रोप दिसतकीर तें पिशें जातालें. आई आळ्यांत घोसाळेच्यो, पडवळाच्यो, दुदयाच्यो बियो रोवच्यो आसल्यार ताका आफोवन घेताली आनीं ताच्या हातांत बियों घालताली. म्हणटाली, "म्हजे धुवेन रोविल्लें एक्कय बीं हारी वचना."

आनी आतां हांव हें अशें. खरें म्हटल्यार आतां आतां ताका आपल्या गर्भांत बीं रूजोवचेली ताळणीच लागिल्ली. पातलांगी दुदया वालीर दुदी धोलताना, बांयकडच्या मावळिंगार मावळींग लांबताना सपना दिस्टांत दोळ्यांमुखार दिसतालें. आपणेंय गर्भ रूजोवचो, आपलेय मोमे दुदान तटतटून येवचे अशी आस्तच लागिल्ली. खऱ्यानीच हांव पुराय शाबूत आसां, म्हज्या बियांत जीव आसा, तेज आसा, म्हज्या हातान कितल्यो बियों किल्लल्यात, रोप वाडल्यात, तांकां फळां धरल्यांत आनी हांवच वांज कशें आसतलें? पूण धुंवरेल्ल्या ह्या पडींग फातरा रानांत म्हाका गर्भ धरत अशें दिसना. सगळ्यो वान्साच मेल्यार, कुडीनच न्हयकार दिल्यार, बींच कचरल्यार कोंब तरी कसो वाडटलो?

एक दीस ताणें घोवाक म्हटलें, "आमी गांवांत या. न्हंय धडयेर शेतां खूब आसात. आमचीं, जाल्यार हेरांचींय रोवया. मेरो करूया, रोप लावया, पट घडोवन न्हंयच्या उदकान शिंपुया. भुरगीं जाय न्ही तुका? एक फावट दोन - जुंवळीं जातलीं पळय."

गांवाचें, शेताचें नांव आयकुनच घोवाक तिडक मारिल्ली. ताणें कोच्चून म्हटलें, "तूं अवचिन्न आदींच वांज. तुज्या वांज हातान कांयच जावचें ना. एक्क बीं किल्लेवचें ना. ताका कोंब फुटचो ना."

हीं उतरां सुनंदाक खुबच लागलीं. काळीज चिरीत तळा मेरेन पावलीं. ना. हांव वांज न्ही. म्हजे आईल्या दारांतल्या चाफ्यावरीच हांव पिकाळ. हांव दाखयतलें तुमकां म्हज्या गर्भाची शक्त ! म्हाका शक्त आसतना हांव वांज म्हण हिणोवन घेवचें ना ! तुमचींच बिजां करमेल्यांत, धुंवरेल्यांत. शिरांचीं सुतां जाल्यांत. पूण हांव तुमच्या पडींग वांजपणाचें वांटेकारी जावंचें ना!

एक दीस ताणें आपली पोती भरली आनी तिकीट काडून तें बद्द घरा येयलें. ताणें मनांत म्हटलें, दर एक गर्भ रचणारेक, जावं मनीस, जावं मोनजात, फाव ती सुवात, फाव तो काळ वेळ आनी आपले आवडिचो नर जाय आसता.

आईन आज्जयेन अशें मदींच कशें येयलें काय म्हण विचारल्यार ताणें सांगलें, "बाये, कसलो गे गांव तो ! झाडझोड, उदक पाणी नाशिल्लो. हांव गांवचे यादीन धांवन येयलें गे. म्हाका आनी धांवडावं नाकात तुमी. परत आनी हांव त्या सड्यार उजो खावंक वचचें ना. रस्ते आनी मनशान पांय दवरचेंच न्ही."

चार दिसांत ताणें गांवचो सगळो सैमसंबार काळजांत देंवोवन रिगोवन

घेतलो. आतां ताका दिसूंक लागलें, म्हजे तकलेंत सनय वाजता, म्हज्या काळजार मोरापांखां भोंवतात. म्हजें गर्भाशय भुंयचाफ्या वरी फुलूंक लागलां. आतां तें कुडीन मनान पुराय अस्वस्थ. कोंब फुट्टाना बीं थरथरचें तशें तें थतरवितर जातालें.

न्हंयतल्या त्या जुंव्यासरीं पळयतकीर ताका वासूची याद येताली. म्हजेसरी लग्न जाता म्हणटालो तो. वासू अजूनय त्या पांचव्या जुंव्यार शेत रोयतच आसा काय? ताणें जुंवो सोडून गेल्लो आसल्यार मात जगबुडी येतली.

एक दीस तें उठलें आनी न्हंय पलतडी भयणीगेर गेलें. तो वासूलोच गांव. पांच जण भुरग्यांली आवय भयण. भुरग्यांक जल्म दिवन भागिल्ली तरीय तुस्ट दिसताली. निमाण्या भुरग्याक दूद दितना आंग शिरशिरून आयलें म्हणटकीर ताच्या चेहऱ्यावेल्या शिरंतरांतल्यान घोळपी आनंद पळोवपासारको आसतालो.

पूण ताणें वासूविशीं कोणाक कांय विचारलें ना. तीन दीस सारकें तें न्हंयचे तडीर वचून बसतालें. पूण वासू दिसनासलो. कोणाक वासू विशीं विचारलें आनी तो गांव सोडून गेलो म्हण कोणेंय सांगल्यार आपणाक हेच न्हंयत जीव दिवचो पडटलो !

एक दीस तो येयलो. उकतें आंग, उकतें माथें. हातांत व्हल्या काठी. तो येयलो आनी सुनंदाक नदर दियनासतना न्हंयत देंवलो. व्हड्याचो पास सोडोवन व्हड्यार चडून ताणें व्हलें मारलें. पयल्या व्हल्याचो बुडूक आवाज येयलो. सुनंद थाऱ्यार येयलें. तड देंवलें आनी धिमीभर उदकांतल्यान धांवत ताणें सोताक व्हड्यांत घालून घेतलें. व्हड्यांत चडसर तें कमरभर भिजिल्लें.

वासून ताचे सरीं बारीक पळयलें. मगेर म्हटलें, "व्हडें तुज्या गांवांत वचना. व्हडें जुंव्यार वयता."

सुनंद वोगीच रावलें.

"जुंव्यार घरदार, गवळ, मांगर कांय ना."

आतांय सुनंद वोगी.

"हांव सकाळीं वयतां आनी सांजचो उजवाडाक परत येतां."

सुनंदान सट् करून म्हटलें, "तितलो वेळ खूब जालो."

"थंय मनीसय कोण नात?"

"जाय कित्याक तर ते?"

वासू गोंदळिल्ले वरी जालो. सुनंद ताका धीट एकधारी नदरेन पळयतालें.

थंयच व्हडेंभर घामेचो सो, पिकिल्ल्या फणसाचो सो वास पातळिल्लो.

सुनंदान मनावेलो ताबो गेल्ले वरी विचारलें, "वासू, तुजें लग्न जालें?"

"कास्टी न्हेसून शेतांतलो चिखोल किरयतल्या वांगडा कोण लग्न जाता? गेले ते दीस. हांवय अशातशा कडेन लग्न जावंचो नासलों."

सुनंदान तेचे सरी आरपार पळेलें. नदरेंत गुठलावन घेतले वरी. वासून ल्हवच म्हटलें, "तुजें लग्न जालां. परक्याची अस्तुरी तूं."

सुनंदान सडसडीत म्हटलें, "आपलें परकें सोड. सत न्ही तें. गोरवां, हरणां, चितळावरीच आमी. फुलांक फळां धरतात तशेंच हें."

आतां वासूक होलमलें, व्हड्यांत पातळिल्लो परमळ ताचे फुलते कुडिचोच म्हण. तो भोवच उचांबळ जालो. व्हडें तडीक लागलें आनी ताणें सुनंदाक हात दिवन तडीर घेतलें.

तीं त्या एकसुऱ्या जुंव्यार गेलीं. शेतांनी भोंवलीं, झाडांत गेलीं. झाडाच्या अडसराक गेलीं. लिक्क निळें मळब, आरपार उजवाड. पांचवो ताल्ल सैम, परमळीत वारो. सुनंदाक दिसलें, आपणें गर्भ रूजोवचो सुवाळो हांगाच मनोवन घेवंचो. तेचो वास घेत तें तेचे भोंवतणी गणमणलें. तेणे तेका न्हंयवयल्यान हुडून येवन रूखार बशिल्लो तांबड्या मानेचो बगळो दाखयलो. भिण्णीवयलीं तांबडीं भिण्णां काडून दी म्हण हट धल्लो. सकाळच्या चडट्या वोताच्या झगझगात तेणे वासुल्या बावळ्यार टण्ण् करून चिमटी मारली आनी म्हटलें चय तुजो बावळो तांब्याचें तामाण व्हाजिल्लेवरी व्हाजता.

मगेर तेणे ल्हवच तेच्या बोटांत आपलें बोट घुस्पायलें आनी तें तेका झाडामाडाच्या अडसराक घेवन गेलें. थंय झाडांनी तोरण धरिल्लेवरी जाल्लें. तें तेका ओडून घेत पुराय तेंकलें आनी मगेर सट् करून धुकलून दिलें. मगेर आपलें उक्तें आंग तेणे तेचे भोंवतणी नागीणीवरी वेस्टवन घेत तेका नाग जावचेलो संकेत दिलो. तेणे आपली उकती कूड लिपयली, तें लजलें, भिजलें, तेचो श्वास भुल्लो. ह्या तेच्या खेळांत वासू मात खिणांखिणान आक्रमक जायत गेलो. हाती तरसाद आशिल्ल्या विरावरी वागलो. तेच्या त्या आक्रमक तवनास दादलेपणाचेर तेणे आपली कूड हुंवाळून उडयली.

वयर उक्तें मळब आनी आंगासकल ओली जिवी धर्तरी नवे निर्मणे पयलीं वीज्ज आनी मोडाचो अच्छेव हें एक सैमसत्य आसुये. वारें, उजवाड, उदक,

माती हांचो जसो कदीम संयोग घडटालो आनी एका नव्या जिवाचे मुळवण बसताले. वासून गर्भतळ गाठिल्लो. मळब आनी धर्तरेची सगळी जीवसाण, फुल्लटपण सुनंदाल्या गर्भात रिगूक लागिल्लें.

***

सात जण मावळ्यांलो भाचो

रमेश, शाम, बाळूबीन गुटयांनी खेळटाले. आयज दिगणीन खेळप.

रिशीवेल्यान जण एकल्यान आपल्यो गुटयो कुळीं भरूंक मोखल्यो. पयलीं कूळ भरली ती शामाली आनी तो सुटलो. उपरांत एकेक करून विश्वासान आनी बाळूनय कुळी भरल्यो आनी तेवय सुटले. निमाणो उरलो रमेश. ताचेर दिगण पडली. आतां ताणें हाताची मूठ कवळून भुंयेर घाशीत तो गुटी दिगयत कुळीवटेन व्हरचेलो यत्न करतालो. तर हीं पोरां आपल्यो गुटयो मोखून मारून तागेली गुटी पयस पयस व्हरताले.

करतां करतां ताणीं रमेशाली गुटी मोखून मारीत मारीत खुशालील्या घराफाटल्यान, सड्यार व्हेली. थंय सगळो शेंकरो. त्या शेंकऱ्यावेल्यान दिगयतना रमेशालीं बोटां बरींच दुखावलीं आनी रगशेली. तो रडूंक पावलो. पोरान म्हळें, 'नज' म्हण.

रमेशान 'नज' म्हळें आनी आपली गुटी घेवन तो धांवत घराकडेन आयलो. फाटल्यान पोरां हुर्ये घालूंक लागलीं.

रमेश पोर तसो मायेस्त पूण मातसो पोकरी. अबरगत! हातापायांकच बरी घटसाण नासली. आई रातदीस आंगापांगाक तेल घांसताली. धांवू नाका, पडूं नाका म्हण शिटकायताली.

रातीं न्हिदतकीर रमेशालो हात सणसणूंक लागलो. तो पिरंगत हात फापडूंक

लागलो. आईन 'कितें जालें रे' म्हणत तागेलो हात पळेलो. पळेल्यार बोटां रगशेल्लीं आनी सुजिल्लीं. आईन कांचवेवन विचारलें, 'कितें जालें रे पुता हाताक?'

'आई, म्हजेर मुगे आयज दिगण पडिल्ली. ताणीं मोखत मोखत म्हाका शेंकऱ्यांत व्हयलो.'

'कोणी तें?'

'शामान, बाळून बीन.'

आई हातांत तेल घेवन लावंक लागली आनी खेपूंक लागली. 'कसलीं अवचिन्न राणग्यांचीं पोरां हीं! आवय बापूयय तसलेच पाड पडिल्ल्यांचे. बीं तशें भात. कोण म्हण समजल्यात तुमी ताका, बेठोच गरिबालो पोर? बापूय गरीब जालो म्हण कितें जालें? सातजण मामांलो भाचो तो. एकेका मामालो दरकार चयला तुमी? हणकोणचे राया ते....!'

सद्दा रमेशाली आई गोकूळ कुळाराची खूब व्हडविकाय गायताली. पूण ह्या वर्सांनी केन्ना ती कुळाराक गेल्ली दिस्टीक पडली ना. तिगेल्या कुळाराक हणकोणा शिगम्या पुनवेक केद्दो व्हडलो उत्सव. पूण ती केन्ना वचनासली.

'गोकूळ, शिगम्याक हणकोणा वचना गो?'

'म्हाका खंय ह्या संवसाराच्या राटावळींतल्यान सुटका आसा? सदांच आमच्या घरांत बारा खाणयांचो रोव येवन पडिल्लो.'

'तूं एकलेंच गो व्हडली घोळटिकेची बायल. आमकां कितें संवसार ना काय शेताचो वावर ना? हांव दोन तारी बळाटून वर्साक दोन फावट तरी म्हज्या कुळारा हळग्या वचून येतां. तुजें तर कुळार हिंगाच अर्द मायत्याचे वाटेर. कित्याक तुजे पांय घरांतल्यान भायर पडनात तें कळना.'

हें आयकोन गोकुळाची नुरा बावताली. तें खंती जावन तोंड लिपयिल्लेवरी घरांत वयतालें. सात जाण भाव तागेले. मदलो एकलो सोडल्यार एकापरस एक घटमूट आनी बुदवंत. तांचेमदीं एकी आसल्यार अख्ख्या हणकोण गांवाचेर राज्य करूंक येतालें. पूण हाणीं आज्ज्यान बांदिल्ल्या राजाल्या घरावरी गडगंज घराक सात बुराके मारल्यात. आनी तातूंत वेगळे रावतात. पयलीं कितली सोबाय आसली त्या घराक ! तसलें माळयेचें उप्परकी घर आनीक हणकोणांत दुसरें नासलें. घरादाराचीं, शेताचीं, भाटांबेसांची वांटणी करून घेतना तांणी जो एक रणखेव मातयला तो सोंसपाचो न्ही. म्हजो घोव एक दीस समजावंक म्हण गेल्यार म्हणूंक

लागले, 'भावोजी, तूं आनीक आमचे मदीं पडूंक नाका.' तेन्नाच्यान हाणें तांचें नांव सोडलें.

शिगम्या पुनव लागीं पाविल्ली. रमेशाबराबरचे जायते भुरगे हणकोणा शिगम्या पुनवेक वचूंचे तयारेंत आसले. कोण मामागेर, कोण भयणीगेर, कोण मावशेगेर. ह्या गांवचो हणकोणा वांगडा भोव सोयर संबंद. जायतीं चेडवां दिल्लीं आनी सुनो हाडिल्ल्यो.

बुधवार दीस रातची शिगम्याची शागोती आनी मगेर रातचें नाटक. इतिहासीक नाटक करचें तें हणकोणकारांनीच अशी सरभोंवतणच्या गांवांत नामना आसली. शागोतेक आनी नाटकाक सोयरे लोटून येताले.

'आई, हांव मामागेर वयतां शिगम्याक.'

'एकलोच वयतलो?'

'आनीक जायते जण वयतात न्हू गे. तांचे वांगडा वयतां आनी तांचे वांगडा सकाळीं येतां.'

'वच पुता. वचून वासरेंत बस. कोण येवन पयलीं आफोवन व्हरता तागेर जेवंक वच. मगेर जाल्यार हेरांगेरूय चाखून यो. नाटकाक गेल्यार सांबाळून मामा वांगडाच राव.'

'खंयच्या?'

'खंयच्याय, सगळे मामा तुगेलेच.'

'पूण शिगम्याक आफोवंक कोणच येयलो ना मुगे?'

'तूं मामालो भाचो मुरे ! तुका आनीक मानाचें आफोवणें जाय? हक्कान वच मामागेर. मदल्या मामाक चार दीस आमगेर रावंक यो म्हण सांग.'

'पूण ताज्यान धड चलूंक जायना न्हू गे.'

'चलता हां तो. तसो सामकोच तो लंगडो न्ही. हातांत बडी घेयल्यार एकाच पांयान वाऱ्यार उडिल्लेवरी चलता.'

'आई, मदल्या मामाल्या पांयाक कितें जाल्लें गे?'

'नकळं. भुरगेपणांत पांयांतल्यान जोर गेल्लो म्हणटात.'

कुळारच्यो धुवो आदल्या दिसाच गेल्ल्यो. हालीं चारपांच वर्सां फार्टीमेरेन गोकूळय अशेंच वयतालें. अजूनय शिगम्या पुनव लागीं पावली म्हणटकीर तागेलो जीव थतर-वितर जाता. जीव इल्लो इल्लो जावन आगळीच उमळशीक लागता.

पूण ताजे पांय मात कशेच भायर सरनात.

बुधवारा दिसा, वाड्यावेले कांय दादले, कांय भुरगीं सांजेचें वोत मोव जातकीर भायर सरले आनी हणकोणचे वाटेक लागले.

रमेशाले आईन सदांचेंच शाळेक वचचें खोमीस आनी चेड्डी नितळ धुवन ताज्या आंगार घातिल्ली. ती रामाक पर्थी पर्थी सांगताली, 'पोराक मातशे सांबाळून व्हरून हाडात रे. मातसो सादो तो.'

रामान म्हळें, 'मामालो भाचो तो. मामाल्या गांवची वाट खंयच्या भाच्याक कळना म्हण आसा?'

माजाळीच्यान, मुडगेरीच्यान, गडावेल्यान जायतो लोक हणकोण शागोतेक आनी नाटकाक वचूंक भायर सरिल्लो. रस्तोभर हो लोक.

रमेश भोवभोव उमेदींत आसलो. वाटभर नाचतालो, धांवतालो.

असनोटी काडटकीर हणकोणा पावता म्हणसर रानांतलीच वाट. पोरां पिटकुळां, चिवरां बीन खावंक झिलीझोपांनी वेतालीं. दादले तांकां धपकायताले. मदींच पोरां घे धावंक लागतालीं आनी मुखार वचून थांबतालीं. मगेर दादले थंय येवन पाव म्हणसर घोडकां बीन फोडून खातालीं.

पोरां आनी दादलेय रमतगमत हणकोणा पावले तेन्ना वेळ वावभर आशिल्लो. गांवाचे भायर घातिल्ल्या नाटकाच्या थेटकार ताटीबीन लावचेलें काम चालू आशिल्लें. पड्ड्यांची गाडी अजून येवंची आसली. पयसुल्ल्यान फकत उबे खांबे आनी आडीच दिस्टीक पडटाली. सगळेच उकते आनी मेकळे कशे. पूण हिंगा आयज रातची गर्दी उसळटली. नाटकाचो चकफोग जातलो.

सगळेजण हणकोणचे पायणींत पावले. आनी एकएकलो आपआपल्या सोयऱ्यांगेर वचूंक फाफसलो.

रमेशाल्या मामालें माळयेचें व्हडलें घर पायणींतल्यानच दिस्टीक पडटालें. रमेश मामाल्या आकाड्यांत पावलो आनी मदलो मामा कुटकुटत येतना दिस्टीक पडलो. 'मामा!'

'कोण रमेश रे, एकलोच येयला बाळा?'

'ना. वाड्यावेले आनीक लोक येयिल्ले.'

'आई येवंक ना?'

'ना.'

मगेर मदलो मामा सोतासरींच उलयिल्लेवरी उलयलो. 'आफोवंक कोणय गेल्यार येतलें मूं गोकूळ. जण एकलो ह्या ना त्या तंट्यांत घुस्पल्लो. सोताच्या सुवार्तामुखार भयण आनी खंयची हांकां?' मगेर ताणें व्हडानशें म्हळें, 'सांवार आयला बाळा, तेंचेर!'

'कितें मामा?'

'कांय ना. चल आदीं देवळामळार मातशें भोंवन येंवया.'

'मामा, देवळामळार जत्रेमाण येयल्यात?'

'येयल्यात दोन तीन. आतां जत्रापेठ पयलींवरीं उरली ना बाळा. आतां लोकांची सदांच जत्रा. उठसूट लोक शारांनी धांवतात.'

'मामा, बांयकडचे तोरंगीक तोरंगां जाल्यांत? बरीं गोड तोरंगां न्हय मामा. आई भोव याद काडटा तेची.'

'तो तोरंगी रूख गेल्ल्या वर्साक मारलो बाळा. बरीं तिसेक तोरंगां आयिल्लीं. त्या तोरंगांक लागून घे झगडीं. व्हडल्यान एक दीस रागान कुराड हाडली आनी मुळासयत झाड कातरून उडयलें. म्हणूंक लागलो, झगड्याचें मूळच हुमटून उडयतां. वर्सावर्साक हें झगडे जातलेंच.'

माम आनी भाचो देवळांत गेले आनी वारांदार मातशे बसले. देवळांत लोकांचो बरोच राबितो आसलो. जो तो येतालो आनी घण्ण करून घांट वाजोवन देवाक पांयां पडटालो.

'केशवा, कोण रे?'

'भाचो, गोकुळालो चेडो.'

'अशें, येदो आसताना चयल्लो आवयले हुटींत.'

मगेर माम आनी भाचो उठून मातशे मळार भोंवले. माटोव घालून थंय एक चावे दुकान घातिल्लें. मामान विचारलें, 'बाळा, कितेंय खातलो?'

रमेश वोगीच रावलो. पूण मामानूच म्हळें, 'आतां कांय खावंक नाका. मगेर रातचें जेवंक जावचें ना. स जण माम तुगेले. जेवतां जेवतां गळ्याकडेन येयतलें.'

'सातजण न्हय मामा?'

'म्हजें सोड. मामी आसल्यार माम! यो आमी एकेक शरबत पिवंया.'

थंय कुशीक एका टेबलार पांच स रंगारंगाच्यो बाटल्यो दवरून शरबत

दिताले. थंय ताणीं शरबत घेवन पियेलें. चार आण्यांक एक. मगेर ते माणार गेले. 'कितें घेतलो बाळा?'

'काय नाका मामा.'

'पिल्लूक, फुगो, चेंडू, कितेंय घे रे.'

'नाका मामा.'

मामानच मगेर सुपुल्लोच एक चेंडू मोलयलो, सवाय रूपयाक एक. ते वाटेक लागले.

'शाळेक सारको वयता मुरे बाळा?'

'हय मामा.'

'ह्या वर्साक खंयची यत्ता?'

'चवथीन पास जावन पांचवेक पडला.'

वाटेर एक खोप आसली, चुट्टांची. ताजेर एक तामडो कानडीत बोर्ड मारिल्लो, 'शराबू अंगडी.'

रमेशान अक्षरां जुळोवन तो बोर्ड वाचलो. 'सोऱ्याचें दुकान दिसता.'

माम खोपीमुखार पावतकीर मातसो रावलो. राव हां म्हण बेगीबेगीन भितर गेलो आनी रोखडोच आयलो.

'या'.

माम उजव्या हातांत बडी घेवन दावो हात दाव्या पांयाचे धिमयेर दवरून तो पांय शेंवटून मुखार उडयिल्लेवरी चलतालो.

आतां नाटकाचे पड्डे पाविल्ले आनी ते चडोवचेलें काम चलिल्लें.

आकाड्यासरी पावतकीर मामान खिशांतल्यान एक बंदो रूपयो काडलो आनी रमेशाल्या खिशांत घालो. 'नाटकाक गेल्यार चणे, भिकणां, कितेंय घेवन खा. ना जाल्यार एक पिल्लूक घे.'

रमेशान तो रूपयो खिशांतल्यान भायर काडून चयलो. ताका तो चकचकीत सामको तायटायेदो दिसलो. ताणें सान बाळकावरी तोंड करून मामाक चयलें.

मामान म्हळें, 'तूं मुखार वच. वचून वासरेंत बस. कोण आफयता तेगेर वच.'

'तूं येयना मामा?'

'हांव मगेर येतां. तूं वच.'

माम बडी तेंकयत आपलो अपंगूळ पांय शेवटून मुखार उडयत सडसडीत चलूंक लागलो. पूण तो मातसो मुखार गेलो आनी ताणें म्हळें, 'नाटकाक गेल्यार रातचो सांबाळून यो रे बाळा!' मगेर ताणेंच पर्थे म्हळें, 'मामागेर शागोते जेवण जेवतकीर नाटकाक आनी खंय पावतलो तूं? जेवतां जेवतां झेमेवंक लागतलो.'

रमेश आकाड्यांतल्यान भितर सरलो, मामाल्या घरा वचूंक. मामागेलो चिऱ्यांचो दुरीग, गाड्यांची बांय, माळयेचें उप्परकी घर पळोवन रमेशाक आगळीच उमेद आयली. पूण तो चिंततालो 'मदलो माम खंय वचूंक गेला काय? आयज तो कोणागेर जेयतलो? खंयच्या मामागेर?'

तो मामागेले वासरेर पावलो तेन्ना काळोख पातळूंक लागिल्लो आनी निकतेच दिवे लागिल्ले.

तीनचार वर्सांफाटीं तो आईवांगडा शिगम्याचे शागोतेक आयिल्लो. तेन्ना ताका पळयिल्ली याद आसा, वासरेंतल्यान घरांत वचूंक एकच म्हाल दार आसलें. सोबीत कांतयिल्लें. ताचेवयर फोटूबीन लायिल्ले. पूण आतां दाव्यान उजव्यान आनी तीन चार दारां पडिल्लीं. कुशीचे पडवे वटेनच एक दार आसलें. माळयेरूय कोण रावता अशें दिस. खंयच्या दारांतल्यान गेल्यार खंय कोणागेर पावतलो हें कांयच कळनासलें. सगळोच घुस्पागोंदळ.

रमेशाक भलत्याच कोणाल्यातरी वळख देख नाशिल्ल्या घरांत येवन पाविल्लेवरी जालें. हेंच मामालें घर हें ताका खरेंच दिसना जालें. तो कोनशांत हांथरिल्ले एके शेंदरेर वोगी बसलो, आंग वावडून घेवन.

पयलीं आई वासरेंत पावतकीर म्हाका वासरेंतच सोडटाली आनी घरभर बोवाळूंक लागताली. सगळेजण 'गोकुळा गोकुळा' करीत तिका पाचारीत रावताले. ताका सारकी याद आसा, तो ल्हान आसताना त्या म्हाल बागलाचे कुशीक एके कपड्याचे खुर्चियेंत एकलो सामको म्हातारो दादलो बसतालो. आई केन्ना विचारता, 'रमेशा, तुका आज्ज्याक पळयिल्ली याद आसा रे?'

हांव हय म्हणटां. तो म्हजो आज्जोच आसूंक जाय.

जायतो सोयरो धायरो आयिल्लो. दर एका दारांतल्यान कोणकोण भायरभितरय वताले. पूण रमेशाक सगळेच अनवळखी.

मदीं एक माम भायर आयलो. तो खंयचो व्हडलो माम काय धाकलो माम म्हण रमेशाक सारकें कळ्ळें ना. ताका मदलो एक माम सोडल्यार हेर सगळे माम

सारकेच दिसताले. लांब आंगलोटाचे. धोंगापोंगांतल्यान मोटींमोटीं हाडां वयर सरिल्लेशे. लांबट थबथबीत गोऱ्या चेऱ्यांचे.

रमेशान बशिल्ले कडच्च्यान भायर येयिल्ल्या मामाक 'मामा' म्हण पाचारलें. त्या मामान रमेशाकडेन पळोवन 'येयलों, बस, बस' म्हळें आनी तो खंयचेतरी बागलांतल्यान भितर रिगलो. मगेर खंयचो ना खंयचो माम दिस्टीक पडटालो. रमेश येद्दें तोंड करून तांचेकडेन पळयतालो. पूण कोणाल्या तोंडार आगत्य, आपलेपण नासलें. रमेशाक दिसलें, 'हे म्हाका वळखनात काय कितें?'

तो हेवटेन तेवटेन पळयत व्हडले मामियेक सोदतालो. व्हडली मामी एकदम बरी करताली ताका. आंब्यातेंपाक येयल्यार आंबे कापून बशीभर शिरो दिताली. पातळ गोडांत सोय घालून बरें घाटणें करून केळीपानाक बांदून दिताली. ती आतां खंय आसा काय! खंयच्च्या बागलांतले चुलीसरीं !

पयलीं हे वासरेर शेकान शेक पंगत बसताली. कितलो लोक जेवन वयतालो! पूण आतां जाचो ताचो सोयरो वांटून घातिल्लेवरी फाव त्या बागलांत रिगतालो. पूण रमेश तर सातय मामांलो भाचो. वांटून कसो वयतलो? खंयचें बागल आपलें म्हण रिगतलो? आईन तर सांगलां, जो पयलीं आफयतलो तेगेर वच म्हण. ताका वोगीच दिसत रावलें, आतां खंयचो तरी माम येतलो आनी आपणाक हाताक धरून 'रमेशा यो' म्हण आफोवन आपल्या बागला भितर व्हरतलो. मगेर हांव तेगेर मणयेर बसून जेयतलों. मामी वाडटली म्हाका!

मदलो माम येयतलो म्हण भोव भोव वाट पळेली ताणें. पूण तोवय खंय गेल्लो कोण जाणां !

सोयऱ्यांचो राबितो, तांचो बोवाळ, तांचें जेवणखाण हातूंत येद्दोसो रमेश त्या कोनशांत शेणलो आनी झेमेवंक लागलो.

पोर पांच मैलांची वाट माणयत नाचत खेळत आयिल्लो. ते भायर थोट्या मामावांगडा देवळांतल्यान भोवन आयिल्लो. तातूंत भुकेचीं दावखुलां पोट खरपूंक लागिल्लीं. पोर थकलो, भुकेलो आनी झेमेवंक लागलो. लखण मारूंक लागतकीर चेंडू तसोच बचकांत घेवन थंयच कोनशांत आड पडलो आनी खिणांत थार न्हिदून गेलो. शागोतीय ना आनी नाटकय ना.

सकाळीं ताका जाग आयली तेन्ना भायर उजवाडिल्लें. वासरेर घे लोक वचत थंय आडवे उबे न्हिदिल्ले. 'नाटकांतल्यान येवन हे अशे न्हिदल्यात दिसता.

म्हाका तर कांयच कळ्ळें ना.'

पोटाक चरांटून भूक लागिल्ली. पोटाची भूक, थंय सुस्त न्हिदिल्लीं तीं मनशां, जळीमळींची तीं रितीं बागलां पळेलीं आनी रमेशाक रडूंकच येवंक लागलें. हुडक्या हुडक्यांनी रडूंक येवंक लागलें. हातांतलो चेंडू आनी खिशांतलो रूपय थंयच पडिल्लो. ताणें एके मुठींत तो रूपय आनी दुसऱ्या बचकांत चेंडू घेतलो आनी थंयच्यान तो भायर सरलो. रडत रडत आकाड्यांतल्यान पायणींत आयलो आनी आपल्या गांवचे वाटेक लागलो. आकाड्यासरीं एक बायल बांयर उदक भरताली. तिणें विचाल्लें, 'आरे कोणालो रे तूं? रडटा कित्याक?'

पूण रमेशान जाप केली ना. तो रडत रडत धावंक लागलो. ती बायल पळेतच उरली.

रातीं मदलो माम तारीकडेन वचून तारयाले खोलींत न्हिदिल्लो. थंयच दुकानांतली मिसळ खावन. बरे रातीर तारयान ताका उठयलो आनी म्हळें, 'भंडाऱ्याल्या वाड्यार शिगमो म्हण बोकडो मारिल्लो. बायलेन एक वांटो घेयिल्लो. चेड्याकडेन धाडून दिल्या शागोती. चडच जातली. तूं खायतलो जाल्यार घालून दितां बशयेंत. आमी जातीन उणे म्हण कचरशी जाल्यार नाका.'

'ना. ना. घालून दी तूं म्हाका.'

शागोती खातां खातां मदल्या मामालें काळीज भरून आयलें आनी ताळ्यांत आंवडो घुसपलो. अचकीत खतखतो आयिल्लेवरी ताणें म्हळें, वेगळें जाताना म्हाका थोंटो म्हण इतलो हिणसायलो तेंणी. 'थोंट्याक वांटो कित्याक? तो एके वेळेच्या गिरासाचो 'हकदार' म्हणटाले. तेंचो गिरास तेंच्याच हड्ड्यार पडूं.'

तारी सैरून बेठेंच 'हं' म्हळें जशें तो म्हणटालो, 'आमी सगळें जाणां केशवमाम !'

'व्हडल्याली बायल पालवांत लिपोवन जेवणखाण हाडून दिता. बाकीच्यांल्यो बायलो म्हणटात, म्हजो वांटो तिका मेळूंक जाय म्हण ती म्हजें करता म्हण. म्हज्या घरांत आयज हांव लिपून दपून खातां, सैरू. हाजेफुडें कांय एक नाका म्हाका तेंचें.'

थोरामोठ्यांल्या झगड्यांत आपणें पडचें न्ही अशा विचारानसो सैरू वोगीच रावलो.

तो तारयाले खोपींत सकाळीं उठलो तेन्ना ताका याद आयली, 'गोकुळालो

चेडो, रावता दिसतलो. मदलो माम खंय गेलो, उपरांत दिसलोच ना म्हणटलो.' ताणें हातांत बडी घेयली आनी सडसडीत धेपां मारलीं. आकाड्यांत पावतकीर ती येदोळची बायल बेगीबेगीन ताजेसरीं आयली, 'केशवबाब, काल गोकुळालो चेडो आयिल्लो?'

'हय, कित्याक म्हण?'

'तसलोच दिसलो म्हाका. फाटीं चयल्लो हांवें. तुगेलेंच सामकेपण.'

'कितें जालें सांग मुगो.'

'सकाळीं नसकाक उठून तो रडतरडत धांवन गेला. हांवें विचारल्यार कांयच उलयलो ना.'

मदल्या मामाल्या काळजांत चर्र जालें. तो बेगीबेगीन घरासरीं आयलो आनी व्हडल्या भावाल्या दारांत गेलो. विचारलें, 'गोकुळालो चेडो रातीं कोणागेर जेयलो?'

व्हडल्या भावान आनी बायलेन दोगांनय अजापानशें विचारलें, 'दिस्टीकच पडलो ना. खंय येवन बशिल्लो तर तो?'

दुसऱ्याकडेन वचून विचारल्यार ताणें म्हळें, 'दिशिल्लो तो. हांव समजलों तो कोणागेरूय जेयलो आसतलो म्हण.'

चवथ्यान म्हळें, 'येयल्यार ताणें मामा म्हण जाप दिवची न्हय! हांव तेका खंय वळखतां ! कितलीं वर्सां जालीं चवन. गोकूळ तर केन्ना येयीना हे वटेन. गर्व येयला तेका.'

पांचव्यान तर मार रागान म्हळें, 'म्हाका सामको नाडलो सगळ्या भावानी मेळून आनी इस्टेट हातासली. तेंणीच पळवचें भयणीचें, भाचरांचें.'

सातव्याकडेन गेल्यार तो पयर कारवारच्यान येताना बांदून हाडिल्लें सामान पेटेंतबीन घालून आवरूंक लागिल्लो. तो कारवारा पुलीसांत आसतालो. पयर येताना ताणें आनी तागेले बायलेन येतानाच जेवणाचें बीन सामान हाडिल्लें आनी तीं आतां पर्थी वचूंचे तयारेक लागिल्लीं. मदलो तांकां कांयच विचारीनासतना आंगणांत आयलो.

ताणें आंगणांत उबो रावन स्राप दिल्लेवरी हात हेळायत म्हळें, 'ह्या घरचो भाचो सात मावळे आसताना उपाशी पोटीन गेलो. तुमकां स्राप बादलेबगर रावचो ना. निसंतान जातलें तुमचें. अन्नाक वळवळटले तुमी!'

मगेर तो आंगावेल्या कपड्यारच भयणीगेर वचूंक भायर सरलो. चवथ्याली बायल माळयेवेल्यान कांचवेनशी पळयताली. हातांतले बडयेच्या नाड्यार सोताक ओढून घेवनसो तो चलतालो. ताजो मुखार शेंवटिल्लो अपंगूळ पांय आयज चडच कडकडटालो. इतल्यान व्हडल्याली बायल धांवत धांवत आकाड्यांत आयली. तिणें उलो मारीत म्हळें, 'अरे केशवा, वोत चडूंक लागलां. आतां आनी वचूंक नाका.' पूण ताणें फाटीं वळोवन लेगीत चयलें ना.

रमेश एका हातांत चेंडू आनी दुसरे मुठींत रूपय धरून घेवन बद्द घरा आयलो. वाटभर तो रडटालो आनी धांवतालो. तो वाड्याभायर पावलो आनी ताणें शाण्या भुरग्यावरी दुकां पुसलीं. तोंड हांसकुरें करून तो घरा आयलो. ताका पळोवन आईक अजाप जालें.

'बेगीनच पावलो मुरे तूं? एकलोच येयलो रे?'

'शाळेक वचूंक मेळ्ळ्यार वचचें म्हण बेगीनच येयलों आई. वांगडा माजाळीचे बीन लोक आसले.'

'कळाव जालो. आयज वचूं नाका.'

'पेज जाली आई?'

'ना. चुलीचेर खतखतता...'

'कित्याक? भूक लागली बेगीनच?'

'हय आई.'

'कित्याक? रातीं जेवलो ना?'

'जेविल्लों आई.'

'कोणागेर?'

'सातय मामांगेर.'

'मगेर इतले बेगीन भूक कशी लागली?'

'पेज वाड तूं म्हाका. वाड म्हळ्यार वाड.'

आईन बेगीबेगीन पेजे मडकी सकल दवरली. आनी ताटांत पेज न्हिवोवंक घाली. पेज सारकी न्हिववंक दी नासतना रमेश हुनहून पेज जेवंक लागलो. आईन बारीक तेळ्ळें. ताजे दोळे फोणकुलांत गेल्ले आनी भुकेन सामको व्याकुळ जाल्लेवरी तो जेवंक आशेतालो. तिका दुबाव आयलो, 'रमेश, खरोच रातीं जेविल्लो तूं?'

रमेश वोग्गी.

1038

‘अरे, सांग मुरे.’

‘आई, म्हाका कोणेंच जेवंक आफयलें ना. वासरेंतच हांव न्हिदून पडलों उपाशींच.’

गोकुळालें काळीज कांट्यान कोंचयिल्लेवरी जालें. निकतोच कोणतरी बापूय मेल्ल्याची खबर घेवन येयला आनी आतां आपूण हुयाल्यांनी रडूंक लागतलें. ना तर सातय भावांक चरांटून शिराप तरी दितलें, अशें ताका दिसूंक लागलें. तें मटकन्न सकल बसलें. मदल्या दारांत तें कितलो वेळ तशेंच बशिल्लें आनी ताणें कितें कितें चिंतलें हें ताकाच खबर ना.

रमेश आतां जेवन उठिल्लो आनी मामान दिल्ल्या चेंडून घरांतच खेळटालो. भायर आंगणांत कोणाची तरी सांवळी हालली. पळेल्यार मदलो माम दारांत उबो. वोतांतल्यान चलून येवन तो थकिल्लो, हुमेन भिजिल्लो. भितर रिगताना तो लंवडून पडटलो अशें दिस.

रमेश ‘मामा!’ म्हण वचून ताज्या आंगाक तेंकलो. गोकूळ मात ताजेकडेन पळेतच उरलें.

***

खरोच हांव चुकिल्लों?

रूद्रेश्वर पर्वतार देवळा मुखार व्हडव्हडान व्हांजत्रां व्हाजतालीं. फोग पेट्टालो. लोकांचो कलकलूय मुळसा मेरेन आयकोंक येतालो. चोंयवटेन सगळो वाठार त्या आवाजान भरून गेल्लो. अशें सांगतात, देवळांतल्या व्हडल्या धोलार पडिल्ली बडी धा मैलांच्या आंवाठांत आयकोंक येता म्हण. तो घडघड आयकोन रामनाथालें आंग फुरफुरलें. सगळ्या आंगार कांटो फुलला. पयलीं हांव हो उकतो रूद्रेश्वर पर्वत एकेच धांवणेंत धांवन वयतालों. मुळसांतल्यान भिरकटी मारप आनी देड मैलाची उबी चडटी चडून वचून दोंगराचे तेंगशेर देवळा मुखार वचून रावप. पूण इतलीं रणमैदानां मारून येयिल्लों जवान हांव आज असो अपंगूळ जावन व्हील चेयरींत पडलां...

ल्हवल्हव ताच्या मनांत निर्शेणेचें एक काळें कूप दाटून आयलें. एक बिण्ण काळोख. आस्तेचो एक थेंब ना. एक कीर्ण ना. ताणें मेल्ले निर्शेल्ले नदरेन एक फावट आपल्या दोनय अपंगूळ पांयांसरीं पळयलें. एक पांय धोपरां सकल्ल्यान काडिल्लो तर दुसरो पांय धोंपरा वयर. ते पांय पळोवन तोच पोन्नो प्रस्न परत एक फावट विकराळ रूप घेवन ताका कोंचून विचारूंक लागलो, 'तुवें केल्लें तें समा काय चूक...समा काय चूक?'

गेल्लीं कितलींशींच वर्सां तो ह्या प्रस्नाची जाप विचारल्यार ताका ते पिशांत काडटासले. म्हणटासले, 'रणमैदानार वचून असलीं पिशेपणां करता आनी वेल्यान

विचारता आपलें कितें चुकलें काय म्हण ! मनशाक पयलीं आपलो जीव व्हड. सोताक वाटोवंक हेरांक मार ना तर खा!'

तो व्हील चेयरीर मान फाटल्यान उडोवन बशिल्लो. चोंय वटेन एकसुरेपणाचो कांच आनी पयस तळातळांनी व्हरपी चिंतनां. भावाली बायल जत्रेक वयताना सांगून गेल्या, 'मेजार ताट दवरलां तें बेगीनच जेवन घे. चड वेळ व्हील चेयरींत बसून रावं नाका. वोगी खाटीर न्हीद.' बरी म्हजी भाभी. तिगेल्या चार भुरग्यां वरी हांव तिगेलें एक अबुद्द बाळक जालां. म्हाका व्हील चेयर दिल्ली तेन्ना दर एक दाराक उंबर आसले. ते तिणें घोवाक सांगून एक्कान एक निखळावन उडयले. लोकान म्हटलें, उंबर निखळावप बरें न्ही. पूण तिणें आयकलें ना. आतां हांव व्हील चेयरीर घरभर भोंवतां. धा वर्सांची जातकीर कामणी पिडेन मेल्ली म्हगेली भयण आतां आसल्यार असलीच आसतासली. फाऽऽटीं एक दीस तिणें म्हाका बारीक पळयत म्हटलें, 'तुजे तळमळे म्हज्यान पळोवं नज. कोणय गरिबालें चेडूं मेळ्ळ्यार हांव तुगेलें लग्न करून उडयतासलें.'

म्हाका कच् जालें. मागीर हांव रडिल्लेवरी हांसलों. अशें कित्याक म्हण उलयली ही व्होनी! कसले तळमळे म्हणटा ती?

शेजारची दुरपदी आवय मदींच खोंकताली. तें खोकप काळोख कापीत म्हज्या एकसुरेपणाचेर येवन लखतालें. आतां खुब्ब जाण्टी जाल्या ती. पूण म्हाका अजाप दिसता, जिवीतभर इतले कस्ट आनी इतलीं दुख्खां भोगून ती इतलीं वर्सां जियेलीच कशी? फाटीं एक दीस तिका हांवें म्हटलें, 'तुगेल्या मेल्ल्या पुताक लागून हांव म्हगेले पांय वगडावन बसलों.' हाचेर पिशाक पळयतलेवरी ती म्हाका बारीक पळयत रावली. मनांत म्हणटाली जावंये, घरांत एकलोच पडून रावन हाची तकली घुंवल्या दिसता.

रामनाथ पयलीं फौजेंत आसलो. अठरा वर्सांचेर फौजेंत भरती जाल्लो तो. खेळूंक मोटो शिटूक आसलो. ऊंच हुडयेंत, लांब धांवणेंत ताणें वस्तादपण जोडिल्लें. ताचेन अवघ्या पाच वर्सांत तो जवानाचो हवालदार जाल्लो. लांब शिडशिडीत आंगाचो चलाख हवालदार रामनाथ. तो खेळुंकूच हुशार आसलो अशें न्हय तर फौजेचे दर कवायतींत तो हुशार आसलो. सगळ्या वयल्या अधिकाऱ्यांचो आवडटो हवालदार रामनाथ.

एकुणसशें एकात्तराच्या पाकिस्तान वांगडाच्या झुजांत तो आपल्या मराठा

लाईट इन्फन्ट्रीच्या एका बटालियना वांगडा बांगला देशांत आसलो. ताचें बटालियन ब्रिगेडच्या हेर दोन बटालियनां वांगडा भारतांतल्या रानीघाटसान बांगला देशांत भितर सरिल्लें. तांच्या ब्रिगेडांत आनीक दोन बटालियनां आसलीं. एक बिहार रेजिमेंटचें आनी दुसरें राजपूत रेजिमेन्टाचें बटालियन. ते सगळे बांगला देशाचें मोटें शार खुलना वाटेन वचूंक लागिल्ले. खुलनांत पाकिस्तानाचो मोटो फौज फांटो आसलो. दुसरें भारताचें आनीक एक ब्रिगेड बशीरहाटसान भितर सरिल्लें. दोनय वटेन फाटल्यान फुडल्यान खुलना शार वेस्टावन ताचेर झुडोन वचून तें जिखचें अशी माण्णी आसली. बांगला देशाचें मुक्ती झूज सुरू जातकीर उत्तर पश्चिमेचे सरादीर आशिल्लें पाकिस्तानाचें सैन्य धांवन वचून खुलना शारांत एकठांय जाल्लें. वयताना तांणी रस्त्यांची, पुलांची भोव मोडतोड केल्ली. व्हडले व्हडले रूख कातरून रस्त्यार उडयिल्ले. सुरूंग पुरून दवरिल्ले. रानी घाटसान खुलना ही देड दिसांची वाट कापून येवंक तेंका स दीस लागिल्ले. येयल्लेच तांणी एकेच रातीक मोर्चे खणून आनी बंकर्स बांदून तात्पुरती राखणे फळी उबी केल्ली. निमाणी घुरी घालची तयारी जायसर मुखावयले पांच स दीस तरी तांकां थंय पांय रोमून रावचें आसलें. राखणे फळी उबी करतना आनी ताचे उपरांत खुलना वटेच्यान पाकिस्तानी फौजे कडच्यान थार दिनासतना बाँबगुळे येत आसले. पूण भारतीय सैन्याक जाय तशे बाँबगुळे खुलना वाटेन उडोवंक शक्य नासलें. नागरी भागांत बाँब घालचे न्हय अशी पयलींसानच शिटकावणी आसली. खुलनाचे शिमेर पाकिस्तानी सैनीक आनी अदींमदीं नागरी वसणूक अशी विचित्र अवतिकाय आसली. कितल्याय शादूरपणान गुळे घातले तरीय ते अर्देअदीक नागरी भागांत वचून पडटाले.

एक लांबच लांब बांद आसलो. बांदार शेकानशेक वडाचीं, फळसाचीं, आंब्याचीं झाडां आसलीं. त्या बांदा मुखार दर शंबर पावलार तांणी मोर्चे उबे केल्ले. दावे वटेन बिहार रेजिमेंटचें बटालियन आनी उजवे वटेन रजपूत बटालियन आसलें. सरभोंवतणचो तिनेक मैलांचो वाठार तरी तांणी ते सांकळेन वेस्टावन घेतिल्लो. बांदामुखार देडेक मैलांचो वाठार शेकानशेक उकतो आसलो. तातूंत शेतां, तळीं, ल्हान ल्हान बांद आनी झाडां आसलीं. ताचे पेल्यान पाकिस्तानी सैनीक. ते थंयच्यान दिस्टी पडनासले. पूण ते थंय झाडांनी, घरांनी, आनी बांधकामां आड लिपून आसात हें होलमतालें. रातच्या वेळार बाँबगुळ्यांचो फारपेट जातना झग् करून उजवाडय दिस्टीक पडटालो. तशें निकराचें झूज अजून सुरू जावंक

नासलें. मोर्चांत रावन एक दुसऱ्याचेर बाँबगुळे उडोवचेंच सुरू आसलें. मर्दींच मशीनगनचो फारपेटय दोनय वटेच्यान जातालो. पूण इतले पयस मशीनगनच्यो गुळयो पावंक तांकनासल्यो. फकत बाँब येवन पडटाले.

चार दीस जाल्ले मोर्चे बांदून. काल दीसभर आनी आज सकाळींय पाकिस्तानचे बाँबगुळे ज्युस्त राखणेफळयेर येवन पडटाले. पयलींवरी फासपून फाटीं पडनासले. इतले पयसुल्ल्यान ते अचूक येवन कशे पडटात हें कुवाडें जाल्लें. वयल्या अधिकाऱ्याक दिसतालें, लागींच खंय तरी दुस्मानालें 'ऑब्झर्वेशन पोस्ट' - तेळचें ठिकाण - आसूंक जाय. थंयच्यान तांच्या तोफखान्याक वायरलेसी वेल्यान मोखिच्यो सुचना मेळटात आसूंक जाय.

तांकां कसल्याय कामाक मोर्चांतल्यान वयर सरूंक मेळनासलें. कोणाची तकली वयर दिसली की येयलोच बाँबगुळो तेवटेच्यान. पूण तांचें तें तेळचें ठिकाण खंय आसा हाची इल्लीय सुलूस लागनासली.

सकाळीं साडेधांच्या सुमाराक रामनाथाल्या सी फॉर चार्ली कंपनिचे कमांडर मेजर रंगनाथन दोळ्यांक बायनॉकलर लावन मुखावेलीं झाडां आनी हेर खांची कोनशे नीट नियाळटालो. नितळ वोत पडिल्लें आनी तें झाडापेडांच्या आंगांनी रिगिल्लें. बायनॉकलर घुंवडायतां घुंवडायतां ताची नदर एका जांबळिच्या रूखार ऊंच थिरावली. रूखार एका मनशाली आकृती दिसताली. ताणें आंगांक पानां ताळे खोवोवन कॅमोफ्लाज बरें करून घेतिल्लें. तरीय तो एक मनिसच म्हण कळटालें. रंगनाथनान मनांत म्हटलें, हो हिंगा नकाशे घेवन बसला आनी आमची हालचाल वायरलेसीन फाटीं तोफखान्याक कळयता. फुडल्याच खिणाक ताची इल्ली इल्ली हालचाल जाली आनी ताणें बायनॉकलर दोळ्यांक लायिल्लेवरी दिसलें. मेजराक खात्री पटली, हो मनिसच. ताणें बेगीबेगीन कुशिच्या मोर्चांत आशिल्ल्या हवालदार रामनाथाक उलो मारलो. उलो आयकोंक गेलो ना अशें दिसतकीर वांगडा आशिल्ल्या रनराक ताचेसरीं धांवडायलें. कांय खिणांतच रामनाथ थंय येवन हाजीर जालो. तेन्नाच दुस्माना वटेच्यान एक बाँबगुळो येयलो आनी राखणेफळये फाटल्यान येवन पडलो आनी घुमऽऽ करून फुटलो. पूण कोणाक कांय लागलें ना.

मेजरान बायनॉकलर रामनाथासरीं दिलें आनी मुखावेल्या जांबळी रूखाची खूण फौजी संकेतात सांगली. 'जवान आगे देख, चार सौ मीटर, एक माटी का

टिला। उसके ऊपर एक बहुत बडा छत्रीदार पेड । उसके ठीक ग्यारह बजे तीन ऊंगलियाँ, एक ऊंचा हरा काला जामून पेड । उसके बिचोंबीच दुश्मन का एक जवान ...'

रामनाथान आर्दी तो मातयेचो धुतो आनी ताचे वयलो सत्री कसो उबो रूख सोदून काडलो. मगेर दोळ्यां मुखार तीन बोटां धरून अकरा वाजचे लायनीर आशिल्लो तो जांबळी रूख सोदून काडलो. उजवाडाच्या झगझगांत ताकाय 'तो' दिसलो.

'हय सायब, मनिसच तो. टारगेट मेळ्ळें म्हाका सायब.'

'आतां तुवें तुजें सॅक्शन वांगडा घेवंचें आनी दोंपत दोंपत वचून तें ऑब्झर्वेशन पोस्ट नश्ट करचें. मारून उडोवंचें ताका फारपेट करून.'

'पूण सायब एक दुबाव. ओ.पी.चे राखणेक थंय आनीक कांय जवान दड मारून बशिल्ले आसूं येतात. एक अख्खें प्लाटूनय आसूं येता.'

'ना रामनाथ, रूखावेलें ओ. पी. सदांच वन् मेन् आसता. हें भोव जिकिरिचें काम. प्लाटून इतले भितर रिगना.'

'पूण सायब...'

रंगनाथन तापलो. 'आतां निमित्ता नाकात. तुज्या सॅक्शनाक घेवन वच आनी ताका फारपेट करून सकल उडोवनच यो. हांव कमांडींग ऑफिसराक हाची खबर दितां. पुराय डिफेन्साक सावधान करूंक जाय.'

रामनाथान ताकतिकेन आपलें सॅक्शन एकठांय केलें. एक नायक, एक लान्स नायक आनी सात जवान मोर्चांतल्यान उठून येवन एका झाडा आडसार एकठांय जाले. सगळ्यांल्या हातांत मॅगझीन चडयिल्ल्यो एस्.एल्.आर. रायफली. पयलीं रामनाथ तांकां घेवन उजवे वटेन गेलो. थंय कांय उशेलां आसलीं. आनी तांचे पेल्यान बरींच ऊंच वाडिल्लीं तुरिचीं झाडां आसलीं. उशेलांतल्यान, बांदाच्या, झाडांच्या अडसरांतल्यान, तुरिच्या शेतांतल्यान भोव शादूरसाणेन ते ओ.पी.आशिल्ल्या झाडाच्या लागीं पावले. पन्नास मिटर पावतकीर मुखार अशें उकतेंच शेत आसलें. त्या शेतांतल्यान ते धांवतच रूखासरीं येयले. सगळ्यांच्या हातांत वयर जोखून धरिल्ल्यो रायफली. सगळ्यांत मुखार रामनाथ. तो एकलोच बरेच मुखार पाविल्लो. तो रूखापोनाक पावलो आनी त्या रूखावेल्या दुस्मानाच्या जवानाक मारून सकल उडोवंक ताणें बंदूक जोखली आनी बोट बंदुकिच्या

घोड्यासरीं गेलें...पूण खिणांत तो गळसणलो... एक पुराय जितो मनीस वयर म्हजे मुखार... मनशा वरीच गोरें, बाबडें, भियेल्लें तोंड... फक्कत हो एक मनीस! हो दुस्मान न्हय. होवूय कोणालो तरी पूत, कोणालो तरी भाव, कोणालो तरी घोव आसुंये, कोणालो तरी बापूय आसुंये...हाच्या मरणान एक दुख्खाचो दरया...दुरपद आवय कितलीं वर्सां पुताचे यादीन वथरेताली आनी रडटाली. ताचे भयणीन भाव मेलो कळटकीर धांवन येतना पायणींत मारिल्ल्यो किळांच्यो अजूनय कानांत घुंवतात. जाण्टो बापूय धोपरांत तकली घालून कितलेशेच दीस मोन्यांनीच रडटालो. तेंगेलो पूत मनोहर पोलिसांत काम करताना दरोडेखोरा कडच्यान ताका मरण आयिल्लें. ताचें दुख्खी सांवट पुराय गांवभर पातळिल्लें. तेन्ना चौदा वर्सांचो रामनाथ त्या सांवटांत पुराय बुडून गेल्लो... आज वीस वर्सां जाली दुरपद आवय चेड्याच्या यादीन अजूनय वथरेत आसा.

ताचें रायफलिच्या घोड्यावयलें बोट अळंग जालें. ताणें सांगात्यांकूय फौजी भाशेंत शिटकायलें, 'कोणें फारपेट करचो न्हय. ताका जिवानिशीं मारचो न्हय. सकल देंवोवन धरूया ताका. रावं दी. आसूं दी जितो.'

एकट्यान म्हटलें, 'पूण सर...'

'ए, तूं वोगी राव. सांगतां तेंच कर. म्हजी आज्ञा ती.'

मगेर ताणें त्या रूखावयल्या जवानाक धपकायत म्हटलें, 'ए, चुपचाप नीचे आव । कुछ चालाखी दिखाई तो गोली मारके बंदर जैसा नीचे फेकूँगा ।'

तो जवान आतां त्या खूब ऊंच रूखावेल्यान ल्हवल्हव सकल देंवंक लागलो. तो रूख शेताचे धडेचेर उंचायेचेर आसलो. दोन वटेन तरी शेताचो खणून कापून काडिल्लोसो सकल भाग आशिल्लो. रूख आनी रूखाचे सावळेचो भाग उंचायेचेर आनी सकल शेत.

ताचें सकल देंवप सामकेंच ल्हव आसलें. बेठोच गळसणिल्लेवरी पांय वयर सकल घेतालो. देंवताना तो एके खांदयेक धरून त्या रूखाचे दुसरे वटेन गेलो. त्या रूखाच्या मोठ्या कांडा आड गेलो. एके खांदयेर घट पांय रोवून एका खिणा भितर ताणें पोचांतल्यान हेन्डग्रेनेड काडलो आनी ताची पीन काडून हांचे वटेन सकल उडयलो.

आतां फक्कत चार सेकंदांत ग्रेनेड फुट्टलो...सगळ्यांनी हुडी घेवन सोताक सकल शेतांत घालून घेतलें. रामनाथ सगळ्यांत मुखार आशिल्लो. ताणेंय धांवत


येवन भुंयेर हुडी घेतिल्ली. पूण तो कुडिचें पुराय धड सकल आनी पांय वयर अशे अवतिकायेंत सकल पडलो. तेन्नाच ग्रेनेड फुटलो आनी ताच्या दोनय पांयांची छेनडी जाली.

आतां भुंयेर पडिल्ले सगळेजण उठले आनी तांणी किंवाट्यान वांगडाच ठो ठो फारपेट करून त्या दुस्मानाक माकडावरी वयल्यान सकयल उडयलें.

उपरांत ताणीं हवालदार रामनाथाक उखलून डिफेन्सार हाडलो. थंयच्यान हॅलिकॉप्टरान ताका कुचबिहारच्या मिलिटरी हॉस्पिटलांत पावयलें. थंय तो स म्हयने उल्लो. मजगतीं ताचे दोनय पांय काडचे पडले.

***





एक सुन्न मरण

सुशिला भितल्ले कुडींत सामकें सोसेतालें आनी भायर बशिल्ल्या सहदेवाचो जीव गोळाक लागिल्लो. जीवनमर्णाचो निर्णय लागीं पाविल्लेवरी तो थतरवितर जाल्लो. ताणें भायल्यानच विचाल्लें.

"सुशिला, चड जाता गो?"

"ना. अजून चड ना. बेठेंच फुगार जाल्लेवरी जाता आनी किसकिसता."

"भागीआवयक आफोवन हाडूं?"

"आतांच नाका. कळाव आसा. तूं मातसो भितर येवन बस न्ही म्हजेसरी."

सहदेव उठलो. बायले म्हऱ्यान वचून बसलो. तिच्या गर्भार देहाकडेन मोगान पळयत रावलो.

"हे फावट तरी बाब जातलो मूं? बाब जावंक जाय म्हणच आंगार घेतलां हें हांवें !"

"जातलो तर." सुशिलाचें समादान जावंचें म्हणच ताणें आनीक म्हटलें, "हे फावट पोट पळय बोमलेवरी, शंखावरी मुखार येयलां."

सुशिलाच्या बाविल्ल्या, हुमेन भरिल्ल्या चेहऱ्याचेर हासो फुल्लो. "आनी न्ही, हे फावट उजव्या पायारच सगळो भार आसा. उजव्या कुशीरच न्हिदचें अशें दिसता. चल जेवन घे तूं. भुरग्याकय व्हाड."

इतल्यान व्हडल्या भावाली बायल दारांत येयली. कांय एक उलयनासतना

रांदचे कुडींत गेली. ताणें ताटां काडून दवर्ल्ली आनी वाडलें. दोगांय चेडवांक भायल्यान आफोवन हाडून जेवंक बसयले. ती वाडतां वाडतांच गणयताली, "हांव व्हडली पूण तुमी आपूण जावन जाब करूंक मुखार येयर्ली नांत. आमी गरीब, आमच्या जुनेराक धुंवराचो वास येता. पुर्वजाल्या आस्पतेन आमचेंच नीट जायनासलें. तरीय आमी दिलोच तुमकां वांटो. इल्लें चड उणें जाल्लें जायत म्हण अशें वायटपण घेवन बसप...

भावकी तितली बरी नासली. जावांमदी गेल्ले स म्हयने उलोवणेच नासलें. भावय भोव उणे उलयताले. सहदेव तीन वर्साफाटी नोकरी वचून परतो येयलो आनी आस्पतीक लागून बेबनाव जालो. ते उपरांत मना नीट जुळ्ळींच नांत.

सांज जाता जाता त्रास वाडूंक लागले. घराक बाळंतघराचें रूप येयलें. व्हडलेल्या चेड्यान वचून भागी आवयक आफोवन हाडलें. तिचे भोंवतणी वाड्यावेल्यो अणभवी बायलो जमल्यो. सुशील सामकें सोंशेतालें आनी कुंथनतालें. मर्दींच दांत ओंठ चाबून भितरले भितर किळाचतालें. मगेर कोण तरी थातारतालो.

भितरल्यान सुशिलान दूख दामून मारिल्लीशी किंळाच आयकूंक येयली. फाटोफाट भितरल्या बायलांची धांदळशी. भायर बशिल्ल्या सहदेवाच्यान तो ताण सोसू नज जालो. तो भायल्यान भितरल्यान भोव अस्वस्थ, ह्या सगळ्या सुवाळ्याचीच ताका उबगण येयली. तो उठून आंगणांत येवन उबो रावलो.

सुशिला एक पिसायच ! दोगां चेडवां जावनय सोताक वांज मानता. आनीक आनी भुरगी नाकात म्हण सांगिल्लें हांवें. पाराथून सांगिल्लें. पूण हेका भोगचेलो सोस. हे फावटीय चेडूंच जाल्यार मात ताची निर्शेणी पळोवंक जावची ना. चुकलेंच सगळे !

ताणें वासरेर वचून खुंटयेर लावन दवरिल्ल्या माकडेतली कोयती काडली. पावळेंत दवरिल्लें खोरें घेतलें. घरामुखावयल्या बागांत वचून तो वावराक लागलो. जाय नाका त्या माडाक ताणें आळीं केर्ली. कोंड्याआळींत बागवोन येयिल्ले कोंडे ताणें कोयतेन कातरले आनी ताची रास घातली. निकतोच पावस पडून गेल्लो. कोंड्यांतल्यान, केळिंच्या पानावेल्यान थंड थंड उदकाचे थेंब ताच्या आंगार पडटाले पूण ताका सुद्द नासली. ताच्या आंगार एक साधी शिरशिरीय उठनासली.

बागांत एका जाग्यार पावसाचें उदक तुंबिल्लें, सारखें व्हावन वचनासलें.

उदक वचूंक म्हण तो चर खणूंक लागलो. थेट समुद्रामेरेन चर खणचेलो हावेस धरूनसो तो तिडकीन खणूंक लागलो....ओले मातयेंत खोरें बसूंक लागलें, धुप्प... धुप्प... धुप्प.......

***

.........त्या पडींग मळावेल्यान बस मार वेगान धांवताली. सहदेवाच्यान तो वेग सोसूं नज जालो. ताणें मुखावयली दांडी दोनय हातान गच्च धल्ली आनी तो ओणव घेवन बसलो. भियेवन ताका हूम फुटिल्ली. ताका वोगीच दिसत रावलें, खंयच्याय खिणाक बसीमुखार कोणतरी येतलो, एकाद्रो झक्कड म्हातारो वा एकादरो अबुद्द भुरगो बोलाफाटल्यान धांवत येतलो. करकरत ब्रेक लागतलो! हातांपायांवयल्यान बस वयतली! रगताचे खळे, मासाची छेनडी ! लोकांच्यो बोबो! मारात, बडयात, फोडात ताका ! ताणें दोळें धांपले. तरीय फाटल्यान पयस पयस मेरेन बोबो आयकूंक येत रावल्यो...

ते बसीच्या ड्रायव्हराची गोमटी धरून तेका सांगचें अशें दिसलें, अरे बाबा, बस मातशी ल्हव चलय ! ही वेगाची मस्ती भोव वायट, अवसानघातकी ! जायतेजण मातयेभरवण जाल्यात .... हांवेय तें भोगलां ....!

गांव लागी येतकीर झेमतल्या चेडवांक ताणें बावळ्यांक धरून नीट बसयलें. जनेलासरी बशिल्ली बायल मेल्ल्या नदरेनशी पयस खंयतरी पळयताली. हुमेन आनी धुळीन ती भरिल्ली. तिची अवतिकायच जाल्ली. ताणें थंडपणान बायलेक म्हटलें "गांव येयलो."

तिणें कसलीच उमळशीक, उमेद दाखयली ना. एक पोती मांडयेर घेवन दुसरेच्यो वादयो धरून ती बसून रावली. ह्या गांवांत आपणाक आता दीस काडूंक जाय हे चिंतनानव ती थतरवितर जाल्ली.

बसींतल्यान देंवतकीर सहदेवान ट्रंक खांदार मारलो. बायलेन दोनय हातांत त्यो दोन जड पोतयो घेतल्यो. आनी ती चलूंक लागली. व्हडल्या चेडवान विचाल्लें, "आपा घर खंय आमगेलें?"

"हें शेत बळांटून पयलेवटेनच्या वाड्यार वचूंक जाय. थंयसान पायणींतल्यान इल्लें चलून वयतकीर आमगेलें घर."

दोगांय चेडवां उमेदीनच आसलीं. हात सोडून मदींच धांवतालीं, खेळटालीं.

चैत्रांतलो तो वोताचो रखरख आनी पडींग शेत. सूर्या माथ्यावयल्यान

देविल्लो. तरीय पायांपोंदातली माती तशीच तापिल्ली. शेताचे बांद आनी मेरों बळांटून वयताना सुशीलाक धाप लागताली.

'सुशिला, ती एक पोती घेव हांव?"

"नाका, ताकता म्हणसर व्हरतां, आर्दीच तुमकां खांदावयलें जड जालां."

मर्दींच वाटेर वाड्यावयलो जयवंत मेळ्ळो. कोणय लागिचो मेल्लो मनीस वाटेर अचकीत मेळचो तसो कांय वेळ वोगीवोगी रावलो. मगेर ताणें म्हटलें, "सहदेव, हुडतहुडत कानार येयिल्लें. पूण खरें घडलें कितें?"

"ट्रकांत साखर कारखान्याचे साक घेवन वयतालों. एक णव धा वर्सांचो भुरगो बोला फाटल्यान धांवत-धांवत येयलो. हांवें ब्रेक मारिल्लो. पूण ट्रक तेगेल्या आंगारच थारलो."

"मागीर?"

"त्या लोकान बोलच ना केलो. घे शंबर दोनशे लोक. म्हाका चेचुनच मारतासले. कोणतरी एक व्हड मनीस. मुखार सल्लो. म्हाका आपले गाडयेंत घालून पोलीस ठाण्यार घेवन गेलो."

"वकील दिवंक नासलो बरो?"

"दिल्लो, पूण केस परतलीच. स म्हैने भितर रावचें पडलें."

"आता मुखार कितें येवजिलां?"

"ड्रायव्हरकिचे लायसन्स् तीन वर्सांखातीर रद्द केलां. आता गाडीबीन चलोवची इच्छाच ना जयवंत."

जयवंतान म्हटलें, "कांय नज. आसा इल्लें शेतभाट पूर्वजालें. भावान अर्द उणे दिल्यार पुरो. उपाशी पडचो ना."

जयवंत वचूंक गेलो.

***

धुप्प.....धुप्प......धुप्प.....

खोऱ्या घायांचो वेग आता वाडत गेल्लो......

"हें पळय आमकां एक बाब जायच. म्हाकाय भाव ना. भाव ना म्हण लोक हिणसायताले आमकां. किकोंत करताले. म्हज्या चेडवांकय भाव ना जावंक फावना. जायच आमकां बाब. जायच."

"आगो पूण सुशिला पिशा..."

“आयजवेर सगळें हांवें तुमचें आयकलें. केन्नाच कितें ना म्हणूंक ना. हातून मात तुमी कांयच सांगू नाकात.”

.....धुप्प.....धुप्प......धुप्प.....

.....सहदेव पापया कितें केलें तुवें हें? कोणे भावार्ती मनशान दिस्ट काडून चारवाटेर हाडून दवरिल्ले जित्रप कित्याक तुवें खोंट मारून फासपून उडयले?

“हांव मानिना तें. म्हाका राग येता. वीट येता ताचो....”

***

“कितें जालें भागीआवय?”

“भुरगें दारांत येवन आड बसलां. वेणोंय अचकीत उण्यो जाल्यात. बेठेंच वळवळटा तें. किते इलाज करचो कांयच कळना. ह्या पडींग, आड गांवांत दोतोरतरी आसा लागीं!”

“पूण सुशील बरें आसा मुगे?”

“आसा” म्हटलें आनी ती भितर गेली. सहदेवय बेगीबेगीन भितर गेलो.....रगतांतली सगळी लाली शोसून घेतिल्लेवरी सुशिला धवें पडिल्लें. दोळ्यांच्या बावल्यांकय तेज नासलें. सकल देंवन येयिल्लें गुरवार पोट श्वासावांगडा ल्हवल्हव हालतालें.

“सुशिला?”

“ऊं ऊं” करत तें हाल्लें. सहदेवासरी पळयत ताणें असहाय ल्हव आवाजात म्हटलें, “डॉक्टराकडेन व्हरात न्ही म्हाका!” आता परत ताच्या कमरात, पोटासकल मांडयेसरी ल्हवशो वेदना उठल्यो. त्यो सोसूक तातूंत तें गुंथून गेलें.

ताका पळोवन सहदेवाचें काळीज चरचरलें आनी तो थर्त भियेलो. ताणें रडत म्हटलें, “कितें करचें गे भागीआवय?”

“कितेंतरी करूंक जाय रे पुता?”

ताणें बेगीबेगीन वचून भावाक आफोवन हाडलें. मगेर वाड्यावयले हेर लोकय आपसुकच येयले. दारांत घे पंचवीस तीस लोक.

“अण्णा जाता तितले बेगीन सुशिलाक डॉक्टरासरी व्हरूंक जाय.”

“हय व्हरूया. व्हरूंकच जाय.”

डॉक्टर आनी तागेली आस्पत्री हिंगाच्यान आठ मैलांचेर. तेतून पावसाचे दीस. रस्तो चिखलान भल्ला. सगळी येरादारी बंद आसा. पूण कशेंय करून

सुशिलाक डॉक्टरासरी पावोवंक जाय. तो एकच आदार!

सांजचो धुंवर भरसल्लो. काळोख ल्हवल्हव धर्तरेर देंवतालो. वातावरणातय ओली थंडाय आनी शिरशिरी पातळिल्ली. मदी मदी इल्लो पावसय शेनतालो. जमिल्ल्या सगळ्यांच्या मनांत हुस्को आनी भिरांत पातळून आसली.

परशुरामान बेगीबेगीन वचून गोठ्यांतल्यान बैल सोडून हाडले आनी ते आपल्या गाड्याक बांदले. कोणेतरी सुक्या तणाचो पेंडो हाडून गाड्यांत सोडोवन घातलो आनी ताचेर कांबळ हांतुळली. सुशिलाक उखलचे पयली भावान एक नाल्ल हाडून सहदेवाच्या हातांत दिलो.

"सहदेव सांतेरी आवयक सांगणे घाल."

"पूण अण्णा कळाव जातलो. सुशिला...."

"देवाक आदी पाराथूक जाय. ताचीच राखण खरी."

सहदेव नाल्ल घेवन उबो रावलो. हं म्हण "देवीआवय म्हजे बायलेक, भुरगेबाळाच्या आवयक बरेभशेन एक फावट हेतुतल्यान मुक्त कर. हो नाल्ल तुज्याच पांयार हाडून फोडटां ......"

गाडी गांव सोडून रस्त्यार पावली तेन्ना बरोच काळोख जाल्लो. गाड्याक मुखार बांदिल्ल्या लाटणाच्या तांबड्या क्षीण उजवाडांत रस्त्याचो बारीक पट्टो तितलोच दिसतालो. गाडयेंत सुशिलावांगडा भागी बशिल्ली. भागीन तकलेवेल्यान कांबळिची खोळ घेतिल्ली आनी एक कांबळ सुशिला वयल्यान पातळून घातिल्ली. सहदेव, तागेलो भाव, शेजारचे कुशाली, म्हादेव गाडये फाटल्यान बेगीबेगी चमकताले. तांच्या दर एकल्याच्या खांदार काळ्यो कांबळ्यो आशिल्ल्यो.

रस्त्याच्या दोनय कुशिर्ची झाडां काळखांत रस्त्यार ओणोव घेवन येयल्ली. ताचेन चडच काळोख दाटला अशें दिसतालें. दोंगरात एक विचित्र शेवणें रडटालें. केन्ना गाडयेच्या मुखार एक गाडी चलता केन्ना गाडयेच्या फाटल्यान एक गाडी चलता असो रावन रावन बेठोच भास जातालो.

मदींच सुशिलाचो सोशेल्लो, पिरंगल्लो आवाज येतालो. केन्ना तें भुरग्यांच्या नांवांन वथरेतालें. दर फावट सहदेव बेगीबेगीन मुखार वयतालो. गाडयेंत ओणोव घेवन विचारतालो. "कितें जालें भागीआवय?"

पावस पडिल्ल्यान रस्त्यार चिखोल जाल्लो आनी तो चाकांवांगडा दोनय कुशीक गुबगुबू पातळटालो. आपूण ह्या दरीद्र खेड्याक, शाराक जोडटा ही

रस्त्याची मिजास सामक्की मातयेभरवण जाल्ली.

एके सुवातेर एक लाकडी सांकवाचो कट्टो दोनय कुशीन मोडून पडिल्लो आनी सांकव अधांतरीच हुमकळटा अशें दिस. परशुराम गाडयेंतल्यान सकल देंवलो आनी हातांत लाटन घेवन बैलांक बाबा पुता करून थातरून गाडी ल्हवल्हव मुखार काडली. मुखार एका मोण्णार गाडी खडपांतल्यान आनी फोंडांतल्यान अशी घडघडत धांवली. बैलांक आवुरता म्हणसर नाकापुरो जालें. गाडयेचो घडघड आवाज काळोख कापीत दोंगरांतल्यान घुंवलो.

अजून एक पाऊणवराचो रस्तो कापूंक जाय आसलो. मळब भरिल्लें आसलें पूण पावस मात पडनासलो. रातकिड्यांची किरकीर, त्या विचित्र शेवण्याचें रडप फाट धरिल्लेवरी वाटभर चालू आसलें. सहदेवाक ही वाट केन्ना एक फावट सारतां अशें किंवाट्यान दिसतालें. पूण काळखांत मुगरून पडिल्ली ती वाट सोंपून सोपनासली.

मदींच भागीन उलो माल्लो, “सहदेव”.

सहदेव बेगीबेगीन मुखार गेलो आनी ताणें गाडयेंत ओणोव घेयलो.

“रगत वचूंक लागलां मुरे.”

“खूब वयता?”

“खूबच तर. धार लागल्या सामक्की.”

परशुरामान गाडी रावयली. सहदेव लाटन घेवन वयर चडलो. कपलावयल्यान हात भोंवडायल्यार तें सामकें थंड पडलां.

“सुशिला!”

“अं”

“चड त्रास जातात गो?”

“ऊं” ताणें कश्टान दोळे उकते करून एक फावट सहदेवाक पळयलें. पूण ते नदरेंतल्यान जीवच हुडून गेल्लो. आनी चेहरो तर सामको धवो पडिल्लो पळोवन सहदेवालें काळीज तुटलें. ताच्या दर एक उल्याक तें जीव एकवठावन ऊं ऊं करून जाप दितालें. पूण ते आडवाटेर सगळे उपावच सोपिल्ले. मुखार दोंगर काळोख कांबरून राकेस कसो वाट आडोवन उबो आसलो आनी तातुंतल्यान वाट काडीत वचपी वाट आता चेचिल्ल्या नागिणीवरी थंयच्या थंय वळवळटाली.

कितें करचें सुचना जावन तो कांय वेळ थंय बोडार हात मारून घेवन उबो

रावलो. फाटी फिरचें काय मुखार वचचें कांयच सुचनासलें.

ल्हव ल्हव सुशिलालो आवाज मांवळ्ळो. शिरंतरां सदळ पडलीं.

सहदेवान हुयेल माल्ली, "सुशिला कशें जातलें गो आमचें आतां ! भुरग्यांक कितें सांगू हांव !" उपरांत तो भावाक मिठी मारून भोव रडलो.

काय वेळान परशुरामान गाडी फिरयली. गाडी परतिच्या वाटेक ! आतां भागी गाडयेंत बसूंक तयार ना. भियेवन सामकीच थतरवितर. म्हणूंक लागली, 'हांव गाडये फाटल्यानच चमकतां.'

"कित्याक गे?"

"कांय ना. हांव चमकूनच येतां."

कुशालीन म्हटलें, "सहदेव तूच बस गाडयेंत". ताणी दोगांयनी धरून ताका गाडयेंत बसयलो. सहदेव एके कुशीक कपलार हात धरून घेवन दुकां गाळीत बसलो. भाव गाडयेंत ओणोव घेवनच चमकतालो.

सुशिलालें सगळें आयुश्य काट्याकुट्यांच्या वाटेन पावलापावलार रगतबंबाळ जायत गेलें. एका गुदावाच्या रखवालदारालें चेडूं म्हण तें भोव गरिबेंत वाडलें. सहदेवाक तेणें जेन्ना बंदखणींत पळयलें तेन्ना पंदरा दीस पिशांतूर जावन वावुरतालें, गांवांत रावंक येयिल्लीं तेन्ना तीं सामकी कंगाल जाल्लीं. शेतकामाची संवकळ नासताना वांटणेक मेळिल्ल्या शेताच्या कुडक्यांत कश्टान वावर करून ताणी भांगर पिकयलें. सुरवेक भोवच हाल जाले. ह्या सगळ्या दगदग्यातून वयताना आपणाक एक पूत जाय ही इत्सा शेवटमेरेन धरून रावलें. हट्टच धरून बसलें घोवासरी!

मध्यानरातीर गाडी गांवांत पावली. भावाली बायल जावेक पळोवन हुयेल्यानी रडली. तिच्या हुयेल्यांनी गांव हाल्लो. दोगांय चेडवां न्हिदेंतल्यान उठून बेबुळिल्लेवरी आय आय करून रडूंक लागलीं.

पूण प्रेत उखलून दारांत हाडून दवल्लें तरीय वाड्यावयलो एक मनीस दारांत येयलो ना. सगळे जाणां जाल्ले, जण एकलो जागो आशिल्लो. पूण कोण दार काडून भायर येयनासलो. सगळें थंड, शांत. गांवच उठून गेल्लेवरी वा गांवाची निकतीच मुसुंडी जाल्लेवरी. सहदेवान मनांत म्हटलें, "सुशिला गेलें आनी ताची खिणांत अवलातीण जाली ! ती आता आपल्या बोडार बसत म्हण जण एकलो भियेला. गुरवार बायलेक पोटांत भुरगें घेवन येयिल्लें मर्ण ! तांचेर भिरांतेचो

दोंगर लकला. देवा, म्हज्या भांगरासारख्या सुशिलाचें हें कितें केलें तुवें !'

व्हडलो भाव, परशुराम, कुशाली वासरेंत आशीकुशीक बशिल्ले आनी झेमेताले. सहदेवान मात लिप्प उक्त्या दोळ्यान रात सारली.

सकाळी उजवाडटकीर मात कोणकोण दादले दारांत येयले. सगळे चिंतूक पडिल्ल्यावरी मोन्यानी आंगणा मेरेर बसले. मरण आटापून घेवचेली पुर्वचाराची उमेद मात कोणामदी दिसनासली. जण एकल्याचीं चिंतनां तींच "गुरवार बायलेचें मरण, शास्त्र आनी सोपस्कार चड. खंय चुकलें बिकलें तर गांवाक करवाद लागल्यार बारा वर्सां सुटची ना."

"फाटी राजगाळी अशीच एक बायल मेल्ली. तिका व्हरून तशीच पुल्ली खंय. तर ती रानांत गेल्ल्या लोकांक भेसडायताली. फाटल्यान भोरे धरून ओडटाली. रातची लोकाल्या दारांत बसून रडटाली. ल्हान भुरग्यांच्या आवयांच्या सपनांत येवन भुरगें मागताली. मागीर तें भुरगें अचकीत कितें तरी जावन मरतालें खंय."

रूद्रापाक आफयल्यार बरें जावचेलें. ताका सगळी म्हायती आसा.

"नारबा आफोवंक गेला हेदोळ."

"पोटांत अशें भुरगें घेवन मरप बरें न्ही पळय."

भुरगें मेलां कांय जितें आसां तें कळूंकय मार्ग ना. आनी तशेंच व्हरून लासलेंबिसलें जाल्यार तें पातक अठरा पिळग्यो धुंवून वचचें ना.

"रूद्रापाक येवं दी आदी."

रूद्रापा येतकीर सगळ्यांकच हुरूप येयिल्ल्यावरी जालो. सगळे उठून काम नेमून घेवंक उबे राविल्ल्यावरी ताचे भोंवतणी कवंडाळें करून उबे रावले.

रूद्रापान तकलेक बांदिल्लो तुवालो काडून खांदार उडयलो. पिकिल्ल्या केंसातल्यान हात भोंवडायत माथें खरपिलें. मगेर तो भितर गेलो. आनी वचून सहदेवामुखार उबो रावलो. "शा, शा वायट जालें, भोव वायट जालें. भुरगीं उक्त्यार पडलीं. आमकां तेकिल्ल्या म्हाताऱ्याक मरणां नांत आनी आमचे मुखार ल्हानव्हड जाल्लीं हीं भुरगीं उठून वयतात म्हटल्यार कितें."

पूण सहदेव वोग्गी बशिल्लो.

रूद्रापा भायर येयलो. ताणें एकल्याक मरणाचें सामान हाडूंक दुकानार धाडलो. एकल्याक वेळकाळ पळोवंक जोशागेर धाडलो. कोणाक किरवड बांदूंक फर्मायलें. तर कांय जणांक मसणवटीर लाकडां व्हरून उडोवंक सांगलें. कोणेतरी

विचाल्लें, "दहन करतले?"

"दहनाबगर मुक्ति ना. मोक्ष ना."

"पूण......."

"ए तूं वोगी राव. तुका कळचें ना तें. तुमचे सारख्या लोकांनच देवंधर्म पाड घालो."

मगेर ताणें नागेशाक म्हऱ्यान आफोवन घेतलो. म्हटलें, "गुरवार बायलेचें अशुध्द मरण. म्हारवा यवनी कांय चुकिल्ली ना. सगळें नीट जावंक जाय. बोटभर चुनो जाय. दोळ्यांक चुनो घालून पट्टी बांदली म्हणटकीर मसणवटेवयल्यान परत गांवांत येवचेली वाट दिसची ना."

"हय हय खरें तें."

"खरेंच तर. पूर्वचारापसून चलून येयिल्लें आनी खोटें कशें आसतलें. म्हजें तुजें थोडेंच तें. कुडवभर नाचणेय जाय."

कोणेतरी भोव उमळशिकेन विचाल्लें.

"कित्याक?"

किरवडेच्या फाटल्यान मुसुंडेमेरेन फासपीत वचूंक जाय म्हणटकीर जाता कितें, तें वेंचीत गांवांत पावमेरेन उजवाडटा. सदूदा तेंच. वेचून जालेबगर गांवांत पावंक मेळना. म्हारवा यवनेचें अशेंच बाबा. तकलेर दिल्लें केलेबगर सुटका ना.....!

सगळेजाण श्रध्देन मान हालयताले. पूण सहदेव मात हें आयकोन तटास. तिडकीन भितरले भितर फुटूंक पाविल्लो.

"एक कातर आसल्यार चय रे मुकुंद. चार केंस कापून जिबेर दवरूंक जाय."

"कित्याक म्हण ते रूद्रापा?"

"केंस तोंडांत आसले म्हणटकीर जीब मोनी जाता. फाल्यां म्हारू जावन रडचें, किळांच्यो मारच्यो, लोकाक भेसडावचें बीन जायना."

आता मात सहदेव रागान रूद्रापाचेर उसळ्ळो.

"रूद्रापा हें हांव सगळें सुशिलाक करूंक दिवंचो ना. ताची इपस्टा करूंक सोदतात तुमी? ताची कोणाक भंय भिरांत ना. तें बसचें आसल्यार म्हज्याच बोडार बसतलें. तुमकां लागचें ना."

"मरतकीर मनीस आपलो उरना सहदेव. तो मसणवटिचो धनी. आनी असल्या आडमर्णान मेल्ल्यांक तर वर्ससकीन मसणवटीर झरचें पडटा. मगेर उंचाबळ जावन कोणाल्याय गोमटेर बसप."

"फट तें सगळें. मूर्खपणा.... हांव सुशिलाची अशी दैना करूंक दिवंचो ना."

"मागीर शास्त्र, रितीरिवाज करिनासतना मरण घरांतच घेवन बसतलो? गुरवार बायलेचें अशें अवचिन्न मरण. आर्दीच लोक मर्णाक येवंक फाटींफुडें करतात."

"पूण रूद्रापा......." त्या कर्मेल्ल्या मनशाकडेन कितें उलोवचें ताका कळना जालें. तो दांत ओंठ चाबीत वोगी बसलो.

रूद्रापा भायर गेलो. अजून कसली कसली तयारी जावंची आसता. बारीकसारीक बाबीक सगळेजण ताकाच विचारतात.

मर्दी भाव घरांत येयलो. सहदेवान रडत म्हटलें, "अण्णा ते सुशिलाक कित्याकितेंय करूंक जाय म्हणटात. इपस्टा करतात तेची."

ल्हान भुरग्यासरी पळोवचें तशें भावान ताचेसरी पळयलें आनी म्हटलें, "पयर्लीपसून चलून येयिल्लेंच करतात न्ही ते. ताचेभायर चड कितें करतले. कितें चुकल्यारबीन फाल्यां त्रास नाका. हेंच करचें उल्लें, तेंच करचें उल्लें, म्हण अशें जालें म्हणचें नाका."

सहदेव घुसमटत वोगी रावलो. भायर आंगणांत बरीच धांदळ गडबड चलिल्ली. पूण घरांत भायर सगळे दादले. वाड्यावयली एक बायल दारांत येवंक ना. फक्कत भावाबायल नवी चोळी आनी कापड हातांत घेवन उशाकडेन दुखेस्त बशिल्ली. भागिचोय पत्तो नासलो. सहदेवान मनांत म्हटलें, म्हारू जावन आपल्या गोमटेर बसत म्हण सगळ्यो बायलो भियेल्यांत. देवा म्हज्या भांगरासारख्या सुशिलाची खिणांत अवलातीण केली तुवें!

कांय वेळान रूद्रापा परत घरांत येयलो. ताणें म्हटलें, "तो चंद्रू म्हालो येयला. हांवेंच आफोवंक धाडिल्लें ताका."

सहदेवान भायर पळयलें, मोटवो, काळो, बुरशा आंगलोटाचो चंद्रू म्हालो भायर आंगणांत देड पांयार उबो आसलो. ताचे लाळेन भिजिल्लेशे काळे ओंठ सकल लांबताले. आंगार म्हेळशें खोमीस आसलें आनी खाड कशाकशेंय वाडिल्लें.

ताणें विचाल्लें 'तो आनी कित्याक येयला?'

"कांय लोक गुरवार बायलेक तशेच व्हरून पुरतात. पूण आमचेमर्दी तसो रिवाज ना. कारण पुरिल्ल्या मनशाक मुक्ति ना. सासणाचें काट्याकुट्यांतल्यान हेडत रावचें पडटा. आमचे मर्दी लासतात. पूण लासचे पयली पोटांतल्यान भुरगें काडून घेतात."

"रूद्रापा !"

"एकादरेवेळे भुरगें जितें आसूं येता. तशेंच लासूं येना. तें व्हडलें पातक."

आयकोन सहदेवाली तकली भेरेली. ताणें बेगीबेगीन विचाल्लें, "पूण तुमी त्या चंद्रूक कित्याक आफयला?"

"तो करता तें काम. थोडो सोरो पिवयल्यार पुरो. मसणवटीर येवन भुरगें काडून दिता."

सहदेवाल्या आंगार सर्रकन कांटो फुल्लो. वांगडाच तो रागान सामको झिडपलो. एकदम उबो रावन तो आड्डलो, "ना, हांव चंद्रुक सुशिलाल्या आंगांक हात लावक दिवंचो ना. तशेंच लासात तुमी ताका. हांव सांगतां तशेच लासात."

"कोण घेतलो हें पातक आंगार?"

"रूद्रापा तुमच्या ह्या शास्त्राक, रितिरिवाजाक कांयच अर्थ ना. फट तें सगळें. हांव मानिना. हांव खोटायता तें. म्हाका कांयच नाका तें."

"मगेर शास्त्र करिनासतना कूड घरांतच दवरून घेतलो? हांव सांगतां भुरगें काडून घेतलेबगर दहन करूंक येवंचें ना. कोण किरवड उखलचो ना."

"तशें आसल्यार हांवच भुरगें काडून दितां."

आयकोन सगळे तटास. रूद्रापान परत विचारलें, "तूं काडून दिता मुरे भुरगें?"

"हय."

"बरें आसा." रूद्रापा भायर गेलो. भायर वचून ताणें चंद्रू म्हाल्याक परत धाडलो.

किरवड उठ्ठा मेरेनचे सगळे ते रानटी सोपस्कार सहदेवान काळजार फातर दवरून सोसले. किरवड उठूंक वेळ माथ्यावेल्यान देंविल्लो.

किरवड उठ्ठान सहदेव दोगांय चेडवांक वेंगोवन भोव रडलो. होळोम काडून हुंडक्या हुंडक्यान रडलो.

तांगेली दोगांय अबुद्द पोरां आय गे आय गे करून आकुळपिकूळ जावन रडटाली.

किरवड बागाचो आकाडो बळांटून पयल्यान पावतकीर नागेश म्हऱ्यान येयलो. सहदेवालो हात धरून ताणें म्हटलें, “चल या आमी.”

रडटल्या भुरग्यांच्यो वेंगो सोडोवन घेवन तो मोन्यांनी किरवडे फाटल्यान चलूंक लागलो. आपलेंय वचप किरवडेवरींच आशिल्लेवरीं. ह्या लोकांनी सुशिलाले दोळे पुल्ल्यात. जिबेर केंस दवरून ती मोनी केल्यात. नाचणे वेचचो वावर तकलेर दिला. मुका मात सगळें भोगूंक तसेच सोडला !

मसणवटीर आंब्याखुंब्यांच्या ताळ्या-खांद्याच्या आडसराक उपशीच्या झिलीपयल्यान प्रेत दवरिल्लें. दहनाक येयिल्ले सगळे दादले पयल्यान आशिकुशीन आशिल्ल्या फातरार बशिल्ले. कोणेकोणे तकलेवेल्यान कांबळी खोले घातिल्ले तर कांय जण कांबळी बसूंक घेवन उक्त्या बोडान बशिल्ले.

मसणवटीर जंय थंय मोटवीं आंजागुंजार्ची वाकडीं तिकडीं झाडां वाडिल्लीं. पाठीकडचो जांबळी रूख मात राखेसावरी आकांताचो वाडिल्लो. ताच्या गच्च भरिल्ल्या ताळ्यांतल्यान सावळी न्हय तर काळखाचें हात देंवतात अशें दिसं. पाठीकडच्या दोंगरारूय अशीच सांजची उदास सावळी देंवन येयल्ली. ह्या सांजच्या सावळेची सगळी अवतिकाय मसणवटीर पातळिल्ली.

पयल्यान बशिल्ले दादले मर्णाच्या राखणदारावरी तटासून बशिल्ले. ल्हवल्हव ताणींच मानो उडयल्यो. थंय आकांताची भिरांत, उदासपण आनी वैराग्य पातळ्ळें, जिवीत आनी मर्णाचें पोल तत्वज्ञान ते आपसात फुतफुतूंक लागले. दिसतालें, लासून जातकीर हातुंतलो जण एकलो उठ्ठलो आनी सन्यास घेवन अनुळखे वाटेन चलूंक लागतलो.

सहदेव मसणवटिच्या सिमेर येवन उबो रावलो आनी काळखाच्या भिरांकूळ अटंग्या रानांत शेणून गेलो. काळखाचो एक दरया ल्हाराल्हारान आंगार लोटून येयलो. मळबांतल्या काळ्या कुपांचीं पळयता पळयता उज्या केणां जालीं आनी धायधारांनी झडूंक लागलीं. दर एक पावल जिवीत मरणाच्या अरण्यांत. दर पावलार मरणांच वांट्याक येत रावलीं. वाटभर हाडामासांचे, फुटून पडिल्ल्या आंगापोंगाचें रगतबंबाळ दोंगर, एका खिणांक तर निर्शेवन, थकून भागून ताणें हातांतलें अस्त्रय सकल उडयलें.

मसणवटीवेलो तो राकेस कसो जांबळी रूख दीसभर उजवाड पिवनय नपुसंकावरी काळोखच गाळटालो. पयल्यान एके काट्यावालीर एक पोट फुगिल्लो शेड्डो वोगी पडून आसलो. हो शेड्डो मुसुंडेवेल्या भोगांतल्यान गुरवार आसा. तेची वीण हे मुसुंडेवयल्या तीन चिमटी गोबराची ऊब घेत वाडटली. हे पर्डींग भुंयेर जंय फक्कत मर्डीच लासतात थंय एक नवो जीव कोंबेता ! पळोवन सहदेव अजापलो. नव्या नेटान तो अरण्या मांडयत गेलो. शेवटा एक पाशाण तेंगशेर उबो रावन ताणें साद घातलो.

"सुशिला गो...."

तो आवाज ल्हाराल्हारान मळबांत फासपत गेलो.

"सुशिला......."

खंयच्यान तरी मेल्लो हुंकार फुटलो!

आता ताच्या हातांत एक माणकुलें भुरगें आसले. गर्भ पिशवेंतल्या जीवनरसान तें पुराय लेपडायल्लें. धुवून पुसून काडल्यार बाळक देड वेताचें तरी सहज जावं येतालें.

ताचें मेल्लें बोटभर शिस्न बावडें कशें त्या देहाक लांबतालें. तें शिस्न पळयलें आनी सहदेवाक मन शांत जालें, सगळो भगभग थंड जालो, सगळें खिणभर सगळें सार्थक जाल्लेवरी दिसलें. तें भुरगें मेलां हेंवय तो विसल्लो. त्या बुरशा मरणाच्या पेल्यान णववारी साडी न्हेशिल्लें, शेताचे मेरेर बसून ताच्या उश्ट्या पानार जेवतालें, म्हाका बाब जायच म्हण हट धरून बशिल्लें गोरेंगोमटें सुशील दोळ्यांमुखार उबें रावलें. ताणें ताच्या तोंडावेलो धवो कपडो ल्हवच कुशीक केलो. तोंडार घेतिल्लो पदर कुशीन काडचो तशें. ताच्या केंसांतल्यान हात भोंवडायत ताणें म्हटलें, "हो पळय सुशिला आमकां बाब जाला. बाब जाला आमकां !"

ताका दिसलें आता सुशील सडसडीत उठून बसतलें. पूण कांयच हाललें ना. मरणाची तीच थंड अवतिकाय ! ताणें भुरगें उखलून सुशिलाच्या खाकोळांत दवरलें. घातामाच्या मरणाची ती अवचिन्नपणा थंडपणान पळयली. वयल्यान माती ओडची तसो तो धवो कपडो दोगांल्याय आंगावयल्यान ओडून घेतलो आनी तो परतलो.

***

सुमती

एकनाथ मेस्ताले शाळेंत सुमती बाशिंगार्ची फुलां करच्या वावरांत गुंथून गेल्लें.

लग्नाचे दीस सुरू जाल्ले. एकनाथालो बासंगाचो धंदो जायत आसलो. एकनाथ बरो सुबक सोबीत हाताचो कलाकार. तेणें केल्ल्या बासंगांक चोयवटेनच्या वाठारांत नामना आसली. बरी भारी किंमतीर्ची बासंगां तो मुंबयतय धाडटालो.

शिलंगण तळ्यांत पावसाळ्यांत खूब भेंडू जातालो. तो पावसा उपरांत काडून हाडटाले आनी सुकोवन सोलून तेचो शुभ्रधवो भेंडू काडटाले. असो भेंडू सुकोवंचो, तेतुंतलो धवो गबो सोलून काडचो आनी मेस्ताक जाय तशीं फुलां करून रंगोवन दिवंचो वावर सुमतीच करतालें. सुमतीलीं लांबसडक बारीक बोटां देवान जशीं ह्याच कामांखातीर घडयल्लीं.

मान सकल घालून वावरांत गुंथल्लें, चिंतनांत शेणून गेल्लें सुमती मेस्तान कितेंय विचारल्यार बेठेंच कांय वेळ अं....अं... करतालें. चिंतनां तर आशिल्लींच जिवाक गोळाक लावपी.....

मेस्ताले साळेंत एकदम कोणालें तरी भसडे हांशें घुंवलें. सुमतीन कच् करून आंग काडलें. दोग तरनाटे एकनाथासरी येयल्ले. तांतलो एकलो मोटवो, काळो कुरूप आसलो. तोंडांतल्यान एकेवटेच्यान लाळ देंविल्ली.

त्या बुरशालें लग्न आसलें. ते बाशींग व्हरूंक म्हण येयल्ले. एक बाशींग

वेंचून तेणी किंमतीत वाणपण सुरू केलें. बाशींग घेताना घासाघीस करची नासता हें घडये तेंका खबर नासुंये. सुमती अस्वस्थ मेस्तासरी पळोवंक लागलें. तेणें चिंतिल्लें तशेंच जाल्लें.

एकनाथ मेस्त एकदम तेंचेर तापलो. तोंड पळय बाशींग घेतल्यांचें. एक बाशींग घेवंची अक्कल ना, तांक ना आनी लग्न जावंक उठला. आतां हजार रूपये मेजले तरीय बाशींग दिवंचो ना.

मेस्तान जशे तेंका धांवडावन घातले. वोगीच सुमतीक बरें दिसलें. चेहऱ्यार पावलें ना पूण खूब भितरल्यान हांशें फुटिल्लेवरी जालें. हो बुरसो अबरगत न्हंवरो खंयच्च्या चेडवाच्या दैवात येयला काय !

चिंतनानच तेच्या आंगार कांटो उबो रावलो, लग्नकर्म पार पडटकीर बडी दिल्लेवरी ती हेच्या घाणयाऱ्या वेंगेंत रिगतली. सदां तेंच. मागीर तिकाय संवय जातली. इतली की मड्याक तेचे वेंगे बगर झेमच लागची ना.

वा अशेंय जातलें, तो शेण खावंक खंयखंय वयतलो, आनी अदीमर्दी तिचेसरी येतलो. तरीय तिचें मडें तेच्या कुशींत रिगतलें.

वा अशेंय आसत, तो सामको बेबदो आसतलो. पिवन घरा येवन तिच्या कमरेंत खोंट घालतलो. तरीय तिची पोटली आपखोशयेन तेच्या हांथरूणांत !

सुमतीक एकदम त्या चेडवाची काकुळट दिसली. फुलां करपांतय उबगण येयली. बोटांची साबुद्द गेल्लेवरी जाली. कांय वेळ तें वोगीच बसलें. आपणाकच खाकोळांत ओडून घेवनशें !

मेस्त सुकोच खोकलो. तें चिंतनांतल्यान सावुरलें आनी तेका सोताचोच राग येयलो. हें कितें जालां म्हाका. मुज्या मनाचो फातर कित्याक जायना. बाशिंगाच्या पयल्यान हांव पळयताच कित्याक! बासंगां नासलीं तरीय लग्नां जातलींच. आवाळ्याक लागून म्हाळ केन्ना खोळंबला? मुजें काम मात सुट्टलें. काम सुट्टलें ह्य! चिंतनानच तें भियेल्लेवरी जालें ! मात्र हें बासंगाचें काम जाय. भोवभोव गरज म्हाका तेची !

मेस्ताक केन्ना दिसतालें, देवान हिका फक्कत सोबीत गुलाबी बोटांच दिल्यांत. हेर सगळें बायलपण सर्पान कात उडयल्लेवरी ती खंयतरी शेणून येयला. कूड शेणून येयला म्हण तिचें कितेंच वांकडें जावंक नासलें. मात हीं बोटां नासलीं तर घोवान सोडिल्ले, शेतभाट नाशिल्ले हे बायलेचें मरण आसलें. तकलेर एक

जडसो चोबो घेतल्यार कमरेंतल्यान कट्ट करून मोडटली इतली ती बारीक, किर्कोळ आसली. गांवांत लोक हिचेविशीं कित्याकितेंय उलयतात, मेस्ताक दिस हिका एक फावट मुखार दवरून सरळ विचारूंक जाय, "बाय गो, तुका घोवान सोडलां काय तुवें घोवाक सोडला?"

दनपार तकलेर येतकीर तें उठलें. थंयचे थंय आंगावयली साडी झाडली आनी घरा वचूंक सुटलें. आता बेगीनच घरा पावंक जाय. भुरगीं भुकेल्यांत आसतलीं! कंबर धरिल्ली सासुमांय दारांतल्यान तोंड भायर काडून वाट पळयता दिसतली.

वाटेर तेच्या घोवालें - विश्णुलें गाडो कशें दुकान लागता. सद्दां त्या दुकानांवयल्यान वचप म्हटल्यार मरणाचो प्रसंग. दुकानासरी पावलें म्हणटकीर तें दांत ओंठ खायत तोंड घुंवडावन चलूंक लागता.

तकले वयलें खर वोत कानसुलार पडून कानसुलां लाशिल्लेवरी जातालीं. काल उपवास आसलो. सकाळी येताना कपभर चायच पिवन तें येयल्लें. घरांत आता सासुमांयन कुले घाशीत कितेंय इल्लें करून दवरिल्लें आसतलें. तें सारखे चवंक जाय. वोतान, भुकेन सुमती भिरभिरिल्लेवरीच जाल्लें.

विश्णू हो सुमतीलो लग्नाचो घोव. पूण तो आतां पांगळी सासुमांय आनी दोगां भुरगीं सुमतील्या पदरांत उडोवन कायमचो गुलाबीचो जावन गेल्लो. सावळी, तांबशा रंगाची, जाड कंबर कुल्यांची गुलाबी तशी धंदेवाली नासली. आपल्या पिडेस्त अबरगत घोवाक तेणें एक दीस नाका जाल्लें खावंक घातलें. तो मरतकीर आकांताचें रडून आनी बोब मारून तेका जाता तितले बेगीन व्हरून लासची व्यवस्था केली.

तेगेलो घोव कस्टम खात्यांत सिपाय आसलो. खांदे पिनिल्लें खोमीस आनी बटणां तुटिल्लें खालसांव घालून गांवभर भोंवतालो. येयल्ल्या गेल्ल्याक कपलार हात लावन 'राम राम' करीत रावतालो. दीसभर अशे तेचे शे-पांचशे 'राम राम' जाताले. तेतून सारक्के पान खावन तांबडे जाल्ले दांत ओंठार येवन पडिल्ले. कुडीनय लुकडो आनी दुबळो. आंगावयलें खोमीस काडल्यार तकली फुटिल्लो गांयडोळ कसो दिसतालो.

आतां गुलाबीलें बरें चललां, तेका मेल्ल्या घोवाली सरकाराकडल्यान पेन्शन मेळटा. सुमतीलो घोव तेणें पुराय आपलो करून घेतला ! तेचें आतां बरें

चललां.....

विश्णुल्या गाड्या मुखावयल्यान वयता वयता सुमतीन दोळ्यांच्या कोनशांतल्यान बारीक पळयलें. मुखावेल्या बरण्यां फाटल्यान उबें रावन गुलाबी विश्णुसरी तोंडांतली लुथी सांडीत थुळयत उलयतालें. तेणें बोमले पसून चार बोटां सकल साडी न्हेशिल्ली. पोटाची एक मांसाळ घडी वाटकुळी तेच्या न्हेसणार पडिल्ली. सुमतीक पळोवन विश्णू बेठोच भरण्यांचीं तोंडां उक्तीं करतालो, धांपतालो.

संतापाची एक भिरभिरी सुमतील्या नसांतल्यान मस्तकांत पावली. तेणें मोट्यानच म्हटलें, "शिनाळ आतां दुकानाचेरूच न्हिदून घेवंक येयलां."

गुलाबीन आयकलेंच. "हय, चेडये, दुकानार न्ही, रस्त्यार घेवन न्हिदतलें. तुजी भिरांत कितें म्हाका."

"तुका कसली भिरांत, लज. आतां दुकानच घाल चेडयेपणाक. असे हेराले घोव भितर घालून कुसोवं नाका."

"रांड, तोंड सांबाळ. पिडा मारिल्ली धवी पाल. घोव सांबाळचेलो दम आसा तुज्यांत?"

आयकोन सुमती आपले कुडिची दुबळकाय विसरून बेफाम जालें. "चेडये दाखयता तुका दम....." तें गाड्यार धांवलें. आदीं तेणें मुखाल्ली एक भरणी उखल्ली आनी भुंयेर आपटिली. दुसरे भरणेक हात घालता थंयच आसा. विश्णुल्या गाड्याक मुखाल्ल्यान उक्तें करून धिगी लावन दवरचें दार आसलें. तेची धिगी तेणी बेगीबेगीन काडून घेतली. सरशी तें जड दार सकल येवन सुमतीले तकलेर आपटलें.

सुमतीक घुंवळ येता येता जाल्ली. मागीर एकदम तिका आपले कुडिचें दुबळेपण जाणवलें. तें रडूंक लागलें. एक बायल मुखार येयली. तिणें सुमतीक कुशीन घेतलें आनी धरूनच ती तेका घरावटेन घेवन गेली. वाटभर सुमती रडतच आसलें. घरांत पांय दवरतकीर तेका आनीक हड्डे फुटून रडूंक येवंक लागलें.

आई रडटा तें पळोवन भियेल्लो तेगेलो चार वर्सांचो चेडो वोग्गी उंबरासरी बसून आसलो. अडेच वर्सांचें चेडूं भुकेन तिरमिरिल्लें आनी चीं चीं करून रडटालें. येदोळसान बागला भायर तकली काडून वाट पळयताली सासुमांय तेका पळोवन कुले घाशीत बेगीबेगीन भितर गेली आनी भितरले कुडिच्या बागला भितर लिपून

बशिल्लेवरी बसली. गुन्यांवपणाचे जाणिवेन.

सुमती घरांत येयलें आनी तें मांदरी हांथरूण घेवन सास्टांग पडलें.

कांय वेळान म्हातारी दारासरी येयली. तेणें हातान कुरू करूनच भुरग्यांक भितर आफयलें आनी तेंका दुदांत भिजोवन शांत वाडलें. चेडवाक तिणें हातान भरयलें. चेडूं मागीर बेगीनच न्हिदून गेलें. सुनेक जेवंक उठोवंचें अशें म्हातारेक भोव दिसतालें. पूण गुन्यावपणाच्या जाणिवेन, भिरांतेन ती वोगीच रावली. तें खेंस करून आंगार येत म्हणय भिरांत दिसताली. ती मोन्यानच म्हच्यांत गेली आनी तेचेर ओणोवं घेवन बसली. चयल्यार तेचे तकलेर ांगासरी तायटायेदो निळो तांबडो वळ येयल्लो. तेतुंतल्यान रगत निर्शेवक लागलां अशें दिसतालें. पळोवन सासुमांय कळवळली, "आगो बाये, कितें गो हें ! बंजर पडूं म्हजी कूस. ती तशीच सुकून पाड पडूं जाय आसली."

दोन अडेच वर्सां फाटीं मेरेन म्हातारी बरी सरळ ताठ आसली. पांयांक भिरभिरें बांदिल्लेवरी गांवभर भोंवताली. सरसटी कामां आटापताली. पूण ल्हवल्हव तिचे कंबर घट जायत गेलें. शेवट कमरेंतल्यान ती पांगळीच जाली. सुमतीन तिका खंय खंय व्हरून दोतोराक दाखयल्लें. पूण कांयच उपेग जालो ना. आपरेसांव करूं येतालें. पूण तें भोव खर्चाचें आसलें. तिगेले जाण्टे कुडीक तें मानवपा सारके नासलें. तरणो चेडो बायलेक सोडून हेर बायलेसरी पडलो. तेचें दुःख तिणें सुरवेक खूब भोगलें. आतां तिणे तेका सुमतीपरसय चड मनांतल्यान पुसून उडयला. एक फावट विश्णून कोणाकडेन तरी शंबर रूपये धाडिल्ले तर ती कास सोडून त्या पयशांचेर हागूकच उठिल्ली.

मागीर म्हातारेन साण काडली. चुली फाटल्या दब्यांतल्यान मूठभर मिरें काडून तें खोबरेलांत वाटलें. मागीर तो लेप एके वाटयेन घेवन हून केलो. सुमतीक जाणवतालें. म्हातारी कुले घाशीत कितेंतरी करतां पूण तें वोगीच पडून रावलें. मनांतल्यान इतलें हिणदीण जाल्लें, पडिल्लेकडेनच मरचें अशें दिसतालें.

सासुमांयन हुनहून लेप बोटांत घेतलो आनी तेच्या तकलेर वळाक लायलो. त्या हून स्पर्शाबराबर सुमती उठलें आनी तिका मिठी घालून हुंडक्या हुंडक्यांनी रडूंक लागलें. वाटयेंतलो लेप थंड जावन गेल्लो तरीय तें रडटालें.

"तूं एकलेंच न्ही गो सूनबाय, हांवेंय खूब भोगलां. तेचो बापूयय असोच चांडाळ आशिल्लो. गोरवावरी बडयतालो. तेणे तरणेपणाक कमरेर घातिल्ली

खोटां हांव आतां भोगतां. चेडो तर तेच्यापरसय वायट. बापूय फक्कत वायटच आशिल्लो. चेडो छंदी आनी भायर संवकलो."

सुमतीन आता आपूण जावन तिचेकडल्यान लेप लावन घेतलो. मागीर तें उठलें. तेणें हातांत मुडून इल्ली सोलकडी केली. सासुमांयक वाडलें आनी सोताय जेवलें. चेडवाक ओडून घेवन तेका आनीक जेवयलें.

***

सुमती सतरा अठरा वर्सांचें जालें आनी बापूय सोयरीक सोदूंक लागलो. तशें तें लग्नाचें जाल्लें वा आंगान, हड्ड्यान खूब भरिल्लें अशेंय ना. पूण आवय बापायक ताकतीक लागिल्ली. फाटल्यान भराभर वाडपी आनीक दोगां भयण्यो आसल्यो. जेमतेम खावन - पिवन आशिल्ल्या एक शेतकाराल्या पदरांत तिगां चेडवां म्हटल्यार मोटें संकस्टच आसलें. व्हडल्याक खोखळा रोकडें घरांतल्यान काडप गरजेचें जाल्लें.

बापूय, खंय खंय वचून येतालो आनी जिवाक जोर लागिल्लेवरी म्हणटालो. 'चेडवालें बाशिंगबळ कठीण दिसता.'

एक दीस कोणें तरी सांगलें, "हंयसान बारा मैलांचेर शिरंगाळी गांवांत जातिचो एकलो भुरगो आसा?" नांव गांव नीट विचारून बापूय एक दीस गेलो. आवय आनी एकलोच चेडो. तिसरो कोण नासलो. चेडूं दिवंक हरकत नासली.

पूण घराक घरंदाजपण, शिरंवंतकाय म्हण नासली. पोन्ने दोन पायऱ्यांचें नळ्या घर. भोंवतणी स सात माड. तेंका नीट वंयय नासली. बाजारात बऱ्या सुवातेचेर चोयवटेन फळीं मारून उबें केल्लें ल्हानच दुकान आसलें. तें बरें चलता अशें दिसतालें. पूण बापूय घरासरी येतकीर तेका चड भावलो मानवलो तो घराकुशीक आशिल्लो मुसरादा आंब्या रूख. काळ्या पाचव्या पानांचो, खांद्या ताळयांनी बरोच पातळिल्लो गडगंज रूख.

बापूय चेडूं दिवंचें थारावनच येयल्लो.

विशणू सडपातळ आंगलोटाचो, दिसूंक बरो गोरो गोमटो आसलो. मात तोंडाचो बुच्चो तांबडो आनी मुखार येयलोसो. जुगार खेळटल्या लोकांमदीं एक हुडतें शेणिल्लेंपण आसता तशें चंचलपण तेच्या दोळ्यांत आसलें. तेतून भितरल्यान इतलो हटी, हेराले सगळें वोग आयकतालो पूण करतालो आपल्या मनांतलेंच. आता सुमती केन्ना तेका थंड रगताचो राकेस म्हणटा.

लग्ना उपरांत पांच स म्हयने खरेच बरे गेल्ले. सुमतीले कुडिची थुळेवणी तेणें बेस बरी केल्ली. तेका केन्ना वयर उखलून गिरगिरें कशें घुंवडायल्लेंय तेणें. पूण सुमतीक आता तो आपलो अवमानच कसो दिसता. कोलसुण्यांवरी दांत लावन तरणी आंकवार कूड भोगचेली, जळुवरी कुडितली रगत लाली ओडून घेवचेली माण्णी आसली ती !

भुरगेपणां पसून कलावस्ती करूंक सुमतीली बोटां फिशाल आसली. लग्ना उपरांत नव्या तोखणायेच्या दिसांनी तेणे धवोशुभ्र कापूस आनी धर्वी बटणां घेवन एक सोसो केल्लो. रंगरंगार्ची पांखां घेवन एक कोंबो केल्लो. कागदां फुलांचे घोस केल्ले. तेचेन तेणें वासरेतली वणट बेस बरी सोबयल्ली. मागीर मात तेर्ची बोटां मोनी पडर्ली.

पूण सुमतील्या दैवांत चड काळ लग्नसूख नासलेंच. लग्नाक स म्हयन्यानच तेका गर्भ रावलो. पयलो चेडो देड वर्साचो जाता म्हणसर चेडवा खातीरच्यो ओकाऱ्यो सुरू जाल्यो.

चेडवा खेपेक तेची भलायकी सुरवेकपासूनच नाजूक जायत गेल्ली. चार म्हयने मेरेन ओंकारे थांबनासले. बाळंतपणा खातीर तें कुळरा गेल्लें तेन्ना तेचो जीव भागून इल्लो इल्लो जाल्लो. उपरांत चेडूं जालें तेंवय सरडुकालें शेपूट.

ह्या बाळंतपणात सुमतीची दैनाच जाली. मांस पागळून गेलें आनी हाडांचेर बेठी धवी दुदाळ कात बसली. मुदलांतलें गोमटें वाटकुळेपण कुडीक येयलेंच ना. बाळंतपण एक पिडा कशी तेका बादली.

कुळरा हांथरूणार आसताना मदीं एक दीस विशणू येयल्लो. बरोच वेळ वोग वासरेंत बसलो. मागीर भितर येत तेणें म्हटलें, "इतलें कितें जाता. कसली पिडा तर ती?"

सुमतीन बेगीबेगीन तेका बसूंक उशासरी सुवात केली. पूण तो बसलो ना. येयलो तसो रोखडोच गेलो. येतना खावच्याक कसलीं फळां, बिसकिटां हाडर्ली नांत. वयतना हातार पांच धा दवरले नांत.

तें कुळरसान परत येयलें तेन्ना सगळेंच आरतें - परतें जाल्लें. म्हातारेची एक पोटलीच जाल्ली. विशणूचो तर पांय घरांत थार नासलो. एक दोन दिसांतच तेका कळून येयलें, गुलाबीन तेका पुरतोच आंवळून घेतला आनी तोवय तेचेर भाळ्ळा. तेचें पिवपय आतां चड जाल्लें. सगळी तरा पळोवन तें सुन्न पिशांतुराक

पाविल्लेवरी जालें.

सुरवेक सुमतीन तेका घरांत हाडचेले खूब यत्न केले. दुकान बंद करच्या वगताक तें सांजचें दुकानार वयतालें आनी गोड उलोवन तेका घरा हाडटालें. देवामुखार उबो करून शपथ घेवंक लायतालें. जाण्टी आवय आसा, भुरगीं आसात हाची जाणीव करून दितालें. आपल्या मोगाचीय गवाय दितालें. 'अशें करूं नाका रे तूं म्हज्या जिवा' म्हण दोळ्यांत दुकां हाडून विनयतालें.

पूण दोन चार दिसांनी तो परतो कूस मारतालो. घरा परतनासतना गुलाबीसरी वयतालो. एक फावट असो गेल्लो तो आठ दीस येयलोच ना. चयल्यार दुकानय बंद. सुमती मनांतल्यान खूब भियेलें आनी तेका संतापय येयलो. एक दीस तें शेजारच्या शंकर मामाक घेवन गुलाबीगेर गेलें, मन मारून काळजार वोज्याचो फातर दवरून घेवन. भायर आशिल्लो विश्णू तेका पळोवन बेगीबेगीन भितर गेलो. सुमती वचून विचारता थंयच आसा गुलाबीन अशे कुलकुलाटान झगडूंक सुरू केलें. गुलाबी परतें परतें म्हणटालें, 'तूं सुणे म्हज्या दारांत येयलेंच कशें?' तें लजेन मरूंक पावलें. तेची वाचाच गेल्लेवरी जाली. जमिल्ल्या लोकांक पळोवन तेका हड्डें फुटून रडूंकच येवंक लागलें.

शंकर मामान मुखार येवन तेच्या हाताक धरून म्हटलें, "चल बेग घरा चल. घोव मेलो सोंपलो म्हण समज. फोडून उडय तीं कांकणां, पुसून उडय कुंकूम. कित्याक जाय हो असलो लुच्चो घोव !"

शंकर मामाचो हो फुसको आब आसलो. गांवच्या माधव भटाच्या फाटल्यान तो पोती घेवन भोंवतालो. भटाक दक्षिणेक मेळिल्ले नाल्ल, तांदूळ, पान सुपारी, आनी चिल्लर मोड लेगीत पोतयेंत भरतालो आनी भटाघरा हाडून दितालो. श्राध्द सुतकाक गाय दान करची आसल्यार भटा फाटल्यान एक मरतुकडी गाय घेवन वयताना दिसतालो. तेच्या उतरांक वजन खंयसान येवचेलें!

पांखा मोडिल्लें सवणें कशें चीं चीं रडत सुमती घरा येयलें. तीन दीस तेणें हांथरूण सोडलें ना. अन्न उदकाक स्पर्श केलो ना. एक दीस मात तें हटान, सगळ्या तांकीन घोवाक जिवितांतल्यान ओडून काडून उडयल्लेवरी उठलें आनी वावराक लागलें. पूण प्रस्न आसलो वावर तरी करतलें कसलो. इतलें बाराड भागिल्लें, मोलमजुरी तर तेच्यान जाय सारखी नासली. माथ्यार एक चोबो घेतल्यार कमरेंत कट्ट करून मोट्टलें अशी तेची नाजूक जिवाणी. गोरें आंग आनी हरणावरी

दोन मोटेमोटे दोळे हेंच कितें तेचें अस्तित्व.

विशेक दिसान तो एक दीस तिनसांजचो काळखांतल्यान येयलो. येयलो आनी सालांतल्या बांकार मोन्यान वोग्ग बसलो. तेका चवन सुमतीक कांयच दिसलें ना. खरें तर भेरेल्ल्या तेच्या तकलेंत मोटो गोंधळ. पोन्या वळखिचो एक कोणतरी परको दादलो सालांत बसला ! तो म्हाका लागना ! हांव तेका वळखना!

पूण पांगळ्या आवयन तेकां चयलें आनी तिचो राग मस्तकाक पावलो. ताळो सरांटून तिणें तेका गाळयो घातल्यो. तरीय तो वोगच रावलो. मुखाल्ले दोन दीस तो घरांत असोच मोन्यान वावुरतालो. तेचो वारो आंगावयल्यान गेल्यारय सुमती आंग फापुडिल्लेवरी करतालें. आवयच तेका इल्लें वाढटाली आनी फाट फिरोवन वयताली.

तिसऱ्या दिसा सुमती दिवो पालोवन हांथरूणांत वयता थंयच आसा विश्णू येवन आंगाक लागलो. सुमतीन तेचो हात जोरान काडून उडयलो आनी बेगीबेगीन दिवो लायलो. मागीर तें भुरग्यांक थंयच सोडून सासुमांयसरी न्हिदूंक वचूंक गेलें. विश्णून तेचो खांद धरून तेका फार्टी ओडलें. पूण सुमतीन तेका असो धुकल्लो तो कुशीन शेवटलो. तो आता रागान आड्डलो, “घोव घोव तुगेलो. कोण मीण येवंक ना तुका न्हिदूंक.”

“गांवभर शेण खायत भोंव. आनी घोव जावन हिंगा यो मसण्या. ती शिनाळ थंड मेली दिसतली. वचून लोळ ते आदोडेत.”

“तेचें नांव घेवं नाका, खोटायतलों.” तो मारूंक आंगार गेलो तेन्ना तेंवय वण्टीक फाट लावन दोनय मुठी आंवळून अशें उबें रावलें. तेचेर हात उखलचो धीर तेका जावंक ना. तरीय तो पांयार पेंगटार मार बशिल्ल्या सुण्यावरी आड्डलो. “लग्ना पयलींच सतरा घोव करून येयल्ली रांड. हाये पोटांत घातलें म्हण तुजी मिजास. हिंगा आता तेंच करूंक सोदता तूं.”

“कितेंय उलोवं नाका. तोंडांत किडे पडटले.”

“उलयतलों. रावचो ना. तो वसंत तुगेलो बापोयल भाव. लाळ घोटत भोंवतणी भोंवतालो. वयल्यान भाव भितरल्यान घोव.”

घोव इतल्या सकयल्या थराक पाविल्लो पळोवन तेचो प्रतिकारच सोंपलो. तें मट्ट करून सकल बसलें. तेणें थाडथाड वण्टीर तकली धाडावन घेतली.

विश्णू धाडकन दार लावन घेवन काळखांतल्यानच परत गेलो गुलाबीकडेन.

कायमचो.

***

दोगां भुरगीं आनी एक अपंगूळ म्हातारी पदरांत आनी व्यवसाय येणावळ मात कांयच ना. भोंवतणी साताठ माड आनी दोन पाखांचें पोन्ने नळ्या घर. इतलीच किते ती संपत. सुमतीचो आवरोच हुडिल्लो.

एक दीस एकनाथ मेस्त घरामुखावयल्यान वयतालो. तेगेली नदर उंबरा भायर तकली काडून बशिल्ल्या म्हातारेचेर गेली. पोन्नी वळख. गांवांत लोक सांगताले म्हातारेलो घोव आनी एकनाथालो बापूय बरे कासादोर आसले. इंग्रज अमलदार जेन्ना गांवांत येताले तेन्ना हांकां दोगांकय घेवन ते राननी कासाक वयताले. एक फावट एका इंग्रज अमलदारान मारिल्लो व्हडलो धाणयो वाग बैला गाड्यांत घालून गांवभर तेणीं भोंवडायल्लो. उपरांत भौसा तिठ्यार वाग फाळून तेचें हातरायेदे चामडें काडिल्लें. उपरांत तें ओले चामडें दांड्यार घालून दोगांनय खांद मारून बद्द जिल्ह्या ठिकाणाचेर पावोवन येयल्ले.

म्हातारेक जाप करीत एकनाथ घरा भितर सल्लो. उलयता उलयता तेगेली नदर सहज सुमतीन वण्टीर लायल्ल्या सोशाचेर, कोंब्याचेर, फुलां घोसांचेर गेली. तो ते कांय वेळ मज घेवन पळयत रावलो. "हें सगळें कोणे केल्लें मावसे?"

"सुनेलेंच काम रे तें. बऱ्या फिशाल हाताचें तें. लग्न जावन येयल्लें तेन्ना असलें जायतें केल्लें तेणें. गुणानय बरें रे पोर. पूण हो चेडोच कर्मकट्टो."

"आतां मगेले साळेंत कामाचो व्याप वाडला. एकल्याकडेन जायना. तें साळेंत येवन बासंगां फुलां, गोट, देवा माळा करून दीत? दिसा चाळीस पन्नास जोडटलें तें."

मांजरान लंव फुलयल्लेवरी म्हातारेन कान फुलयले. बेगीबेगीन म्हटलें, "येतलें रे तें. तूं शिकय तेका. हुशार आसा तें. आमच्या संवसाराक तरी हातभार लागतलो आनी तुकाय तेच्या हाताचो उपेग जातलो."

सुमती येतकीर म्हातारेन सांगलें, "एकनाथ मेस्त येयल्लो, तो गो बाशिंगां करता तो. बाशिंगां फुलां करूंक एक मनीस जाय खंय. तुगेल्या त्या वण्टीवयल्या फुलांक, सोशाक तोखणायेन पळयतालो."

"शा, शा, म्हाका काय कळचें ना तें."

"शिकयतलो गो तुका. सदां चाळीस पन्नासतरी जोडटलें म्हणटालो. हेरांगेर

मोलमजुरी करून पोट भरचे परस हें बरें."

"हय तर. सोता कपलाक बाशींग बांदलें आनी कपल फुटकें जावन बसलें. आता हेरांची बाशिंगां सोबयतलें हांव!"

"अशें म्हणूं नाका. जिवीत आसा, भुरगीं आसात. मगेलें कितें आज मेल्यार फाल्यां गेलें."

दुसऱ्या दिसापसून सुमती मेस्ताले साळेंत वचूंक लागलें. चार आठ दिसांतच तें सोबीत तरातरांची फुलां करूंक शिकलें. भेंण्डुची जालार थर्माकोलाची.

गिमांत बाशिंगांची खूब मागणी आसताली. पावसांत मात ओडताण जाताली. तेन्ना देवा माळो करून ती हेर गांवांनी धाडटाली. वट्ट उपास घडयनासतना दीस धुकलू येताले.

***

सगळें रामायण पळोवन भोगून म्हातारी सासूमांय चारेक वर्सान एक दीस मेली. फाटल्यान उल्ले तेगेले दगदग्याचे उत्थारपे. मरतकीर विश्णू येयल्लो. प्रेत घेवन मसणवटीर गेलो आनी थंयसान भायल्या भायर गुलाबीसरी. थंयसानच मरणशुध्दी, बारावो केलो म्हण सुमतीन आयकल्लें.

सासुमांयल्या मरणाचेर सुमती खूब रडलें. तिगेलें मरण वाऱ्यारच जालें म्हण तेका वायट दिसलें. आपूण लग्न जावन येयल्ले घर आता घर नासून दोन पाख्यांचो रितो मांगर कसो तेका आता दिसूंक लागलो. तिच्या मरणान घोवा घराचो वास पुसून गेलो.

म्हातारी मेली आनी सुमतीक विश्णू चडच त्रास दिवंक लागलो. तेतून जाड कमराची, मसण मांडयाची गुलाबी तेच्या फाटबळाक. आवय मरतकीर मुळांत थंड लुच्चो विश्णू आक्रमक जालो. केन्ना खूब सोरो पिवन येतालो. आंगणाच्या मेरेसरी उबो रावन पोजड्यो गाळी संवतालो. गांवच्या सगळ्या दादल्यांवयल्यान हळशीक बगलाटां घालतालो. एकनाथ मेस्ताकडच्यान न्हिदून घेता म्हणटालो. भुरगीं भिवन गुळी जावन पडटालीं. अशा वेळार तेच्या तोंडाक तोंड दिवप सुमतीक शक्य नासतालें. कितेंय उलयल्यार चडच बोब मारतालो. मागीर सुमती दार लावन घेवन भितर रावतालें. भुरग्यांक खाकोळांत घेवन रडत बसतालें. तरीय येवन दारार खोटां मारतालो. सुमतीक दिसतालें हो एक दीस मेल्यार सुटटलें हांव !

केन्ना सुमती नाशें पळोवन सगळे माड पाडून व्हरतालो. सुके तन्ने नाल्ल म्हण पळयनासलो. एक दीस बांयर आशिल्लो तांब्याचो कळसोच उखलून घेवन गेलो. विचारूंक दुकानार गेल्यार परत तीच बोब. गाळयांचो शिंवर. म्हणूंक लागलो, 'एकनाथाकडच्यान पागार घेता, न्हिदून घेता. तेकाच विचार तुगेलो कळसो खंय आसा तो."

मागीर सुमतीय भर बाजारांत खूब झगडलें. तेणें तेका सवलें, गुलाबीक गाळयो घातल्यो. ते उपरांत गुलाबीक विश्णूनच वा आनी कोणे सांगलेंच आसतलें. म्हणच घडये गुलाबी तेका चयल्यार चडच दातओंठ खातालें.

सुमतीन एकनाथा वांगडा सदांच थारावीक अंतर राखलें. केन्ना कामाच्या धांदळेंत खांदावयल्यान पदर पडलो, मांडयेर साडी सरकली तर तो नदर मारता अशें सुमतीक सुरवेक दिस. मागीर तेका कळून येयलें ती बेठीच इल्ली दादल्यागेली उमळशीक म्हण. मागीर तर तें हुस्क्या मेकळेंच वावुरतालें साळेंत.

एकनाथ मेस्त बरोच देवधर्मिश्ठ आसलो. साळेक लागूनच एके कुशीक तेगेलें घर. सुमती केन्ना बेगीन पावल्यार तो देवपूजा करतना व्हडव्हडान देवाली नांवां घेताना आयकोंक येतालें. साळेंत येताना कपलावयलो गंदा तिबो उठून दिसतालो. बाशींग करचो आपलो हो पवित्र धंदो म्हण तेचें पुराय पावित्र्य तो राखतालो. जोती घालून कोणाक भितर येवंक दिनासलो. थंय वायट उतर उलोवंक फावनासलें. सुमतीक म्हयन्यांतल्यान तीन दीस घरा बसचें पडटालें. चौथ्या दिसाक तें न्हावन येयला काय ना तें तो बारीक पळयतालो.

***

मर्दी साताठ वर्सां गेलीं. भुरगीं आतां धा बारा वर्सांचीं जाल्लीं, तेंका राखचो त्रास आता इल्लो उणो जाल्लो. बाशिंगां वावरांतली येणावळ आता पुरो सारखी आसली. सुमतीन विश्णूक जिवितांतल्यान जशें पुसुनच उडयल्लें. पूण तेचो त्रास अदींमदीं आसतालोच. तो आतां बरोच सोरो पिवंक लागिल्लो. मदींच केन्ना तरी वाटेन आडवो येतालो आनी गाळी घालतालो. एकादऱ्या पाडेल्याक धरून हाडून 'म्हजें भाट, म्हजें बेस' म्हणत तन्ने नाल्ल काडून व्हरतालो. सासूमांय मेल्ल्याक तीन चार फावट तरी तेणें रातचो येवन सोऱ्या घुंवळेन दार धाडायल्लें आसतलें. पूण एक्कय फावट सुमतीन तेका दार काडूंक ना. तो राग धरून आसलो. मदी सुमतीन आयकल्लें तो आनी गुलाबी दोगांय मेळून रातचीं दुकाना फाटलेसान

सोरो विकतात म्हण.

पूण सुमती आतां कोणाक कॅर करिनासलें. दिसतालें सगळें आता थाऱ्यार पडटलें. चेडो चार बुकां शिकतलो. चेडूं फाल्यां लग्न जावन वयतलें. आपणे आनीक आठ धा वर्सां नेट लावंक जाय. हुस्को ना. बाशिंगाचो धंदो हो अन्नांवर धंदो. तेका मरण ना. केन्ना दिनवासीपणान दिसतालें हो धंदो नाशिल्लो जाल्यार आपलें कठीण आसलें! घरासरच्यान साळेंत चलून येयसर आपणाक खरस मारता आनी हेर कसलो वावर करतासलें हांव! आता तर सगळी संवयच मोडला!

***

मर्दी सुमतीच्या कानार येयलें विशणू बरो ना. गुलाबी तेका सरकारी दवाखान्यांत बीन घेवन वयता. दुकानय बंद पडून तेर्ची फळीं निखळूंक लागल्या.

एक दीस सुमतीली शेजान्न लिला घरांत येयलें. हेवटेचें तेवटेचें उलयता उलयता म्हणूक लागलें, "तुगेलो घोव - विशणू- मरतलो तो आतां. मरना ना तर कितें...." उलयलें आनी लिला जीब चाबून वोग रावलें. तेका दिसलें सुमतीक राग येतलो. पूण सुमती थंड. वोग्ग.

लिलान परत म्हटलें, 'ना तर कितें ---- ह्या जल्माचें ह्याच जल्माक भोगूंक जाय!"

"इतलें कितें जाता खंय लिला?"

"कोणाक कितें कळल्यार न्हू. तेच तेच दोतोर. तींच तींच वखदां. घाडी जोशीय करता खंय गुलाबी तेका."

"करूं दी तेकाच कितें करता तें."

"हांव सांगतां तुका सुमती, चार दिसान गुलाबी तेगेली वास्तपुस्त सोडटलें. तेकाय तो मेल्यारच पुरो जाला."

सुमती वोगच रावलें.

मर्दी म्हयनोभर गेलो. एकेक गजाली कानाचेर येताल्यो. गुलाबी गांवभर सांगताली सुमतीन विशणूचेर करणी केल्या म्हण. आपणे केल्लो खर्च वीस तीस हजारार पावला म्हणय तें सांगतालें. पूण सुमती कशाचेर कांयच उलयनासलें. घुम्म मोनें जाल्लें. पूण ल्हव ल्हव तेका होलमूक लागिल्लें, एक काळखें मोडा कूप आपणा भोंवतणी घुवंक लागलां.

एक दीस चिंचेकडची जाण्टी पार्वत मावशी येयली. ती म्हणूंक लागली,

“जीव वयर सकयल जावंक लागला. नीसय वचना. रात काडटलो अशें दिसना. वचून नदर तरी घालून यो.”

सुमती कांयच उलयलें ना. उठून भितर गेलें. भितर वचून वोगेच आयदना वयर सकल करूंक लागलें.

“कसोय आसलो तरी घोव तो गो तुगेलो. एक दीस तेच्याच फाटल्यान ह्या गांवांत येयल्लें तूं.”

सुमतीन भायर येत म्हटलें, “कसलो घोव म्हणटा तूं पार्वत मावसे! लग्न करून हाडलें आनी तरणेपण भोगलें. भुरग्याचें बापुयपणच विसरून कुशीक सल्लो. म्हजो छळ केलो म्हण नी मावसे. भुरगीं गेली बारा वर्सां बापूय आसूनय बापूय नाशिल्लीं जाल्यांत आनी म्हाकाच घोव खंयचो? तेकाच कितें करचें तें करू दी. तेणेच ओडून व्हेल्लो न्ही.”

तेच्या दोनच दिसांनी सकाळी नसकाक सुमती उठून भायर माडा अळ्यार तोंडार उदक मारता थंयच आसा, तीग चौगजण उगडे बोडके येताना दिसले. तेच्या खांदार कितें तरी लांबतालें. खूब काळोख पिवन काळखांत भीजत ते येतात अशें दिसतालें. तेंका पळोवन तें थरथरत सुन्न उबे रावलें.

तेंच्या खांदार विश्णूचें प्रेत आसलें. कांबळीक गुठलावन लांबशा मुसळाक तेणे तें बांदिल्लें. ते येयले, तेणे प्रेत आंगणात दवरलें. मुसळ काडून घेवन कांबळीसयत प्रेत थंयच दवरून ते गेले. कोण एक उतर उलयलो ना.

कांय वेळ थीर गोठेल्या नदरेन पळोवपी सुमती ल्हवल्हव भानार येयलें. तेणें एक मोठी किळाच माल्ली आनी तें हड्डें बडोवन घेवन रडत भितर गेलें.

भितर येयलें आनी फाटलें सगळें अदृश्ट सोंपून गेल्ले खोशयेनशें वण्टीसरी तोंड करून वोग रावलें. आपूण इतलें कित्याक रडलें तें तेकाच कळ्ळें ना. प्रेत चवन आपूण फक्कत भिवन भांबावन गेल्लें अशें ताका दिसलें.

मागीर विश्णुले शेजारी दायजी आंगणात एकठांय जाले. एकएकलो येवन वोग आंगणा मेरेर बसलो. पूण मरण आटापून घेवची परंपरागत उमेद कोणामदीं दिसली ना. शेवटा विश्णू तेंचो दायजी आसलो. तेका अग्नी सुवादीन करूंक जाय आसलो. एकएकलो वावराक लागलो. कोण मरणाचें सामान हाडूंक गेलो. कोण कापट्यो फोडून किरवड बांदूक लागलो. तर कोण कोण लासूंक लाकडां घेवन मसणटीवटेन वचूंक लागलो.

आदीं घरांत व्हरून दवरिल्लें प्रेत भायर हाडलें. प्रेता सामकार आतां सुमतीलो अयाव शृंगार देवोवंक जाय आसलो. इतले जाण्टे थंय आशिल्ले पूण कोणाक सुमतीक 'यो भायर यो' म्हणचो धीर नासलो. हाचे पयलीं तेणी हड्डें बडोवन घेवन रडपी बायलांक ओडून ताडून तेंचो शृंगार देंवयल्लो. हें प्रकरणूच उरफाटें आसलें. हाली हाली लोक विश्णू सुमतीलो घोव हेंच विसरून गेल्ले.

भायर मरण अडलां हें सुमतीक जाणवलें. तें एका तिडकीनशें भायर येयलें. हेर बायलो कितें कितें रडवें उलोवन तेका रडोवंक पळयताल्यो पूण तें मात्तूय रडलें ना. भायर येवन प्रेता सामकार दवरिल्ले म्हणयेर तें बसलें. तेणें आदी म्हणयेर आपटून आपलीं कांकणां फोडून उडयलीं. गळसरेचो दोर काडून विश्णुल्या पांयार दवल्लो. मागीर ओमथ्या मुठीन कुंकूम पुसून तें घरांत येयलें.

विश्णुल्या तेरा वर्सांच्या चेड्यान सारयेक अग्नी दिलो. नंतरचो शुध्देचार, शास्त्रां भटामुखार बसून तेणीच केलीं आनी खवूरय करून घेतलो बापायच्या नांवान. ह्या मरणाक, बाराव्याक सुमतीक अडेच तीन हजार रूपये खर्च बसलो. इल्लें रिणय काडचें पडलें. तरीय सुमतीक आतां जंजाळांतल्यान सुटिल्लेवरी दिसतालें आनी मनातच सूं जातालें.

विश्णू मरतसान पंदरा दीस काम बुडिल्लें. रांड जाली म्हण कितले दीस अशें तोंड लिपोवन बसतलें. भुरग्यांचीं पोटां तर भरूंक जाय. सारकें अठराव्या दिसाक तें कामार वचूंक सुटलें. रितो चेहरो पदरात लिपयत, नदरो चुकयतच तें मेस्ताल्या साळेसरी येयलें.

तेका पळयतकीर एकनाथ मेस्त ताकतिकेन साळेच्या दारांत येयलो. दोनय हात जोडून तेणें सुमतीक म्हटलें, "सुमती तूं जाणां हो बाशिंगाचो पवित्र अयावपणाचो धंदो. रांड बायलेली तेचेर नदरच पडूंक जायना म्हणटात. तूं आतां फुलां कशें करतलें. बाशिंगां कशी ओंवतलें! कोण खपोवन घेतले तें अवचिन्नपण. एक बाशींग खपचें ना. म्हाकाय समा दिसना तें. येवं नाका तूं आता."

आयकोन सुमती सामकें कासावीस जालें. इतलें स्वाभिमानी तें पूण जीव गेल्लेवरी सट् करून थंय धुळीतच बसलें आनी धयाधया रडूंक लागलें कांय वेळान धिमयेर हात दवरून जड उठलें, मनांतलो सगळो आक्रोश उक्तायत आड्डलें, "मसण्यान, चांडाळान जिवो आसताना तशें सतायलें, एक दीस सुखान जगूंक दिलें ना आनी मरतकीर असो घाय घातलो!"

***

राननागीण

आपणाक दीस गेल्यात हें होलमतकीर तें रंद्रांरंद्रांतल्यान थर्त भियेल्लें. खिणभर शिरंतरां गोठेलीं. आंगार हुमेची धार. एक काळखी पोकळी भितर रिगत गेली. ओटी पोटा मेरेन पावली. आतां हो काळोख सासणाचो. रगतांत भरसून रगतांत रूजपाचो! आयजवेर आयकत आयिल्ली आवयपणाची म्हयमा खिणांत गोळाक लागली. तरीय दिसतालें, आवयपण खरेंच मोठें पवित्र. पूण तें ताईक आयिल्लेवरी उजवाडाच्या किर्णार बसून परमळ फांपुडीत येवंक जाय. म्हजेवरी अशें चोरून, काळखांत भुकेचे भकीक पडून ओरबडावन घेतिल्लें आसूंक फावना. भूक म्हळ्यार आवयपण न्ही!

तरीय तें सैमाच्या सगळ्या नेमांप्रमाण एक पूर्ण आवय. ताका आवय न्ही म्हणप म्हळ्यार सैमाक खोंटावप!

भायर ताई तुस्टपणान पोटावेल्यान हात भोंवडायत कुंथनता. ताजें गुरवारपण म्हळ्यार एक वेदनेचो सुवाळो. ताजी वेदना चंवरचेली आसा, फळचेली आसा. म्हजे वेदनेवरी वांज वेदना न्ही ती ताजी.

कुडी भितर एक जीव मूळ धरतालो आनी कूडच आरतीपरती जाताली. सगळो खबदळ. एकवटेन जीव खावन उडोवपी गुन्यावकारीपणाची जाणविकाय तर दुसरेवटेन पोटांत वाजपी आवयपणाची झांज. केन्ना परमळपी परमळ, केन्ना हरवस मळमळ वास. खिणांत कुडीभितर परमळाची उदबत्ती जळटा अशें दिस तर

खिणांत पोटांत फिरून आंतडी तोंडासरीं येताली. हो घुसमटमार चोरून दवरचो कसो, कळनासलें. दिसतालें, ओटीपोटासयत कुडिची एक शिळा जावंची आनी अशेंच सासणाचें शिळा जावन पडून रावंचें. पूण चैतन्याचे लोट अज्ञात राज्यांतल्यान व्हावंन येताले. आनी तें ल्हव जावन वाऱ्यार हुबूंक लागतालें. मनांत नासतना.

भितर एक मोठ्ठें झगडें- आवयपणाचें आनी आवयपणच न्हयकारचेंलें.

तें हटान कुडी भितरल्यो सगळ्यो संवेदना न्हयकारतालें. पूण आवयपणाचो साक्षात्कार इतलो बळिश्ट आसलो, तो भार सोसूं नज जातालो. ल्हवल्हव एक पूर्ण आवय भितर आकाराक येताली.

ताका दिसलें, अशेंच भायर वचचें आनी म्हजे भयणीक - म्हजे इस्टिणीक धरबंद सोडून सगळें सांगून उडोवचें. ताजे कुशींत रिगून रडचें....

पूण तें कुडींत देव पुजोवंक लायिल्लेवरी संतोसान तुस्ट बसलां. म्हजे सावळेचोय ताका भश्टाकार जावं येता. फाल्यां तर ताजीं फुलां.

पूण हांवय एक सैमान रचिल्ली ताजेवरींच आवय. कोणे घालें हें बंधन? कोणे थारायलो हो गुन्याव म्हण? म्हजे कुडीर, म्हजे गर्भपिशवेर म्हजोच अधिकार आसतना म्हाका गुन्यावकारी थारायतलो हो कोण?

प्रस्नांक अर्थ ना. तांचें बळगेंच खरें. एकवटीत सामाजीक बळगें! आंकवार कुडीन पेटप म्हळ्यार हळशीक. परंपरेचे मान्यतायेबगर कुडी म्हऱ्यांत येवप म्हळ्यार मोठें पातक अशें एक फावट थारयतकीर तांचो प्रस्न सुटलो. पूण आमी सैमाक बांदिल्ले काय समाजाक? मोठो घुस्पागोंदळ...

ताई आपले कुडींत तुस्टतायेचें पिरंगणें पिरंगता. आई आपलीं पांचय बोटां खोबरेलाचे वाटयेंत बुडोवन ताज्या पोटावेल्यान ल्हवल्हव भोंवडायता दिसतली, फुलावेल्यान हात भोंवडायिल्लेवरी.

अशेंच भायर येवन आईक सांगचें, आई म्हाकाय ताईवरीच जाता गे! ताईवरीच पिरंगचें अशें दिसता. तूं म्हजीय अपुरबाय कर गे!

ताणें हें चिंतलें आनी कुच्करून आंग काडलें. हें अपशरण आईल्या कानार गेल्यार केद्दो व्हडलो उत्पात जातलो! सगळें घर घुवंक लागतलें. एकेक चिरो निखळूंक लागतलो.

मजाच पळय न्ही, कूड म्हजी, गर्भपिशवी म्हजी. जावं बिनलग्नाचें, हांवें म्हज्या आंगार गर्भ वाडयल्यार हांकां नसाय. हांच्या जिविताक धपको. हांचें

समाजांतलें स्थान गोळाक !

ताईले पिरंगणेंतल्यान म्होंव गळटा. मर्दीच आमूस राजआंवाळो जिबेर उडोवन चाबिल्लेवरी उस् उस् करता. ताका दिसलें, ताई बेठेंच कुंथनता आनी अर्थअपूर्बाय करून घेता. आई तर ताका गोंपातच घेवन बसल्या म्हळ्यार जाता. बाबाय दिसभर बेठोच ताजे भोंवतणी गणमनत रावता. धाकलो भाव अजय कुर्र म्हण ताज्या पोटाक कान लायता आनी विचारता, ताई कोण आसा गो भितर, गुड्डो काय गुड्डी?

ताई लज लज लजता. आंगभर लजेच्यो आंटयो. हरशींय ताका लजेवप आनी पिरंगूवप हाजेबगर कांय कामच ना. आतां भावोजी हांगा आसूंक जाय आसलो. ताजें थुळेवप पळोवं नज जातासलें.

ताई दिसताय तशेंच - धव्याधव्या गब्याची केळ फुलल्लेवरी ! दिसता, आतांच हाका घड फुट्टलो!

कालमेरेन ताईचे अर्थअपूरबायेन हेरांवांगडा तेंवय उमेदीन मेळिल्लें. ताईल्या वाडिल्ल्या पोटाकडेन उमळशिकेन पळयतालें. दिसतालें, ताईलें तें गोरेंगोरें पोट उक्तें करचें आनी आपले पोले ताजेर घुसळायचे. पूण आतां ताका तागेल्या पोटासरीं पळोवंक लेगीत भिरांत दिसता. शी, अशें सुटिल्लें वजाचें पोट घेवन भोंवप !

कांयच नाका जालां. अख्खो संवसार भोव परको. वळखदेख नाशिल्लो. तो म्हजी गोंवटी आवळूंक बसला. ल्हवल्हव पोटांत कुल्ली चरूंक लागिल्लेवरी भगभग पडूंक लागता. दांतओंठ चाबीत तें ओटीपोट अंदून धरता. कोणाची तरी गची आवुळिल्लेवरी. ताका दिसता, खिणांत सगळें नानपश्चात जावन वचचें. सगळीं शिरंतरां फुटून रगताचे लोट व्हावंक लागचे. म्हजेसयत तो आनी ताजेसयत हांव एकेच धारेंत व्हांवन वचचें. आतां ताका मर्णाची उमळशीक लागिल्लेवरी जाता. देहाक हिसडे दीत तें उमथें पडून रावता, वाट पळेत.

पूण मरण कितलें चिवट, देवाची राखण आशिल्लेवरी.

तें उठ्ठा. उज्याच्या केणांत घुसपिल्लेवरी कांय वेळ सोंशेत रावता.

हारशांत पळोवंक लेगीत भिरांत दिसता. दिसता, हारशांत पळेल्यार हांव भोव बुरशें, कुरूप दिसतलें. राक्षिणीवरी दोळे भायर आयिल्ले दिस्टीक पडटले.

भायर वचून ताईक विचारचें, ताई आमी दोगांय गुरवार आनी दोगांय तितलींच गोरी मुगो. मगेर तूं इतलें सोबीत आनी हांव इतलें बुरशें कशें?

ताई पयलींपसूनच अशेंच नाजूक आनी सोबीत. म्हजो रंग गोरो तर तें गोरें गुलाबी. म्हजो आंगलोट घटमूट तर तें रसमाची लडी अशें मोव ल्हवपीक. आमी दोगांय एकेच शाळेंत वयतालीं. ताई सातवेक तर हांव पांचवेक. तीनचार मैल चलून वचचें पडटालें. हांव घडघडीत पावलां आपटीत रस्तो माडयत वयतालें, ताई मात झाडांवांगडा, फुलांवांगडा रमतगमत सावळे सावळेंतल्यान चलतालें. वोताक भियेल्लेवरी आनी परमळाक आशेल्लेवरी . तें इतलें मोव ल्हव उलयतालें; दिस, हाणे आनीक व्हडान उलयल्यार हाज्या गळ्यांतली नाजूक तार तुट्टली. ताईन गायन गायल्यार घर-शेंवण्यान शिळवण घातिल्लेवरी दिस.

ताईलो घोव - भावोजीबीन बरो दिसता. गोरोगोरो. तामशा ओटांर बारीक काळीं मिशां. माथ्याक मर्दी भांग काडटा आनी एकवटेचे केंस कपलार फासपून उडयता. म्हाका जायते फावट दिस, भावोजीली दसणी पाकळ्यांवरी ओटां ताईल्या गुलाबी ओटांचेर तेंकतात तेन्ना कितें घडटा काय. तातूंत ताई नाजूक मोरपांखावरी. भावोजी ताई भोंवतणीच गणमणटाना, तीं एक - दुसऱ्यासरीं पळोवन मुमरख्यांनी हांसतात दिस, भावोजीन एक फावट ताईक धरचें आनी हांवें तें पळोवचें.

एक फावट खऱ्यांनीच सगळें पळयलें हांवें. न्हिदेचें सवंग करून चोरून. तांकाय तांचो तो कुडिचो तेजिश्ट चैतन्य खेळ एक फावट कोणा फुडेंतरी मांडचो अशें दिसतालें जावंये.

आशाडांतल्या मोडावरी भावोजी आनी पावशी कुपांतल्यान आरपार गेल्ल्या किरणावरी ताई. म्हजे नाजूक ताईची शक्त पळोवन हांव अजापिल्लें.

खरें म्हळ्यार ते दीस पसूनच म्हज्या पायांखालची भूंय निसरिल्ली. हांव भावोजीसरींच गणमणटां तें पळोवन आई फाटींत धपको घातिल्लेवरी म्हण, 'यो वोग्गी भितर. आडवोळेर भाजी शिनून दी.'

ताईक आई-बाबान भावोजीसरीं लग्न करून दिल्लें. व्हडल्या सुवाळ्यान तांकां बांदिल्लें. तांचो एक दुसऱ्याचेर उपाट मोग आसलो. तांचें लागीं येवप म्हळ्यार देवा मुखार उज्या केणार धूप घालून परमळ घेत बशिल्लेवरी.

म्हजो मात फकत कुडीचो भोग! पांय निसरून हळशीक रेब्यांत पडिल्लेवरी! कोणेंय म्हाका त्या मॅड नागेशासरीं लग्न जा म्हळ्यार हांव आत्तां वचून जीव दीन. रानरेड्यावरी तो फक्कत एक नर. आनी हांव...

तरीय सैमाच्या सगळ्या नेमांसयत हांव एक पुराय आवय.

पूण संवसारांत आवयो कितें कमी आसात? एकच फावट सात सात पिलांच्यो आवयो आसात!

म्हणच सैमाचो नेम जशाचो तसो उक्तो आपणावचो अधिकार मनशाक ना. हांगा मोनजात वेगळी आनी मनीस वेगळो.

हांव एक मोठें गुन्यावकारी. म्हाका ख्यास्त आसूं शकता फक्कत - म्हजें मरण,

वा म्हज्या गर्भाचें मरण,

वा आमचें दोगांयचें एकच फावट मरण,

वा आंकवार आवय म्हण उक्त्यार येवन समाजाकडल्यान फातर शेवटावन घेंवचें!

पूण ह्या खिणाक कसलीच ख्यास्त भोगचेली शक्त म्हज्यांत ना. फकत घुसमटमार.

ताईक आठवो सरून णववो निकतोच लागला. फाल्यां तागेलीं फुलां. घर उमेदीन उफेता. आईन जशी पांयांक चाळ बांदल्या आनी ती घरभर वावुरता. बाबा नाका आसताना गणमणटा. ताईक जरीदेगेचो पांचवो शालू हाडला. पेटारोभर लाडू करून दवरल्यात. फाल्यां वजेंभर फुलां येतलीं.

म्हजी रात काळरातीवरी तळमळ्यांत गेली. पूण तांचो दीस मळबाकडार किणकीण घांट वाजिल्लेवरी उदेलो. घरांतलीं मनशां ताकतिकेन उठलीं आनी उमेदीन कामाक लागलीं.

सकाळपसूनच घरांत फुलांचो घमघम. दिसभर घरार खोशेचीं ल्हारां. बरें बरें न्हेशिल्ल्या बायलांचो कलकल. तांचे हुमेचो, पोवाचो, न्हेशिल्ल्या नव्या साडयांचो वास आनी फुलांचो वास मेळून एक नवोच अस्तुरेच्या अस्तित्वाचो वास. सगळें वातावरण अस्तुरीमय.

ताई तर मकरांत बसयिल्ले देवीवरी बशिल्लें. येद्देशें बारीक नाजूक ताई आनी हें व्हडलें पोट. आंगार बरीं बरीं नवींताल्ल वस्त्रां आनी माथ्यार वजेंभर फुलां. भोंवतणी आवयले सासायेचीं भांगराकिर्णां पर्जळटालीं.

आई मर्दीच ताजेर ताणशेताली. 'कसली उमेद म्हण ना ह्या अवचिन्न चेडवाक. केंस वळोवन घेवन बरें न्हेस तरी मुगो. अशें कोनशांत कित्याक पडून आसा?'

आईक इल्लो दुबाव. हें अशें इतलें केन्ना कुशीक पडून रावपी न्हू. 'अगो कितें जालां गो तुका?'

'म्हजी तकली कणकणटा आई. आंगय जड जालां.'

'घरांत इतलें उमेदीचें कार्य आनी तुका कसलो रोग मारला कळना.'

खिणभर ताका दिसलें, आईक सांगचें सगळें, आई हांवय ताईवरीच... तशें पळोवंक गेल्यार आमकां एकेच तरेचे करणेंतल्यान दीस गेल्यात न्ही गे...निखट्या कुडीचीच करामत न्ही ती!

पूण खिणांत कोणे भितरल्यान ताजी गोमटीच अंदिली. भितर फक्कत एक काळखी पोकळी. त्या काळखांत एक गूढ जीवनाट्य आनी ताजीच ताका थर्त भिरांत दिसता. भिरांत पोटांत ओठांत शिरंतरांत. गर्भातच भिरांत घेवन कोणे जियेवचें तरी कशें!

आपूण इतलें फर्स्टक्लास बी.अे. जालां पूण ताजो आपणाक कांयच उपयोग ना हांगा.

सांजचें उसरां, वाऱ्यार उडिल्लो पतरो सकयल बसचो तशें घर शांत जालें. ताई पुरो जावनशें आपले कुडींत वचून खाटीर आड पडलें.

तें ल्हवच उठलें आनी ताईसरी गेलें. ताज्या पांयांसरीं बशिल्लेवरी ताजेसरीं बसलें. ताईन तोंड फुलोवन रागानशें म्हळें, "शांती, तूं आयज दिसभर तोंड काळें करून कित्याक कुशीन कुशीन आसलें?"

'ताई, पयलींच गर्भ रचता तेन्ना ओटीपोटांत हुनहुनशें, जडजडशें दिसता? जीव वाऱ्यार हुबिल्लेवरी जाता?'

ताईन अजापानशें विचारलें, कित्याक जाय तुका? कित्याक विचारता तूं हें?

तें वोगीच रावलें. ताईन उतराक धार हाडून विचारलें, "आगो कित्याक म्हण विचारी तूं हें?"

"ताई म्हाका तुजेवरीच दीस गेल्यात!"

ताई ताका कुशीक धुकलून धडपडत उठलें. उठून खाटीशेजारा उबें रावलें. इतल्यांतच ताका धांप लागली. ताजें पोट वयरसकल जावंक लागलें. ताणें रागान म्हळें, वयल्यान म्हजेवरीच म्हणटा, अवचिन्नाळ्या? केन्ना घडूंक ना असलें पातक हांगा. कुळाक कलंक हो.

तें रडूंक लागलें. कांय वेळ ताई ताका पळयत रावलें. पयलीं रागान आनी मगेर काकुळटायेन. तें ल्हवच ताजेसरीं बसलें. ताणें विचारलें, केन्नासान गो? कोण गो तो?

'दोन तीन फावटच आमी मेळिल्लीं.'

'कोण तो?'

शांतीक दिसलें, आतां 'कोण तो?' हो प्रस्न पावला पावलार येतलो, जशी ह्या संकस्टाची तीच एक सोडवणूक. पूण त्या प्रस्नाची जाप दिवप म्हाका कांय शक्य ना.

'कोण तो, सांग मु गो?'

'नांव नाका ताजें ताई. नांव सांगून कांयच उपेग ना. सुण्यांक नांवां नासतात. हेर कसलोय उपाव सांग म्हाका.'

ताईचे दोळे रागान रसरसले. तें शिरंतरांतल्यान घट जालें. 'हेर उपाव जाय तुका? हेर उपाव म्हळ्यार तुवें खंय तरी वचून जीव दिवंचो.'

शांतीक खिणबर ताजें अजाप दिसलें. हें ताई इतलें निश्ठूर कशें जालें! पूण तें धीट नदरेन ताईसरीं पळयत रावलें.

ताई एकदम ताजे म्हऱ्यांत आयलें. ताजे खांदे घट धरून ताणें म्हळें, 'हें आनीक कशेंच वाडूंक दिवंक फावना. कशेंय करून कोणाक कळनासतना हें व्हळावन उडोवंक जाय.'

तें वोग्गी उठलें. भायर येताना ताणें म्हळें. 'दोनच दीस म्हाका सारकें चितूं दी ताई. दोन दीस कोण्णाक सांगू नाका हें.'

तें आपले कुडींत आयलें आनी चिंतूंक लागलें, इतलें गुणाचें, मोव मनाचें ताई पोटांत जीव घेवन मर्णाची आज्ञा कशें दिवंक शकता! ताज्या पोटांत एक जितो जीव वाडटा आनी तें म्हजो जीव व्हळावन उडोवंक सांगता! ताई सांगता म्हणटकीर तें खोटेंय म्हणूंक फावना.

पूण संबंद रात ताका एकच दुक्क भोगतालें, जाच्या ठांय आतां दोन जिवाचें जितेपण नंदता तें असलें सांगता म्हणटकीर कितलो व्हड म्हजो हो गुन्याव! ताका आनीक म्हण खंय क्षमा आसची ना! हो इतलो व्हड गुन्याव म्हण कोणे केन्ना थारायलें!

रातभर कितले पर्याय तकलेंत येताले. पूण दिसतालें हांव एक बिजूड,

एक्कय पर्याय तडीक व्हरूंक तांकचें ना. सोताचो जीव दिवचेंय म्हाका जमचें ना.

रातभर जनेलांत बसून तें काळखांतल्यान तकली वयर काडून उबो आशिल्ल्या दोंगरासरी पळयतालें. भुरगेपणापसून ताका त्या दोंगराची कितली ओड, कितली अपुरबाय!

दोंगराच्या मुळसांत तांगेलें घर, जमीन आनी भाट. शारापरस दोंगरच लागींचो सोयरो. भुरगेपणांक ताणें ह्या दोंगरातली दर एक वाट माणयल्या. चारां, चुन्नां, काण्णां खातां खातां दर एका झाडाची वळख करून घेतल्या. सर्त मारून तेंगशी चडून आयलां.

सकाळी जेन्ना सुर्याच्या उदेत्या उजवाडांत दोंगर भांगरा रंग फापडूंक लागतालो तेन्ना तो शिरंगारिल्लो राजा कसो दिसतालो. सांजचो सुर्या अस्तमतेक वतकीर ताजी सावळी सगळ्या गांवार पातळटाली तेन्ना तो थापटून न्हिदोवंक आयिल्लो आज्जो कसो दिसतालो.... ताजोच आतां आलाशिरो.

सकाळीं तें बेगीनच घरांतल्यान भायर पडलें. घरांत एक ल्हानशी कोयती आसली. ती ताणें न्हेसणांत लिपोवन घेतली.

भायर सरताना ताणें ताईले कुडींत बागवोन पळेलें. तें अजून न्हिदिल्लेंच आसलें. पूण दोळे उक्ते दवरून हुस्क्यानशें भायर पळेतालें. शांतीन कुरू करूनच ताका आपूण भायर वचून येतां म्हण सांगलें. तें ताकतिकेन उठलें आनी भायर दारामेरेन आयलें. पूण शांतीन ताका परतें हात हालोवनच सांगलें, 'तूं कांयच भिये नाका.'

मात्शें मुखार वचून ताणें फाटीं वळोन ताईसरीं पळयलें. ताजें गाभण पोट आनी ताजेसरीं लागिल्ले मायाळ दोळे तितलेंच ताका दिस्टी पडलें. ताजें तें पाचूचंवर रूप पळोवन तें भुल्लुसलें. ताईच्या ह्या रूपावेल्यान एक धरतरी ऊंवाळून उडोवची!

तें सडसडीत पावलां उखलीत दोंगराचे दिकेन चलतालें. तो उबो दोंगोर चडताना ह्या दोंगरावेल्या दोन खबरांविशीं तें परतें परतें चिंततालें.

दोंगरांत सीतेचंवर म्हण बारीक पानांची सानसान रोपां आसलीं. पूण तांकां केन्नाच फुलां फुलनासलीं. अशें सांगतात. सीतेक रावणान उबारून व्हेली तेन्ना तिज्या गळ्यांतल्यो पिर्डूको हांगा सांडल्यो. त्या पिर्डूकांक कोंब फुटून हीं सीतेचंवरां हांगा किल्लर्ली. सीता हेवटेन परती येतली आनी फुलांनी फुलून तिका येवकार दितलीं म्हण रोपां रावतालीं. पूण सीता हेवटेन काय परती आयली ना. रोपां

बावडीं फुलचीं तशींच उल्लीं. आतां रानांत गेल्ल्यो सवासिणी बायलो तीं सीतेचंवरां माळटात आनी सीतेच्या पिर्डूकांचें अयाव मर्ण मागतात.

दुसरी खबर हुपशिवालीविशीं. ही वाल नागीण कशी विळखे घेत रूखार चडटा. केन्ना केन्ना ही वाल मनगटायेदी जाड आसता पूण तिका पानां, फागूर भोवच उणे आसतात. रूखाक विळखो घेवन रानातले वाटेरबीन ती बेटीच हुमकळटा. सांगतात, नागिणीवरी तिच्या आंगात वीख आसता - गर्भ व्हळावन उडोवचेलें वीख. ती वाल वयर गेल्ली आसताना मुळांतल्यान कापल्यार तांतूंतल्यान थेंबो थेंबो उदक गळटा. तें उदक तोंड लावन पिल्यार गर्भ व्हळावन वयता.

निकतोच सुर्या उदेल्लो आनी भोंवतणी शेवर्णी किलबिलतालीं. पूण ताजें खंयच लक्ष नासलें. तें नेटान दोंगर चडटालें, खर्शेतालें, धांपेतालें पूण चडून वचचेलो नेट सोडनासलें. ताका तेंगशेमेरेन वचून चडानचड मोठी आनी वयरवयर गेल्ली हुपशीवाल सोदून काडचेली आसली. ती कोयतेन कच् करून कापून तिजें गळटें उदक पिवचें आसलें.

तेंगशेसान धा-वीस पावलां सकल ताका ती वाल मेळ्ळी. एक मोठी वाल माट्टी रूखाक वेंग घालून भुंयेमेरेन लांबताली. ताणें हातांतली कोयती घेतली आनी दोन-तीन घावांनी ती चडटी वाल कापली.

मगेर तें भुंयेचेर उताणे न्हिदलें. वालींतल्यान गळपी एक एक थेंब तोंडांत घेत रावलें. पूण पुराय लक्ष ओटीपोटाचेर, आरपार गर्भाचेर.

पूण काळजांत एक विश्वव्यापी मरणदुक्क! एके आवयचें मरण, अस्तुरेचें मरण आनी एका बाळकांचें मरण! कोणे दिलो हो मरणास्त्राप! गुन्यावकारी कोणूय आसूं, पूण सगळ्या सगळ्यांची मरणां हांगा हाडून दाळिल्लीं इतलें मात खरें. अजाप म्हळ्यार, हाजें दुक्क मात आवयन एकल्यानच भोगचें आसलें.

थेंब थेंब उदक घोट्टां घोट्टां दुक्काचें कड सोसना जाले. दोळ्यांतल्यान दुक्कां व्हावंक लागलीं. आंवडो घुसपूंक लागलो. अर्दवर तरी तें तशें पडून आसलें. दोन तीन घोंट तरी उदक ताणें पियेल्लें आसतलें.

तें उठून बसलें तेन्ना ओटीपोट थंडकिरांव गोठेल्लेवरी दिसतालें. तें उठलें आनी दोंगर देवंक लागलें. दोंगर पायांतलो सगळो वाठार हातामुखार पातळिल्लेवरी दिसतालो. ताजेर रूप्या रंग झगझगतालो. ताचें घर, शेकानशेक पातळिल्लें भाट

ताणें तांतूंतल्यान ज्युस्त सोदून काडलें. भाटांतली ती व्हडली रांट आडे वरशे सोडून राविल्ली. ते गोळीचे आडे अशे, ताजेर कोणेतरी गोळ घेतला अशें दिसतालें.

तें दोंगराच्या सकला धेंगणात पावलें तेन्ना एक कळ ओटीपोटांत उठली आनी ती भगभगत जांगेमेरेन पावली. सोसूं नज जावन तें सट् करून सकल बसलें. मुखार पळयल्यार मुखावेल्या सुर्यांतल्यान रगतकिर्णां गळटात. सगळ्या वाठारार रगतसाया पातळ्ळ्या.

***

मन वैरींण

राटिचे केद्दे व्हड आडे दोगय भाव फार्टीफुडें माथें मारून घेवन येताले. शालिनी घराच्या दारांत उबें रावन पळयतालें. मुखावेल्या उक्त्या शेतांतल्यान सडसडीत पावलां उडयत ते धावलेशें करून चलताले. शालिनीक भिरांत दिसली, घडये तांचीं पावलां चुकतलीं, फाटी फुडें जातले आनी आडे तकलेवेल्यान निसरतले. पूण ना. ते सारक्के तोल सांबाळून चलताले.

ताणें बारीक पळयलें, पयसुल्ल्यान दोगय भाव एकच सारखे दिसताले. मुखाल्लेवटेन घोवान माथें माल्लां काय देरान माथें माल्लां तें कळनासलें. पयसुल्ल्यान दोगय भाव एकसारखे. एकसारखोच आंगलोट, तीच उंचाय, आंगार वस्त्रांय तींच - खाकी मोटवीं खालसावां आनी बिनहाताचीं धर्वी बनयानां. ताणें दोगांकय आळी-पाळीन बारीक पळयलें. पूण लागीं पाव मेरेन ताका घोव खंयचो आनी देर खंयचो तें कळ्ळें ना!

पयर घोव रजेर येयिल्ल्या दुसऱ्या काय तिसऱ्या दिसाक अशेंच जाल्लें, तें सालांत बसून घोवान हाडिल्ले खंयच्यातरी मिलिटरीच्या कवायतिचे फोटे पळयतालें. देर सालांत कितें तरी करतालो. शालिनी ताका चुकून घोवच समजून विचारतालें, हे कवायतिच्या लायनींत चलताना तुमी वोळखूंकच येनांत मूं. कितें हात आनी पांय हालतात न्ही... ह्या गुळगुळीत खांब्यार अशे चडले तुमी? वयर चडून हात सोडून उबे आसात पळय...

देर सदानंदाक कशेंशेंच दिसलें. 'वयनी हांव भाऊ न्ही... मल्लखांब तो वयनी, भाऊ जाणां तो खेळूंक. म्हाका तर ताका मिटी घालूंकय कळना. हांवय भाऊवरी मिलिटरींत वचून शिकतलों तें.'

शालिनी एकदम मनान इल्लें इल्लें जालें. ताणें बेठोच राग हाडून म्हटलें. 'तुमी दोगय भाव म्हण सोटे कशे एकसारखेच दिसतात.'

'पूण हांव भाऊपरस दोन अडेच वर्सान ल्हान न्ही गे.'

'पूण तुवंय बरो मातला हां भावावरीच.'

तें ह्या चिंतनांत आसतनाच दोगय भाव राटिंचे आडे घेवन घरासरी पावले. घरा कुशीक बांयसरी ताणे ते आडे एकच फावट जुस्त उडयले. एकल्यान 'अप्' म्हटलें आनी दोगांनय एकच फावट तकलेवेल्यान चुकयले. शालिनीक तोखणाय दिसली. मगेर ते दोगय हुश्श करत वारांड्यात येवन बसले. शालिनीन तांकां आंग पुसोवंक तुवालो हाडून दिलो. दोगांनय एकच तुवाल्यान आंग पुसलें. शालिनीक होलमलें, हांच्या दोगांयल्याय आंगाक हुमेचो वास एकच सारखो येता.

फुडले दोन दीस भाव दिसभर ठोक्ठोक् करून बांयचेर राट घडयताले. मेड उबी करून ताचेर आडे दवरताले, तें नीट जाले ना म्हणटकीर ते परत सकल देंवयताले. ताका केलीं, खिळी, बुराक मारताले आनी परत वयर चडयताले. आडे तोल धरून मेडीर आडवे रावतकीर ताणी एकवटेन आड्याक वजनाक चिरो बांदलो. बांयवटेन कोंडो आनी कोळमी बांदली. बांयकट्यार आडवें फळें घालून व्हडलो भाव उत्तमान राट ओडून कोळमी बांयत बुडयली. कर् कर् असो आवाज बागभर, बागाच्या पेल्यान मेरेन पातळ्ळो.

शालिनी बांयकुशीच्या जनेलांतल्यान दोगय भावांलो उद्योग परतें परतें जनेलांत येवन पळयत रावतालें. तांच्या कामाचो सुरमेळ, तांची समजीकाय, तांचें ल्हव ल्हव उलोवप पळोवन तें भारावन वतालें.

इतल्यान उत्तमान उलो माल्लो, 'शालिनी मातशें हांगा यो पळोवया, बेगीन यो.'

जनेलासरीं आयिल्लें शालिनी बेगीबेगीन बांयसरीं धांवन येयलें, 'कित्याक आफयताले, कितें जाय?'

'ती सकल कट्यासरी कोंड्याची खिळी पडल्या ती काडून दवर. जाय पडटली केन्नाय.'

'भावाकडल्यान हे आडें उखलून घेताले, ही खिळी उखलून घेवंक जाली ना.' म्हणत शालिनी बांयसरी बागवलें. खरें म्हळ्यार तो एक लाकडाचो कुडकोच आसलो. उत्तमान संद सादली. तें बागवल्लें आसतना पयली उदकाची कोळमी ताणें पुराय शालिनीचेर रखयली. तें 'सूं, सूं, शा, शा' करत एकदम घरासरी धांवलें. देरान ताळयो मारीत म्हटलें, 'पयली कोळमी वयनीक, दुसरी कोळमी केळीक, तिसरी कोळमी कवाथ्याक.'

तशें भिजिल्लें आसतनाच शालिनीन फाटीं वळोन देरासरी बोट दाखोवन घोवाक म्हटलें, 'त्या माडाच्या बोडार एक कोळंबो आर्दी घालात.'

थंय कांय वेळ हांशाचो घसघसो रखलो. पयलीच राट घडयिल्ल्याचो आनंद आनी वयनीची धांदळ. सगळेच खुशालभरीत. मगेर दोगय भाव आळीपाळीन एक दुसऱ्याचेर कोळम्यो रखयत न्हावले.

न्हावन ते जेवंक येयले. रांदचे कुडींत म्हणय घेवन दोगय बसले. तांकां शालिनीन खीणभर पळयलें, अचकीत देराविशीच्या मोगान ताचें मन भरून आयलें. पिरायेन म्हजेपरस एकदोन वर्सांनी व्हडच जातलो हो पूण वोगीच ल्हान जाल्ल्यावरी मोगाळ मोगाळ दिसता. ह्या मोगाची जातय नीट व्होलमना. ताका सोताचीच भिरांत दिसली. ताणें ताचेवेल्यान नदर काडून घेतली आनी तें मोन्यानच वाडूंक लागलें.

घोव उत्तम बावडो सादोच आसलो. तो जिवितांत केन्ना कोणाचेर तापलो आसतलो, झगडलो आसतलो अशें दिसनासलें. वर्साक एक फावट मिलिटरींतल्यान तो रजेर येवन वयतालो. पूण कसलीच जाग नासताली. आयिल्लो कळनासलें आनी गेल्लोय कळनासलें. त्या मानान शालिनी बोलकें आनी तरतरीत, शिटूक तितलेंच मोगाळ.

सदानंदय तसो थंडच आसलो. पूण ताच्यो गांवांत वोळखी चड. तांचेसरी हांसून खेळून रावतालो. व्हडल्या भावापरस इल्लो हुशार, मनमिळाव.

वर्सच जाल्लें शालिनीक उत्तमासरी लग्न जावन. चेडूं पळोवंक दोगय भावच गेल्ले. दोगय भाव मुखार गणपती कशे बशिल्ले. शालिनी ताकतिकेन चायेचीं कोपां घेवन भायर येयलें आनी ताणें खळखळ आवाज करीत कोपां तांचे मुखार दवरलीं. कोपां दवरताना हयन्हीशें ताणें दोगांय भावांसरी पळोवन घेतलें आनी तें बेगीबेगीन भितर गेलें. भावान ताका परतें भायर येवंक सांगलें. शालिनीक अस्सो

राग येयलो. तें परतें भायर येवन फुगूनशें कांय वेळ उबें रावलें आनी परत गेलें. परत एक फावट ताणें त्या दोगांय भावांकय पळोवन घेतलें. पूण ताच्या मनांत गोंदळ-हांतलो न्हंवरो खंयचो!

ते उठून वयतकीर एक बापोयल्या बायल ताका समजायताली, 'तो दावेवटेन बशिल्लो न्हंवरो आसलो आनी उजवेवटेन बशिल्लो न्हंवऱ्यालो भाव.'

'आंगार वस्त्रां कसलीं आसलीं गे?'

'दोगांयल्या आंगार, धंवशीच खोमसां आसलीं. पूण न्हंवऱ्यान कमरेक काळो पटो बांदिल्लो.'

पूण शालिनील्या मनांतलो गोंदळ काय उणो जालो ना. जावं दावो जावं उजवो. दोळ्यांमुखार दोन चेहरे. हो दाव्या उजव्याचो गोंदळ लग्न जाता मेरेन तसोच उल्लो. अदीमदी दोनच चेहरे दोळ्यांमुखार येताले. आपलो न्हंवरो नेमको खंयचो हें पारखून पळोंवचेलो खेळ तें मनांत खेळटालें. तांतलो एक चेहरो ताका इल्लो चड मानवल्लो. तो चेहरो सदानंदाचोच आसलो. घोवाच्या भावाचो. हें होलमतकीर तें भियेल्लेवरी जालें. तें लजलें.

ह्या दोगांय भावालो वागपांतलो सुरमेळच असो केन्ना पळोवन ताका नसाय जाताली, तिडक मारताली. आंबो खाताना एकल्यान आंबो चिंवप आनी तो चिंविल्लो आंबो सोलून दुसऱ्यान तांतली पारय चोखप. पयर कार्तिक पुनवेक म्हादेवा देवाच्या जत्रेक रथा मुखार दोगय भाव एकलो हातांत सत्री आनी दुसरो हातांत अबदागीर घेवन नाचताले. तेन्ना तें पळोवन शालिनीच्या दोळ्यांत खोशयेचीं दुकां उबीं राविल्लीं. दोगय भावांक दोनय हातांत ओडून गोपांत घेवंचे अशें दिशिल्लें.

...पाच स वर्सांफाटी कुळरा गांवांत एकलो किर्तनकार येयिल्लो. तो किर्तनांत सांग- 'द्रौपदी भारतात जावन गेल्ल्या अस्तुरेंत एक श्रेष्ठ पतिव्रता अस्तुरी. पांच घोवांची बायल जावनय ती पवित्र आनी पतिव्रता. द्रौपदी पांचय पांडवांत एकच पुरूश पळयताली आनी सगळ्यांचेर सारखोच मोग करताली. द्रौपदीक लागूनच शेवटामेरेन पांडव एकमत्तान एकठांय उल्ले आनी तांणी झुजांत जैत जोडलें.'

घरांत घोव, देर आनी मांव आसलो. मांवाक फाटी आरीचें जाल्लें. तो आतां एकेक पांय शेवटूनसो उडोवन चलतालो. उजव्या हाताकय बरो जीव नासलो. तो बेठोच थरथरतालो. खरें म्हळ्यार घोव शालिनीक आपणांवांगडा घेवन वचचेलो

पूण बापूय बरो नाशिल्ल्यान ताणें बायलेक घराच दवरिल्ली. घरा थोडें शेत भाट आसलें. तेंवय राखून दवरूंक जाय आसलें. शालिनी भायर पडल्यार सगळेंच फासवून वयतासलें. सदानंद तर गांवारच पडटासलो.

केन्ना दोगय भाव पेल्यान दुरगार, ना तर कोनशावेल्या ओंवळी पोनांत उलयत बसताले. शालिनीक केन्नाय उमळशीक लागताली ते कितें उलयतात तें आयकोंक. भावांमदल्या ह्या मोगान तें झिडपल्ल्यावरी, अवसानखत जाल्ल्यावरी जाताले. दोगय जाण एकच फावट समान हक्कान कशे मनाच्या तळांत वचून बसताले. केन्ना मन भोव हळुवार जातालें, सदानंद घोवा इतलोच आपलो आपलो दिसूंक लागतालो. दोगांय मदलें अंतर, नातें पुसून वयतालें.

एक लग्न जाल्ली बायल म्हण तें वेलेवेल्यान निबर, खंबीर दिसतालें पूण मनांतल्यान तें मोव मोगाळच आसलें. लग्नापयलीं ताचो धाकलो भाव एक फावट अचकीत ना जालो. पंदरा दीस तें रडरड रडलें. ताणें जेवणखाण सोडलें. शेवटा तें भागून इतलें बरगलें ताका उठूंक बसूंकय त्राण उरलो ना. उठून उबें रावल्यार घुंवळ येवन पडटालें. शेवटाक ताका हॉस्पिटलांत घालचें पडलें. एक दीस भाव येवन हॉस्पिटलांत ताचे सामकार उबो रावलो. भावान सांगलें , 'ताई, तूं बरें ना म्हण कळटकीरच हांव येयलों. ना तर येवचोंच नासलों.'

उत्तम आपली दोन म्हयन्यांची रजा सोंपून परत मिलिटरींत वचूंक सुटिल्लो. सदानंद ताचो व्हडलो मिलिटरीचो ट्रंक खांदार मारून बस रावता थंय मुखार वचूंक लागिल्लो. ताका पळयत उत्तमान शालिनीक म्हटलें. 'पळयलें मुगो म्हजो भाव कितलो बरो.'

शालिनीन मनांत म्हटलें, म्हणच तुमी म्हाका पळोवंक येयिल्ले तेन्ना ताका सांगाताक घेवन येयिल्ले. तेन्ना केदो व्हडलो गोंदळ केलो तुमी. मार स्वयंवराक येयिल्लेवरी दोगय भाव येयिल्ले. कोणे म्हाका जिखलें, हांवे खरेंच कोणाच्या गळ्यान माळ घातली तें कांयच कळना जाला म्हाका. ताणें एकदम विनयतशें घोवाक म्हटलें, 'थंय बिडार पळयात तुमी. म्हाका घेवन वचात बेगीनच तुमच्या वांगडा. हांगा रावंक जावचें ना म्हज्यान.'

'मिलिटरींत कितें सट् करून क्वाटर्स मेळता शालिनी. आनी हांगा बापूय आसा दुयेंत. सदानंदालेंय पळोवंक जाय.'

'तो मिलिटरींत वयतलो म्हणटा. तुमी व्हरून ताका मिलिटरींत भरती करून

उडयनात कित्याक?'

उत्तमान इल्ल्या खर आवाजानच म्हटलें, 'हांव गेला तो पुरो फौजेंत. ताका आनी नाका. म्हजेवरी आठवी णववी न्ही तो. बरो मॅट्रीक पास जाला. आनीक खंयूय नोकरी मेळटली ताका. ना तर बापायलें आसा तें बसोन खातलो. उपाशी पडचो ना.'

शालिनी ओगीच रावलें.

घोव गेलो आनी एक सुन्न रिती पोकळी ताच्या मनांत, घरांत भरून गेली. मन उदास निर्शेवन गेलें. मांव भितरले कुडींत ल्हवल्हव सूर धरिल्लेवरी परवंतालो आनी मदींच लुबड्या उतरान कितें तरी उलयतालो. मांवाचें तें परवंवप घुगमान घूं घूं केल्लेवरी ताका अवचिन्नशें दिसलें. ताचो जीव कांचवेन गेलो. बेठीच भिरांत आनी हुस्को.

दोन वरांतरी तें एकलेंच सुन्न बशिल्लें. कांय वेळान सदानंद येयलो. येतकीर परत एक दादलो वास घरांत पातळ्ळो. तार्ची पावलां जशी आस्त आनी उमेद घेवन आयलीं. घर दादलेपणाच्या चैतन्यान भरून गेलें.

ती उमेद शालिनीच्या मनाच्या तळाकुडींत भरून गेली. आत्ताच आपलो घोव वचूंक गेला आनी ताची निर्शेवणी घेवन हांव हांगा कितलो वेळ तरी बशिल्लें हें तें विसरून गेलें. हांगा कोणतरी आपलो राखणदार दादलो आसा हें ताका होलमलें आनी तें ताच्या मनानय मानून घेतलें. तें सडसडीत उठलें आनी वावराक लागलें. सदानंद उमेदीन सांगतालो, 'बस सामकी भरून येयिल्ली वयनी. पांय दवरूंक सुवात नासली. हांवें टॉपार चडून ट्रंक घातलो. एका सिटार एकलो गांवठी अबरगत मनीस बशिल्लो. ताका उठयलो धपकावन. भाऊक बसूंक लायलें. भाऊ नाका म्हणटालो. चार वरांची वाट उबो रावन कितें वयतलो.'

ताचें उलोवप शालिनीन व्हडविकायेन आयकलें. ताच्या प्रसन्न चेहऱ्याची ताका तोखणाय दिसली. पूण ताका अजाप दिसतालें घोवाच्या ताटातुटीचें दुख्ख हांव इतले बेगीन कशें विसरून गेलें! म्हाका 'तो' आनी 'हो' हांचेमदीं कसलेंच वेगळेंपण कित्याक दिसना! द्रौपदीलीं पुराणांतलीं वायंगी हांगा उपकारचीं नांत. म्हाका शादूर रावंक जाय! ताचो आंगलोट, चलप, वागप एक सारकें आसलें तरी चेहरो मात एक सारको नासलो. तरीय ते म्हाका एकच कित्याक दिसतात हाचें अजाब शालिनीक.

ताचेर सदांच मोगमोगसो दिसतालो. ताच्या सहवासाक तें आशेल्लेंशें आसतालें. ताका वाडूंक, ताचे कपडे उमळूंक, ताचें करूंक, आगळीच खोस भोगताली. पूण त्या मोगाची जात नीट कळनासली. ताका दुबाव आयलो, म्हाका ताचेकडच्यान कुडीच्या सुखाची वानसाबीन लागिल्ली ना मू! ताणें तो प्रस्न भियेंतभियेंत मनाक विचारलो. पूण मन इतलें बिलंदर आतो-पतो लागूंक दियनासलें. पूण एक सत् - तो लागी आसचो, ताचो परमळ भोंवतणी पातळचो; ताच्या उक्त्या आंगावेल्यान नदर भोंवडावची ही इत्सा तें न्हयकारूंक ताकनासलें.

घरापासून इल्लें पयस तांचें तीन एकर शेत आसलें. ताचे मर्दी ल्हानशेंच उशेल. मगेर पेल्यान दोंगुल्लेच्या मुळसांत तांचो गोठो. शालिनी तशें आंगान धडधाकट आशिल्लें अशें न्हय, उंच, बारीकशेंच. पूण घट काठी. शेताभाताच्या कामाक सडसडीत शिटूक, ताचो गोरो रंग, ताची तरतरीत सोबितकाय वोता पावसांत कितलेंय काम केलें तरीय तश्शा तशी उरताली.

तीं दोगांय मेळूनच शेतांत वयतालीं. आनी मेळूनच शेताचो वावर करतालीं. ताणें जोत हामुडल्यार, तें दिपळें फोडटालें, खोरें घेवन कोनशे कडो चाचयतालें. ताणें उशेलाक राटीन उदक काडल्यार तें उदक उशेलाक नीट घोळोवन घेतालें. तो गोठ्यांत गंवणीत बैलांच्या गळ्यांतल्यो कानीं काडटालो, तांका खावड घालतालो तेन्ना तें गोट्यांत शेण काडटालें, स्नान्न मारतालें. तो शेतांत वचूंक भायर सरतकीर शालिनीचें मन घरांत लागनासलें. घरांतलो वावर अर्दार उडोवन हातांत दिपळो, खोरें, विळो कितेंय तरी घेवन तें ताचे फाटोफाट भायर सरतालें. सदानंदाकय दिसतालें ती येवंची आपणा वांगडा. घरापसून इल्लें मुखार वचून तो उबो रावतालो तिका. तीं दोगांय मेळून वचूंक लागलीं म्हणटकीर लोक कांयशें विचित्र नदरेन पळयताले तांकां. तांकां तांच्यो नदरो कळटाल्यो. पूण तांकां वोगीच दिसतालें. आमचो हो देर भावजयचो निश्कळंक मोग! आमचे कडच्यान कांय वाकडें जावचेंना.

घरांत, शेतांत, गोट्यांत सदांच जवळीक, एकांत! तीं उलयतालीं गांवावेल्यो खबरीच. पूण तांकां दिसतालें आमी भोव खाजगी लागीचें उलयतात. केन्ना उलयता उलयता तांचो आवाज थरथरल्लेवरी जातालो. कानांत फुतफुतिल्ल्यावरी जातालें.

आतां ल्हवल्हव शालिनीक दिसूंक लागलें. देर आपल्या सहवासाक आशेला. आपणा भोंवतणीच गणमणटा. हांव म्हच्यांत आयल्यार नाक फुलोवन वास घेता. एक दीस ताणें पळयलें, ताची घडी करून दांडयेर उडयिल्ली साडी

सदानंदान काडून घेतल्या आनी ती तो हड्ड्यार दामून घेवन आसा. मर्दीच तांतूंत तोंड रिगयता आनी उमो घेता.

पळोवन शालिनी कांय वेळ थंड गोठेल्लेवरी उबें रावलें. ताका सोताचीच भिरांत दिसली. पूण ताका सदानंदाचो इल्लोय राग येवंक ना.

एक दीस गांवांत एकल्यान रानटी दुकर मारिल्लो. शालिनीन बेठेंच म्हटलें. 'म्हगेल्या बाबाक दुकरा मासाची भोव आवड. गांवांत कोणेंय दुकर मारल्यार ताका पयलीं वांटो पावयतात.'

सदानंदान शंबर रुपये उडोवन एक वांटो घेतलो. सकाळची बस गेल्ली. सांजची सची धरल्यार कळाव जातासलो. तो धा मैलांची वाट माडोवन वताचो वयनील्या कुळारा गेलो. तांकां मासा वांटो दिवन जाजा परत आयलो.

शालिनीन ताचो सांवार मोन्यांनी पळयलो. दिनवासाचें एक उतरय तें उलयलें ना. भिरांत दिसताली कितेंय उलोवंक. पूण मनांत खोल जाणवतालें, मन ताचेवटेन चडच ओडूंक लागलां. दिसतालें खंयच्याय खिणाक घात जावं येता!

पूण शेताच्या, उशेलाच्या कामाक गेल्लेकडेन एकसुरें एकेकडेन रावचें काय चुकनासलें. गोठ्यांत भायर उबें रावल्यार 'वयनी शेण काडून उडय मुगे' म्हण तो सांगतालो. शेतांत तें नेर, मुगळ काडूंक लागल्यार तो मेरेर येवन उबो रावतालो. खबरी करीत. एक दीस शेतांत नेर काडटाना अचकीत घो ऽऽ करून पावस येयलो. शालिनीन आसऱ्याक कांय हाडूंक नासलें. सदानंद बेगीबेगीन शेतांत देंवलो. आपल्या खांदावेल्या कामळीची खोळ करून ताणें वयनील्या माथ्यार सोता घातली. आपूण भिजत मेरेर उबो रावलो. शालिनीक दिसलें ही कामळ पुराय सोडोवची आनी दोगानय ती माथ्यार घेवन एकठांय उबें रावचें. इल्लें भिजत, आनी इल्लें एक दुसऱ्याक तेंकत.

ताका आतां घरांत, शेतांत खिणाखिणाक दिसतालें, तो आतां खंयच्याय खिणाक आपणाक धरतलो आनी आपणासरी आंवुळटलो. ह्या चिंतनानच तें उचांबळ जाल्लेवरीं जातालें. मगेर ताका दिसतालें, आपणाकय ताणें धरिल्लें जाय काय कितें! ना, ना, हांव लग्न जाल्ली बायल, हांव आड्डतलें, सोडोवन घेवन धावंक लागतलें! मगेर ताका एकदम दिसलें, ताचो स्पर्श जाल्यार हांव सामकें पागळून वयतलें. अवसानखत जावन ताचे सुवादीन जातलें! पळय जाय जायसो दिसता तो म्हाका!

सोताचें मनच जंय वैरीण जालां थंय आदाराक खंय वयतली! मनाक आता दोंके फुटूंक लागल्यात, म्हजे तांकी भायर वचूक लागलां तें ! म्हज्यान आतां कांयच आवरूंक जावंचें ना. तो तर म्हाका आता धरल्या बगर सोडचो ना!

आतां आतां घरांत दारांत ताचे पांय वाजले म्हणटकीर, शेतांत तो पयसुल्ल्यान येतालो दिसतकीर, गोठ्यांत रिगलो म्हणटकीर ताचें हड्डें कलकलूंक लागतालें. तो म्हऱ्यान येतकीर लजेची तामसाण चेहऱ्यार पातळटाली. ताका सोताचीच तिडक मारताली, कित्याक मन म्हजें चेडी कशें उचांबळ जाता, कित्याक हांव लजतां, कित्याक म्हाका ही सोबितकाय?

रात जाली म्हण्टकीच तर तें पिशांतूरच जातालें. केन्ना आपल्या कुडींत भितरल्यान सामकें खिळी घालतालें. खिळी नीट बसल्या काय ना तें परत परत उठून पळयतालें. तर केन्ना दार पुराय उक्तें सोडून न्हिदतालें. वाट पळयत राविल्ल्यावरी पडून रावतालें. पावलांची सुलूस घेतालें, निर्शेतालें, तिडकेतालें, केन्ना रडूंक पावतालें.

तीं दोगांय उशेलांत उस बांदतालीं. बागवोन येयिल्ल्यो पातयों उशीकांड्या भोंवतणी गुठलावन बांदून दवरप. तांचेन उस बरो मोटो जावन अवरेता असो समज. बांदतां बांदतां तीं मदीं पावलीं.

शालिनी त्या एकांतात सामकें थतरवितर, एक नदर सामकी ताजेर. तो आपणाक सारको पळयता, म्हऱ्यान येवंक सोदता. बांदतां बांदतां तो मदींच ताच्या उशीच्या पिंडा शेजाराकूच पावलो. ताची सावळी ताचेर पडली. हय न्ही सो स्पर्श जालो. पळय तो मांडून पळयता म्हाका. कितेंतरी फुतफुतता. तो म्हजेसरी कितें सांगूक सोदता... कसली माण्णी. आता खंयच्च्याय खिणाक म्हऱ्यान येवन मिठी मारतलो तो! हांगा तर आशी कुशीक जितो जीव ना. ताच्या मनांत दुबाव, भिरांत आनी सोताभितरच व्हडलें झगडें. अचकीत ताणें काम बंद केलें आनी तें उशेलांतल्यान भायर आयलें. तें घरावटेन सडसडीत चलूंक लागलें. सदानंदय ताचे फाटल्यान उशेलांतल्यान भायर येयलो. ताणें विचारलें, 'वयनी, वयता कित्याक गे? आतांच येयलात आनी एकलीच परत वयता? कितें जालें? यो मुगे उशेलांत.'

शालिनीन एकदम रागान म्हटलें. 'गेल्यार? म्हजी मर्जी. तुज्या वांगडाच रावंक जाय? वयतलें हांव. रावचें ना तुज्या वांगडा. व्हडलो म्हाका आडायतालो. कितें समजता तूं सोताक!'

तें सडसडीत चलूंक लागलें. सदानंदाच्या मनाक हें भोवच लागलें. ताका दुबाव आयलो, आपल्या मनांत परत परत तिचेविशी विखार उठतात ताची सुलूस तिका लागली काय कितें! खरेंच वैनी म्हाका भोवभाव मोगाची दिसता. तिच्या आंगावेल्यान हात भोंवडायचो. तिणें म्हाका वेंगेत घेवचें अशें दिसता. पयर लुवणेर शेत लुवन घातिल्लें. मर्दींच मळब पावसान भरून आयलें. कुपाचो गडगडाट जालो. लुवन घातिल्लें बांदूक, ताची घुडयां घालूक सगळीच धांदळ आनी धांवपळ. तेन्ना तिच्या माथ्यावेल्यान वर्जी घेताना, दोरी हातांत दिताना कितले फावट तिका स्पर्श केल्लो हांवें! तिणेंय राग दाखोवंक नासलो. केन्ना केन्ना एकदम मोगान म्हऱ्यान येयिल्लेवरी करता. केन्ना सामकीच गुमसूम जाता? कांयच कळना तिचें.

तो काम तशेंच सोडून उशेलाकडेवेल्या एके मेरेर वोगी बसलो. कितलो वेळ तरी तो तसोच बशिल्लो... व्हडलो आकांताळो शेता केर. शेत लुवून व्हेल्लें आनी पडींग शेत आता वोतांत सुकून वाळेवंक लागिल्लें. मर्दी मर्दी वंय घातिल्लीं ल्हान ल्हान उशेलां आशिल्लीं. ताच्या शेजारा बांय फोणारे आनी आंग सोडून उब्यो राविल्ल्यो राटी. ताचे पेल्यान पयस दोंगराकडेच्यान न्हंय व्हावताली. सूर्याचो तांबडोगुज गुळो दोंगरार तेंकूंक पाविल्लो. ते सांजच्या तामशा वोतात न्हंयतल्यान रगत व्हांवता अशें दिसतालें. तो तांबसो रंग झाडां पेडाराय पातळिल्लो आनी सगळ्यावेल्यान एक रगत ल्हार व्हांवन वयता अशें भासतालें.

शालिनी घरासरी येवच्याक येयिल्लें. पूण ताका चैन पडनासलो. तें परत परत दारांत आकडयान येवन शेतावटेन पळयतालें, खंय गेलो हो इतलो वेळ! अजून उशी बांदत रावला कितें. खिणभर ताका दिसलें, अशेंच वचूंचें उशेलांत, उशेलाच्या भितर रिगून ताचो हात धरून ताका घेवन येवचें. कितें करता तो तरी पळोवया. उशेलांत रावंक जाय आशिल्लें हांवें ताच्या वांगडा!

कांय वेळान सदानंद घरासरी येता तो ताका दिस्टीक पडलो. आकाड्यान उबें आशिल्ल्या शालिनीची आनी सदानंदाची खिणभर नदर भेट जाली. शालिनी वोगी घरांत येवन वावराक लागलें.

सदानंद आयलो. माडाआळ्यार उबो रावन ताणें पांयार उदक उडयलें आनी तो माळयेर वचून कोनशातल्या कुडींत वोगी न्हिदलो. शालिनी दोळ्यांच्या कडेंतल्यान ताका नियाळटालें. पूण तें कांय उलयलें ना.

रांदून जातकीर रातचें ताणें ताट आनी तांबयो व्हरून मांवाक दिलो. मांव

लखत लखत आंगणा मेरेसरी वचून तोंडांत घोंट घेवन उडोवन येयलो. येवन खोकलोसो, धेंक दिलोसो करून जेवलो. जेवन परत आंगणा मेरेसरी वचून तोंड धुवन येयलो. तो सोतासरीच उलयतालो. 'सदा देड वर्साचो आसताना आवय मेल्ली. केलें हांवेंन सगळें. कसले दणदणे काडले. आता पोरांल्या जिवार किते बरें खातलो म्हटल्यार हीं दुयेंसां. सून पोर बरें मेळिल्लें. पूण म्हजेंच नशीब फुटकें. दांत आसताना चणें नांत आनी आतां चणे आसल्यार दांत नांत...'

कांय वेळान मांवाली पिरंगणी बंद जाली. शालिनी एकलेंच सालांत बशिल्लें. ह्या घराची घडणय अशी, ताचे सावळेंत वोगीच हड्डें बशिल्लेवरी जातालें. केन्ना कदीम काळात बांदिल्लें काय घर हें! एकेक पाटी, कोनवासो, वासो एकेक रूखच कातरून हाडून घातिल्लेवरी जबरदस्त मोटे. सालांत एक आडवी वेंगेची काळी पाटी आसली. येतना वयताना वोगीच दिसतालें, ही आत्ता तकलेक आदळटली. बशिल्लेकडेन दिसतालें ही खंयच्याय खिणाक निखळटली आनी येवन आंगार पडटली.

बशिल्लेकडेनच ताका मात्सी लकण लागली. एक अर्दकुटे धुंवटेतलें अशें सपन- देरान भावान सोडून गेल्ली फौजेतली मुस्तायकी आंगार घातला. लेफ् रायट, लेफ् रायट करून तो वैनीमुखा़र कवायत करता. सट् करून 'सावधान' जावन वैनीक एक घडघडीत सॅल्युट मारता. आनी सोता खूब हांसता.

शालिनीक सट् करून जाग येता... तो न्हिदला मुगो वयर! दुसरो तिसरो कोण न्ही तो! ताका उठोवन जेवंक वाडूंक जाय! ताका उपाशी न्हिदोवंक फावना!

तें माळयेचीं सोपणां चडून वयर गेलें. आंगणांतल्यान लायटिच्या दिव्याचो उजवाड इल्लो वयर पडिल्लो. तो कांबरूण घेनासतना बनयानार तसोच न्हिदिल्लो. ताणें आपलो हात अचळच ताच्या आंगार दवरलो आनी ताका हालयलें, उठ मुरे जेवंक. न्हिदला कित्याक?

ताचो आवाज ना. घुसमटलोसो करून आसा तसोच परत वोगी. कितलो वेळ तरी ताचो हात ताच्या उकत्या आंगार आशिल्लो. तितलोच धीट. त्या अर्दकुट्या उजवाडान ताका तो पुराय उत्तमावरी दिसलो. ताचो हात ल्हव ल्हव ताच्या आंगावेल्यान भोंवक लागलो. पयली ल्हवल्हव, मगेर तांकीन.

सदानंदाल्या आंगात वीज्ज खेळिल्लेवरी जाली आनी ताच्या मस्तकांत रगत देंवून आयलें. तो साबुद्द विसल्लो. ताणें उठून मोगान शालिनीक वेंग मारली.

आतां एक नर आनी एक मादी हाचे पेल्यान तांचें अस्तित्व नासलें. हेर सगळीं नातीं तांणी मोनजातिच्या वोगान खोंटायिल्लीं.

तें जेन्ना माळयेचीं सोपणां देंवतालें तेन्ना अन्नांवर पातकाचें एक वजें ताचे तकलेर आसलें. त्या वज्याखाला तें मोडूंक पाविल्लें. आता कोणाक जेवंक उठोवची, जेवची वान्साच नासली. पेट्ट्या दिव्यार हुडी घेवन पांखां लाशिल्ल्या पिसोळ्यावरी जाल्ली अवतिकाय.

तें न्हाणयेत गेलें. भाणांत शेळें उदक आसलें. तें शेळें उदक तें न्हावंक लागलें. तें न्हावताना चिंततालें, द्रोपदिली पांच घोवांची काणी खोटीच आसूंक जाय. म्हज्यान हें इतलें सोसूंक नज जालां आनी द्रोपदीन कशें सोसलें आसतलें. पुराणातली वांयगीच तीं ! कसलें पाडें नशीब, कसलें अवचिन्न मन घेवन आयिल्लें हांव!

सदानंद कुडीन मनान शांत जालो आनी ताका दिसलें, हांवें आवयक पळयिल्लें काय आठवना म्हाका ! आवयवरी ही वैनी म्हाका ! पूण हें अशें कशें घडलें ! मोगाचें कसलें हें अदृश्ट रूप ! मोगाक कित्याक ही कुडिची ओड, हो शाप !

तो माळयेवेल्यान कान दीवन ताची सुलूस घेतालो. कितलो वेळ तरी न्हाणयेत न्हाविल्लो घस् घस् आवाज येतालो.

रात सदानंदान तळमळतच काडली. सकाळपाराक मातशी झेम लागली आनी उसराच तो उठलो. उठिल्लो भियेत, लिपत, माळये पावंड्यार पावलां वाजय नासतना तो सकल येयलो. वैनिची सुलूस नासली. मागीलदारांत बांयसरी बापच फाट करून बशिल्लो आनी इंगळ्यान दांत घासतालो. पूण वैनी खंयच ना. ह्या वेळार रांदचे कुडींत तिची धांदळ आसताली. पूण आज सगळे गची आंवुळिल्लेवरी मोने आसले. ताणें घरांत, पोरसांत सगळेकडेन ताका सोदलें.

वयनीच्या कुडिचें दार ओडून घेतिल्लें आसलें. अजून न्हिदूनच आसा काय कितें ही! आयजवेर तर अशें घडिल्लें ना. ताणें भियेत भियेत दार धुकललें. भितरल्या धुंवसर उजवाडांत ताचे नदरेक पडलें एक आकांतयाळे अदृश्ट !

शालिनीन बांयवेल्यान राजू हाडून कुडिंतले एके पाटयेक गोळ घेतिल्लो. तिची कूड अधांतरी लांबताली !

***

चंदरजोत

शारदा खळ काडून हाडिल्लें भात नितळ करतालें. आंगणांत बशिल्लेकडच्यान ताका बंदरांत येवन लागिल्लें व्हडें दिस्टीक पडलें. व्हडेकारान आर्दी शीड कवळून तें कुंयाकाठयेक बांदलें. मगेर कुयांकाठी उदकांत उबी करून व्हडें ल्हवल्हव बंदराक घेयलें. कोण दोगतीग जाण व्हड्यांतल्यान देंवले. पयसुल्ल्यान कोण ते वळखूंक येनासलें. बेठेच सावळ्योशो हालताल्यो. मगेर तीं देंविल्लीं मनशां न्हंयेधडेवयल्या रूखावळींत नाऽच जालीं. कारवारच्यान, कडवाडच्यान, किन्नरच्यान कोणतरी येयल्यात दिसताले. तरीय आमच्या करकलांत हेर गांवच्या लोकांचें येवप उणेंच.

शारदा पर्थे भात नितळ करूंक गुंथलें. ह्या बंदरार नदर वयतकीर शारदालो जीव आकुळपिकूळ जाता, जीव ल्हवपीक जावन वाऱ्यार उडूंक लागता. न्हंयेचे रूप्याधारेंतल्यान तें व्हावंक लागता. तें धारेंतल्यान पयस पयस पावता. सात वर्सांफाटीं ह्याच बंदरार तें एक दीस बंदरावयलो काळो चिखोल मांडयत देंविल्लें. न्हेशिल्लो व्हंकलेचो तांमडो शालू धोंपरामेरेन भिजिल्लो. न्हंयेधडयेर येवन उबें रावतकीर तेका दिशिल्लें, खंयच्या गांवठी गांवांत येवन पावलें हांव ! पूण एक दोन वर्सांतच तेणें ह्या गांवावांगडा बेसबरें जुळोवन घेयलें. ह्या गांवची गच्च रूखावळ, शेकानशेक पातळिल्लीं शेतां, उशेलां, न्हंयेकडचें तारयालें सादोवप, फाटीकडच्या दोंगरातलो उजवाड सावळेचो खेळ तेका भोव मानवलो. एक सवणें

फाटल्या दोंगरार तिनसांजकात्रेर सद्दां रडतालें. तें रडें आयकतकीर मात ताजें मन पिसावतालें. कुळारचो साद कानार पडिल्लेवरी मन रसमावरी ल्हवल्हव जातालें. त्या रडवान तर ताका ह्या गांवांवांगडा सारकेंच बांदलें. आतां तर तें ह्या गांवांत एकजीव जालां. कोणाचो बैल खंयच्या धेंगणांत वागान मारिल्लो, मुळसांत आशिल्ल्या चारपांच गुडींमदीं खंयची गुडी खंयच्या देवाची हें तेच्या पुर्वाचारासैत तें सांगूंक तांकता.

आतां व्हडें शीड सोडोवन वयले वाटेक लागिल्लें. हें व्हडें म्हज्या मामाल्या, म्हज्या कुळाराच्या गांवच्यान बंदरां करीत करीत येयलां. ताजो जीव आकुळपिकूळ जालो. ताणें नाकापुडयो फुलोवन न्हंयवटच्यान येवपी वारो परमळ कसो हड्ड्यात भरून घेयलो.

माम आकाड्यांत येवन उबो रावलो आनी ताणें भाचयेक 'शारदा' म्हण उलो मारलो. शारदान सूप थंयच उडयलें आनी 'मामा' म्हण तें धांवन म्हऱ्यान गेलें. तेच्या 'मामा' ह्या उतरांतल्यान म्होंव गळिल्लेवरी जालें. देवाचे म्हऱ्यान वचून उबें राविल्लेवरी शारदाल्या दोळ्यांत मोगाचे खोशयेचे कळे फुलले. हांसताना, उलयताना जशी चंदरजोत पर्जळताली.

'मामा, आतांच देंवला तूं व्हड्यांतल्यान?'

'हय, चारवर रातीर बशिल्लों. आतां वोत तापलें पळय. तरी वारो तायट आशिल्लो म्हण वेगीं पावलों.'

'मामा, सगळीं बरीं आसात मुरे? मामीबीन?'

'हय.'

माम उब्याउबोच सुकिल्लेवरी जाल्लो. पानां सगळीं हळदुवीं जावन रूख पानां गळोवंक रावला असो तो दिस. आंगावयली कात काळशी रांपिल्ली, वोतांत पावसांत आळीपाळीन सुकोवन भिजोवन काडिल्लेवरी.

'मामा, भागलो मुरे तूं सारको. शेताभाताच्या वावराचो त्रास जाता दिसतलो. शेतभात, गोरूंवासूर सगळें एकल्यानच पळोवप.'

'चेडो खंय गो तुगेलो?'

'शाळेक. अंदूच शाळेक घायला तेका.'

'बरो जाला आंगान?'

'तसोच तो. बापायवरी किडकिडीच.'

'खंय गेला केशव?'

'उशेलांक उदक काडूंक.'

'राट केन्ना घडयलो?'

'जाले पंदरा दीस.'

माम बंदरार देंवन येताना वाटभर कितल्याश्याच राटिंचो कर्रकर्र आवाज, कोळमेंतल्यान रखयिल्ल्या उदकाचो घसघस आयकतालो. ताणें मनांत म्हणिल्लें, 'ह्या गांवचे लोक भोव कस्टी दिसतात. उशेलां चय कशीं जोमान वाडल्यांत.'

शारदान मामाक भितर आफोवन हाडून बसूंक मानरी घालून दिली. मगेर तें मामा म्हऱ्यान बसून फाटल्यो फुडल्यो खबऱ्यो उलोवंक बसलें. कांय वेळांतच ताणें कितें विचारलें ना, आनी कितें सांगलें ना मामाक ! मामाल्या दारांतल्या साकर आंब्याची खबर धरिल्ली, कुळरच्या भोट्या रामाची खबर लेगीत ताणें विचारली. रामाली आवय भायर पडली म्हण कळटकीर तें कितलें चुरचुरलें. आतां पोराचें कशें जातलें म्हण दुखेस्त जालें.

'मामा, मामी आसा मुरे बरी? फाटीं तिचीं धोंपरां सुजिल्लीं. कशीं आसा आतां.'

'आतां जल्माचेंच तें. एकेक दीस वयता तो खरो.'

'घरांतलेंय तुजेरच पडटा मामा?'

'ना. मामी करता इल्लें कुटत कुटत.'

शारदा आयकोन खंती जालें. माम म्हजो भांगरागुणांचो ! आई गेले उपरांत तोच आमचो आई जाल्लो. आईचेच मायेन आमचेसरीं वावुरलो. तोच आतां त्रासांत. भाचयेचे यादीन आयज हिंगा पावला. शारदालें काळीज म्होंवादिवे पर्जळिल्लेवरी मामाच्या मोगान मायेन भरून येयलें.

मागीर तेका सटकन उगडास जालो, अरे हांव पिशावरी तशेंच खबऱ्यो करीत आसा. मामाक तानेकय कांय दिलें ना. तें भितर गेलें. बशयेंत बशीबर पातळ गोड आनी उदका तामयो घेवन येयलें.

'इतलें कित्याक हाडलां गो बाय' म्हणत मामान बशी उखलली. अर्देक बशी ताच्या हाताच्या तायटार रखोवन घेयली आनी भुरूक भुरूक करून तें गोड खायलें आनी वयल्यान उदक पियेलो. पावळेंत वचून हात धुवन येवन धोतराच्या सोग्याक हात पुसलो.

घरा सरभोंवतणी इतली गच्च रूखावळ आशिल्ली की ह्या एकाच घराचो हो एक गांव अशें दिस. फक्कत आंगणांतल्यान खांदये - ताळ्यांतल्यान न्हंयचो चकचकपी पट्टो दिस्टीक पडतालो.

'बाय, तुका एकल्याकच हाडून ह्या पयसुल्ल्या गांवांत दिलें. सामक्की दिसभराची वाट.'

'जावं मामा, घर वायट मेळ्ळें ना. मांय बावडी मेली. बरी करताली म्हाका. कितेंय चड उणें उलयल्यार चेड्याकच धपकायताली. हातानय सदळ आशिल्ली. परबेक, जत्रेक पोळीपीठ केल्यार चार दीस खावन सरनासले.'

'घोव कितें म्हणता?'

'ताका जेयल्यार धेंकर दिवंक फुरसत ना. सकाळ धरिल्लो सांज मेरेन कामाक. सरदे जालें म्हणटकीर वांयगण. ते भायर इदळ, पोरसूं, उशेल.'

'जावं कश्ट केल्यार धन न्ही! कश्ट करी तो मनान हरी.'

'तशें म्हणूं नाका आं मामा. राग उणो येयना तेका. राग नासल्यार देव आनी राग येयल्यार देवचार. उल्याक फार्टीफुडें जावंक फावना.'

वासरेंत एका कोनशांत नांगराच्यो तीन रिशी उब्यो करून दवरिल्ल्यो. वजें बांदिल्लें तशेंच आशिल्लें. बेलमाडाच्यो लोखण कश्यो काळे किळशीच्यो रिशी. नव्योच तासून हाडल्यात कश्यो दिसताल्यो. पळोवन मामालो जीव चिटमुटलो. मामालीं दोनच नांगरांचीं घडपां आसलीं. एकाची रीस झरून झरून सकयले नाकेच गेल्ले. दुसरे रिशीक मर्दीच फूट येयिल्ली. तांचेरच माम कशेंबशें चलयतालो. आतां रिशी खंय सोंपेपणान मेळतात? रानांत वचून बेलमाड मारूंक आतां मामाल्या बावळ्यांक खंय शक्त आसा? बेलमाडाच्या मुळार कुराड मारल्यार ती लोखणार मारिल्लेवरी सुणकन्न फार्टी येतली. ताका बरे ताकदिचे हात जाय.

'बाय, नवेच रिशीचें वजें मुगो?'

'हय मामा. पयरच हाडून दवरल्यात. हाणी आनी गोविंदभायान मेळून वयल्या रानांत एक बेलमाड मारिल्लो. तीन दीस बुतो घेवन वयताले रानांत. ताच्या मुळाच्यो स रिशी पडिल्ल्यो खंय. तीन आमकां मेळ्ळ्यो, तीन गोविंदभायान घेयल्यो.'

मामान मज घेवन रिशी तोखेत म्हटलें, 'काय बऱ्यो सणसणीत घटमूट रिश्यो. लोखण हें लोखण. धा वर्सां जोताक बांदल्यार मर्ण ना.'

इतल्यान केशव येयलो. तेणें येताना उशेंलांतल्यान देठो काडून हाडिल्लो. हो बचका येदो मोटो आनी मनशा येदो ऊंच देठो. ताणें तो आंगणां मेरेसरी दवरलो आनी माडाअळ्यार वचून हांतपांय धुले. शारदान दारांत येवन म्हळें, 'माम येयला हळेबागच्यान.'

खांदावेल्या तुवाल्यान तोंड पुशीत केशव भितर येयलो. ताणें भोव आगत्यान मामाक पाचारलें, 'बरो मूं मामा, बलांवार येयिल्लो हेदोळ? बलांव बंदराक लागिल्लें चयल्लें हांवें. बरो आसा मूं? लुंवन मळून जालें?'

'हय. शेताचो वावर मातसो थाऱ्यार पडतकीर म्हटलें वचून येवंया भाचयेगेर.'

'बरें केलें मामा. अशे मुद्दम येयल्यारच पावचेले न्हू. पूण हांव मातसो अणशेर वयतां. एक रेड्याचें जोत दिवचे आसा खंय. दोनय बैल बडतणाक पडलात. तेंच्यान येता त्या वर्साक आनीक जोत ओडूंक जावंचें ना. आदींच गादड चिखलाची जमीण आमची. पयर वांयगण रोयताना तांबडो स तास फावट गोठलो.'

'खरें तें. तुमच्या ह्या गदड शेताक रेड्यालें जोतच जाय. वचून खबर काडून यो.'

'म्हाका दोन दीस लागतले. तूं रावतलो मुरे मामा?'

'ना, ना. हांव फाल्यां वयतलों. तूं वचून यो बर करून.'

'वचपाची इतली ताकतीक कित्याक करता तूं?'

'तण, शिर्वड तशेंच उकत्यार पडलां. गोरवां दवरचीं नात खावन आनी मस्तून. बेठोच खबरेक म्हण येयिल्लों हांव.'

'शारदा, पेज जाली...? वाड म्हाका आनी मामाक. पेजेवांगडा कितेंय केलां मुगो?'

'हय. देठे आनी वांयगीं घालून शाक केल्या. भिकू पागियाले बायलेन कोंणयो हाडून दिल्ल्यो गायण्यांक.'

'दनपरां जेवपाक कितें करता? मामा येयला. हांव काय उरचो ना. तूं अशें कर; गोविंदण्णाल्या चेड्याक शामाक वल्लेंत चार आटोव भात दिवन बंदरार धाड. कितेंय नुसतें मेळतलें. पनेळ घेवन कोणकोण गरोवंक गेल्ले दिस्टीक पडिल्ले.'

पेज जेवन केशव अणशे वचूंक भायर सरलो. खाकी मोटवें कालसांव वयर धवें खोमीस आनी खांदार तुवालो.

'एकलेच वयतले तुमी?' शारदान विचारलें.

'सकल्यावाड्यावेलो गणेश येता न्हू गो. ताणेंच खबर हाडल्या.'

'येता आं' म्हण सांगून तेणें सडसडीत थेंपां मारलीं. मामाक शेवटा मेरेन रिशीविर्शी विचारचें अशें दिसतालें. 'केशव तातुंतली एक रीस दी म्हाका. दोनय रिशी झल्ल्यात म्हज्यो.' पूण शेवट मेरेन तोंडांतल्यान उतर फुटलें ना. आतां बाय कितें म्हणता पळोवंया.

शामान न्हंयेकडेन वचून चार आटोव भाताक बरो अर्द हात पालू हाडिल्लो. दनपरां जेवन माम मातसो आड पडलो. झेम लागल्यार, त्यो रिशी हातपांय फुटिल्लेवरी भोंवतणी नाचतात. मर्दीच तांचो एकामेकांक आपटिल्ल्याचो सण्ण आवाज येता.

सांजचो तो भाचयेल्या चेड्याक अशोकाक घेवन देवळामळार वचून भोवन आयलो.

'मामा, मामागेली आमल फुलल्या?'

'हांव हालीं गेलों ना गडार बाळा.'

'ना मामा?'

'तुंवय म्हाका मामच म्हणता रे?'

'माम न्हूं तर तूं?'

'हांव तुगेल्या आईलो माम, तुगेलो आजो.'

'हांव तुका आजो म्हणचोंच ना.'

'कित्याक रे?'

'शामालो आजो हांथरूणारच न्हिदून रावता. खोकता खोकता आनी थंयच थुकता. बुरसो तो.'

'जाण्टो जाला रे तो.'

'जावं. पूण तूं म्हगेलो मामच. मामा, किन्नरांत शाळा व्हड आसा?'

'शा, इल्लीशी शाळा ती. तुगेल्या बाबाल्या गोठ्यायेदी.'

'शाळेमुखार पावसांत उदक भरता?'

'घोग्यांनी. फाटल्या पावसांत दिनू म्हण त्या भुरग्यालें शाळेचें दफ्तरच उदकांत व्हांवन गेलें.'

'खंय गेलें?'

'व्हावन न्हंयंत गेलें.'

'मगेर?'

'न्हंयच्च्यान समुद्रांत.'

'मगेर.'

'भिजून बुडून गेलें तें.'

'तो रडलो ना?'

'रडून कितें उदकांत व्हांवन गेल्लें मेळटा?'

देवळामळार भोंवन येवन ते तळये धडयेर मातशे बसले.

'तुगेलो बाबा मोटो फिशाल बाळा.'

'कित्याक मामा?'

'कितल्यो बेसबऱ्यो रिशी फोडून हाडल्यात ताणें.'

ते पर्थे घरासरी आयले तेन्ना शारदा दांत्यार दळूंक बशिल्लें.

'कितें करता गो शारदा?'

'सांजेच्च्याक कोणयो फोडून धबधबें करतां आनी दळिल्ल्या तांदळाच्च्यो भाकऱ्यो.'

'केशव आसल्यार बरें जावचेलें.'

'आसूं. तूं कितल्या तेंपान येयला. कांयच केलें ना जाल्यार म्हज्या मनाक लागतलें मागीर. तोवय उलयतलो.'

अचकीत कुशीक उब्यो दवरिल्ल्यो रिशी मामाल्या दोळ्यांमुखार चकचकिल्लेवरी जाल्यो.. तो मातसो अनमनलो, कचरलो. मगेर ताणें म्हळें, 'बाय शारदा, त्या रिशींतली एक रीस म्हाका दिशी?'

शारदान सट्कन ताचेकडेन पळयलें, दोळे चोरले शे करून ताणें एक व्हड मूठ मारली आनी दात्याच्या तोंडांत घाली आनी दांतें घुंवडायत रावलें. मदींच दातें थांबोवन तेणें म्हटलें, 'तो आसताना म्हणूंक जाय आसलें मामा. सामक्के जीव काय प्राण करून हाडून दवरल्यात तेणें ह्यो रिशी.'

'ना जाल्यार नाका बाय. फाल्यां तुका उलोवणें नाका.'

'पळयतां हांव मामा. कितें जाता पळयतां.'

'केशव संवतलो जाल्यार नाका.'

शारदान उतरां चाचयलेशीं करून म्हटलें, 'ना, ना. तो संवचो ना.'

पूण शारदा जाणा आसलें, केशव कितलो तोखेतालो आपल्यो रिशी. येयिल्ल्या गेल्ल्यांक रिशीचेर कोयतेची फाट मारून सण्सण् करून वाजोवन दाखयतालो आनी सांगतालो, 'हो शंबर वर्सांचो वेंग पावनासलो माड, आड घालूंकच एक दीस लागलो. फोडून रिशी काडता म्हणसर रटें फुटून गेलें. जावं आतां धा वर्सां हुसको ना.'

रातचें जेवन न्हिदिल्लेकडेन शारदा चिंततालें. मामान केन्ना ना थंय एक वस्त मागल्या. हांव जाल्यार म्हजें काळीज काडून दिवपी मामाक. पूण ती रीस दिल्यार तो काय वोगी रावचो ना म्हाका. पूण मामाक ना म्हणतलें कशें? माम म्हगेलो कितलो बरो !

माम पयलीं खूब ऊस करतालो. म्हगेले आईगेर ऊस नासलो. उशिचो घाणो पडतकीर माम उशिचो रोस, उशीकांडे, पातळ गोड माथ्यार मारून हाडून पावयतालो. मामागेर उशेल कातरलें म्हण कळतकीर आमी मामाली वाट पळेत रावतालीं. माम पयसुल्ल्यान येताना दिसतकीर घे धांवन वचून मामाल्या माथ्यावेलें, हातांतलें एकेक वजें काडून घेतालीं. मगेर आठ दीस घरभर आंगणांत उशिचीं चिपडां. उशिच्या रोसाची आई काय बरी पोळी करी?

माम केन्ना आमगेर येयिल्लो, पर्थो वयताना आई आंकाड्यांत येवन उबी राव. माम पयस पयस दोळ्यांआड जातासर ती दोळ्यांत जीव हाडून गेल्ले वाटेकडेन पळयत रावताली. तेन्ना आमी भांवडां मोन्यानच आईल्या पदराकबीन धरून उबीं रावतालीं...

दुसरे दीस सकाळीं उठटकीर मामान व्हडें येतलें म्हण ताकतीक केली आनी तो वचूंक तयार जालो. शारदान घोवान काल हाडिल्ल्या देठ्यांचें वजें बांदलें. दारांतल्या निरपणसाचे दोन पणस काडून मामाले पोतयेंत उडयले. भितर वचून एक नाल्ल फोडून तो कांतलो. तातूंत पातळ गोड घालून जाळार दवरून ताजें चुन्न केलें. तें केळीपानांत बांदून मामाल्या हातांत दिलें.

एका हातांत पोती घेवन आनी दुसऱ्या खाक्यांत देठ्यांचें वजें मारून माम वचूंक भायर सरलो. 'वयतां बाय!'

शारदालो जीव वयरसकल जालो. 'वयता माम? राव, मातसो राव मामा!'

ताणें कोयती घेवन रिशींच्या वजाचो वयलो पास कच्‌कन्न कापलो. एक बेस बरी रीस काडून मामाल्या हातांत दिली. 'व्हर मामा.'

मामान रीस हातांत घेयली आनी म्हटलें, 'केशवाक सांग, मामान एक रीस व्हेली म्हण.'

माम मातसो मुखार गेलो आनी तेणें फार्टी वळोन पर्थे म्हटलें, 'तुका संवचो ना मुगो तो?'

'ना माम व्हर तूं.'

मामान ती जड रीस एका हातांत तोलून धरून सडसडीत बंदरावटेन धेंपां मारलीं. माम नागेली आंब्याच्या मोण्णार पावतकीर शारदान सादोवन म्हळें, 'माघा, पुनवेच्या जत्रेक मुद्दम यो मामा. मामयेक कारवारा व्हरून एक फावट तपासून हाड...'

ताणें मगेर भितर येवन हातरा कवळो रिशीर दवरून त्यो लिपयल्यो. घोव पर्थो येतकीर रोखड्योच दिस्टीक पडच्यो न्हय म्हण. ताज्या काळजांत सामक्की भिरांत आनी धाकदूक! संवलेबगर रावचो ना तो !

दुसरे दीस दनपरां केशव पर्थलो. माडा अळ्यार पांयार उदक उडयताना तो तणतणतालो, 'त्या पाड पडिल्ल्या गणेशाल्यो खबरी; बारा म्हशी तर तेरा गडगडयों. आगो, ते रानांत नाटां ओडपी रेडे. हो एकेक हत्ती येदो रेडो. तेका खावड घालूंकूच दिवाळें वाजयेले. शा, बेठीच फावट फुकट.'

शारदाचेर सामको कलकल. पूण ताका रिशीविशीं सांगूंक जाय !

केशव जेवन आड पडचे पयलीं मातसो वासरेंत बसलो. शारदा ल्हवच मुखार येयलें, 'माम गेलो काल सकाळींच.'

'गेलो? राव म्हणचें न्ही.'

'गेलो तो. म्हणिल्लें, पूण गेलो तो. वयताना तेका हांवें ती एक रीस दिली.'

केशव बशिल्लेकडच्यान सट् करून उठलो. ताणें हातराचो कवळो कुशीक काडून रिशी पळयल्यो. वज्याचो पास तुटिल्लो आनी थंय दोनच रिशी आशिल्ल्यो. केशवाची तिडक मस्तकाक पावली. तो उसळ्ळो, 'कित्याक दिली तुवें रीस? कोणाक विचारून दिली? काय बरी रीस. हांवें हरहर करून त्रास करून हाडलो आनी तुवें दिली?'

'दिल्यार दिली एक मामाक.'

'वयल्यान तोंड घेवन उलयता?'

केशव झिडपूनसो मुखार गेलो. तेणें एक शारदाच्या तोंडाबराबर थापट दिलें आनी ताका धुकलून उडयलें.

शारदा आतां थंय रावलें ना. भितोडेक जळोव भरिल्लो थंय वचून वोग्गी बसलें. पूण तें फुगलें ना, रडलें ना. ना म्हणपाक तेका ल्हवपीक दिसूंक लागिल्लें. जावं, मामालें तरी काम जालें. तसोच गेल्यार म्हगेल्या मनाक लागता आसलें. माम कितलो बरो म्हजो. ताजेखातीर हांवें एक थापट खायलें म्हण कितें जालें?

घोवालो राग थंड जावं म्हण तें भितोडेक कांय वेळ बसलें. मगेर भितर वचून तेणें उश्ट्याचीं आयदणां पुंजायलीं आनी तीं तें धुवंक माडा अळ्यार घेवन गेलें.

सांजचो केशव आंगार शर्ट चडोवन भायर सरतालो. आंगण काडून वयता वयता तेणें म्हटलें, 'हांव मातसो दुकानावटेन वचून भोंवन येतां.'

शारदान बेगिबेगीन सांगलें, 'येतना एक उदबत्ते पुडो घेवन यो. सल्ला.'

***

दूख

प्रभान तांदळाची थापिल्ली भाकरी तव्या वयल्यान काडली आनी चुलिंतल्या रखरखीत इंगळ्यांत सरकायली. भाकरी आर्दी पोट्टभर फुगली. बरें दिसलें प्रभाक. मगेर अचकीत भाकरी एका पदरान फुटली आनी तातुंतल्यान सूऽऽ वाफ भायर पडली. बेगीबेगीन भाकरी चुलिंतल्यान भायर काडूंक गेल्यार तागेलो हात इंगळ्यांकच लागलो आनी हुलपलो. हात सट् करून भायर काडून फूंक मारीत ताणें फापुडलो. इतल्यान भायर धेंगसो घातिल्लेवरी घोवाचो उलो आयकोंक येयलो.

"प्रभा, जाल्यो नात भाकऱ्यो भाजून? चूलच घेवन बसता काय भायल्याय वावराचें कितें चयता? बेगीन आटाप. खळाक वंय घालूंक खूंट हाडूंक रानांत वचूंक जाय. फाल्यां हातांत विळो घेवन लुंवणेक पडल्यार रानाचें नांव काडूंक मेळचें ना."

प्रभान रांदचे कुडितलें बेगीबेगीन आटापलें. घोवाक, नण्डेक चाव भाकरी दिली. आपुणूय ताकतिकेन एक भाकरी खावन घेतली. मांय परवत निकतीच धोंपरा धरून उठिल्ली आनी दातांक मिसरी लायताली. 'तुगेली चाव चुली मुखार इंगळ्यार दवरल्या गे...' म्हणत ताणें साक खांदार उडयलो आनी तें घोवाफाटल्यान रानांत वचूंक सुटलें.

नण्डेन फाटल्यान म्हटलें, "वयनी, हांव वयतां आज. भाऊ, हांव वयतां रे."

प्रभा फाटीं फिरलें आनी नण्डे म्हऱ्यांत येयलें. "आजच कित्याक वयता गो? राव आनीक दोन दीस. येवन चार दिसय जाले नात मुगो." मोगान ताणें नण्डेले फाटीर हात दवरलो.

भायर माडाआळ्यासरीं बशिल्ले मांयन म्हटलें, "तेगेल्या गांवांत येन्नादर लुंवणेक मुठय जाल्ली आसतली. शेतां पिकून रसरसतात आनी तें कुळाराक पडून रावल्यार कितें म्हणटले?"

"अजयाक सांबाळ गो बाय" म्हणत तें रानावटेन वचूंक गेलें. घोव बरोच मुखार पाविल्लो. ताणें धांवत धांवत वचून घोवाक मेळोवन घेतलें. आनी ताचेर शीण काडलो, "बायल फाटल्यान येता काय खपल्या तें पळेयात तरी. रथाक बांदिल्ल्या घोड्यावरी चल्ले आपले."

घोवाल्या तोंडावेली शिरय हालली ना. तो वोग्गी कांय पावलां गेलो. मगेर तोंडांत पुटपुटिल्लेवरी ताणें म्हटलें, "घोडो खंय घोडो. आयज दाखयतां तुका घोडो. वयल्या रानांतच व्हरतां आज."

आयकोन प्रभा भियेलें. "म्हज्यान येवंक जावचें ना हां त्या वयल्या रानांत. ती खडवणाची फातरवाट म्हज्यान चलूंक जावची ना! वजें तकलेर घेवन देंवती देंवताना कंबर भरून येता."

घोव कांय उलयलो ना. मोन्यानच लांब लांब धेंपां उडयत चलूंक लागलो. घटमूट आंगापोंगाचो घोव भास्कर चलतना भूंय घुप्पघुप्प हालताली. दाव्या उजव्यान पळयनासतना तो नीट नाकामुखार चलतालो. भोव उणें उलोवपी तो. राग येयल्यार मात आकांताचो झिडपतालो. बुरश्यो बुरश्यो गाळी संवतालो. प्रभा ताच्या गाळींकच भियेतालें. ताका राग येवंचो न्ही म्हण शादूर रावतालें.

तीं रान आनी गांव हांचेमदीं पातळिल्ल्या शेतांतले मेरेन चलतालीं. दोशींवटेचीं शेतां पिकून शेताकेर हळडुवो जाल्लो. भरिल्लीं कणसां बागवल्लीं. आतां एक दोन दिसांत मुठय करून लुंवण घालूंक जाय. खरें म्हटल्यार इतले दीस लुंवण पडचेलीच. पूण पावस इल्लो लांबलो. शेतांत उदक भरिल्लेंच. आतां गेल्ले चार दीस आसर आसा. बरें वोतूय पडटा. आतां जाता तितले बेगीन लुंवण घालूंक जाय. गांवच्या लोकांचे हात हातांत विळो घेवंक शिंवशिंवतात.

शेताचो केर बळाटून वयतकीर घोव रानाधडेचेर वचून थारलो. फाटीं वळोन शेतां पळयत तीं तोखेत तो म्हणूंक लागलो, "भांगर रखून पडलां शेतांत. हें आतां

पावस, वाऱ्यापसून, सुकण्यां-सावदांपसून राखून काडून घेवंक जाय. पावसान इल्ली कुर्पा केल्यार पुरो. एक वर्स जाणा, पावस विळो मारूंक दियनासलो. लुंवन घातलें रे घातलें, घे! घोऽऽ करून पावस. खिणाक वोत खिणाक घोग्यांनी पावस. सगळी धांदळ लोकाची."

तो रानावटेन चलूंक लागलो. मुखावेली चडटी चडटाना ताणें परतें म्हटलें, "तुका सांगतां, फौजदारालें चेडूं म्हण तुजी चड अपुर्बाय नाका. लुंवण पडटकीर कंबर बांदून कामाक लागूंक जाय. एक फावट घेतिल्लो ओणोव वयर काडप ना."

आयकून घोवाची ताका तिडकच मारली. मनांतल्या मनांत तें फडफडलें. उतरापावलाक फौजदारालें चेडूं! दाखयतलें तुमकां हांव फौजदाराल्या चेडवाली कापास्ताद ! अशें कोणें फौजदारालें चेडूं म्हण हिणसायतकीर ताका राग येतालो. फाटीं तें शेतात नेर काडटालें. नेर काडूंक घातिल्लो. भांगो मातसो वांकडो गेलो. शेतामेरेवयल्यान वाड्यावेल्यो दोगी बायलो वयताल्यो. तांतले एकलेन म्हटलें, "प्रभावतीलो भांगो पळय कसो कोकस्तानांतल्यान पाकिस्तानांत पावलो." त्यो दोगीय खूब हांसल्यो. दुसरेन मुखार म्हटलें, "फौजदारालें चेडूं तें. पावचेलेंच. तुगेवरी कितें धुल्लगाळयेंतच पडून रावतलें?"

प्रभाक असो राग येयलो, पूण तें दांत ओंठ चाबून वोगीच रावलें. मनांत म्हटलें, "दाखयतलें हांव तुमकां फौजदारालें चेडूं म्हणटा तें कितें तें ! आदीं शिकून घेतां हांव शेताचो सगळो वावर नीट. जाणवायो नाकात तुमच्यो !"

बारीक काळें सावळेंशें पूण दिसूंक गोड सोबीतशें प्रभा. उलयतालें उणेंच. भितरले भितर गांठी घालीत रावप. केन्ना बिलंदर कशा दोळ्यांनी तेळप आनी मनांत सगळें सांचून दवरप. भितरले भितर आजुबाजुच्या लोकावांगडा एक झगडें. ह्या झगड्यांत हांवच जैत व्हरतलें असो एक हटी हावेस !

हय, फौजदारालेंच चेडूं तें! तागेलो बापूय चकचकीत दोन नखेत्रांचो फौजदार आसलो. घरांत कामाक सरकारी आर्डरली आसलो. दारांत जीप येवन थारताली. जिपींत बसून तागेलो बापूय पोलीस ठाण्यार वयतालो. तागेल्या बापायलो दरकार सगळ्या गांवार चलतालो. तेंवय कडकडीत युनिफॉर्म घालून, खांदाक जीनचें बॅग मारून शाळेक वयतालें. हाफपेन्ट घालून खेळाच्या मैदानार खेळटालें. घरांत टेप लावन भांवडां वांगडा डिस्को नाचतालें.

पूण खिणांत सगळें नाच जावन गेलें. तें धावेक आसताना एक मोठें संकस्ट

येयलें. तागेलो बापूय लांच घेताना रचिल्ल्या सांपळ्यांत शिरकलो. उपरांत ताका कैद करून जामिनेर सोडलो आनी सस्पेंड केलो.

घरांत सदांच कांच, हुसको आनी निर्शेणी ! एक दुख्खाचें राज्य ! प्रभा हातांत पुस्तक घेवन खंयतरी कोनशांत बसून आसतालें. दोळ्यांमुखार पुस्तक पूण नदर भियेल्ली. पुस्तकांतल्यान उठून गेल्ली. बरें हुशार चेडूं तें पूण धावेक दोन फावटीं नापास जालें.

तीन चार वर्सां तरी कोर्टांत केस चलताली. केशिच्या दगदग्यान आनी मनस्तापान बापायची दैना जाल्ली. केसिचो निकाल लागचे पयलींच एक दीस बापूय भायर पडलो. तो निर्दोश थारिल्लो. पूण पळोवंक उल्लो ना.

चवगां भांवडां तीं. व्हडल्यो तीग भयण्यो आनी निमाणो एक भाव. मगेर मामाल्या आदारान आवयन ह्या वाडिल्ल्या तिगांय चेडवांचें ताकतिकेन खंयचे खंयूय लग्न करून उडयलें.

आपणाक खंयतरी व्हरून गोळाक लायतात हें प्रभाक होलमतालें. पूण तोंड धांपून वोगीच रावलें. वोग्गी लग्न जावन भास्करा वांगडा ह्या गांवांत येयलें. भास्कर हो आवय बापायलो एकलोच पूत. साताठ खांडयेचें घरचें शेत आसलें. शेतारच वर्सभराचें पोट. तांचो शेताचो वावर भोव चोख आसलो. खळार एक भाताचो आसो, तणाची काडी भायर पडूंक दियनासले. मेरो धारो, कस, खाण्णी, सामकी जुस्ताजुस्त. बापूय जाणटो जाल्लो खरो पूण शेताच्या वावरार ताची सामकी देखरेख आसताली. सोता शेतांत देंवन कामां करतालो. लग्न जावन येयिल्ल्या आठच दिसांनी मांवान ताका म्हणिल्लें, "तूं चाकरेशिपायालें चेडूं. पूण आमी शेतकार. आमचो धर्म वेगळो. घर तशी सून. खांब तशे आडे. आमच्या शेतांतले दिपळे घट गादड. फोडटना रटे फुट्टले. नाट आसा. नडणी आसा. लुंवण आसा, मळणी आसा. थंयचें काम चुकूंक येयिल्लें ना."

आयकोन प्रभाक भितरल्यान शेळो घाम फुटिल्लो.

फक्कत देडच वर्स जालां तागेल्या लग्नाक. देड वर्सांत तनमन ओतून तें शेताभाटाचो वावर शिकत आसा. केन्ना नज जाता, नाका दिसता. पूण सामक्या किंवाट्यान तें सोताक वावरान घुस्पावन घेता.

चडटी देंवती करीत आडवणाचे आनी खडवणाचे वाटेन घोव ताका बरोच पयस रानांत घेवन गेलो.

थंय ताणें झांब्याचे, माट्टिचे, गाळयेचे, किंदळाचे उब्बे खूंट मारले. घोवान मारिल्ले खूंट प्रभान एकठांय हाडून घातले. तो सारक्के खूंट मारता तें पळोवन प्रभान मनांत म्हटलें, कित्याक हो हे अशे खूंट चांचयता? कोणाच्यान तकलेर घेवंक जातले ते !

खूंट मारून जातकीर भास्करान ताका नीट धोमे काडून ते दोनकडेन दाळ्ळे. मगेर कुशिचे झिलींत रिगून बऱ्यो सापडवाली काडून हाडल्यो. घट पास घालून दोन वजीं बांदलीं. वजीं बांदून ताणें म्हटलें, 'हें वजें तुजें.'

वजें पळोवन प्रभालो आवरोच उडलो. हे चवदा पंदरा मोट्टे खूंट. देवा, जातले हे म्हज्यान तकलेर घेवंक? पूण तें कांय उलयलें ना. घोवान माथ्यार दिल्लें वजें ताणें मोन्यांनी घेतलें. वजें माथ्यार घेतकीर ताची मान बरीच वेळ कडकडली. मगेर कशेंतरी एक फावट वजें माथ्यार थीर जालें. मगेर ताणें एकेक करून धेंपां मारलीं. दर एक धेंप राखून घालचें पडटालें. इल्लें मुखार वचून ताणें फाटीं वळोन पळयलें, घोव आपलें वजें कुंथनत कुंथनत उखलून माथ्यार घेतालो. तागेलें वजें प्रभाल्यापरस बरेंच व्हड आसलें. प्रभान म्हटलें, 'येतात न्ही? हांव वचूं मुखार?"

"वच, वच. हांव फाटल्यानच आसां."

तें चलूंक लागलें. वयर सकयल चडटे देंवतेची वाट. तातूंत वाटभर फातरांचे कोच्चे. तकलेवेलें वजें सांबाळचें पडटालें आनी वांगडा पावलय राखून घालचें पडटालें.

चलतां चलतां ताचें कंबर आनी फाटीकणो भरून येयलो. आज वजें खरेंच जड आसलें. माथ्यावयले चुंबळींतय जसो उजो पेटिल्लो. मदींच तें माथ्यावयलें वजें थंयचे थंय खेळोवन चुंबळींतली ऊब काडून उडोवंचेलो यत्न करतालें. सगळे कुडिच्या कणाकणाचेर एक सारकोच भार, एकसारकीच दूख ! सगळी कूड सुन्न! वज्यापोंदात जशें तें नाशिल्लेंच. फक्कत पावलांतच इल्लो जीव. जशीं पावलांय ताका ओडून घेवन येतालीं. गुंगी येयिल्लेवरी तकलेंतलीं चिंतनाय पयस पाविल्लीं...पयस पोलीस ठाण्यालागिंच्या बापायल्या बिराडार...

...हें पळय बाबा, म्हाका ऊंच हुडयेंत हें सर्टिफिकेट मेळ्ळां. पयलें येयलें हांव बाबा...गुड्...व्हेरी गुड्. तुका समते पोलीस इन्स्पेक्टरच करतलों हांव....ही हाफूस आंब्याची पेटी कोणें हाडून दिली...पळय कितले पिक्के हळडुवे आंबे...ए रश्मी तुका जाल्यार ती अखखी कॅडबरी घे पूण म्हाका ती कॅसेट दी...ती लावन

म्हाका भरतनाट्यम् करूंक जाय...ताईबाय तूं रडटा कित्याक गे... येद्दो व्हडलो देवाचो देव राम तेका वनवास चुकलो ना...! तकलेवयलें वजें खिणाखिणाक जड जायत वयतालें.

चिंतनाच्यो हारी - घुंवळ येवंक लागिल्लेवरी केन्ना पयस, केन्ना तकलेंत मुंयो चरिल्लेवरी घुसपल्ल्यो. वज्याचो भार, तकलेंतलीं चिंतनां आनी भोव पुरो जावन जिवाक लागिल्ली माण्णी...रानय अशें गच्च झाडाझोपांचें, दोशींवटेच्यान किण्ण एकसुरी भिरांत आंगार येताली. कोण फाटल्यान खंय पावला तेंवय कळनासलें.

आडवणाची देंवती देंवत तें सकल्ल्या धेंगणांत पावलें. आनीक इल्लें मुखार वयतकीर पयलें पेणें, थंय असणारूखाक वजीं तेंकोवचीं. मातसो विसव घेवंचो आनी परतीं वजीं घेवन मुखार वचचें.

ही वाट भोव फातरट. फातराचे कोच्चे जंय थंय वयर सरिल्ले. पांयातलें जोतेंच पांयांत थारनासलें. मदींच ताचो उजव्या पांयाचो वोंगठो एका फातराक सण्ण करून आपटलो आनी वोंगठो फुटलो ते सरशीं ताचो तोलय गेलो आनी माथ्यावयलें वजें पयलीं खांदार पडलें आनी मागीर पांयार झरकटत सकल पडलें. प्रभा आवयस्स करून वोंगठो धरून सकल बसलें. वोंगठो फुटून मुखावलें नाखूट उसावल्लें आनी तातुंतल्यान रगत व्हांवतालें.

घोव फाटल्यान आशिल्लो. ताणें कुशिच्या एका रूखाक आपलें वजें तेंकयलें. ताचेसरीं येत ताणें म्हटलें, “नीट पळोवन चलूंक जायना? मळबार नदर लावन चलतालें कितें?”

“तकलेर वजें. पांयापोनाक फातर. कितें करूं हांव!” ताच्या दोळ्यांत दुकां उबीं राविल्लीं आनी तें दुखीन सामकें सोशेतालें.

“हे आडवाटेर कितें करतलों तुगेल्या बोटाक? रगत तर व्हांवत आसा. वजें हिंगाच दवर तूं. झाडाक तेंकोवन दवरूंया. तूं तशेंच चलत घरा यो. आसूं तें वजें.”

“रावात. मातशे रावात.” तें बोट थातारून दूख उणी करचेले यत्न करतालें. घोवान तागेलें वजें कुशीक व्हरून उबें केल्लें.

कांय वेळान तें उठलें. “दियात वजें म्हजे तकलेर. व्हरतां तें हांव.”

“वजें आसूं म्हटलें न्ही. बोट फुटलां तुगेलें.”

"ना. हांव व्हरतलेंच वजें. रितें परतें वचचें ना."

"जावचें ना तुज्यान फुटिल्ल्या बोटान."

"व्हरतां जाता तशें. वजें अर्दवाटेर उडोवन अशें वचूं!" तें उठलें आनी वज्यासरीं गेलें. ताणें म्हटलें, "धर तूं वजें म्हाका."

घोवान मोन्यांनीच वजें उबें करून ताचे तकलेर दिलें. तें कुंटत कुंटत दर एक पावल राखत चलूंक लागलें. दर एका पावलाक तकलेमेरेन पावपी दुखिचो वोग. ना, हारचें ना हांव हे वाटेर...कशेंच हारूंक फावना हांव...दर एका पावलाची दूख अख्खे सोशिकतायेच्या मापान मापत तें अर्द पाऊणवर तरी चलतालें.

घराकडेन पावतकीर बागांतल्या पांगऱ्या रूखाक वजें तेंकोवन तें वासरेर वचून बसलें. एका कोनशांत मांवान निकतेच दातरें घालून पाजून हाडिल्ले विळे आशिल्ले. फाटीसरीं काळे पूण धारेसरीं धवे चकचकीत. दिसतालें, हाचेवयल्यान मातशें बोट फिरयल्यार बोट कच् करून कापतलें! ते विळे पळयले आनी प्रभान कच् करून आंग काडलें.

बोट धरून बसलां तें पळोवन मांय बेगीबेगीन भायर येयली. बोटावेलें रगत सुकिल्लें आनी ताचेर धूळ बशिल्ली. आतां तें चडच विद्रूप जाल्लें. मांयन म्हटलें, "आगो, कितें करून घेवन येयलां हें? नीट पळोवन चलूंक कितें जाता तुका? आतां लुंवणेचो भार आंगार येयला आनी तूं हो बाव घेवन येयलां?"

मांव खंयतरी आशिल्लो. तोवय येयलो. ताणें म्हटलें, "आतां पांय धरून बसतलें तें घरांत. सगळो लोक शेतांत आनी शेंवतें बसलां घरांत. सायबालें चेडूं! ताका आनी आमी कितें सांगतले? आमी म्हातारीं हाडां आसात न्ही घरांत ! आसात तो मेरन झरतलीं." मगेर एकदम आवाज चडोवन ताणें म्हटलें, "आतां कितेंतरी करात त्या बोटाक."

मांय आतां एकदम म्हऱ्यांत येयली. "ऊठ, चल, कुमूदबाईकडेन कसलोय मलमाचो टूब आसा काय पळोवया. पेखूंक जाय बेगीन. लुंवण तोंडार येयिल्ली आसतना हें, कशें जातलें?"

प्रभा जिवाक वाजल्लेवरी उठलें. न्हाणयेखोंपीत वचून पांयाचेर थंड उदकाची धार धरून वोंगठो मातसो धुवन घेतलो...पालवानच तो मातसो पुसून घेतलो.

कुमूदबाईसरीं गेल्यार तिगेलीं आंगणवाडींतलीं भुरगीं निकतींच गेल्लीं आनी तिवय हातांत कुलप घेवन दाराक चावी घालूंक वयताली. ही वयतकीर ती

बेगीबेगीन भितर गेली आनी एक व्हडलोसो ट्यूब घेवन आयली. तो तिणें प्रभाले जखमेर चळ् करून पिळ्ळो. धवें धवें मलम वोंगठोभर पातळ्ळें. प्रभान 'इतलें कित्याक गो पिळ्ळें?' म्हण विचारल्यार ती म्हणूंक लागली, 'पेखतलें बेगीन. लुवंक वचूंक जाय मुगो तुका? म्हजो बाबा लुवंक येयना म्हण संवतली फाल्यां म्हाका. पूण हांव कितें करूं? गांवचीं सगळीं कांचिबुचीं फालसान हांगा पळय. लोक सगळो शेतांत आनी तांचीं भुरगीं हांवें सांबाळचीं. जावं. लोकांचें तरी बरें जावं...."

रात् जाता म्हणसर वोंगठो बरोच सुजलो आनी चडच दुखूंक लागलो. पूण तें वोग्गी रावलें. तोंडांतल्यान उस्वासय काडलो ना. दुसऱ्या दिसा सकाळींच मांवान कोनशांत दवरिल्ले विळे उखलले. आपणालो विळो काडून घेवन बाकीचे तीन विळे वासरेर मुखावयल्या खांब्यासरीं दवरून म्हटलें, "हांव वयतां मुखार. केळी शेतांत वचून मुठय करतां. येयात तुमी बेगीन."

तो चलूंक लागलो. चलतां चलतांच तो म्हणटालो, "सकाळींच इतलें बेस वोत पडलां. लुंवणे तेंपाक असलें वोत म्हटल्यार नशीबच. मुखाल्ले पंदरावीस दीस अशें मळब उक्तें उरल्यार पुरो. सगळें नीट थाऱ्यार उडोवं येतलें."

प्रभान वासरेंत उबें रावन एक फावट मांवाकडेन पळयलें आनी मगेर आपणाल्या फुटिल्ल्या वोंगठ्याकडेन. एकदम ताच्या काळजांत खप्प जालें. मांवा फाटोफाट घोवानय आपलो विळो घेतलो आनी तो चलूंक लागलो. तोय भायर सरतना म्हणटालो, "पावस ना तेन्नाच सगळें ताकतिकेन आटापून घेवंक जाय. एक फावट शेतांत उडी घेतकीर सगळें थाऱ्यार घालुनूच वयर सरप. पावस पडल्यार मात विटंबना." ताणें वयतना बायलेक योय म्हटलें ना आनी येवनाकाय म्हटलें ना.

भितर मांय गणयताली, "घाटार दर येतकीर मांजारार गोणी घातिल्ल्यो खंय, तसली गत ह्या लुंवणे तेंपाक. पाताळ खणून काडलें तरी एक कामदार मेळचो ना. घरांतलींच मनशां आपलें रूंव फुंकत बसल्यार भायर आनीक कोणाक सोदूंक वयतलो?"

प्रभा मुखार सरलें आनी ताणें आपलो विळो उखललो. पदर नीट खोवयलो आनी तें शेतावटेन कुटत चलूंक लागलें. दर एक पावलाक मरणाची दूख उठटाली. पूण किंवाट्यान तें पावल उडयतालें.

पळोवन मांय आंगणांत येयली. "अगो, त्या फुटिल्ल्या बोटाक एक फाळोतरी गुठलावन घे. धानाचे नळ खोंचतले."

प्रभा आकाड्यासरी थारलें. मांयन भितर वचून आपल्या जुनेराचो एक फाळो काडून हाडलो आनी ताका दिलो. प्रभान तो नीट वोंगठ्याक बांदून घेतलो आनी तें चलूंक लागलें.

मांय उलयी, "हो लुंवणे मळणेचो तेंपच असो. मडें दिसल्यारूय, उठून उबें राव आनी हातांत घे विळो म्हणचेलो." मगेर तिणें व्हडान म्हटलें, "हांव बेगिनच पेजे बुडकुलो शेतांत घेवन येतां."

प्रभा शेताकडेन पावलें. पिकिल्लें भांगरावर्णाचें शेत, ताचेर चकचकीत वोत, शेतभर लोकांचो चल्ला तो वावर पळोवन ताका दिसलें, हांगा एक मोटो सुवाळो चल्ला. ताका एकदम बरें दिसलें. तें उमेदीन आपल्या शेतावटेन चलूंक लागलें. कांय खीण तें पांयाची दूखय विसरलें.

तें लागीं शेतामेरेन पावतकीर घोवालें ताच्या पांया बोटाचेर लक्ष गेलें आनी ताणें कांयशा हुसक्यान म्हटलें, "हें आनी करून घेयलां तुवें. कशें जातलें देवाक खबर."

हाचेर मांवान म्हटलें, "बोटाक इल्लें जालें म्हण कितें घरांत बसून रावतलें?"

प्रभा मेरेवयल्यान शेतांत देंवलें. पयलेंच पावल शेतांतल्या चिखलांत रोमलें. वोंगठ्याक बांदिल्लो फाळो पुराय रेब्यान भरलो. मगेर आनीक चार पावलांत फाळो सुटलो आनी शेतांत पडलो. सगळी जखम उकती, हूं काय चूं करिनासतना तें लुंवक लागलें.

ही प्रभाली दुसरी लुंवण. फाटल्या वर्साक तें नवें म्हण थातरून तरी घेतालें. ह्या वर्साक तेंवय भाग्य नासलें. ह्या देड वर्सांतच तें पोन्नें जावन गेल्लें.

तातूंत तेंवय इल्लें हटी. ह्या गांवावांगडा जुळोवन घेवचेले बेस यत्न करतालें. न्हेसपय म्हेळ आनी कशाकशेंय. माथ्याक घातिल्लें तेल कपलार व्हांवन येतालें. गांवांतल्या चार चवगींवरींच पिंजर तेलांत कालोवन कपलाक लायतालें आनी खंयूय वयताना ताकतिकेंत खंयच्यातरी फुलझाडाची खांदी बागोवन ताचें फूल माथ्याक खोवयतालें. पयर नेरातेंपाक नेर काडून घरा येताना वाटेर प्रयागी मेळ्ळें तर हें ताका म्हणूंक लागलें, "धानार फूल खेळूंक लागलां म्हण बेगीनच वयर सरलें हांव शेतांतल्यान. जाणा मुगे, ह्या वर्साक बरो पिकाळ वारो व्हांवता.

खळार इल्लीय पोल पडची ना." प्रयागी तागेलें आयकोन बेठेंच हांशिल्लें.

फाटल्या वर्साक इल्लें शिकिल्लें, त्याच नाड्यार आज तें लुंवक शेतांत देंविल्लें. पयलीं धानाच्या मुळांक मूठ मारप, ती मूठ गच्च आंवळून धरून सर्रऽऽ करून विळो ओडप. नदर पुराय मुठीचेर आनी विळ्याचेर. विळो इल्लो चुकल्यार, निसरल्यार हाताच्या बोटार येत म्हण भिरांत. मांवालो आनी घोवालो शेव बरोच मुखार पाविल्लो. तांकां मेळोवन घेवचेलो यत्न तें पुराय ताकदीन आनी हिंमतीन करतालें. फुटिल्लो पांयाचो वोंगठो जशें तें विसरूनच गेल्लें. पूण मर्दीच पांय पुराय चिखलांत रोमतालो. तो वयर ओडून काडटाना वोंगठो भारीच दुखतालो.

ल्हवल्हव तांच्या लुंवपाक वेग येयलो...तिगय जाणां लुंवतालीं. फाटल्यान वोतांत सोडोवन घातिल्ल्या धानांच्यो लांबूच लांब सलग लायन्यो, आडयो तयार जाल्ल्यो. तिगांल्यो तीन लायन्यो. त्यो लायन्यो लांब जायत वताल्यो तसो प्रभाक आगळोच हुरूप येतालो. बोटाची दूख विसरून वेळ माथ्यार पावसर लुंवतालें.

वेळ माथ्यार पावंक मांय पेजेमडकी घेवन येयली. चोंब्यांत पेजेमडकी, ताचे वयर मायटेंत अळवाची सुकी शाक आनी आमले तोर. चोंब्यांतच कुशीन तीन पितळेचीं ताटां.

तें उतरळांतल्या उदकांत हात धुवन जेवंक येयलें. मांयन तिगांक पेज वाडली. तें आपणालें ताट घेवन मातशें कुशीक वचून बसलें. आतां कोण ताच्या बोटाविशीं उलयनासलो. जशे जाय म्हण आडनदर करतालो. जेवतां जेवतां भास्करान म्हटलें, आतां सकाळीं लुविल्लें बांदून घुडी घालुयां.

सांजचो पावसबीन पडल्यार भिजून वयतलें.

बापायन म्हटलें, "ह्या शेताचें बींय धरूंक जाय. बरें सुकूं दी धान दोन वोतांत. फाल्यां सांजचें बांदून घुडी घालची. पावस पडचो ना आतां. तें पळय दरयावटेन मळब तांबशें जालां. अशें दरयावटेन मळब तांबशें जावप बऱ्याचें लक्षण. दरया शांत आसता. वारो चंद सुगिचो व्हांवता !

जेवन तें परतें सांज जायसर लुंवत रावलें. सांज जातकीर तें शेतांतल्यान वयर सरलें आनी घरावटेन येवंक लागलें. तें मेरेर येवन चलूंक लागलें आनी ताका दिसलें, सकाळसान हांव विसरून गेल्ली दूख आतां चलताना चडूच पिडूंक लागल्या. जखम उक्ती पडिल्ली आनी दूख शिरांतल्यान वयर चडटाली. तरीय तें आपणाले दुखीन कुंटप कोणाक दिसचें न्हय म्हण धिरान एकेक पावल नीट

घालतालें.

घरा वचून इल्लें उदक न्हावन तें ओगी न्हिदलें. मांयन म्हऱ्यांत येवन म्हटलें, “सकाळीं कुमूदबाईकडच्यान इल्लें मलम हाडिल्लें, हें पळय हे चिपयेंत आसा.” प्रभान उठून चिपी घेतली आनी बरेंच मलम वोंगठ्यार घालून घेतलें. आनी तें परतें तशेंच न्हिदलें. मदींच घोवान येवन विचारलें, “दूख चड उठल्या गो?” ताणें जशें हटी आवाजांत ‘ना’ म्हटलें.

रातचें जेवणाचें मांयनच केलें. ताका उठोवंकय कोण गेलो ना. सगळे जेवन जातकीर मांयन वाडून मणय दवरून ताका उठोवन हाडून जेवंक बसयलें.

रातीं न्हिदतकीर सपनांत आंगांत एन्.सी.ची. पुराय मुस्तायकी. तकलेक गोंड्याची तोपी, शर्ट, पेन्ट, पटो आनी हे व्हडले काळे बूट पांयाक. तो मिलीटरीचो कॅप्टन ताका हात लावन सॅल्यूट करूंक शिकयता. चडच लागीं येता...सावधान..सेल्यूट...सावधान...सेल्यूट...मगेर तो चकचकीत आंगाचो कॅप्टन धुसट पुसट जावन पयस पयस वयता...

सकाळीं ताणेंच उठून च्याव भाकरी केली. च्या पिवन घोव आनी मांव बेगीनच सकाळीं शेतावटेन वचूंक गेल्ले. प्रभा बेगीबेगीन भायर वासरेर येयलें. आज बेगीनच दवावोत फांकारिल्लें. मळबय नितळ निळें आसलें. वयतना मांव म्हणटालो, “तेका आनी कितें सांगतलो. ऐन वेळार तागेल्या वोंगठ्याक जोर मारला. येता तर येवं, ना तर ना. आसात आमी. मर म्हणसर आसात.”

आयकून प्रभाक इल्लोय राग येवंक ना. प्रभाक मांवाली तोखणायूच दिसताली. इतलो जाणटो हो, धोंपरा मारून काम केल्लेवरी तागेलो कामाचो आटाप आसलो. केन्ना खर्शेतालों, लखतालो, तरीय पुराय ताकदीन कामाक लागतालो.

घरांतलें काम अर्दारच उडोवन तें कडाशेचे पाटयेर दवरिल्लो विळो हातांत घेता आनी तांचे फाटल्यान वचूंक सुट्टा. मांय बेगीबेगीन भायर येता. “वयता गो? वयता जाल्यार हो फाळो तरी बांदून घे मुगो.” तें फाळो घेता आनी बळ्याच कशाकसोय गुठलावन घेवन चलूंक लागता.

वाटेर मथू मावशी मेळ्ळी. हागेलो पांय पळोवन ताचे म्हऱ्यांत येयली. म्हणूंक लागली, “कळिल्लें म्हाका तुगेलें बोट फुटून छेनडी जाल्या म्हण. रगत खूप गेलें खंय. घिरी येवन पडलें खंय न्ही गो? कसले गे बाये लोक दया माया

नाशिल्ले, असल्या फुटिल्ल्या पांयान तुका लुंवक धाडटात ? ये रशिबीन जाली ना मुगो?”

प्रभान ‘ना ना’ म्हटलें आनी तें बगल दिवन वोगी चलूंक लागलें. गोरी पूण भायर येयिल्ल्या तिरशा दोळ्यांची मथू मावशी ओगीच कुसकेपण करीत गांवभर भोंवताली. दोनतीन फावटी तरी तिणें प्रभाक थोमणे मारीत म्हणिल्लें आसतलें, ‘गिरेस्ताली वावराडी जावन रावचें पूण दुर्बळाली बायल जावचें न्ही.’ प्रभाक तिचो सभाव मात्तूय मानवनासलो. पूण प्रभा दिसतकीर ती खंयच्यानय धांवन धांवन येताली. येयली की ती पयली विचारताली, “इतलें भागलें कशें गो तूं? पोटभर वाडटात तरी मुगो तुका?’

तें शेताकडेन गेलें आनी घोव आनी मांव लुंवतात ते कुणगेंत देंवन मोन्यानच लुंवंक लागलें. घोवान नदर मातशी तिरशी करून ताका पळयलें आनी मागीर नदर चुकयत तो लुंवत रावलो. तागेल्या लुंवपाक आकांताचो वेग येयिल्लो. तागेलें तें सांवार येयिल्लेवरी लुंवप पळोवन प्रभा मनांतच हांसलें. मांव दोळ्यार हात दवरून मळबाकडेन पळयत उलोवंक लागलो, “आठ पंदरा दीस अशेच वोताचे गेल्यार कुर्पा म्हणची. पावस पडल्यार मात घात. हें आनी बियांचें लुंवन घातलां.”

“आज हें लुंविल्लें बांदून घुडी घालची न्ही आपा?”

“वोत लागूं दी मातशें. माथ्यावेल्यान वेळ कडसलो म्हणटकीर बांदूंक लागचें. आतां कांय लोक एकेवटेन लुंवतात आनी दुसरेवटेन रोखडेच धाडवन बडोवन मळूंक लागतात. खरें न्ही तें. सगळी खातोड. शेतकारान म्हणटा तें नीट खळ करूंक जाय, खळार पंदरावीस घुडयां घालूंक जाय. सोबाय ती शेतकाराल्या जिविताची.”

प्रभा कमरा काटो नीट करून उसरपत घेवंक कांय वेळ उबें रावलें. ताणें शेतांत चोंयवटेन पयस मेरेन नदर मारली. शेतांत पयस पयस मेरेन जसो एक आनंदसुवाळो चलिल्लो. मेरांमेरांनी लोक हांथरी, दोरी, विळे घेवन वयताले. जे लुंवंक शेंतांत देंविल्लें ते एके आगळेच उमेदीन आनी ताकदीन झपाझप लुंवताले. इल्लोय कामाचो शीण तांच्या तोंडार नासलो. उरफाटें असलीं सहस्त्र शेतां एका दमान आड घालूं असो हावेस आसलो. मुखावेले दोंगुल्लेमेरेन पातळिल्लीं हळडुवीं शेतां, शेतांत कणसांय हळडुवीं हळडुवीं जावन भारान सकल बागवल्लीं. वारो वेळ्ळो म्हणटकीर जसो दरयावेल्यान व्हांवचो तसो ल्हारांल्हारांनी शेतावेल्यान

व्हांवतालो. एका तालान आनी एके गतीन धानांच्यो पातयो वाऱ्यावांगडा सकल सकल जायत वयताल्यो. धानांच्यो अमुरसुक्यो पाती एकामेकार ल्हवल्हव आदळटाना एक आगळोच सूर सुट्टालो. शेताच्यो मेरो अजून पाचव्या तणानच भरिल्ल्यो. पाचव्या तणान भरिल्ल्यो ह्यो कांय मेरांच्यो रिशी ते दोंगुल्लेमेरेन पाविल्ल्यो. ती दोंगुल्लीच अजून पांचवी ताल्ल आशिल्ली. तिचेवेलीं फुलपत्रेचीं धर्वी पानां आतां झडून गेल्लीं. आनी सगळें पाचवें पाचवेंच दिसतालें. तीं हळडुवीं पिकिल्लीं शेतां, तांकां रिशी मारून आशिल्ल्यो पांचव्यो मेरो, पांचवी दोंगुल्ली, तांचेवेल्यान व्हांवपी वारो हातूंत तें कांय वेळ गुंगून उरलें. तातूंत आनी इतलें नितळ लख्ख वोत आशिल्लें, तें भान विसरून तातूंत शेणून गेलें. मगेर ताणें अचकीत आपल्या फुटिल्ल्या वोंगठ्याकडेन पळयलें आनी मनांत म्हटलें, हो वोंगठो न्ही जाल्यार आपुणूय ह्या आनंदसुवाळ्यांत मजेन पुराय भरसून वतासलें! आपलें नशीब खोटें!

मगेर ताका होलमलें, आपूण बरोच वेळ हातांत विळो घेवन वोगीच उबें आसां. घरचीं मनशां आपणाकडेन बेठींच पळयतात. तें बेगीबेगीन बागवलें आनी ताणें विळो मारलो. इतल्यान मांयलो मेरेवयल्यान उलो येयलो, “येयात जेवंक. थंड जातली पेज. वाड्टां.”

विळे लुंवन घातिल्ल्या धानार दवरून सगळीं जेवंक गेलीं. अजून शेतांत कुडक्या कुडक्यांनी उदक आसलें. प्रभा उदकांतल्यान आनी रेब्यांतल्यान पांय ओडत मेरेर पावलें. पांयाची दूख सासणाची जाल्लेवरी दर पावलाक जीव खाताली. ती दूख तोंडार ना येवचेली जतनाय तें मोट्या धिरान घेतालें.

तें जेवंक लागलें. मेरेसकल ताटां आनी मेरेर तें बशिल्लें. प्रभाली एक ताटली पेज जेवन सोंपमेरेन तांणी, बापायन आनी पुतान तीन तीन ताटां पेज आनी हाणीभर नीस पोटांत रकयिल्लो. प्रभा सवण्या चोंचीनशें ल्हवल्हव जेवतालें. दादले जेवन उठले आनी उतरळांतल्या उदकांत हात झंजाळून येयले.

अचकीत सुर्याच्या लख्ख उजवाडाक काळसाणशी मारली. सगळ्यांनी मळबावटेन पळयलें. पुराय मळबाक क्षितिजासरीं काळो घेरसो पडूंक लागिल्लो. आनी उदेंते वटेच्यान घोड्याल्या तोंडा आकाराचें एक काळें कूप वयर सरूंक लागिल्लें. वारो तर सामको पडिल्लो. तरीय तें कूप खिणाखिणान वयर सरतालें.

पळोवन सगळ्यांक कच् जालें. कांय खीण तें त्या कुपावटेन पळयत रावलें.

मांवान म्हटलें, "कलियूग हें. सगळें उरफाटें जालां. कालपयर खोटांनी नुस्तें मेलें. सांजभर मळब तांबडें आसलें आनी आज तकलेवयल्यान सुर्या निसरता थंयच आसा तर हें पावशी कूप!"

मगेर अचकीत इल्लो वारो वेळ्ळो आनी पळयतां पळयतां पावशी मोडांत सगळी उदेंत गिरासली. खिणांत घुड घुड घुडुम् असो आवाज दिगंतरांत घुंवलो.

घोवान मांवान एकदमच गडबड घाली. "कालसान लुंवण घातलां. जाता तितलें बांदून घुड्यांत उडोवंया." ताणें इल्ले उबारेर उदक ना थंय हांथरी सोडयली. ताचेर कुडतादोरी सोडोवन घातली. पातळावन घातिल्ल्या धानांच्यो बेगीबेगीन वेंगो मारून वजीं बांदूंक लागले. मांय आनी सून सरसरीत वेंगो करून हाथरेकडेन मांवाक हाडून दिताल्यो. मांव तांचीं आंवळून वजीं बांदून चेड्याले तकलेर उबारतालो. चेडो वजें घेवन धांवकच लागतालो. वज्यांचीं भरिल्लीं कणसां घस्‌घस् हालतालीं. दाणो गळून पडटालो. तांकां ताची सुद्द नासली. तो वजीं मांडिल्ल्या मुळवणार व्हरून घालतालो आनी घुडयो रचतालो. खळ लागींच आशिल्लें. शेतांतच एका पोंतार. वेंगो करतल्यांचीं, वजीं बांदतल्यांचीं, खळार व्हरून घालतल्यांचीं सगळ्यांचींच धांदळ. मांव तर मदींमदीं तांकां जागयत आड्‌डत आसतालो. "येयलो पावस. तेंकलो. कशेंय करून घालात व्हरून खळार. भिजूंक फावना!" चेड्याक येवंक कळाव जाल्यार तो मदींच वजें प्रभाले तकलेर उखलतालो. ताकाय वजें तकलेर घेवन धांवचेंच पडटालें. ना तर घोव पयसुल्ल्यानच आड्डतालो, 'आगो कितें मुंयेपांयान चमकता?'

हय. मुंयेपांयान चमकल्लें तरीय चड म्हणचेलें, इतलो दुखिचो वोग ताच्या पांयाक मारतालो. पूण ताचे दुखिचें कोणाक पडिल्लें! तांची मोख एकच. कशेंय करून पावसापयलीं लुंविल्लें भिजयनासतना खळार व्हरून दाळप. तेंवय आपली दूख किंवाट्यान विसरूंक पळयतालें. पूण पावला पावलार ती उठ्टालीच.

पावस तर खिणाखिणान लागीं येतालो. रखूंक पावतालो. मदींच मळब व्हाजतालें आनी जोगलां मारतालीं. मगेर हांचो चडच आवरो उडटालो. चडच धांवाधांव.

काळ्या कुपांनी आतां पुराय मळब भरिल्लें. धरतरेर दाट काळखी साया. मळबार एक काळ्याकुपांचो माटोव. खंयच्याय खिणाक गळूंक राविल्लो पावस जसो हांचो अंतच पळयतालो. हांची तर आकांताची धांवपळ.

आतां तर खरेंच प्रभा आपली दूख पुराय विसरून गेल्लें. धान, वेंगो, वर्जी, घुडयां, ह्या चाकांत देहभान विसरून घुंवंक लागिल्लें. ना म्हटल्यार तकलेर वजें घेवन धांवतना एक फावट झग् जावन एक उगडास येयिल्लो. शाळेच्या पुस्तकांनी भरिल्लें बॅग फाटीर मारून घेवन तें धांवत घरा येतालें.

मर्दीच बॅगाचो पटो खांदावयल्यान निसरून बॅग रस्त्यार पडली. णर्वितलो ताचो वर्गइस्ट सुहास बेगीबेगीन येवन ताणें ताचें बॅग परतें खांदाक दिल्लें.

देड दोन वरां थार दिसनासताना तांणी अर्दावयर धान बांदिल्लें आनी दोन घुर्डी उबीं केलीं. इतल्यान वारोसो वेळ्ळो आनी पावस शेनेवंक लागलो. कांय मिणटांतच तो घोग्यांनी रकूंक लागलो. बापायन आनी पुतान घडबड घालून तणांचीं कवळां घातिल्ल्या घुड्यार चडयलीं आनी तीं धांपलीं. उपरांत तांणी कपलार हात मारून म्हटलें, ‘ काय बरें लुंवन घालून सुकिल्लें धान पावसान भिजयलें. आतां हो भिजिल्लो कुसो खंय सुकयत बसतले? आनीक एक दोन दीस असोच पावस पडल्यार गोटो कोंबेतलो.’

माय सामकी थकून धांपेतशी मेरेर भिजतच बशिल्ली. तिणें म्हटलें, “हांगा केळी शेतांतच हें अशें. घाण्याशेतांत अजून पांय दवरचोच आसा. कशें जातलें देवा. ह्या वर्साक दाणो हाताक मेळत म्हण सांगूंक जायना.”

पावसाक लागून प्रभावेलो सांवार देंविल्लो. येदोळसान विसरून गेल्ल्या वोंगठ्याकडेन ताणें पळयलें. वोंगठ्याक साबार फावट धानाचे नळ खोंचून खोंचून तातुंतल्यान रगत निशेतालें. ताणें बोटावयल्यान नदर काडून घेतली आनी तें वचून हांथरी कवळूंक लागलें. आतां मात तें खऱ्यानीच कुट्टालें. मांयली ताच्या वोंगठ्याकडेन नदर गेली. तिणें येतना पेजेमडकेचे चुंबळीक हाडिल्लो फाळो पिंदलो आनी ताची तीर काडून प्रभाक दिली आनी म्हटलें, “घरा वयतकीर कुमूदबाईन दिल्लें मलम लावचें.”

तीं परतीं घरा येवंक सुटलीं तेन्ना तांची पुराय भिजून खेती जाल्ली. माथ्यावयल्यान व्हांवन उदक पांयांर रखतालें. हातांत भिजिल्ल्यो दोरयो, हांथरी आसली.

ते रातीक ताच्या पांयाक भोवच त्रास जालो. चडच सुजलो आनी उसउसूंक लागलो. रगशेल्ली रशी व्हांवन बांदिल्लो फाळोच भिजिल्लो. मर्दीच तें न्हिदिल्लेकडच्यान उठलें आनी घोवा म्हऱ्यांत गेलें. ताणें ल्हव आवाजांत म्हटलें.

"फाल्यां सकाळीं आमी दोतोरागेर या. चड जालां पांयाचें."

घोवान कांय वेळ ताचेकडेन वोग्गी पळयलें. मगेर म्हटलें, "बाईल्या मलमान गूण पडूंकच ना न्ही? कसलें पाड पडिल्लें मलम तें. या आमी दोतोरागेर. फाल्यां सकाळींच या." उपरांत ताणें उबगणेनशें म्हटलें. "हंयच्यान धा मैलांचेर दोतोर. गेल्यार पुराय मायतो मोडटलो. कांय नज, या आमी फाल्यां."

दिसभर काम करून तें भोव थकिल्लें. दूख आसुनय मध्यानराती उपरांत ताका झेम लागली. अर्दकुटे न्हिदेंत एक सपन... पोलीस ठाण्या मुखावेलो तो व्हडलो आर्क. मगेर पोलीस ठाण्याची काळ्या फातराची इमारत. त्या आर्कांतल्यान भितर सरून पोलीस ठाण्याच्या वारांदांत पावता. तो जाण्टेलो व्हडल्या मिशांचो हवालदार अब्दुल गफूर एकदम मुखार येता. वारांदांतल्यान संत्र्याक खोटें खोटें तापयता, अरे फौजदार सायबालें चेडूं येता आनी तूं सॅल्यूट करिना? मगेर तो संत्री खडाक् करून पांय आपटून सावधान जाता. फट् करून आरमार हात मारून ताका खोटो खोटो सॅल्यूट करता.... मगेर सगळे खूब घसघशान हांसतात.

मदींच ताची न्हिद तुटली. मगेर तें रिगलें एके निर्शेणेचे पोकळेंत. बापायक लांच घेतना धरिल्लो तो दीस आनी मगेर ती रात. रातभर आकांताचो कांच, निर्शेणी आनी जीव खोदून उडोवपी हुसको. दिसतालें, आज घरांतलो एकलो तरी काळखांतल्यान वयतलो आनी जीव दिवन मेकळो जातलो! मगेर कितलेशेच दीस घरांत रडूंकय भिरांत आनी हांसुंकय भिरांत. ताका उगडास आसा त्या दिसांनी तें एकलेंच भोव झगडाळें जाल्लें. व्हडले भयणीकय बोचके काडटालें आनी तकलेर खुंटले घालतालें.

रातीं उसरां मेरेन परतो परतो पावस पडटालो. मगेर मात पावस एकदम थांबलो. सकाळीं उठून पळयल्यार मळब सामकें आरपार नितळ. सुर्या उजवाडाचो लखलख घेवन येयलो. दवांत भिजिल्लें वातावरण प्रसन्न आसलें. चंद शिंयावारो व्हांवतालो, झाडार सुकणीं गायतालीं. मांवान आंगणांत उबो रावन मळबाकडेन पळयत म्हटलें, "आतां पावस गेलो. पयस गेलो. आतां लुवंक दितलो तो. आरे भास्कर, अजून न्हिदला रे, भायर मळब पळयलां तुवें?"

आवय दारांतच आसली. तिणें म्हटलें. "कांय सांगूं नज ह्या पावसाचें. घातकी तो. दड मारून बसतलो आनी खिणाक येतलो दुस्मानावरी."

"तेंवय खरें तुजें. ह्या तेंपाच्या पावसाचें हें अशेंच. वोत पावसाचो खेळ."

"ताचो खेळ पूण मरण शेतकारांलें."

प्रभा इल्लें उसरांच उठिल्लें. उठ्ठकीर आर्दी चार पावलां घालूंक ताका बरेच त्रास जाले. उपरांत कशीं तरी पावलां उड्यत तें भायर येयलें. भायर येयल्यार घोव आनी मांव सडसडीत पावलां उडयत शेतावटेन वयताले. आकाडो बळाटून ते शेतांत पाविल्ले आनी शेतांतले मेरेन धांविल्लेवरी चमकताले. प्रभाक अजाप दिसतालें तें मांवालें. हो इतलो जाण्टो पूण खंयच्च्यान ही शक्त घेवन वावुरता काय!

तांकां पळोवन प्रभा सामकेंच गळसणलें. हांणें म्हाका आज दोतोरागेर व्हरतां म्हणिल्लें. विसरलो तो! तांचीं वर्सभराचीं पोटां शेतांत उदकांत लोळटात आनी तांकां म्हजें खंय पडलां!

तें भितर गेलें आनी चुलिसरीं बसलें. मांयन च्याव काडून वायलार दवरिल्ली आनी निमाणी भाकरी तव्यावयल्यान काडून चुलींत भाजूंक उडयिल्ली. प्रभान ती आरतून परतून बरी भाजली. मगेर चुलींतल्यान ओडून काडून धब्ब करून भुंयेर आपटिली. भाकरेचें फुगिल्लें पोट फुटलें आनी जीव गेल्लेवरी तातुंतल्यान सूऽऽ आवाज येयलो. मगेर तें सोताच च्या कोपांत घेवन पिवंक लागलें. मांयन कांय वेळ दुबावान पळयलें. मगेर म्हटलें, "च्या पिवन वोंगठ्याक मलम लावन घे आनी फाडो बांद."

प्रभा सट् करून तिचेर तापलें. "चुलींत घाल तें मलम आनी तुजो फाडो. मलम खंय मलम."

मांय वोगी भायर येयली. आंगणांत येवन गणवंक लागली. "ऐन वेळार हें करून घेतलां आनी तापता कोणाचेर? नज जाल्यार वोगी न्हिदून राव. कोण वच म्हणटा शेतांत? आमकां आमचें चुकचेलें आसा? आतां पिकावळ राखून वयर काडलीना जाल्यार वर्सभर खातलें कितें?"

प्रभान मोन्यानच येद्‌द्‌यो व्हडल्यो दोन भाकऱ्यो सोपयल्यो. वयल्यान च्याव पियेली. मगेर तें भायर येयलें. आपल्याच पोरण्या पातळाचो फाडो पिंजून ताणें वोंगठ्याक नीट बांदलो. कसोच सुटूंक फावना असो. भेंडाक घट तुवालो वेडयलो. आनी आपलो विळो उखलून तें चलूंक लागलें शेतावटेन. मदींच ताणें विळ्याचे धारेवेल्यान बोट भोंवडायलें. ताका दिसलें, विळ्याचे दांतरे गेल्यात, ताची धार उणी जाल्या. मांवाक सांगूंक जाय, हाका नव्यान मेस्ताकडल्यान दांतरे

घालून हाड म्हण. आतां तें मात्तूय कुटनासतना नीट चलतालें. आपलें कुटप दिसचें न्ही म्हण फुटिल्ल्या पांयाची खुळीच भुंयेक लावन चलतालें.

आतां तें भोवच गंभीर आनी भितरल्या मनाचें जाल्लें. आपणाक एक कुडच ना अशें धरूनशें चलूंक लागिल्लें. शेतांत पयस पयस मेरेन लोक वावराक लागिल्ले. परतो तोच सुवाळो. सकाळचें वोत शेतांतल्या उदकांत, शेतांतल्या मनशार पडटालें. सगळीं मनशां चडट्या वोतांत झगझगीत रूप्याचीं अशीं दिसतालीं. वाड्यार घराकडेन पयळल्यार भागिल्लीं बरगल्लीं कुरूप दिसपी मनशां शेतांत इतलीं सुरूप चैतन्याचीं दिसतात हें आठवून ताका अजाप जालें. आनी हीं मनशां वर्सासंकिनी एके निश्ठेन, वोतापावसांत हीं कश्टाचीं कामां नकसूद कशीं करीत आयल्यांत! म्हाकाय आतां मरसर हांच्यांतलें एक जावन रावंक जाय!

सांजचो परतो कालचे वरीच पावसाचो धेंक. सुर्या माथ्यावेल्यान कडसलो आनी मळबांत काळीं कुपां दिसूंक लागलीं. पयस खंयतरी मळब गाजलें आनी हांची सामकी धांवपळ सुरू जाली. आज तर ते हुनहून पेज जेवंक बशिल्ले तेन्नाच काळें कूप दिसलें. मगेर शेतांतल्या उथळ उदकांत भरिल्लीं तार्टा दवरून पेज न्हिवोवन ते बेगीबेगीन जेवले.

आज पावसा पयलींच तांणी सगळें कालचें, आजचें धान बांदून कशेंबशें घुड्यांत घालें. थोडें धान तर नीट सुकूंकय नासलें. मांवान म्हटलें, "ओलेंच व्हरून गुड्यांत चेपलां. तें रोखडेंच मळून काडूंक जाय. विळो दवरचो आनी मोडो ताटीर मारचो."

आयकोन प्रभाक खप्प जालें. पूण ताणें मन घट्ट दवरलें. आतां आनी फाटीं सरप ना.

ह्या वर्साक पावसाक कसलो जोर मारिल्लो नकळ. मळबांत सद्दां वोत पावसाचो मेळ. खिणांत वोत खिणांत काळ्या कुपांच्यो राशी. लोकांचेर आकांत!

पावसांत वोतांत भिजून सुकून उब्या धानांचे गोटे आठ दिसांतच झडूंक लागिल्ले. विळो मारलो म्हणटकीर सर्र करून भात सकल पडटालें. लुंवताना, वेंगो करताना, वजीं बांदून व्हरताना सांबाळून काम करचें पडटालें.

फुटिल्लो वोंगठो दुस्मान कसो ताचे फाटीक लागिल्लो. केन्ना केन्ना तें किंवाट्यान चिंततालें, आपणाक एक पांयच ना, आसा फक्कत हें शेत, शेतांतलो चिखोल, हातांत विळो आनी माथ्यार धाना वजें. पावस लोटून येयलो म्हणटकीर

माथ्यार वजें घेवन धांवचें चुकनासलें. मगेर तें पांयच विसरून वचचेलो यत्न करतालें. दिसभरचे धावपळीन पांय इल्लो तरी विसरूंक येतालो. पूण रात पडटकीर तो सामको पिडूंक लागतालो, दुखतालो आनी हाडांतल्यान उसउसूंक लागतालो. तें झेमतालें, पिरंगतालें, ऊठ बस करत रावतालें. आनी वेल्यान चोंय वटेनच्यान एक घोश, तूं फौजदारालें चेडूं - तोखणाय, बकच्छाय आनी हिणसावप... हय दाखयतलें हां तुमकां फौजदारालें चेडूं म्हणटा तें कितें! हांव हो गांव जिखतलें! म्हजो दरकार चलतलो!

घोव मदींच म्हऱ्यांत येवन म्हणटालो, 'फाल्यां या आमी दोतोरागेर'. पूण सकाळ उदेली म्हणटकीर आनी वोत दिसूंक लागतकीर तो हातांत विळो, दोरयो घेवन शेतावटेन चलूंक लागतालो. मगेर एक दीस ताणें म्हटलें, "आतां चारच दिसांचें उरलां. तें जातकीर या आमी. पळयलें ना, पावस कसो सतायता. गोटो मातयेभरवण जावंक लागला. तुजें आनीक हें पांयाचें नाका तेन्नाच जालें."

अठरा दीस तीं सारकीं लुंवतालीं. केळीशेत, घाण्याशेत, वाऱ्याशेत करून तीं चवगुल्या शेतांत पाविल्लीं. मदीं दोन कामेरीं हाडिल्लीं. तीं एक दीस लुंवलीं आनी वयताना गरजेक म्हण पांच कुडव भात घेवन गेल्लीं तीं परतीं येयलींच ना.

हें निमाणें शेत. आतां दोन दिसांचेंच उरिल्लें. मांवान म्हटलें, "एक दीस लागून पुराय लुंवन घालुंया आनी दुसऱ्या दिसाक बांदून खळार घालुंया. पावसाची भिरांत सोड. जाता तें जाता.."

आदल्या दिसाक तांणी पुराय शेत लुंवन घातलें. मांय जेवण घेवन येयिल्ली. जेवन जातकीर हातांत विळो घेवन तिवय शेतांत देंवली. तिच्यान कंबर बागोवंक जाय नासलें. ती बसूनच लुंवताली. सगळ्यांनी मेळून पुराय शेत आड घालून दिवो लावणेक तीं घरा येयलीं.

सदां तें घरा येतकर पिरंगत न्हीद ऊठ करतालें. पूण आज ताणें सोता रांदलें आनी सगळ्यांक वाडलें. मांयन दुसरे चुलीर तोपांत उदक तापोवन घेतिल्लें. प्रभा न्हिदतकीर तिणें न्हिदल्लेकडेन ताचो पांय वयर घेवन तो बरो हून उदकांत शेकलो. भिजिल्लो पांय आपणा पालवानच तिणें पुसलो. प्रभान एकदम म्हटलें, "आतां पांय बरोच हगूर दिसता मुगे. उठून चलून पळोवं?"

"नाका, न्हीद तूं. फाल्यां पळोवचें. कितेंय जावं. फाल्यांचो एक दीस. परां वच तूं भास्कराक घेवन दोतोरागेर. शिकिल्लें व्हड मोट्यालें चेडूं तूं,

शेतकाराल्या घरांत पडलें. आमचो धर्म वेगळो - शेत म्हटल्यार सगळें. खळ म्हटल्यार काशी आनी घुडये म्हटल्यार ईश्वर."

दुसऱ्या दिसा सकाळीं बरेंच शींय आशिल्लें. भायर धुंवटी पडिल्ली आनी दंव शेनेतालो. आज तें मातशें बेगीनच उठिल्लें. एकेका पावलाक मरणाची दूख भोगताली तरीय मनांत इल्ली उमेद आसली. आज शेत लुंवन तयार जातलें! सांजचें मांवाक सांगतलें हांव, मळूंक एकदम ताकतीक करूं नाकात. दोन तीन दीस तरी विसव घेयात! मर्दी हांव म्हज्या वोंगठ्याचेंय चयतां, एकदोन इंजेसावां, चार गुळयो घेतकीर बरें जातलें हांव! तुमचे वांगडा मळूंक येवंक जाय म्हाका. मळूंक ताटीर मोडो मारचे पयलीं माचाक आंब्याताळो बांदून आनी फुलकुंकूम करून हांव आर्दी खळ पुजतलें. एका शेतकाराली सून हांव!

तें उठून आंगणांत येयलें आनी आंगणांतल्या कवाथ्याच्या मुळासरीं वचून ताणें हातांतल्या कांकणाचो खळ्खळ् आवाज केलो आनी तें आपणाकच हांसलें. ताका एक दीस मांयन सांगिल्लें, "कांकणां आवाजान माड, कवाथो बरो उर्बेता आनी चड नाल्ल दिता."

तेन्नाच ताची नदर गेली, आकाड्या पेल्यानच्यान काळी कांबळ आंगार पुराय कांबरून घेवन कोणतरी येता. पळयतां पळयतां तो आकाडो बळाटून आंगणांतच पावलो. ताच्या हातांत कुडकादोरयेची गुठली आसली. दोरयेचे लाकडाचे कुडके गोळ घेतिल्लेवरी दोरयेक लांबताले. ताणें म्हऱ्यांत येवन म्हटलें, "ही दोरी तुमी काल शेतामेरेनच सोडून येयिल्ले. हांव काल सांजचो गोरवां गोट्यांत घालून येतना दिसली."

म्हऱ्यांत येतकीर प्रभा ताका वळखलें, हो सावरीकडचो दामू. लुंवणे तेंपाक गांवच्या जायत्या लोकांलीं गोरवां राखचेलें काम तो करता. तांचेय बैल सद्याक तोच राखता.

"दामूबाब, तुवें ही कांबळ अशी कित्याक कांबरून घेतल्या?"

"शींय खाता मरणाचें. हाडां कुट्टात. रातीं जोर येवन गेलो अशें दिसता." प्रभान ताका पळयलें. तो एक कास्टीच न्हेसून कांबळी भितर पुराय उक्तो आसलो. तो दोरी वासरेर दवरून वचूंक गेलो.

आज तीं इल्लीं उसरांच शेताक वचूंक सुटिल्लीं. आज लुंवचें काम नासलें. काल दीसभर लुंविल्लें पुराय बांदून खळार व्हरून घुडी घालचें आसलें. गेल्ले

अठरा दीस हातांत घेतिल्ल्या विळ्याची आज मूठ सुटिल्ली.

प्रभा शेतावटेन वयता तें पळोवन मथूमावशी आपल्या घराच्या वारांदांतल्यान उठून पांय ओडत ताचेवटेन येवंक लागली. तिका चुकोवंक म्हण प्रभान सरसरीत नेट लावन पावलां उखललीं. अशीं पावलां उखलतना दूख सामकी ताच्या मस्तका मेरेन पावली. ते दुखीन तें इतलें तिरमिरलें, आंगाक हूम सुटली. आज खरीच दूख भोव वाडिल्ली. पावल धरून कमरे मेरेन भितरले भितर एक शीर सामकी उसउसताली. दूख पावलांतल्यान वयर सरिल्ली.

फांतोडेच्या दंवान भिजिल्लें, घुंवटेंतलें वातावरण आतां सामकें निवळिल्लें आनी चकचकीत वोत पडिल्लें. पयस क्षितिजार दोन दोंगर तुटून वयतात त्या धेंगणांत व्हड तळेंशें दिसतालें. प्रभान मनांत म्हटलें, ह्या तळ्यांतल्यान कांय पावस उठचो ना. तें चडट्या वोतांत पागळून वतलें.

तें शेतांत येवन धान बांदून घुडी घालूंक लागलें. खरें म्हटल्यार आज ताच्या भोवच जिवा येयिल्लें. केन्ना एक फावट हें बांदून सोंपता काय जाल्लें. दिसतालें एकेच वेंगेंत हें सगळें धान किंवाट्यान एकठांय करचें आनी खळार व्हरून घालचें आनी मेरेर वचून वोग्गी बसचें. फाल्यां तेणीं म्हाका हॉस्पिटलांत या म्हटलां. वचूंकच जाय म्हाका !

ताका पुरो जाल्लें, तें गळसाणिल्लें. बेठेंच दिसतालें, हाडांतल्यान आपणाक जोर येवंक लागला आनी सगळी कूड थरथरता. फाटीकण्यार भार पडिल्लेवरी जातालो आनी तो वळोन येतालो. चलताना लखण मारिल्लेवरी जाताली आनी परतो परतो दोळ्यांमुखार काळोख येतालो.

आज वोतय भोव खर आसलें आनी पावसाचीय सुलूस नासली. दनपारमेरेन घुंवत घुंवत तें कशेंतरी उबें आसलें. पूण भायर तें कांयच दाखयनासलें. आज सकाळसावन मांयूय शेतांत आसली. तिका लेगीत कांय कळूंक दियनासलें. मदीं भास्कराक खळावेल्यान येवंक कळाव जाल्यार मांव वजें ताचेर उखलतालो. वजें घेवन चलताना ताचे पांय वांकडेतिकडे पडटाले.

सुर्या माथ्यावेल्यान कडसल्लो. पुराय धान बांदून जातकीर आज दनपरां घराकडेनच जेवंक वचचें...

आतां हें निमाणें वजें. उरिल्ल्या पुराय धानांच्यो पांच स वेंगो हांथरेर घालून मांवान अंदून वजें बांदलें. भास्कर हें निमाणें वजें व्हरूंक खळावयल्यान शेतांत

येवंक सुटिल्लो. बापायन ताका व्हडान सांगलें, "निमाणें एकच वजें आसा. घेवन येतात आमी. हांथरी, दोरयो वट्ट घेवन येतात. तूं घुड्यांक घालूंक कवळ कर."

मांवान तें वजें प्रभाले तकलेर उखललें. जीव गेल्लेवरी एकेक वाकडेंतिकडें पावल उडयत तें चलतालें. मर्दीच घुंवळ येवन वज्यासयत घुंविल्लेवरी जातालें. वज्याचो भार केन्ना फाटीकण्यार पडिल्लेवरी, केन्ना मुखार हड्ड्यार बशिल्लेवरी जातालो. पूण ताणें जिवाच्या आकांतान नेट लायलो आनी तें बळाबळ करून खळाचे मेरेमेरेन पावलें. आतां आनीक धा पावलां घुड्यासरीं पावंक. घोवाक मुखार येवन तकलेवेलें वजें घे म्हणूंकय ताका त्राण नासले. ताणें कशींबशीं आनीक पांच स पावलां मारलीं. आतां ताचो जीव सामकोच हरपलो आनी वजें घेवनच तें सकल भुंयेर पडलें. तें पोनांत आनी वयल्यान वजें.

घोवान धांवत येवन वजें कुशीक काडलें.

तें पडिल्लेकडेन धांपेतालें आनी बरोच फेण येवन ताच्या तोंडार पातळिल्लो!

***

जूंव

चांदू बैलाली विद्रोहाची काणी सांगचे पयलीं तेगेल्या कुळाची आनी मुळाची खबर आर्दी सांगची पडटली -

बापायन मरताना तिगांय भावांक सागिल्लें,

"कितेंय जावं, अहिल्येक विसरूं नाकात हां! तेचें कुळार तेका अडिअडणीक पावंक जाय !"

तिगांय भावांनी तेचें उतर पाळलें लेगीत. परबे-जत्रेक, म्हाळ वर्सुकेक ते भयणीक आपयनासतना राव नासले.

कांय वर्सांनी हे भाव वेगळेचाराक उठले आनी घरांत कलीची रीग जाल्लेवरी सगल्यांचेर सांवार आयलो. म्हाका हें नाका, तें नाका. दिल्लें मोखून मारप आनी हेरांक दिल्लेंच बरें म्हणप. एका शेताक रेंवच चड तर दुसरें शेत कसूंक, कमावशेक जड. तिसरें शेत शेकऱ्यान भरिल्लो सडो. कालचें भांगर तें आयज फातोर. पूण सगल्यांक, आपले भयणीक - अहिल्याक कितेंतरी दिवचेशें दिसतालें. पूण हांच्या गड्या फाड्यांच्या कोतांत कांयच शिल्लक उरनासलें. शेवटाक धा माडांतले तीन तीन वांटून घेतकीर एक माड उरलो. गोठ्यांत एकच गाय, हेर सगले बैल आनी पाडे. एकच गाय कशी वांटून घेतले म्हण ती अहिल्याक पडली. तरीय धाकलो म्हणटालो -

"विकल्यार हजार देड हजार तरी येतले."

"तुगेली बायल विकल्यार कितले पडटले ते आदीं चय."

धाकल्याली बायल तेगेलें मामालें चेडूंच जाल्ल्यान कोणे चडार घेतलें ना. व्हडल्यान खासा मानाय धाडून अहिल्याक सांगणे पावयलें -

"वेगळोचार जालो. व्हडलीं तामणा आनी वांयगण तेणीच उखल्लें. तेंगेल्यो बायलो झगडूंक हुशार. तुगेली व्हडली व्होनी दातांत केंस धरूनच रावली. जें कितें तुका दवरलां, तें येवन घेवन वच. एक माड आनी एक गाय. तुर्ताक गाबणे नासले तरीय माड आनी गाय दोनय बरे. फळपीच ते..." घोवाक सांगल्यार ताणें तोणोच उखल्लो, म्हणूंक लागलो -

"ते भिकनाशे, सुवार्ती तुका दितले कितें? ती पानो सुखिल्ली गाय आनी पोंय सुखिल्लो माड! कांय नाका तेंचें!" पूण अहिल्या घोवालें एक आयकनासतना दुसरे दीस सकाळींच कुळारा गेलें. वतना तेणे आपल्या धा वर्सांच्या चेड्याक वांगडा घेतलो. गेल्यार गाय त्याच माडाक बांदून दवरिल्ली आसा. व्हडल्या व्होनयेन सांगलें,

'तीन दीस जाले. गाय आनी माड. दिल्ली वस्त खंय भायल्या भायर वचूंक जाय. हांवच इल्लें तण उडयतालें म्हऱ्यान.'

माड बोटीची कुंयांकाठी कसो उबो सरळसोट. वयर गरगरीत चुट्टांचो घेर. उबी सूय आनी भोंवतणी बागवोन येयल्लीं चुट्टां. तेचें मुळय तशेंच सोबीत. बारीक बारीक पाकळ्यांचें साळक आसचें तसो बारीक धव्या दांवाचो घेर. तातूंनच माड उबो. पूण तेका नाल्ल उणेच. चार वटेन चार पेंडी. एकेक पेंडीक सुके, अवल, तीन चारच नाल्ल. आनीक वयर फुलिल्ल्या शेल्यांकय जाय तशे बोणे नासले. व्हडल्या होनयेन म्हटलें,

"गेल्या वर्साक बरो लागिल्लो. घरांत हो सांवार चलत सावन कांच घेतला. कुळरची धूव तूं. थातरून वच तेका. आतां तूं धुवेक पावला म्हण सांग !"

इतले म्हणसर म्हऱ्यांत आशिल्ली गाय अहिल्येक ल्हेंवक लागिल्ली. तीन वितां जाल्लीं ती गाय धड नेण्टी न्ही धड जाण्टी न्ही. आंगावयली ल्हंव आतां पडिल्लेवरी जाल्ली. तिगेल्या पयल्या विताचो पाडो मानेर जूं घेवन जोत ओडटालो. तेका ती गाय बेठीच दुयेंतशी दिसली. अहिल्याक बेठोच दुबाव - हिका सारखी खावड नाशिल्ल्यान ही अशी जाला काय खरीच दुयेंत आसा ! तेणें म्हऱ्यांत वचून तेगेल्या फाटीर हात दवरलो. ती भावनेचो घुस्मट जाल्लेवरी सूं ऽ करून स्वास

ओडून घेत हुंकारली.

इतले म्हणसर मदलो भाव नरशिंव येयलो. तेणे गायक कुशीन काडली. सरसरीत माडार चडून सुकिल्ले धायेक नाल्ल काडले. ते सोलून तेंची पोटली केली -

'बाय, घरांत येयना तूं? जेवनच वच मुगो.'

अहिल्यान अदमास घेतलो. चार खणांचें हें घर भावांनी कशें वांटून घेतलां आसतलें काय? कोणे आनी खंय दार मारिल्लें आसतलें काय? ह्या चिंतनान तेचें काळीज जड जाल्लेवरी जालें. "नाका, वयतात आमी. रांदूक जाय. येतना रागारच आशिल्लो तो."

तेणे नाल्लापोटली तकलेर घेतली. एका हातान गायचें दांवें धरलें आनी चलूंक लागलें. गायेफाटल्यान चेडो हातांत बेठीच बडी घेवन चलतालो. अहिल्या मुखार आसा, हे एकूच आस्तेनशी गाय तोंड वयर नीट धरून तेच्या फाटल्यान चलताली. मुखार तकलेर नाल्लापोटली घेवन हातांत दांवें धरून चलपी अहिल्या, मदीं धवी गाय, फाटल्यान चेडो. चेडो मदींच गायेच्या शेंपडेचो गोंडो हातांत घेवन खेळटालो. तो सोताच्या तोंडावयल्यान भोंवडायतालो. मागीर खांदार उडोवन चलतालो. गाय मदींच शेपडी खस्स करून ओडून घेताली.

अहिल्याचो घोव रामचंद्र वासरेंत बशिल्लो. बायल गायेक घेवन येता तें तेणे पळयलें. तो उठलो आनी तेणे तेका गर्जण घालीत गाळयो संवल्यो. म्हटलें -

"कित्याक ती पोट सुकिल्ली, पानो जिरिल्ली म्हातारी गाय हाडला तुवें? पोसूंक भार. ती आनी गाभ धरचिना, पानवेची ना. आस तशी व्हरून परतें पावय तें मडें."

तेणे अहिल्याल्या हातांतल्यान दांवें काडून घेतलें आनी गायेचेर दोन बडयो ओडल्यो. तिका परत्या वाटेर धांवडायलें.

अहिल्या नाल्ला पोटली थंयच उडोवन एकदम मुखार येयलें. 'कित्या मारलें तुवें मुज्या गायेक. ती जल्म दितल्या आवय भशेन मूं!'

तेणे धांवत वचून गायेलें दांवें धरलें. तेका बाय मांय करीत हाडून गोट्यांत व्हरून बांदलें. माळ्यावयल्यान बरेंच तण सट् करून हाडून गायेमुखार गंवणीत घातलें. अहिल्याक दिसलें - त्यो बडयो खरें तर म्हजेरूच पडपाच्यो. मुका मारचेली संवय ना म्हण गायेर पडल्यो.

कुळारची माये मोगाची गाय. अहिल्यान तेची खुप्प सेवा चाकरी केली. सुकें तण, जितें तण, नीस, कुंडो खावयलें. जेवन शेवटाक शीत, भाकरी, भाकरे कुडके उल्ल्यार न्हेसणांत लिपोवन व्हरून ती गायेक खावयताली. ती पोटान, मानेन भल्ली. आंगावयली ल्हंव रेसम कशी तिकतिकूंक लागली.

पूण रामचंद्र मात ते गायेविशी तुसडेपणान वागलो. हेरांवांगडा तिकाय तो गवणींत इल्लें तण उडयतालो - घे, खावन मर - म्हणिल्लेवरी. केन्ना बायलेक बकच्छायेन म्हणटालो - "सगळ्यान हुंवाळिल्लो कुळरचो ऐवज हाडला. माड पाडूंक गेल्यार तुज्या तकलेर तेंचो पिड्डो पडटलो चय."

पूण ती गाय स म्हयन्यांभितर गाभणी रावली. एक दीस तेच्या मांय आंगांतल्यान धंवें सुटलें आनी तेचो वास फांकारलो. घे आठ धा पाडे, बैल तेच्या मागार धांवले. ती फळ्ळी आनी तेका गाब धरलो. रामचंद्रान म्हटलें, 'हें म्हातारें गाभणें रावलां खरें, पूण हेचो गाब धड काय पोल तें वर्सानच कळटलें.'

वर्सान गायेक पाड्या वासूर जालें. गाय वियेतना अडली. कितलो वेळ भायरूच येना. गाय उठून मागीर कळवळत नाचूंक लागली. पांये, पुराय धड सकयल लांबता तर तकली मांयआंगा भितर. रामचंद्र मुखार गेलो आनी तेणें धडाक धरून तोंड भस्स करून ओडून काडलें. गाय बेंऽऽ करून आड्डुली. अहिल्या थंयच आसलें. तेणे म्हटलें,

'मोवपणच ना तुज्या हाताक, दुखलें तेका.'

'ना तर मरतासलीं दोगांय. वाटयलें म्हण सांग.'

घब करून सकयल पडिल्लें तें वासरूं रसमाचे लडयेवरी आपले मोव पांय लडबडायत, तेंकयत उठलें आनी आवयली होंट सोदीत जुस्त गेलें आनी पान्याचें दूद ओडूंक लागलें. कोणे दाखयलें ना. लायलें ना. मागीर वासरू वारो कानांत भरून अशें नाचूंक लागलें, धावंक लागलें, कशेंच आटपा नज जालें. तें धांवतना रामचंद्रान सट्ट करून पांय आडवो घातलो. वासूर आडखळून भुंयर आपटलें आनी मेल्लेवरी पडलें. पयसुल्ल्यान गायेन पळोवन बें म्हणून ती आड्डुली. पूण रामचंद्रान वासराक उखलून हाडून गायेमुखार आपटिलें. गायन दोळे वटारूनशें रामचंद्राक पळयलें आनी ती रागानशी हुंकारली.

रामचंद्राल्या हाताक मोंवपण, मोगाळपण जशें खबरच नासलें. पूण तो भितरल्यान फातरा काळजाचो, दुश्ट मनाचो बी तसो नासलो. सोभावांत बरेंच

धसमुसळेपण आनी हातीक इल्ली खरबरीत घटसाण. गांवची धूव लग्न जावन वयताना हेरां वांगडा तेच्याय दोळ्यांत दुकां उर्बी रावतालीं. फातरा फातरांचे मोटें खडवण आसचें आनी तेतुंतल्यान नितळ, बारीक झर व्हांवन येवची तसो तो आसलो.

पाडो काथ्या सुंबा रंगाचो तांबडो आसलो आनी तेच्या कपलार धवो चांद आसलो म्हण तेका चांदू म्हण नांव दवरिल्लें.

कुळरचे गायेक पाडो जाला म्हण अहिल्यालो जसो मळबाक हात लागिल्लो. मनांतल्या मनांतच तें सोता भोंवतणी गिरक्यो घेतालें आनी खुक करून हांसतालें.

'घरचे गायेचो बैलपाडो' म्हण तोखणाय आसली. रामचंद्राक आतां आतां दिसूंक लागिल्लें - आयज ना फाल्यां एकवटेच्या बैलाचो हुस्को मिटलो. फाटीर थापट माल्लार वचून मानेर जूं दवर म्हण उबो रावतलो. आयजवेर सगळे बैलपाडे गांवा भायल्यान विकते हाडिल्ले. पयलेच फावट घरचो पाडो जुंवाक फाल्यां खांद मारतलो.

***

चार वर्सात चांदूली आवय आनीक वीत दियनासतना बेगीच म्हातारी जाल्लेवरी एक दीस गोठ्यांतच गोठणाक पडली आनी मेली. रामचंद्रान आपल्या एका बापोलभावाक आपोवन हाडलो. एकल्यान शिंगाक धल्लें आनी दुसऱ्यान पांयाक धल्लें. चांदू हुजीरच तेणी तेका फरपटीत ओडून व्हरून तिठ्यार उडयलें. तेचेर गिदां पडलींच. उपरांत चांदून पळयली आनी तेच्या शिंगाक धार चडिल्लेवरी जाली.

रामचंद्रान अहिल्ल्याक कुळरच्या गायेचो भोव दुस्वास केलो. मेल्या उपरांत तेका अशें उकत्यारूच व्हरून उडयलें. अनुसुया खूब रडली. कुळरचो मनीस गेल्ल्यावरी.

चांदू व्हड जातालो, आंगान माततालो, आकाराक येतालो, शिंगा उर्बी धरून तांकीन उबो रावतालो. पूण चांदूचें आनी रामचंद्राचे केन्ना जुळलेंच ना. चांदू जसो गर्भमुळांतलो कसो राग धरून घेवन बशिल्लो. वडामुळांतल्या रामफळीन वडाचो राग धरिल्लेवरी.

एक दीस दुस्मानाल्याच पोरसांत चांदू रिगलो. खरेंतर हेराल्या कोणाल्या बैलान ती वंय मोडून वाट केल्ली. चांदू चरूंक गेल्लेवरी आयतोच रिगलो. तेणे

देठ्याचीं, वांयग्याचीं, मिरसांगेचीं रोपां खायलीं. तेन्नाच पोरसाचो मालक जो रामचंद्राचो दुस्मान जावन आसलो तो थंय पावलो. तेणे चांदूक थंयचें आमुडलें आनी मागीर कुलकुलाट, बोब मारीत रामचंद्राक गाळी संवल्यो. आयकून रामचंद्र थंय येयलो. पळयल्यार तो दुस्मान बुरशो बुरशो गाळी संवता आनी चांदू पयल्यान चरता. कांय वेळ तेंच्यामदीं मोटी हमारी तुमारी जाली. उपरांत रामचंद्रान चांदूक व्हरून गोट्यांत घालून यथेच्छ पेटलो. गोट्याची ताटी लावन घेतली आनी लांब, घट बडयेन तेच्या फाटीर बडयो ओडूंक लागलो. मनीस आनी मोनजात हांचे मदलें एक अदीम, क्रूर, एकतर्फी झगडें थंय कांय वेळ चललें. अजाप एकच दिसतालें, दोन उब्या सुळक्या शिंगांचो तो जुवान पाडो तेचो मार मोन्यांनी सोंसतालो. शिंगा जोटून तो रामचंद्रार कित्याक झुडोन गेलो ना? शिंगा, दावखुला नाशिल्ल्या मनशाक तो कित्याक भियेलो! एक कुवाडेंच आसलें तें!

तरीय एक काळजाच्या तळाक देंविल्लो खर राग, निशेध, हट, द्वेश तेच्या तांबड्या पेट्ट्या दोळ्यांत दिसतालो. तरीय संद सादून फाटल्यान शिंगा मारपी बेरकीपण त्या दोळ्यांत नासलें. बैलाच्या सगल्या गुणअवगुणां सयत तो आसलो. तरीय, पातळ कातीचो, दुखऱ्या मनाचो, रडक्या दोळ्यांचो ! फाटीर हात दवरल्यार ताची कात चडूच थरथरताली !

त्या दिसा चांदू रातचो गोठ्यांत रावलो ना. रामचंद्र वतकीर ताटी कुशीक मोखून तो भायर गेलो आनी लागींच रानाकडेच्या झिर्लीनी वचून गोठलो. सांजचो गोरवांक कानी घालूंक गेल्यार तो गोठ्या गवणीत ना. रामचंद्रान मागीर तेका उले दीत आशिकुशीक सोदलो. इतले म्हणसर रात जाली. तो घरासरीं वचून लालटेन पेटोवन घेवन येयलो. तेच्या फाटल्यान खूब हुसक्यान कळवळतशी अहिल्याय येयली. पाड्याक माल्लें म्हण ती सारक्की घोवाक उलयताली.

सगळें सोदून मागीर ती गोठ्या मुखाल्लें शेत बळाटून रानाकडेर गेली. झिलीझोपांनी उजवाड घालीत ती सोदताली. आनी चांदूक उलो घालताली. एक फावट अहिल्याल्या उल्याक हूं कसो हुंकार येयलो. ती लालटन वयर धरून हुंकारावटेन गेली. काळोख. काळखांत विरगळिल्लीं झाडां. पावला मुखार सावळ्यांत बुडिल्लो तामसो उजवाड. रानभर पिकून गेल्ल्या फळांचो, फुलूंक लागिल्ल्या रानटी फुलांचो वास घुंवतालो. तेतूंत आनीक एक वास मिसळ्ळो, रगत, घामान निश्तेल्ल्या कातीचो, शेणा आंगाचो.

सामकी म्हऱ्यांत पावन तोंडार उजवाड घालतकीर चांदू उठून उबो रावलो. तेची ल्हंव हुमेन भिजिल्ली आनी मेल्लेवरी कांतीर पडिल्ली. ताचेर आडवे उबे कितलेशेच बडयेचे रगशेल्ले वळ. खुबखूब रडून निकतोच राविल्लेवरी दोळे व्हांवन दुकां सुकिल्लीं. दोळ्यांपसून तोंडामेरेन धवो माग पडिल्लो. अहिल्या मुखार गेलें. तेच्या मानेर पडून रडूंक लागलें. कित्याक म्हूण इतलें माल्लें तुवें तेका ! मोनजात ती. वाट मेळिल्लेवटेन गेली. तो आमचो दुस्मान जालो म्हण कितें जालें, तेचे वाडटे रोपे खायले म्हण्टकीर तेका वायट दिसचें ना! संवलार संव आशिल्लो!

रामचंद्र वोगीच रावलो.

चांदू आतां जोताक बांदचो जालो. त्याच पावसाळ्यांत रामचंद्रालो जाण्टो बैल सोमो भागून बडतणाक पडून मेलो. ह्या वर्सा चांदू कसोय करून जोताक लावंक जाय आसलें. पूण चांदू आनी रामचंद्रा मदलो जसो संवादच तुटिल्लो. चरोवंक व्हयल्यार 'अय अय' करून साद घालून, फिरोवंक गेल्यार, फाटीं आफोवंक गेल्यार चांदू ना आयकल्लेवरीं आपलेवटेन चलूंक लागतालो. आपणाक जाय तेन्ना परततालो. गवणीत खावड घातल्यार वोग्गी उबो रावतालो. आपणाक जाय तेन्ना तोंड लायतालो. सुळकीं शिंगा आसूनय शिंगा ना दाखवप ही एकच विसंगती आसली. ना तर हें झगडें खूब खर जावचेलें. खरें तर रामचंद्र आतां हार घेवन फाटीं सरूंक पळयतालो. पूण चांदू तडजोडीक तयार नासलो. ताज्जें कंवकंवीत तण मुखार उडयल्यारय तो फुलनासलो. फाटीर हात दवरल्यार रप करून शेंपडी घुंवडावन मारतालो.

पूण आतां तेका जोताक बांदचेली ताकतीक आसली. बैल पोसतात तो जोताक बांदूकच न्ही ! ना तर जावो कित्याक तो !

कार्तिकांतल्या एका बुधवारा एकूच उरिल्ल्या आदल्या जोताच्या बैलाक - बुध्याक आनी चांदूक घेवन रामचंद्र शेतांत गेलो. मुखार दोनय बैल आनी खांदार नांगरा घडप घेवन रामचंद्र. बुधो तर सामको थंड साधू बैल आसलो. तेणे केन्ना कोणाक शिंग हालयलें ना, पांय झाडलो ना, शेंपडी माल्ली ना. आमुडलो की दांयें धरिल्लेवरी नीट चलतालो. चांदूय आयज फाल्यां तसोच जातलो अशी रामचंद्राक आस्त आसली. गोल गरगरीत पोटाचो, घटमुट बांद्याचो गांवठी बळिश्ट पाडो. मगेलें जोत आतां रथ कशें सोबतलें! शेतांत पावतकीर ताणें बैलांच्या मानेर जूं दवरून कानी घातली आनी जुंवार नांगर जोडलो. आता पाड्याची पुजा करूंक

जाय !

अहिल्या तबकडेंत फुलां, पिंजर घेवन येयल्लें आनी थोडें गोडशें. तिणें चांदूल्या कपलाक पिंजर लायली आनी तकलेर फूल उडयलें. एक फूल रामचंद्रान घेवन तें तेच्या कुबस्थनार दवरलें आनी तेका गोडशें खावयलें. मागीर भुंयेर हात लावन तेणे देवाक पांयें पडलें आनी मागलें, "मगेलो हो नवो पाडो तो जोताक बरो साजोव दी, सारवळ जावंदी, तो तास सोडून जूं उडोवन तासा भायर वचचो न्ही." तेणे निरमण्या बाग हातांत धरतकीर अनुसुयान म्हटलें - पंदरा दीस राखून फुसलावन घे. पयलीं पयलीं खांद सुजतलो, पांयांत नांगर घुस्पतलो. मागीर तो नाच काडटलो."

पूण चांदून तासार चार चांटां मारलीं आनी तेणे मानेवयल्यान जूंव उडोवन तो सारक्को आडवो उबो रावलो. फक्त कानी गळ्यांत घुसपल्ली. रामचंद्रान भोव कस्टान थातारून तेका तासार नीट उबो केलो आनी सकयल येयल्लें जूंव परतें खांदार दवरलें. आमडूंक गेल्यार ताणें परतें जूंव उडयलें. दुसरो बुधो नीट जूंव घेवन उबो जाल्यार हो जूंव उडोवन आडवो जाल्लो. अशें चारपांच फावटी जातकीर अहिल्ल्यान चांदू वटेन जुंवाच्या तोंकाक घट्ट धरलें. आतां चांदून वांवभर नांगर ओडलो आनी तो तासांतच पुरून दवरिल्लेवरी गोठलो. उठयल्यार कसोच उठना. शेंपडी पिळ्ळी, फाटीर थापटां मारलीं, तो उठलो ना तो उठलो ना. शेवटा जुंवाची कानी काडटकीर मात उठून सडसडीत चलूंक लागलो.

अशे पंदरा दीस, म्हैनो, देड म्हैनो गेलो. चांदू कसोच जोताक वचनासलो. एक तर जूंव उडोवन उबो रावतालो ना तर सास्टांग गोठतालो. केन्ना पांये सोडोवन पडटालो. पाशाणहटी कसो.

हेर म्हणटाले - आमचे नवे बैल चड तर पंदरा दिसांत जोताक साजले आनी नांगर ओडूंक लागले. हें इतलें पयलेच फावट पळयतात. जोताक वचना जाल्यार कित्याक मासाक मारूंक पोसूं जाय ! रामचंद्र भितरल्यान खुबळिल्लो तरीय पासेंस घेतालो. ह्या वर्सा कशेंय करून ह्याच जोतान कसून घेवन रोवंक जाय ! हो सोडून नवो बैल घेतलो जाल्यार चार हजारांची तरी गांठ जाय !

रामचंद्र तेका जोताक साजोवचे नवे नवे उपाय करूंक लागलो. तेणे शेतांत एक राटीचो घाणो घडयलो. एक खांबो आनी तेचेर एक राटी आडें. तें खांदार दवरून चांदूक दिसभर घाण्याक बांदिल्लेवरी घुंवडावप. तें आठ दीस जालें. मागीर रानांत वचून ताणें एका वज्याचें वागऱ्या वाली - कोणे हाडले. तें ज्युस्त कंवडाळें

बागोवन चांदूल्या गळ्यांत घातलें. चरूंक गेल्लेकडेन, उदक पिताना तें गळ्यातच लांबतालें. दिसभर तें वजें गळ्यांत घालून चलतना तेगेली तोंडासोंडी भुंयेक तेंकताली. भोव कश्टान तो एकेक पावल उखलतालो. पुरो जावन मदींच गोठतालो. आंगांतल्यान हूम गळटाली. दोळे व्हांवताले. कुशीक एकलो पडून रावतालो. तो खोड्यांत आसा तें पळोवन कोणय दुबळो बैल शिंगय मारतालो.

तरीय जोताक बांदल्यार नांगर खांदार घेवन एक चांट मारूंक तयार जायनासलो. उलटो खूब हटी, रागीट, खोडीचो कसो जूंव उडोवन उबो रावतालो. ना तर गोठतालो.

आतां रामचंद्र हताश, निराश जाल्लो. केन्ना रागान फुटूंक पावतालो, केन्ना हताश जावन रडूंक लागतालो. केन्ना चांदूक मारून मारून फोडून काडटालो.

एक दीस रामचंद्राक कितें जालें कोण जाणां. तेणे तेका गोठतकीत जुंवाची कानी काडून सोडलें. तो उबो रावतकीर तो हातांत दांडो घेवन तेच्या फाटीक लागलो. चांदू मार जोरांत मुखार धांवता आनी रामचंद्र फाटल्यान. शेवटाक चांदूक खूप धांवडावन तेणे पयस रानांत व्हयलें. खूब भितर आमडून घातलें आनी तो पुराय शक्त एकठावन आड्डलो - वागा, खंयूय आसल्यार यो आनी मारून खा हेका. सांसनळी फोड तेची.

रामचंद्र थकिल्लो, भुकेल्लो घरा येयलो आनी वासरेर बसून रडूंक लागलो. तो रडटा तें पळोवन बायलय रडूंक लागली.

चांदूले मानेर आनीक जूंव दवरचें तेच्यान नज जाल्लें. एक दीस कोणेतरी सांगलें - तो गोठेतकरी फुगेटो पेटोवन तेच्या कुल्यासरीं उडय. मागीर आनी गोठेवपाचें नांव घेवंचो ना.

रामचंद्रान तशें केलें कुल्यार. पूण फुगेटी फुटनाफुडें चांदू वयर हुडिल्लेवरी उठलो. मागीर दोनय बैल नांगर तसोच घेवन धावंक लागले. धांवता धांवता एकलो एका ऊंच बांदार चडलो आनी तेणे दुसरे वटेन हुडी घेतली तेन्ना मदल्या जुंवार पेंच पडलो. आनी जूंव कट करून मदींच मोडलें. रामचंद्राचेर आकांत ! सतरा पिळग्यो घडूंक नाशिल्लें अवचिन्न !

मनशान पयले फावट बैलाच्या खांदार जूंव केन्ना दवरिल्लें काय तेन्ना कितें संवसारा भायलें घडिल्लें काय ! बैलान विद्रोह करून शिंगा दाखोवन तो रानांत धांवन गेल्लोय आसतलो. मनशाचो राग, व्देश करीत तो रानांत धांवन गेल्लोय

आसतलो. मनशाचो राग, व्देश करीत तो रानांनी लिपून राविल्लो आसतलो. तरीय शिंगा नाशिल्ल्या पातळ कातीच्या मनशान त्या दोन शिंगाचेर जबरदस्ती केली आनी जैत व्हेलेंच. तेन्ना आदिमानवान बैलाच्या खांदार दवरिल्लें जूंव आयज, आतां मोडलां! बैल खांदावयल्या जुंवांतल्यान मुक्त जावन उबे आसात. हे काडीमोडीन, तुटातुटीन मनशाच्या पोटाचो अनादी प्रश्न परतो उबो जावं येता ! शेतां बंजर पडून व्हांवोन वचूं येतात.

म्हणच घडये समेस्त लोक बैलाले मानेर जूंव मोडप भोव अवचिन्न, घातमारे समजताले. गांवांत भिरांत पातळली. लोकांक दिसतालें, ह्या अवचिन्नान बायलो घोवांक सोडून वयतल्यो, लोकांमदीं हाणामारीचीं झगडीं जातलीं आनी गांव फाफसतलो. भूंय आनी मळब, पावस आनी माती, बीज आनी रोंप हांचे संबंद तुटतले...जोतकाराल्या घरात्याकच आदीं बादीकार जातलो. ह्या अवचिन्नाक परिहारय आसलो. दोगय बैल दोन दिकेक दोन गांवांनी विकून उडोवंक जाय ! तो मेरेन तेंकां गोट्यांत गवणीक बांदूंक फावना ! तें मोडिल्लें जूंव फोण काडून पुरूंक जाय !

गांवांत जूंव मोडिल्ली खबर पातळ्ळी आनी थंय रोखडेच धा बारा दादले बायलो एकठांय जाले. तेणी शास्त्राचो आनी पुर्वाचाराचो काथ्याकूट केलो. तेणी मोटी भिरांत पातळायली.

रामचंद्रान दोगांय बैलांच्या गळ्यांतल्यो कानयो काडून जुंवाचे दोन कुडके वेगळे केले. बैलांक हामडून घातले आनी ते कुडके कानये सयत व्हरून व्हाळा कुशीच्या काजऱ्या रूखामुळांत पुरून घातले. मागीर येवन दोगांय बैलांक गांवाभायर व्हरून उंडी रूखाक वेगवेगळे बांदून दवरले. घरा येवन घुम्म मोनो, फुटूंक पाविल्लोसो जावन तो वासरेंत वोग्गी बसलो. बायल अहिल्या परत परत म्हण्टाली - 'जोता वचना जाल्ले बैल कित्याक पोसूंक जाय. बरें निमित्त फुक्यासवाय कोणाकय विकून उडोवंचे दोगांकय. जोत नाच जाल्यार खण्णी घालून रोंवचें आमी शेत ह्या वर्साक.'

'मुका बुध्याचें वायट दिसना. खंयू जोत ओडून पोट भरतलो. चांदूचेंच वायट दिसता. मस्तो, हटी पोर कसो. मार खूब खायलो तेणे मगेल्या हाताचो. चुरचुरे. दिल्लेकडेन हेर कोणा शेतकाराक सतायना जाल्यार पुरो.'

'कांय सतावचो ना. तुजोच राग तेका. भुरगेपणांतसून तुगेल्या गर्जणेकच

भियेतालो तो. मागीर बडयो पडल्यो रगत निर्शेवसर. तुमचें पोन्नें झगडें तें.'

आठ दिसांत पयसुल्ल्या एका गांवच्या मनशान चांदूक साडेतीन हजारांक मोलावन व्हेलो. चांदू आशिल्लोच तसो. पळयल्यारच कोणेय उखलून व्हरचो. तुकतुकीत तांबडी कात, कपलार धवो चांद. गरगरीत आंगान भरिल्लो गांवठी पाडो. पूण बुध्याक गिरायक नासलें. तो इल्लो जाण्टो जाल्लो. पोट पडिल्लें. आंगान लांबट, भागिल्लोसो. तेका गांवाभायरच रूखापोंदा बांदताले. मुखार इल्लें तण उडयताले. आतां आतां तो चडूच भागिल्लो. तो आतां सोडून घालतकीर गांवाकडेन बी येयल्यार लोक तेका धांवडावन घालताले. तेचेर फातर शेंवटिताले.

चांदूक व्हरताना एकल्यान मुखार दायें धरिल्लें तर दुसरो एकलो तेका फाटल्यान आमुडटालो. चांदू वयतना कसोतरी गेलो पूण दोनच दिसांनी त्या गांवच्यान, धा मैलावयल्यान धांवत परतो येयलो. गांवच्या वाऱ्या वासाक आशेवन धांवोन येयल्लेवरी.

अशें चार फावट जालें. त्या लोकांनी धा मैलावयल्यान येवन व्हरप आनी तो धांवन येवप. एक फावट येयलो आनी बुध्या वांगडा जसो गळ्यात गळो घालून भोंवक लागलो. दुसरे फावट गोठ्यामुखार येवन दिग्ग उबो रावलो. एक फावट तर गोठ्याची ताटी धुकलून उडोवन गवणीतच उबो रावलो. रामचंद्र मुखार गेल्यार आकुळपिकूळ जावन 'हूंऽऽहूं' सो आवाज काडटालो. रडिल्लेवरी तो आवाज येतालो. दोळेय व्हांवताले.

तीन फावट त्या लोकांनी येवन दांयें घालून ओडून व्हयलें. चवथे फावट चांदू धांवन येयलोच. गांवाची वंय हुपून रामचंद्राल्या घरा फाटल्यान येवन लिपून राविल्लेवरी भितोडेंत गोठलो. रामचंद्र म्हऱ्यान गेल्यार तोच कुडीच्या नाळेंतल्यान येयल्लो अदीम वळखीचो आवाज. सहस्त्र वर्साच्या झुजा उपरांत हार घेवन समेटाक येयल्लेवरी.

तेची आतां अवतिकाय जाल्ली. खावड, उदक सारकें ना. तेतूंत आनी धा - धा वीस मैलांची वाट माडयत परत परत धांवन येवप. ताची तुकतुकीत कांत बावूंक लागिल्लेवरी जाल्ली. ल्हंव मेल्लेवरी मान बागोवन पडिल्ली. ती आनी हुमेन भरिल्ली. दोळे व्हांवन व्हांवन सुकिल्ले.

रामचंद्रान फाटीर थापट मारतकीर तो सडसडीत उठून उबो रावलो. तेणे तेका गळ्या भोंवतणी हात घालून गोठ्यांत हाडलें. गवणीत उबो करून, तेका

कानी घालून मगेर तो वचून गांवा भायल्यान बुध्याक घेवन येयलो. तेकाय गवणीत कानी घातली. थंड, शांत. पुराय थाऱ्यार आशिल्लेवरी.

अनुसुया पळयताली. तेणे व्हडान म्हटलें,

"कितें करता तूं हें पाडें कर्तूब? फाल्यां कुळार, मुळार येयल्यार कितें करतलो? गांवचो लोक खातलो तुका हें पळयल्यार." रामचंद्र कांय एक उलोवंक ना.

दुसरे दिसा तो बैलाक विकतो घेतिल्लो येतकीर तेणे ते तशेच दवरिल्ले साडेतीन हजार तेच्या हातार दवरले आनी म्हटलें,

"तो कांय रावचो ना. बेठोच दगदग तुमकां. हटी बैल तो. तेतूंत हिंगाची माया लागल्या."

तो परगांवचो मनासारकेंच जाल्लेवरी परतो गेलो पयशे घेवन.

मागीर रामचंद्र आपल्या घराच्या आंगणात येवन उबो रावलो आनी तेणे सांवार येयल्लेवरी खूब व्हडान म्हटलें,

"जुनें - पोन्नें जूंव तें. आज्या मुस्तीचें. सामकें बरगल्लें. मोडल्यार मोडलें. हातापायांचीं हाडां मोडना तुमचीं? घराचें आडें मोडलें म्हण घराक उजो घालतात तुमी? देवाचे पालखेक खांद मारिल्लेवरी जोता जुंवाक खांद मारतात ते बैल. तेंका अशे वाऱ्यार उडोवपाचें?"

दुसरे दिसा सकाळींच नवें जूंव घेवन तेणे दोगांय बैलांक जोताक बांदले. संसारांत आपणेच पयले फावट बैलाल्या मानेर जूंव दवरिल्लेवरी आगळ्याच झेतान तो जोत हामुडटालो. बेठीच हवेंत बडी घुंवडायतालो. 'आ ऽ रा रा ऽऽ पापारा...ह ऽ य' चो आवाज शेतांत घुंवतालो.

लोक गांवचे कडेर येवन तेचो सांवार पळयताले. तेंका दिसतालें, एका काळखांतल्यान काळें न्हेशिल्ली एक फौज लार्गी लार्गी येत आसा. आनी मर्दी रामचंद्रार हो मरणाचो सांवार येयला.

वेळ माथ्यार येय मेरेन पुराय आदेस तो शेत कसतालो. पूण हाचे मर्दी चांदू एक्कय फावट गोठलो ना. जूंव उडोवन उबो रावलो ना !!

***

अज्ञानसूख

व्हडल्या मोट्या खांब्यांचें, जाड जाड वण्ट्यांचें खूब पोन्ने पूण गडगंज घर. ताच्या मुखाल्ल्या फातराच्या आर्काचेर खूब तण, झोपां वाडिल्लीं आनी मेल्लीं. घरा भोंवतणीय हरवी जिविसाण नासली. सगळ्या बागांतल्यान निकतोच उजो भोवन गेला अशें दिसतालें.

श्रीरंगाक दिसलें, ह्या घरांत कोण रावनांत, ताचें दार हालीसाराक कोणे उक्तें केल्ले ना, ताच्या त्या शेकानशेक वारंदांत आजची रात काडूं येतली. तो मोडिल्ल्या गेटिंतल्यान भितर गेलो आनी ताणें साडयांचो गठ्ठो घप्प करून सकल उडयलो. मगेर खांदावयली, दंडावयल्यो साडयो घडी घालून गट्ट्यार दवरल्यो. अचकीत फकत संवयेन ताणें साडीऽऽ म्हण हालेटी दिली.

घरा भितर आर्दी कोणालीं तरी पावलां वाजलीं. मागीर ते व्हडले म्हाल दार करकरत उकतें जालें. एकलो पन्नासीक तेंकिल्लो खरड पडिल्लो दादलो भायर आयलो. लाकडी कसो चौकोनी चेहरो. तेतून नाक एकदम मुखार येयल्लें. त्या पोन्न्या घराक आनी त्या दादल्याक पळोवन दिसतालें, हो मनीस हांगाच जल्मला, हांगाच वाढला. केन्ना ह्या घरांतल्यान भायर सरनासतना हांगाच मरतलो. इतलो तो त्या पोरणावळीत सोबतालो. श्रीरंगाक, तागेल्यो साडयो पळोवन तो हांसलो, झाडावयल्यान खुबसो पतरो झडिल्ले वरी जालो. चुकिच्या दारार आयला तूं. ह्या घराच्या दारांयेर गेल्लीं पंचवीस वर्सां एक साडी सुकिल्ली ना.

"हांव साडी विकूंक हांगा येवंक ना. शिरोडकाराली खानावळ बंद आसा. तो आरान हांथरूणार पडला खंय. पयलीं हांव ह्या गांवांत साडी विकूंक आयल्यार तागेल्या खानावळेंत जेवतालों आनी थंयच माळयेर न्हिदतालों."

"रातचो आसरो मागता म्हण. ना तर धांवडावन घालपाचो तुका हांव. म्हजी वावराडी रेणुका हांगा भोंवता म्हण हांवें सुणे पोशिल्ले ना. राव तू रातचो राव. हो वारांद तुजोच समज. रेणुका दिश्टी पडल्यार मात भिये नाका."

"म्हणजे...?' श्रीरंग भियेल्लेवरी जालो.

"कांय ना. बरीच कुरूप आसा. कुरूप बायलांची संसारांत सर्त जाल्ली जाल्यार तिचे तकलेर पयलो मुकूट बसपाचो."

"आतां खंय आसा तर ती?"

"रातची रावना ती घरांत. हांव तिका भियेतां आनी ती म्हाका भियेता." परत तो हांसलो. "पूण म्हजें एक उतर सकल उडयना हां! हांवें आंगावयली काड म्हटल्यार सरसरीत काडूब उबी रावपी."

"तशी उबी रावल्या तर केन्ना?"

"शा. शा. हांव तसल्या पातकांत केन्ना पडूंक ना. ती कुरूप म्हणच नी. खंयूय बायलांक आंगावयलें वस्त्र वयर सरकल्यारच म्हजें काळीज धडधडटा."

आयल्लो तसोच तो परतो गेलो. परतें गंजल्लें दार करकरलें. भितर रिगताना तो कितेंतरी उलयतालो, 'काळखांत एका दोंगरावेल्यान दुसऱ्या दोंगरार....दोंगर चडत गेलें...जीव दिलो काय धांवन गेलें काय कळ्ळें ना....मडें मेळ्यार खरें आसलें...'

परत एक फावट सगळें शांत, सून्न. श्रीरंगाचो जीव कांचवेलो. साडयेचो गठ्ठो उखलून घेवन धांव मारची. ना तर साडी ऽऽ साडीऽऽ म्हणून व्हडान हालेट्यो मारच्यो अशें दिसलें.

मुखावेलो रस्तोय सामको रितो पडिल्लो. पयस पयस विजेचे दिवे जळटाले. ताचो उजवाड मदीमदी थिगळ्यो मारिल्लेवरी काळखार फासपल्लो. थंय पेल्यान विजेच्या खांब्या शेजराक एक घर आसलें. दिव्याचो उजवाड त्या घराच्या तोंडार पडिल्लो. श्रीरंगाक तें घर आपल्या गांवांतल्या घराभशेन दिसलें. तशेंच मुखार आयल्लें पाखें, तातुंतले जोडगिरे लोटे. मुखार चिऱ्यांचो दुरीग. भुरगेंपणांत तो लोट्यार उबो रावन घुप्प करून आंगणांत हुडी घेतालो. दुरगार चडून ताचे

माथ्यावेल्यान रंवऽऽ करून धांवतालो. शेजारची सुमित्रा मावशी तें पळोवन काचाबूल जावन भायर येताली. म्हण्टाली, 'पापया आवय नाशिल्लो पोर तूं. हात पांय मोडून घेशी.'

बापूय चडसो पसऱ्यार आसतालो. व्हडल्या भावाचें आनी ताचें केन्ना पटलें ना. ल्हानसान गजालींचेर धरून पेट्टालें इतलोच तागेलो उगडास आतां उल्लां. ल्हवल्हव तो आपल्या गांवघराच्या, भुरगेपणाच्या यादींत बुडून गेलो. दोळ्यांत दुकां उबी रावलीं आनी तेणे हुंडको दिलो. बरो गिरेस्तालो नांवास्तिकागेलो पूत हांव. म्हजी अशी अवतिकाय कित्याक जाली ! खांदार हो साडयांचो गठ्ठो कित्याक येयलो...हातान एक काळ पातक घडलें आनी सगळो विसकोट जालो...घर सुटलें, गांव सुटलो, कॉलेज सुटलें !

पाखांचो कडकड आवाज आयलो. एक सुपायेदो पांखो खंयच्यान तरी हुडून पावळे भितर आयलो. वयल्या वाशाक हुमकळूंक लागलो.

इतलो काळोख जाल्लो तरीय घरा भितर उजवाड ना. कसली सुलूस ना. एक पावल वाजना. एक आयदन आपटना. काळोख आनी काळखांत किच्च एकसुरी शांतताय !

बऱ्याच वेळान फस्क वाजलें. उंच जनेलांतल्यान थोडीथोडी तांबशीं किर्णां भायर ओतलीं. कांय वेळान भितर कितें तरी भग् भग् लासता तेचो आवाज, उजवाड, वास येवंक लागलो. श्रीरंग उठलो. तेणे ल्हवूच जनेलांतल्यान भितर पळयलें, एक व्हड मेज, तेजेर उब्या बुरड्याचो व्हड लापयांव. मेजार कितलींशींच पुस्तकां पडिल्लीं आसलीं. त्या मेजासरी तो दादलो बशिल्लो. वयर विजेचे दिवे आसूनय ते पेटोवंक नासले. तो दादलो एक जाडजूड पुस्तकाचें एकेक पान पिनून काडटालो आनी लापयांवार धरून लासतालो आनी सकल उडयतालो. दर फावट पान पेट्टाना बरोच उजवाड ताच्या चेहऱ्यार फांकतालो. दर फावट ताच्या चेहऱ्यार उपाट खोशी उदेताली.

परत एक फावट एक गूढ भिरांत भोंवतणी फेर घेवंक लागली. हांगा बसचें काय धांवन वयचें ह्या चिंतनांत आसतानाच परत दार वाजलें. भायर येता येता तेणे म्हटलें, 'फाल्यां उमास. आज अर्दी फाल्यां अर्दी. दिवो पेटयता हां.' तेणे एक विज्जेचे बटण दाबलें आनी म्हेळ बल्बाचो क्षीण तांबसो उजवाड पातळ्ळो. उजवाड येना फुडे श्रीरंगायक बरीच धिटाय आयली.

“फेरीवाल्या साडयेकारा, सांजच्या तुवें कितें खायल्लें? काय तसोच उपाशी आसा म्हजेवरी? हांव चुकलों. सगळ्यो भुको हांवें मारल्यो. पूण तूं तरणाटो.”

“हेदोळ पाव भाजी खायल्ली. आता भूक ना शी दिसता.”

“ना कशी? पोटाखातीर गांवदेश सोडप. फाटीर साडयो मारप आनी भूक ना म्हणप. पोटाचेर अन्याय न्ही. राव हांव तुका काफी घेवन येतां. संसारांत सोताक राखून दवरप एक पुण्य काम. आमी तर मरचीच वाट धल्ली.”

आता भितर घरय विजेच्या दिव्यान उजवाडलें. रोखडोच तो एक व्हड मगबर काफी आनी बशयेंत बिस्किटां घेवन आयलो. “चड उजवाड सोसना म्हाका. काळखांत बरी थंडाय आसता.” तेणे काफे मग आनी बि़स्किटां श्रीरंगाल्या हातांत दिलीं. तो भितरल्यान एक स्टूल ओडून घेवन म्हऱ्यानच बसलो.” सांग आज कितल्यो साडयो खपल्यो?”

“खपल्यो थोड्यो. तरीय लुकसानेतच.”

“अशे कित्याक म्हणटा?”

“सामक्या गरीब घरातली एक बायल. दोगां नागड्या भुरग्यांक घेवन दारांत उबी आसली. तिणें न्हेशिल्ल्या साडयेक वागरे सुटून तेचें जुनेर जाल्लें. हातांत शंबर रूपयाची नोट घेवन पिसायकशी म्हणटाली, म्हाका शंबर रूपयाची साडी जाय. पळोवप ना, मोल विचारप ना. वाणपण ना. काकुयट दिसली म्हाका. म्हजेसरी शंबर रूपया मोलाची साडी नासली अशें न्ही. पूण ती सामकी बाबत. म्हयन्यां भितर कुंडो जावन वचचेली.”

“मागीर?”

“हांवें शंबर रूपयाकच बरी देडशे रूपयांची साडी तिका दिली.”

“हांवें तर अशें आयकलां, फेरीवाले फटयतात म्हण.”

“फटोवंक मनीस पळोवंक जाय न्ही.”

तो दादलो हांसलो. “वट्ट हो धंदो कसो म्हण्टा तूं?”

“पत्करला न्ही. बरोच म्हणचो पडटलो.”

“कित्याक खोशी ना तूं?”

“आसा. बायलासरी सगळो वेव्हार. ताचे कुडिचो वास म्हाका तर पयलीं पसूनच मानवतालो. हांसून हांसून बायलो कशो मारतात तें हांवच जाणां.”

“तूं कांकणकार जावंक जाय आसलो. चडच घश्टूक मेळटासलें.”

"म्हणजे दर हाता वांगडा नवें पातक. आदींच मुंगरलां हांव तेतून."

"म्हणजे चड बायलां पिशें काय कितें तुका?"

"गेल्ल्या स वर्सांत हांवें पन्नास साठ साडयोतरी वगडायल्ल्यो आसतल्यो त्या पिशांत. धपके बसुनय सुधरलो ना."

"म्हाका तुजो दुस्वास दिसता. पातकाक भिवन शेवटाक आमचो एक गायडोळच जालो. मानवलो तूं म्हाका."

म्हर्जी पातकां वेगळीं. हांवें एक फावट दोंगरायेदें पातक केलें. ताची जबर ख्यास्त मेळूनय हांव विकृती लागिल्लेवरी परत परत पातकां करीत रावलों."

"अशें कितें जाल्लें तर?"

"सर तुमी कॉलेजीन शिकयतात?"

"शिकयतालों. फिलोसॉफीचो प्राध्यापक आशिल्लों. आता तीन वर्सां जालीं घराच आसां. पाड पचक विशय तो. मनशाचें हेवाळें करपी."

"हांव शिकतालों कॉलेजींत. सदांच फस्ट क्लासांत येतालों. पूण मदींच तें घडलें."

"कितें घडलें म्हण्टा तूं?"

तो प्राध्यापक सामको ताचे लागीं बशिल्लो. आपलेपण दाखयतालो. श्रीरंगाले मनावयले बंध सुटिल्लेवरी जाले, "सर तेन्ना हांव वीस एकवीस वर्सांचो आसलों. म्हज्या व्हडल्या भावाली सोयरीक आमच्याच गांवांत नात्यातल्या एका चेडवासरी जाल्ली. हांव तेन्ना तेंगेर परतो परतो वयतालों. एक दीस दनपरां हांव तांगेर गेल्लों तेन्ना तें चेडूं न्हांवन माथें वोळयत आंगणांत वोतांत कशाकशेंय बशिल्लें. म्हजी सुलूस ताका लागमेरेन ताचें गुपीत आंग सगळें म्हजें नदरेंत पडलें. म्हजें आंग तापलें. हांव विकारान झिडपलों. इतलें म्हणसर तें उठून भितर गेलें."

"बायलांक तशें पळोवप पातक म्हण म्हजी आवय सांगताली. सोताचे खासा बायलेकय तशें पळोवंचें न्ही खंय."

"म्हण तुमी जायत्या अधोगतींतल्यान वाटवले जावंये."

प्रोफेसरान सुसकारो सोडलो. "ना. तशें जावंक ना. म्हणच चड पोजोड जालो जिविताचो. सांग तुजें सांग."

"तें चेडूं मागीर म्हजी भावा बायल जावन समतीच घरांत आयली. तिका पळयतकीर म्हजें रगत तापतालें. कुडिचें उज्याकेण जातालें. श्वासांतल्यान उजो

सरता अशें दिसतालें."

“हें मात सामकें वायट हां. मोटे पातक. नार्ती पवित्र राखूंक जाय."

“एक दीस दनपरां हांवें संद सादली. भाव पसऱ्यार आसलो. कांक्राचें निकतेंच आपरेसांव जाल्लो बापूय आपले कुडींत पडून आसलो. भावा बायल आपले कुडीन खाटीर आडवी जाल्ली. तिचे कुडिचे दारार पावतकीर बायलदेहाचो मादक वास म्हज्या नाकांत भल्लो. म्हजेर सांवार."

“मगेर?"

“हांवें सुद्द विसरून तिका घट्ट धल्ली आनी तिचेर बळजबरी करचे यत्न केलो. ती खिणभर काचाबूल जाली, खूब भियेली. मगेर म्हाका धुकलून दिवन तिणें व्हडान किळांच माल्ली."

भायर बापूय हातांत बडी घेवन थरथरत उबो आसलो. ताच्या दोळ्यांत रगत उसळतालें. कांय खीण ताका वाचाच फुटली ना. मगेर तो फें फें करून कितेंतरी उलयलो हातांतली बडी नाचयत. भावा बायल ओडिल्ल्या वस्त्रांचीय सुद्द विसरून तशीच उबी आसली. हांवें त्या खिणाकच घर सोडलें आंगावेल्या वस्त्रांनिशी."

प्रोफेसर मज घेवन आयकतालो. तेणे सट् करून म्हटलें, “खंय खंय धरिल्लें तुवें तिका?"

“तें आतां नाका सर."

“तुका आतां खंत दिसना?"

“दिसता, फक्कत भावा बायल म्हण. तिचेरय परंपरेची, संस्कृतिचीं चेपणां आसलीं. फुडाराची भिरांत आसली. एक नर आनी मादी हे पातळेचेर तिणें म्हाका न्हयकारलें अशें म्हणूं नज."

“जाणां, बळजबरी ह्या उतरानच म्हाका थरथरो भरता. हांवें कितल्या मोगान थंडसाणेन मीराचें मन जिखपाचे यत्न केल्ले जाणां, हांव ताका सांगतालों, फक्कत वासना भोगूंक शरीरकर्म करप म्हटल्यार पातक. मोग आसूंक जाय. पावित्र येवंक जाय. शरीरकर्माचो उद्देश एकच, वंशसातत्य."

“फट सामकें फट तें तुमचें. सैमान मनशाक दिल्लें तें एकच सैमीक परम सूख, पुराय जल्मा वांगडा बांदिल्लें. वंशसातत्य जालें तर जालें ना तर ना. तुमी जाणांत, बायलां मदी जेन्ना गर्भ धरचेली तांक सोंपता तेन्ना त्या देंवत्या पिरायेर

आनी उपरांत लेगींत वासना मूळ धरून आसता."

प्रोफेसराक हारिल्लेवरी दिसलें, "शाणो तूं, चड शाणो. तुका विखाळ नागावरी सैमान एक विद्वार्टे लींग दिलां म्हण तूं हें उलयता. त्या नागाची तकली चेचूंक जाय."

श्रीरंग हांसलो. "हांव घडये चड सेक्सी मनीसय आसतलों सर. मानतां. एक विचारूं सर, तुमचो मोग, तुमचें लग्न सफळ जावंक ना?"

तो कांय वेळ वोगीच रावलो. "तिणें तो आत्मघातकी निर्णय इतले तडफातडकी कित्याक घेतलो कळना. विचार करप ना. विचारच ना. उठली आनी सुटली. वयताना तिणें कितें म्हटलें जाणां?"

"कितें म्हटलें सर?"

"तुमी फिलॉसॉफीचे प्राध्यापक जावंचे वट्याचे हातांत घण घेवन लाकडां फोडपी लाकूडफोडे जावंक जाय आसले. आतां तुमी एक मठ बांदात. हांव तातूंत रावंक येतां. पिशेपणां न्हय तर कितें."

"पिशीच जाल्ली सर ती."

"हय तर. एक फावट हांवें विचाल्लें, मीरा, तुका कितें चड आवडटा? तर सांगूंक लागलें. कोब्यांचें फुलिल्लें शेंकर पळोवंक आवडटा. जत्रेत फोग पेट्टाना पळोवंक आवडटा."

श्रीरंग एकदम उचांबळीत जालो. "खऱ्यानीच बरी आशिल्ली ती सर. एकदम बरी शिटूक आसली. तिका सांवार काडपी घोव जाय आसलो. तुमी उणे पडले. साप्प उणे पडले. थंड मनीस तुमी."

तो अचकीत तापलो. "तूं म्हाका दादलो न्ही, नामर्द म्हणूंक सोदता? यू ब्लडी बास्टर्ड. लाग चलूंक हांगासल्लो."

"रागार जावं नाकात सर. बायलांक सदांच आपलो घोव झोपय घालपी वागावरी आसचो अशें दिसता. तांकां सांवार काडिल्लो जाय आसता."

कांय वेळ तो वोगीच रावलो. खूब खंती, पश्चाताप भोगिल्लोसो जावन. "कितें जाल्लें जाणां, बापूय भुरगेपणांतच मेल्लो. आवय धवें न्हेसून दिसभर पुजापाठ करीत रावताली. पातकाच्यो पुण्यांच्यो खबरी सांगताली. मुखाल्ल्या जल्मांत आपलो घोव अज्ञांवर जावंचो म्हण मागताली. म्हाका देवामुखार वर वर उबी करताली. एकवटेन तिणें म्हाका दयावंत, नितीवंत म्हण घडयलो तर दुसरेवटेन

म्हाका चेचलो. आतां आतां पश्चातापान म्हजे मर्दी एक भयंकर विसंगती उपरासल्या. दिसता कोणाचींय वस्त्रां ओडचीं, नागडी पळोवंचीं, बळजबरी करचीं. दुसरेवटेन कूड मानिना. तांचो आदार ना. रेणुका न्ही करून कोणय बरी वावराडी आशिल्ली जाल्यार हांव म्हजें हांशें करून घेवपाचों. हे विसंगतितल्यान म्हाका पिशें लागूंक पावलां अशें दिसता."

श्रीरंगान मनांतच म्हटलें, पिसो तर तूं जाल्लोच आसा.

"तातूंत फिलॉसॉफीसारखो बाबत कुचकामी विशय म्हज्या गळ्यांत पडलो."

"अशें कित्याक म्हण्टात तुमी सर. हें मात म्हाका पटना. बरें ज्ञान तें."

तिडकीनशें ताणें म्हटलें, "केन्ना कोणे शिकचो न्ही असो बिनबुडाचो विशय तो. मनशाचें हेंवाळें करपी. फाल्यां संसारांतल्या सगळ्या कॉलेजींतलें फिलॉसॉफीचे सगळे विभाग बंद केले तरी कोणाचें कांयच लुकसाण जावंचें ना. तो विशय म्हटल्यार काळखांत बशिल्लें एक काळें मांजर. भ्रमिश्ठ जाता मनीस."

"सर, हेदोळ तुमी एका जाड पुस्तकांतली पानां काडून लासतालेशे?"

"हय लासतालों. लासून उडयतलों सगळें. हांव मरता म्हणसर एकेक पान करून तिनय कपाटांतलीं पुस्तकां लासून उडोवंक जाय म्हाका." एकदम ताणें तोंड उकतें करून दातार दांत आवळून धल्ले. राग आनी उबगण ताणें वांगडाच उक्तायली.

"कित्या हो राग तुमचो पुस्तकांचेर?"

"पुस्तकांचेर न्ही. ज्ञानाचेर. ज्ञानान ह्या संसारांत सगळीं दुख्खां हाडलीं. ताणें तकलेर अणुबॉंब फोडले, वातावरणांत विखार सोडून मळबाक बुराक पाडले म्हणच न्ही. ज्ञानान मनशाक नश्ट्या सुखाची जाणविकाय करून दिली आनी सुखा फाटल्यान धांवडायले. 'ना' आनी 'जाय' च्या चक्रव्युहांत घुंवडायले. अज्ञानान सूख आसता हो सैमाचो मूलमंत्र. म्हणच अदम आनी इव्हान देवाले आज्ञे आड न्ही त्या झाडाचे फळ खायलें आनी तांकां ज्ञान जालें तीं आपल्या आंगार वस्त्रां ना तें. मनशाला दुख्खाची सुरवात अशी जाल्ल्या ज्ञानाक लागून. अर्विल्ल्या ज्ञानान तर मोटो अच्छेव केला. ह्या ज्ञानाची धावंडी चल्ला परमेश्वराल्या आज्ञेआड विनाशावटेन. अज्ञानातच खरें सूख आसा...." तो आता मनावेलो तोल गेल्लेवरी व्हडव्हडान उलयत रावलो.

मागीर श्रीरंगय तांच्या आड तेच तांकीन झगडलो. ताणें म्हटलें, ज्ञानान मनशान सैमाचेर जैत व्हेलां. सगल्या सैम संकस्टांक आनी अरिस्टांक तोंड दिलां. ज्ञानाची वाड जावंक नाशिल्ली जाल्यार तो केन्नाच धर्तरेवेल्यान नानपश्चात जावन वयतासलो. ताची बुद्द आनी जोडिल्लें ज्ञान हें ताचे राखणे कवच. जोडिल्ल्या ज्ञानाक लागूनच तो मोनजातीपरस वेगळो, श्रेश्ठ...ज्ञान म्हळ्यार सत्, अज्ञान म्हटल्यार असत्."

पूण तो कसोच आयकोन घेवंक तयार नासलो. परतो परतो म्हणटालो "अज्ञानातलें सूख हें खरें सूख. फाटल्या शेकड्यांनी पिळग्यांनी तें भोगिल्लें. ज्या दिसा मास भाजून तळून खावं येता हाचें मनशाक ज्ञान जालें त्या दिसा कंदमुळांचें मोल उणें जालें. मोनजात मरूक लागली. तो मेरेन कंदमुळां हें सर्वश्रेश्ठ अन्न आसलें. पंचपक्वान्न आसलें." तो आतां कांय वेळ श्रीरंगाक जोखत सो वोग रावलो. मगेर ताणें धूर्त कोल्यावरी हांसत म्हटलें, "इल्लें म्हजें इल्लें तुजें म्हणूया आजच्या पुरतें. न्हीद तूं आतां."

"हांगा भायर वारांदातच न्हिदूं हांव?"

कित्याक घरांत येवंक सोदता? पूण घराचें दार उगडप हें मनाचें दार उगडपा इतलें सोपें न्ही. तो दार ओडून घेत भितर गेलो. कांय वेळान एक सुपुल्ली चावी घेवन आयलो, "थंय घराकुशीक ल्हानशें आवट हावस आसा. नितळ आसतलें. रेणुका मर्दीमर्दी सान्न मारता. वचून न्हीद थंय."

श्रीरंगान साडयांचो गठ्ठो उखल्लो. चावी हातांत घेतली आनी तो फाटलेवटेन वचूंक लागलो. प्रोफेसरान बेगीबेगीन भितरल्यान लापयांव हाडून वयर धल्लो. त्या उजवाडांत सगळें झळकलें. तेणें इल्लें व्हडानच म्हटलें "पाप पुण्य चयनासताना भोग घेवचेली तुजी वृत्ती म्हाका मानवली हे साडयेकारा."

ताणें लापयांव भितर व्हरतकीर थंय इतलो काळोख पातळ्ळो दोळ्यांत बोट घातल्यार बोट दिसना जाल्लो. उमाशेचो दीस आनी वयर एक कसलो तरी आकांतयाळो गच्च रूख. तरी कसोतरी चाचपडत तो भितर गेलो. जमखन सोडोवन न्हिदलो.

सकाळीं तो इल्लो उसरांच उठिल्लो. उठून साडयेचो गठ्ठो घेवन घराच्या वारांदात चयल्यार प्रोफेसर उठून वारांदात जसो तेगेली वाटच पळयतालो. तेन्नाच मुखावेल्यान वावराडी रेणुका येता ती दिस्टीक पडली. तिका पळोवन मन

विटिल्लेवरी जालें. तें जुवान आसलें पूण धाय मापानी आनी धाय हातांनी सैमान तिका काळो रंग लेपडायल्लो. नाका सुवातेर दोन बुराकाचो एक काळो मासागुळो दसयल्लेवरी दिसतालो. दोळे भुरकट कालवा मासावरी आनी तेतुंतल्यान खरीच मासाची लाळ गळटा अशें दिसं. गाल मातशे फुगरे आसले खरे, पूण ते लिप्प काळे पोले मदीमर्दी मुयांनी कोत्रोन खायल्लेवरी दिसताले. ती भितर सरताना मातशी हांसली. तेचे धवे नितळ दांत मात दिस्टीक पडले. श्रीरंगाक दिसलें हिणें सदां हांसून दांत दाखयत रावल्यारच हिगेलें हें संसारा भायलें कुरूपपण इल्लें तरी धांपतलें. ती फाट करून घरा भितर सरताना तेणें पळयलें हिगेले केंस मात घसघशीत कुल्यार पडलात. कुले कंबरय गरगरीत जुवान आसा. तरीय ताका दिसलें हिका फुडसान आनीक आनी म्हण म्हज्यान पळोवंक जायना.

ती भितर सरताना प्रोफेसरान तिका सांगलें, "सोयऱ्याक भायर उदक हाडून दी आनी काफी कर."

श्रीरंगान फाटल्यान म्हटलें, ही इतली कुरूपताय तुमी घरांत कशी पोसतात?"

"गांवांत तिका कोण्ण मुखार उबो करून घेनासलो. काकुयट दिसली. बरी ती. म्हजें उतर मोडिना. मोन्यांनी वावुरता. केन्ना ताचे एक उतर आयकोंक हांव आशेतां."

काफी पिवन वचूंक उठल्यार रस्त्यावयल्यान एक गोरें गोरें खूब खूब सोबीत चेडूं वयतालें. सुंदर तुकतुकीत पोले, काळेकाळे दोळे, लांबसडक केंस, प्रोफेसर मुखार आयलो. "त्रिवेणी खंय गो. बरें मुगो?" तें लजलेशे करून गेटीसरी आयलें. "साडयेकार तो. बरो आसा. बऱ्यो बऱ्यो साडयो हाडलात. सांगतां. सांजचें सांगतां. रेणुकाक धाडटां. तो विचित्र हा हा करून हांसलो. तें चेडूं आर्दी मातशें गोंदळिल्लेवरी जालें. मगेर लजलेंशें करून वचूंक गेलें.

"श्रीरंग, हें चेडूं आज रातचें तुजेसरी येतलें. तुजेसरी रावतलें."

"कितें?"

"आवय आनी धूव दोगांच रावतात. आवय गरीब. जिवानय बरी उरना. लग्नाची पिराय जावन वचूंक लागल्या. सोबीत पूण पयलीं पसून इल्लें चड स्मार्ट तें. रेणुका आसा. सगळें सारखें जातलें."

"सर तुमीय केन्ना...."

"ना. अजिबात ना. तुजेवरी फारार फार आमकां केन्ना जमलें नांत. भेटलो तूं, पूण खूब उसरां भेटलो."

"हांव भोवन सांजचो येतां सर."

"यो. पूण तुका एक निमाणे सांगतां. अज्ञानांतच चड सूख आसता. ज्ञान सगळीं सुखा वगडायता."

"हें मात तुमचें म्हाका मान्य ना. कशेंच मान्य जावचें ना."

"परतें तेंच म्हणटां तूं. तुजेंच खरें म्हणटा तूं...! बरें आसा."

***

सांजचो तो इल्लो बेगीच परतो येयल्लो. प्रोफेसरान विचारलें, "जालो बरो धंदो."

"चित्तच थाऱ्यार नासलें. परत परत तें दोळ्यांमुखार. एकेकडेन कितें जालें जाणां, गठ्ठो सोडयतकीर घे बायलांची लूट. एक काय बरी साडी एके बायलेन भुरग्याल्या हातांत दिवन फारायली. म्हाका कळ्ळें. विचारूंक गेल्यार बायलो म्हाकाच मारूंक येवंक लागल्यो."

"सगळो संसार तुका फटोवंकच रावला काय कितें रे?"

"सोडात. हें पयलीच फावट न्ही. बायलो दादल्यापरस फिशाल ह्या कामाक."

उमाशेचो दाट काळोख, आवट हावसावेलो काजळो काळो रूख. ल्हवल्हव सगळें काळखांत नदरे आड वचूंक लागिल्लें. श्रीरंगाक दिसलें, बोल्सांत एक फस्क तरी आसूंक जाय आसलें. "सर तुमचो तो लापयांव वांगडा दितात?"

"आता नाका. उजवाड पळयल्यार धांव मारतलें तें. आर्दीच लजकुरें. तातूंत चोरून येवप. गरज लागल्यार आसा हांव हिंगा."

आवट हावसान येवन पळयल्यार थंय हांथरूण घातिल्लें आसलें. तो इतलो अधीर जावन वाट पळयतालो. मर्दी मर्दी श्वासांतल्यान हूं हूं आवाज सुट्टालो.

खूब काळखांत फुलांची कशीं पावलां व्हाजलीं. चेराचो, बायल देहाचो सरमीसळ परमळ पातळ्ळो. मागीर बायल रूपाचो आंगलोट परगटलो. तिचे सोडिल्ले केंसांचें वारोवप, हड्ड्याचे, कुल्याचे उभार जुस्त होलमताले. चेहरो काळखांत पुसून गेल्लो पूण आंगलोट जिस्ताजीस्त. "कोण तें?"

"हांव त्रिवेणी". आवाज जसो सतारीच्या तारेवेल्यान आयलो.

श्रीरंगाले तकलेंत रगत उसळ्ळें आनी श्वास तापलो. तो एक संसार विसरिल्लो, मन मेल्लो, लिंग फुगोवन राविल्लो रानरेडो कसो नर ! तें आंगावयलें एकेक वस्त्र देंवयता हें ताका काळखांतच जाणवलें. तो चडच उचांबळ जालो.

तिचो नागडो देह गच्च मिठयेत ओडत तिका ताणें हांथरूणांत घातली. तो तिचो ग़ोरोगोरो रंग, सोबीत मुखामळ, सोबीत तरणो देह सुपूर समादानान भोगतालो. सकाळी पळयल्ली शिडशिडीत गोरी सोबितकाय लख्ख दोळ्यांमुखार उबी रावताली. ल्हवल्हव तिवय अशी उचांबळून आयली, दोगानय मेळून सांवारच काडलो. मागीर तेंका दिसूंक लागलें, लज, भयभिरांत विरयत कुडिचो कुंडो काडून घेवप काळखांतच जावंक जाय!

सरत्या रातीर केन्नातरी तें आंगार वस्त्रां लखोवन घेवन गेलें. श्रीरंगाक उपरांत सपनांतच तोच सोबीत देह. दोळ्यांमुखार तो देह भोगिल्ल्याचो उपाट आनंद!

सकाळी उठटकीर तर तो तुश्टतायेच्या, आनंदाच्या ल्हारार जसो हुबतालो.

मर्दीच वावराडी रेणुका आयली. आदी तेणें हांथरूण नीट कवळ्ळें. मागीर हातांत सान्न घेतली. ती मर्दी मर्दी श्रीरंगासरी पळयताली आनी मुमुरख्यानच हांसताली. ताका तिचें थंय अस्तित्व सोसनासलें. तें एक बुरशें अवचिन्न मर्दी आयलां अशें दिसतालें. मर्दीच रेणुकान म्हटलें, "आंग दुखता. आंवळून पिळून उडयले तुवें. ही चय ओटां सुजलात. जावं म्हजे कुडिचें मोल तुकाच कळ्ळें. तुवें भांगर केलें ताचें."

आयकल्यार आवाज तर तोच रातचो. कानांत फुतफुततालो तो. ताच्या आंगातल्यान किळस हाडपी एक शिरशिरी धांवत गेली. ताणें ठा करून एक थापट रेणुकाच्या तोंडार फुलयलें.

प्रोफेसर जाय म्हण लार्गीच गणमणटालो. तो बेगीबेगीन म्हऱ्यान आयलो. म्हटलें, "सांगलेंच तुका ह्या हुतहुत्यान. म्हाका तर तुका जिवीतभर त्याच अज्ञानाच्या सुखांत दवरचें आसलें."

श्रीरंगान एका तिडकीन साडयेचो गठ्ठो आंवुळ्ळो आनी तो खांदार घेतलो. तो आडुलो, "पिसो जाला तूं पिसो."

मागीर तो रस्त्यार आयलो. एका किंवाट्यान तेणे साऽऽडी म्हण हालेटी दिली.

***

घण

उज्याच्या होमखणांतल्यान काडून लोखण बडोवपी देवप्पाले हात आनी ताचें मोंवाळ काळीज हाचो केन्ना मेळ बसलोच ना. सांजचो पिवन येवन केन्ना सोताच्या कुळामुळाक गाळी घालतालो. बायलेक बडयतालो आनी मागीर सोताच रडूंक बसतालो. म्हणटालो आनीक मुज्यान हो भातो हुमटावन, झोपडें मोडून फाटीर मारून मुखार वचूंक जायना!

आता आता पोंवो तुटतसान तो सामकोच तेंकिल्लो. भिरे चुकिल्लो माकड जाल्लो.

पिळग्यान पिळग्यांचीं अखंड भोंवडी! खांदार कावड मारून गाढवाल्या फाटीर संसार घालून अंत नाशिल्ले वाटेवयल्यान गांवाचे गांव पाड घालीत वचप. बायल भुरग्यांक फाटल्यान फरफटत ओडून व्हेल्लेवरी व्हरप. ती थकली, पांय सुजले, रक्ताळले, ती लखून पडली तरीय परवा ना. उज्या खणींत उजो घालून भातो लावंक दुसऱ्या पेण्यामेरेन पावंक जाय. हातात घण घेवंक जाय. ना तर उपाशी मरची पाळी !

भूंय ना, घर ना. आसरो ना, गांव ना, फक्कत देड वेंत पोट म्हटल्यारच ब्रह्म आनी तेंचें ब्रह्मांड! पोटय अशें तें सदासर्वकाळ भुकेल्लें, तेंच्या भात्यावर्री भागिल्लें. भुकेल्ल्या पोटा भायर आनीक म्हण संसारच ना. खंयची सीम खंय सोंपता, खंय कोण राज्य करता, हे इतले घरांतले, बिल्डिंगेतले लोक खंयसान

येयलात, हो पसारो भरून म्हाल कोण खंयचो दुडू दिवन व्हरता तेका खबर नासलें, तेका लागनासलें.

खबर आसलें खणींतलो उजो पालवंक फावना, भातो भागूंक फावना. ऐरणीर तांबडें रसरशिल्लें लोखण जाय, हातात घण जाय.

देवप्पा कम्मार लोखण बडोवंचो, लोखण घडवंचो, लोखणाच्या अवजारांक धार काडून दिवंचो आपलो पिळग्यान पिळग्यांचो धंदो करतालो. एका गांवांत चड दीस राबितो जालो, गिरायक पातळ जालें, झोपडें मोडून उडोवंची धमकी येयली म्हणटकर तो एक गांव सोडटालो आनी झोपडें हुमटावन घेवन दुसऱ्या गांवांत वयतालो.

नव्या गांवांत देवलो म्हणटकीर खंयूय कुशीक बांदार, तिठ्यार आपलें झोपडें घालतालो. खण करून भातो लायतालो. गांवांत भोंवत कोळशे हाडटालो. कोळशे खणीत घालून उजो करतालो. भातो ओडून ओडून त्या उज्याच्या खणीत लोखण रसरशीत तांबडें तापोवन ऐरणीर घेवन घणान बडयतालो. कोयती, विळे, कुराडी करून विकतालो. मोठ्या लोखणार घण मारचें काम तेगेली बायल यमनव्वा करताली. लोखण चिमट्यान ऐरणेर घेतालो आनी बायलेक म्हण्टालो "हं होडी.'

बायल बारीक भागिल्ल्या हातान घण उखलताली आनी जीव खावन तांबड्या लोखणार घालताली. एक फावट असो घण घालताना तिगेलो पोटांत रचिल्लो अडेज म्हयन्याचो गर्भ जाग्यारच व्हाळून गेलो तरीय परतो आठ दिसांनी तिणें हातांत घण घेतला.

पूण थारो नासलो, शाश्वती नासली. सदांच एक भिरांत, अस्थीरपणा, केन्ना कोण येवन भातो काडून उडयत, झोपडें मोडून उडयत सांगू नज आसलें. दीस बदलिल्ले. मसणवटीसरच्या जाग्याकय मोल येयल्लें. मर्दीच कोण तरी येतालो, आपले सुवातेर भातो मांडला म्हण्टालो आनी आकतार सुवात रिती करूंक सांगतालो. ना तर मार पडटले म्हणटालो. मर्दीच पोलीस येताले, लोखण चोरून हाडलां म्हण्टाले आनी बेठीच झडटी घेताले. धा-वीस घेवन वयताले.

एका गांवांत असो त्रास जावंक लागलो म्हण्टकीर मगेर तो सगळें उमटावन दुसऱ्या गांवांत वयतालो. थंयीय मागीर तेंच ! धपकावणी. गिरायकांचो उणाव.

आदी देवप्पा एकलो नासलो. तेच्या भुरगेंपणांक तर जातभावांचो तांडो, पोंवो भरिल्ल्यो आसलो. धा बारा तरी घराबे आसले. ते वांगडाच भायर सरताले

आनी लार्गीलार्गींच्या दोन तीन गांवांनी खोपी घालून भातो लावन बसताले. तेन्ना चोंयकडेन शेतकामती लोक. तेंका कुदळ, कोयती, कुराडी, विळे जायतें जाय जातालें. आतां तर हातांत कुदळ कोयती घेवपी हातच उणे जाल्यात. तेतून आनी भायलो कंपनीचो म्हाल येता.

पयलीं खंय तेचे कम्मर जातभाव एका न्हंय कडेर गांव करून रावताले. तेंचीं शेतांय आसलीं. शेतांत ते भुंयमूग, बाजरी पिकयताले. अशेंय म्हणटाले तेंगेले पूर्वज होयसळाल्या राज्यांत रायाकडेन तलवारी, भाले, कठ्यारी घडोवच्या वावराक आसले. थंयच ते लोखणाचें काम शिकिल्ले. राया एक फावट झुंजात हारतकीर तेचे सगळे शिपाय नोकर चाकर फासपले. कम्मार न्हंयचे कडेर येवन रावले. तेणी गांवकूस वसयली. शेतां पिकयलीं.

पूण एक फावट न्हंयक आकांताचो पूर येयलो. घरां, शेतां, गोरवां सगळें व्हावन गेलें. थंय अन्नाक मारामार जातकीर तेणी तो गांव सोडलो. वर्स दोन वर्सांन धा गांव भोवन परत येयल्यार तेची सुवात आनी शेतां गांवच्या गौडान हाताशिल्लीं. तो तेंका गांवांत पांय घालूंक दियना जालो. तेचे लोक हातांत तलवारी, दांडे घेवन मारूंक येयले.

तेन्नासान सुरू जाली पिळग्या पिळग्यांची अंतहीण भोवंडी. आता फकत पुर्वजाल्या व्हडविकायेची चोबळाय चोखीत रावप. पूण देवप्पाक सगळ्याचोच वीट येयला. केन्ना तो पुर्वजांकय किंवाट्यान गाळी घालता.

देवप्पाक चवगां भुरगीं. व्हडलें इकरा वर्सांचें एक चेडूं. तेचे फाटल्यान दोग चेडे आनीक निमाणे एक चेडूं. निमाणे चेडवान आजून आवयचें दूद सोडूंक नासलें. ह्या नव्या गांवांत तेणें चार दिसां फाटींच गाढव रावोवन भातो मांडिल्लो. खण पेटयल्ली, गांव व्हड गजबजिल्लो. पूण शास्वती नासली. तांच्यो भातो मांडच्यो कांय परंपरागत सुवाती आसल्यो. पूण आतां जमनीचें मोल वाडिल्लें. सरकारी जमीन म्हण ना. भौशीक जमीन म्हण ना, खाजगी म्हण ना, मालक केन्नाय बदलताले. आपलो हक्क सांगताले. फिरत्यांक सुवातीच उरूंक नासल्यो. आतां लोखण करून घेवंक गिरायक कोण येतालें तर, जाण्टे, गरीब अबरगत. व्हडमोट्यांक हांचें पडूनच वचूंक नासलें. गिरायक गरीब हुंवाळिल्लें म्हूण येणावळ उणी. कशेंच जमनासलें. भुके पोट भरनासलें. भुरग्यांची भूक पळोवन देवप्पालें मन कळवळटालें. भितरल्यान रडटालें. मगेर बायलेक फुक्याच्यो गाळी घालतालो,

'रांड सोताच भाकऱ्यो थापून खाता. भुरग्यांक उपाशी उडयता."

बायल मगेर एकदम ताचेर किळसताली 'केन्ना चोंयल्लें तुवें? म्हण मुगेल्ल्या हाताची, आंगाची कातडी अशी लांबता येस उलयल्यार लोखणार घण घालच्च्या बदलाक तुगे तकलेर घालतलें हांव.'

खरें म्हटल्यार दोगांय संवसाराक सारकींच खांद मारतालीं. एकदऱ्या उब्या चडटेर गाडो ओडना जातकीर दोगय बैल शेपडी दामून गांड आवळून जशे गाडो ओडटात तशीं तीं दोगांय संवसाराचो गाडो ओडटालीं.

तरीय मुखाल्ली कसलीच आस्त दिसनासली. मार्ग मेळनासलो. मुखार एक काळखी पोकळी. तेतुंतल्यान मुखाल्ल्या कितल्या पिळग्यांक वचूंक जाय आसलें कोण जाणा!

आयजवेर कितले गांव भोंवले, कितलेकडेन राबितो केलो, कितलेकडेन वार नाळ पुरल्यो, मर्डी लासर्ली. पूण एकय गांव आपलो दिसनासलो. झाडांक मुळां आसतात, उंदरांक, सोशांक बिळां आसतात, कोल्यांक घोल आसता, आमकां कांयच कशें ना! केन्ना सांजचो देवप्पा रडूंक पाविल्लेवरी जातालो. बायलेक म्हणटालो, "यमनव्वा याद आसा, तूं दिनू फावटीक आठ म्हैन्याचें पोट घेवन गाढवा फाटल्यान चलत वीस मैल मांडयत गेल्लें. पांया पोवट्यो खैरी मुळावरी सुजिल्ल्यो. फाल्यां तूं म्हातारें जातलें, तुज्यान घण उखलूक जावंचो ना. चेड्यांक सुनो येतल्यो. आनीक कितके म्हण गांव भोंवतले आमी! कितली वाट मांडयतले!

"भोगचें. जिते आसताना येता तें भोगचें. एक दीस मरण येतलेंच न्ही सोडोवंक हेतुंतल्यान!"

"मागीर आतांच कित्याक मरना तर तूं?"

"जीव गुंथल्लो आसता. भुरगीं आसात. तूं आसा. मरण तरी खंय मनशाच्या हातांत आसा, केन्नाय मिठयेंत घेवंक."

"खरें तुजें. जाणां, लोखण रसरसून तापतकीर बडयतात. आनी मागीर पानवळा उदकांत उडयतात, थंड जावंक, घट जावंक. ते लोखणा सुखय आमच्या दैवांत ना. आमी अशेच हुलातापान पडून मरचें."

केन्नाय घडयल्ल्यो कोयत्यो, विळे घेवन देवाप्पा सोता बाजारांत विकूंक व्हरतालो. सवाय मोलांत विकून येतालो. येताना मीठ मिरसांग घेतालो. ज्वारी, बाजरीबीन दळून हाडटालो. एक दीस परतो येताना एके घरासरी तेका खूप लोक

येतात वयतात ते दिसले. भितरल्लें वातावरण बरे परबेचेंशें आसलें. थंय गेटीसरी आशिल्ल्या एकल्याक तेणें विचाल्लें, “कितें आसा तेंगेर? चड सोयरेशे!”

“बारावो, बारावो आज.”

“कितें बारावो?”

“हय. तेंगेलो चार वर्सांचो चेडो एकल्या थोरामोट्यांच्या मोटारी खाला येवन मेलो. आक्सीडंट जालो तेका. त्या मोटारीच्या मालकान भरपाय म्हण एक लाख दिलो तेच्या बापायक. पोलीस केस बीस कांय जाली ना. भायले भायर मिटयलें सगळें.

देवप्पाक अजाप दिसलें आनी तिडकय माल्ली. तेणे रागान म्हटलें, “पुताल्या मरणाचे एक लाख घेवन बाराव्याची परब मनयतात हे राकेसकुळी! घरदार आशिल्ले लोक हे. हेंका कसली आस ही? फातरा काळजाचे लोभी लोक मुरे हे! पुताल्या मरणाचे एक लाख मेळले खूंय...”

हातांतली पोती राखत तो थंयसान सुटलो. तेका आपल्या भुरग्याक मेळची, तेंच्या पोटांत घास घालची ताळणीं लागली.

खरें तर भूक आनी अत्यंत उणाव हातुंतल्यान तेचो भुरग्यांविशींचो मोग चड घट्ट जालो. भुरगीं भुकेल्यार तो तळमळटालो. त्या तळमळ्यांत जीव खावन लोखंड बडयतालो. भातो ओडून ओडून उज्याचें होमखण पेटयतालो.

तेच्या आवय बापायनय देवप्पाचें पालनपोशण, राखण तशीच मायेमोगान केल्ली. पूण ह्या भोंवत्या भिकनाशपणात तो तेंची कांयच सेवा करूंक शकलो ना. तेचें तेका खूप वायट दिसता. केन्ना तकली धाडावन घेवची अशें दिसता. गुन्यांवीपणान स्वताचेर तिडकेता.

आवय निमाणें निमाणें बरी उरनासली. एक गांवच्यान दुसऱ्या गांवात वचचें म्हणटकीर भियेल्लेवरीं जाताली. झोपडें मोडून सामान एकठांय करताना, चलतना मर्दीच रावताली आनी म्हणटाली देवप्पा पुता तूं तरी म्हाका एक ठिकाण दी रे! नज आता म्हज्यान! सगळो लोक थाऱ्याक लागलो. आमचे कसले भोग!

कलकेरी गांवात आसतानाच एक दीस ती झोपड्याच्या दारांत न्हिदिल्लेसरी रातभर परवंली, कुंथनली आनी सकाळपाराक मरून पडली. तिका लासचे जाल्यार गांवांत दोनकडेन व्हरून प्रेत परत हाडलें. गांवचे लोक आपले मसणवटीर प्रेत लासूंक दियना जाले. तेन्ना कम्माराचे आनीक दोन घराबे वांगडा आशिल्ले फिरते.

शेवटा प्रेत रानांत खूब भितर व्हरून फारेस्टाच्या जाग्यार लासलें. ते सोताक खेत्री कम्मार म्हणटाले. आमचे पुर्वज रायाले चाकरेन आशिल्ले म्हण सांगताले. पूण लोक तेंका तेची दरिद्र अवतिकाय पळोन सामक्या उण्या जातिचे लेखताले. वयल्यान आमच्या गांवचे न्ही हें आशिल्लेंच.

देवप्पाचो बापूय बायल मरतकीर घुंविल्लेवरी जालो. तेणे सगळ्यातूनच आंग काडून घेतलें. 'अप्पा मात्सो भात्या दांडी ओड रे' म्हटल्यार म्हणटाले. 'त्या उज्यान जीव खायलो. आता म्हाका घाल़ून लास तेतून.'

खरोच आता तो खूप थकिल्लो. आयुश्यभराचे भोंवडेन आनी हड्डें फुटसर लोखण बडोवन कूड जर्जर जाल्ली. तो हाचे पयलींच्या पेण्यारच राविल्लो. तेणें निमाणें आपल्या पुताक म्हणिल्लें, 'पुता म्हज्यान आनी गांव घेवंक जायना. चाट मारची शक्त ना. हांव ह्याच गांवात झाडापोनाक झोपडें बांदून रावतां. चार घरां मागून खातलों. तू परत्या वाटेर जालार मुजें कितें जालां तें योवन चय.'

तो वांगडा मुखार कसोच येवंक तयार ना जालो. थंयच एकलो रावलो. आता बापाय खातीर देवप्पालें काळीज तुट्टालें. तेका तरी कायमचें एक ठिकाण दिवंचें अशें दिसतालें.

"...जाणा मुगो यमनव्वा, मुका राती एक सपन पडलें. कोणालो तरी भुरगो, कोणाले तरी गाडये पोनाक पडलो. धवीधवी गाडी. गाडी इतली फास येयली भुरग्याक मांडोवन गेली. त्या भुऱ्याक पुरिल्ल्या फोंडार कुचकुच्चीत नोटां भरिल्लीं उक्ती पेट. तो गाडयेकार थंयच उबो. हो खूब उंच, बूट, पेन्ट घातिल्लो. एकेक पांय हतिलेवरीं."

"कसलें पाडेल्लें सपन तुगेलें तें. नोटी दिसून दिसून खंय फोंडार दिसच्यो!"

"हय आमगेलें नशीबच पळय कसलें वायट. सपनाय कशीं अवचिन्न पडटात पळय..भुरग्याल्या पोटांत कितें घातिल्लें?"

पयर दळून हाडिल्लें बाजरे पीठ आशिल्लें इल्लें. चार भाकऱ्यो तव्यार उडयल्ले. दिले तेंका एकेक. सांजच्याक ना आनीक."

"तुका उगडास आसा यमनव्वा, दिनूक रातचो हो खतखत्यान जोर. सुद्द नाशिल्ली. आमी रातचे दोन वाजता तेंकां व्हरून दोतोरालें दार धाडायलें."

"काडलें हां दार तेणें. धांवडायलें ना, सवलें ना."

"बरो मनीस आसलो. जाणा वीस रूपये म्हण तेका दोन रूपयाचे नोट

काडून दिली हां. तेणें न्हिदे दोळ्यान घेतली आनी काडून दवल्ली तेका कळिल्लें आसत काय?"

"तुजेसरी नासलेच जाल्यार वीस रूपये. तुयें खोटेपणा केल्लीं तीं."

"पयलीच फावट फटिंगपणा केल्लीं तीं हांवें दिनूखातीर."

"दिनूचेर चड जीव न्ही तुजो. हें चय रातच्याक पीठ ना हां."

कण्णिगेरेचे ते सुवातेर खोपटे उबे करून भातो लावन देडेक म्हयनो जाल्लो. सुवात तशी गांवा कुशीकूच आसली. थंय व्हडव्हड जांबळिचें, ओंवळिचे तीन चार रूख आसले. गच्च सावली पडटाली आनी भुंयत सद्दा चिखल, ओलसाणशी उरताली. एक दीस एकलो येयलो आनी धमकावन सांगलें, 'चड दीस जाले, उठात तुमी आता हंयचे. हें कातरून कंपावंड घालचें आसा हे सुवातेक."

"ही गांवठणची सुवात म्हण आयकल्ली मुगा."

"कोण सांगता? सुवात आमची आमच्या वंशावळीची. शापोतां नाकात. फाल्यां सुवात रिती जावंक जाय. ना तर चोय."

तो गेलो. खरें तर देवप्पाक आता सगळें हुमटावन घेवन मुखार वचची इच्छा नासली, उमेद नासली. तो हटाक पेटिल्लेवरीं वोगच रावलो.

तिसऱ्या दिसाक तो परत येवन धमकावंक लागलो. तेन्ना देवप्पा तेचेसर आडमुठेपणान झगडलो, 'गांव देश सगळो सरकाराचो. कोणाल्या बापायचो न्ही. इतले बंगले, इमारती बांदले तुमी. आमकां धांवडायल्यार फटयल्यार इमारती कोसळून मरतले तुमी. देव पानवळ भोगयतलो तुमकां. तुमी लुट्टात. बंगल्यानी न्हिदतात. आमी एक खोप उबी केल्यार तुमकां नसाय. लोखण पेटून कोयत्यो, सुरी करपी लोक आमी. आमच्या वाटेक येवं नाकात. हांव हालचोना हंयसान."

तो रागान मांडूनसो पळयत काय वेळ थाल्लो. मगेर वोगी गेलो.

खरें म्हटल्यार ह्या फिरत्या वंशवळिंतल्या निमाण्या मनशाली ही निमाणी धडपड आसली. शेवटाक असो तेमाक पेटून तेका आनीक एक कारण आसलें. गेल्ली धा - बारा वर्सां ते चार तरी घरांचे वांगडान भोंवताले. ल्हवल्हव तेतुंतलो एकएकलो उणो जायत गेलो. रामप्पाक आनी तेगेल्या बायल भुरग्यांक तेंगेलो मेवणो मुंबय घेवन गेलो. मागीर तिमण्णालो एकलो भुरगो वेल्डिंगचें काम शिकिल्लो. तेका एके गॅरेजींत इल्ली नोकरी मेळ्ळी. मगेर तो घराबो भरतनळी म्हणिल्ल्या गांवातच कायम रावलो. शरणप्पा राती न्हिदिल्लेकडेनच सर्पान चाबून मेलो.

तेगेली बायल मगेर दोगां भुरग्यांक घेवन हुबळी गेली. रांडाव आवय थंय पन्नाशेक म्हशी आशिल्ल्या गोट्यांत शेण भरचें खावड घालचें काम करताली.

पोंवो पुराय तुटलो आनी देवप्पा शेवटाक एकलोच उल्लो. रूख सुटिल्लो म्हारू कसो तो एकलो पडिल्लो म्हणच तो चड निर्शेल्लो आनी तिरकटी, तुसडो कसो जाल्लो.

दुसऱ्या दिसाक जमिनिचो तो मालक परतो येयलो. येताना तेणी तिगांक वांगडा हाडिल्ले. हातातले दांडे मुखार करीतच येयले आनी तेणी गाढवाच्या फाटीर आदी दांडे घातले, मागीर खोप मोडून उडयली, भातो खण्ून हुमटून उडयलो. थंयचें सामान अस्ताव्यस्त फासपून उडयलें. वयताना ते धमकावन गेले. आता हंयसान बिटली कवळून गेले ना तर हाडां मोडून उडयतले, बोडां फोडतले.

बायल आरड मारताली, भुरगीं रडटालीं. देवप्पा फकत मुठी आंवळून कुशीक उबो आसलो. आतां तो एकदम थंडलो. तेचें उदक जालें, तो सकल बसून रडूंक लागलो. काय वेळान सगळीं रडचीं रावतकीर तेणे आपल्या फासपून उडयल्ल्या संसारावटेन बारीक पळयलें. तेका खप्प जालें. हुमटिताना तेणी तो घट्ट रापयल्ल्या चामड्याचो भातो फोडून पिनून उडयल्लो. खरें म्हटल्यार तेच्या धंद्यातलें तें मोटें धन आसलें. तेचे बगर धंदोच नज आसलो. आता तसलो भातो करून घेवंक अडेज हजार तरी जायच आसले. तोवय करून हाडूंक पयस संगमेश्वराक वचूं जाय आसलें. देवप्पाले तकलेर मळब आपटल्लेवरी जालें. तो सुन्न बसून रावलो. फाटी फुड्या गच्च काळोख आनी मदीं तो शेणिल्लो. खंयसान इल्लो म्हण उजवाड नासलो.

ल्हवल्हव सांज जावंक लागिल्ली. आदींच थंय म्हारवा पांयाचीशीं गच्च झाडां, भुंयर थंड शेळाव. तेतून इल्लो इल्लो काळोख. निर्शेणी तर शिरंतरांतल्यान देंवत मनाच्या तळाक पाविल्ली.

“यमनव्वा हिंगा अशी लागी यो”

“कितें सांगता?”

“मुज्यान हें गुठलावन घेवन आनीक मुखार वचूंक जायना. नवो भातो घडोवंक जायना.”

“मागीर कितें करचें आमी?”

“आमी वांगडाच भुरग्यासकट सगळ्यांनी वीख घेवया.”

"कित उलयता तूं?"

"हय. हंयच्च्या एका खाटकान बरी सुरी करूंक सांगिल्ली. करून दवल्ला हायें. ती घेवन व्हरून दितां तेका. येताना उंदीर मारचें वीख घेवन येतां. उंदीर भातो चाबडायततात म्हण सांगतां."

"ना मुज्या भुरग्यांक हांव दिवचें ना वीख. तसलें काम करू नाका तूं."

यमनव्वा गेली आनी तेणे चवगांय भुरग्यांक एकठांय करून तेचे भोंवतणी घट्ट हात घालून ती बसली.

"मागीर आमी कितें करचें यमनव्वा?"

"आमी अशींच उपाशीं मरचीं. पूण तसलें पाड कर्तूब करचीं न्ही."

"बापूय मगेलो अर्दवाटेर वाट पळयता. दिसतलो पूत परत येतलो आनी आपणाक अग्नी दितलो म्हूण. दिनू भोव मोगाचो गो मगेलो. तेका कसो मरूंक दितलों हांव."

देवप्पालें मन भिरांत आनी हुसक्यान भरून गेलें. चिंतून चिंतून ताचें सूंब जालें. अती चिंतनान तकलेचो पाशाणगुळो जालो. दुसरो पुराय दीस तो वोग्गी बसून आसलो. भितरले भितर काळीज आंवळून घेत. मदींच केन्नातरी तो एकदम उलयलो, आगो यमनव्वा, भुरग्यान भाकरी खायली? एक दिसाक ह्या ऐरणेचेर सतरा सुरी आनी बारा पाळां कोयत्यो पेटलात हांये. खणीतलो उजो खायत लोखण बडयतालों. तूं लोखणाचेर घण घालतां घालतां मुजे तकलेर घालूंक सोदतालें मुगो. तुगेलो बापूय शेटील्लें न्हाणा उदकांतलें भांगर सोदीत भोंवतालो. शेवटा अन्नाक वळवळून मेलोच मुगो. तुकाय तेंच मरण!' मगेर तेणें एकदम व्हडान म्हटलें, 'ना ना. तुका हांव मरूंक दिवंचोना. तुका मखरांत दवरून पुजतलों. बापायक पालखेंत बसोवन हाडटलों. ह्या गांवांत मुजी धा एकर जमीन आसतली." यमनव्वा दुबावाच्या विचित्र नदरेन तेका पळयत रावलें.

सांजच्या तेणे मदल्या चल्याक दिनूक म्हटलें "बाळा दिनू तूं येता मुरे मज बराबर बाजारांत? तुका बेगडिंतल्यो चॉकलेटी घेवन दितां हांव' निमाणे खिशांत आशिल्ले सुटे पयसे खुळखुळायले.

पोर भुल्लुसलो, 'येतां हांव अप्पा'. तो हुडक्यो मारीत बापाय फाटल्यान गेलो.

यमनव्वान चयलें आनी म्हटलें 'खंय व्हरता तूं तेका?'

देवप्पा वोग्गी चलूं लागलो. तिणें परतें व्हडान विचाल्लें, 'खंय व्हरता तूं तेका?'

देवप्पान फाटीं वळोन लेगीत चयलें ना. यमनव्वा काळजान मरणाचो खपखपो घेवन थंयच झाडापोनाक बसली. बाकिच्या तिगांय भुरग्यांक ओडून तिणें एकच मिठयेंत घेतलें.

दिनूक तिसरें वर्स सरून चवथें लागिल्लें. देवप्पालो तेचेर खूब जीव आसलो. तो आवयवरींच दिसतालो आनी उलयतना आवयवरींच दोळ्यांत हांसतालो. पूण बारीक किडकिडोसो.

तो दिनूक घेवन आदी एका पसऱ्यार गेलो. थंय तेणें मूठभर चॉकलेटी घेतल्यो. मागीर तो तेका घेवन गांवामदल्या व्हडल्या रस्त्यार गेलो. तिनसांज जाल्ली. रस्त्यावयल्यान रावन रावन ल्हान मोटी मोटारी वयताल्यो. एक मोटार गेली, तेचो आवाज विरून गेलो म्हणटकीर केन्ना दुसरी भितर येताली. अजून मोटारिनी दिवेय पेटोवंक नासले. ते काळोख सावळेंत सगळें वातावरण किण्ण शिंया उदकांत बुडून गेल्लेवरी दिसतालें.

रस्त्याकुशीक एके माण्णेर कशे बरीच झाडांझोंपा वाडिल्लीं. तेच्च्या इल्ल्या अडसराक देवप्पा दिनूक घेवन उबो आसलो. चाकलेटी पळयतसान दिनूच्या तोंडांत सामकें उदक सुटिल्लें. तो लालेवनसो परत परत म्हण्टालो, 'आपा चाकलेटी दी न्ही.' दर फावटी देवप्पा तेका 'राव हांव दितां' म्हणटालो.

आता रस्त्यावयल्यान एक मोटार बगर दिव्याची बऱ्याच वेगान येताली. मोटर लागीं पावता पावता देवाप्पान 'घे चाकलेटी' म्हणत मुठींतल्यो चाकलेटी रस्त्याच्या मदी मोखल्यो. आनी दिनूक मातशें मुखार धुकल्लें. दिनू धांवत धांवत चाकलेटी घेवंक वयताना मोटारीक आपटलो आनी मोटारीपोनाक पडलो. कमरावयल्यान चाक वयताना मातसो खुडकसो आवाज येयलो. मोटर हय न्हीं शी थाल्ली. मगेर मोटारीन आनीक वेग घेतलो. ती सूं करू खिणांत नाच जाली.

देवप्पा रस्त्याच्या इल्ल्या कुशीकच उबो आसलो. तेगेले भेरेल्ले तकलेक गाडयेचो रंगय नीट कळ्ळो ना. नंबर तर तेका वाचूंकय येनासलो. तो ल्हव ल्हव थाऱ्यार येयलो आनी दिनुल्या कुडीसरी येवन उबो रावलो. परत आनीक एक गाडी येयली आनी ती थारनासतना बगल दिवन गेली. देवप्पा म्हेळ बुरसो, करपल्ल्या कांतिचो, पिनके न्हेशिल्लो, गरीब हुंवाळिल्लो. कोणाक केर नासलें.

मागीर आनी दोनतीन तरी मोटारी गेल्यो. दर एकलो आपणाचेर येत म्हण भियेतालो, चयतालो आनी धांव मारतालो.

आतां देवप्पाक पुराय अनर्थ होलमलो. आपलें राकेस कर्तूब कळ्ळें आनी तो खूब भियेलो. 'मुज्या पुता दिनू' म्हणत तेणें प्रेत उखलून घेतलें. प्रेत तशेंच घेवन तो मोडून घातिल्ल्या झोपड्यांसरी येयलो. दिनुची तर छेनडी जाल्ली. तेगेलें व्हांवतें रगत पडून देवप्पा पुराय रगतान भरिल्लो.

पळोवन यमनव्वा एकदम मुखार येयली. 'कितें जालें म्हुज्या पुताक म्हणत' तिणें हुयेल्यो मारल्यो. मागीर आवाज एकदम घट नीबर करीत तिणें म्हटलें, 'तुवें चांडाळान माल्ले मुज्या पुताक...!"

तितलेंच. मागीर मातशी तोंड घट्ट बंद करून रावली. देवाप्पा पुतालें रगतान भरिल्लें माणकुलें प्रेत मुखार दवरून झाडापोनाक बशिल्लो. फाटीं फुडें अखंड काळोख आसलो.

***

पोट्रेट

सकाळची शांत, थंड वेळ आसुनय सगळें कशें खवदळिल्लेवरी दिस. नसकाक पातळिल्ले पातळ धुंवर्टेंतय कसलीय शितळसाण, शींय नाशिल्लें. बेठोच गिरणींतलो धुंवर कसो पातळिल्लो. मनूक अचकीत दिसलें, ह्या बास्कळ, बकाल शारार एकदम थराथरान हिमाचो पावस पडूंक लागचो. टेंरेशाची रानां, झोपडपट्ट्यो, गटारां, खळयो पडिल्ले रस्ते धोंपरभर हिमान भरून वचचे. धवेंधवें मोवमोव हीम ह्या पडींग शाराचो उद्धार जावंचो जाल्यार गळोभर हिमपावस हो एकच उपाव. मगेर सगळें दळदिरपण, बुरशेंपण तातूंत पुरून वतलें. सोबितकायेचें एक विश्व हांगा उदेतलें. मगेर ताका निश्ठूरपणान अशेंय दिसूंक लागलें, ती नाक्यावेली बुरशी बायल, तिगेलें उक्त्यार कूड विकप, तिगेलीं नागडीउगडीं तिगां भुरगीं ह्या हिमाखाला पुरून वतलीं सासणाचीं, भोवमानान माती दिल्लेवरी...चिंतता चिंतता ताजी तनरी खळ्ळी. सपनांतल्यान जाग आयिल्लेवरी जाली. शा, ह्या दरया धडेवेल्या उबाळ गांवांत हीम खंयच्यान येतलो? हांगा फकत ॲसिडाचीं कुपां!

गॅलरींत उबो राविल्ले थंयच्यान ताणें सकयल सगळेकडेन नदर भोंवडायली. मनशां, मोटारी न्हय तर सगळो रस्तोच धावंक लागिल्लो. शा, ह्या वेगाक खंयतरी आडखळ घालूंक जाय. ताका पर्थे एक फावट खोलायेन दिसलें, हांगा एक बर्फाचो दोंगोर हाडून आडवो घालचो आनी सगळ्यो वाटो आडावच्यो.

फाटीं एका आर्टिस्टांच्या पोव्यांवांगडा दार्जिलिंगातल्यान मुखार पाविल्लो.

एका धाब्यावेलो शेर्फा विचारी, 'साब, समिंदर कैसा होता है?'

'उसकी गहराई तुम्हारे हिमालय जितनी उंची होती है। फिर भी उसमे हिम नही बरसता. सिर्फ खारा पानी होता है.'

तो बावडो पळेतच उरलो. हांवें ताका सांगलें, 'तुम्हारे एक कांचनजुंगाके बदले मे हम तुमे पुरा समिंदर दे डालेंगे।'

आरे, आयज हांव हें कितेंकितें चिंतूंक लागलां. विमलाची वाट पळेत गॅलरींत उबो आसा तर मन खंयचे खंय उडक्यो घेवंक लागलां. पूण ताका दुसऱ्याच खिणाक दिसलें, ही तर सगळी विमलाच्याच येवकाराची तयारी. विमलाची सोबितकाय, निर्मळकाय, हाचे पाठभुंयेर हिमान लगडिल्लें हें शार कितलें सोबीत दिसत म्हाका? मनू बरोच रातमेरेन स्टुडियोंत काम करतालो. फार्टी एक गिरेस्त जोडपें ताजे वळखिचें जाल्लें. अचकीत तीं घोवबायल एका फाटोफाट एक देड वर्सा भितरच गेलीं. तांचो एक ल्हान फोटो आशिल्लो. पळयिल्ले यादीचेर आनी त्या फोटोच्या आदारान तांची एक व्हड पोट्रेट काडूंक घेतिल्ली. ताका तें काम बरें मानवंक नासलें. पूण तांच्या घरच्यांनी व्हड रकम दिवंक केल्ली.

वयाच्या तीस पस्तीशींतच मनू देशांतलो एक नामनेचो चित्रकार म्हूण फामाद जाल्लो. सैम आनी मनशालें जिवीत हांचो एकजिवी संबंद ह्या विशयाचेर काडिल्लीं तागेलीं जायतीं चित्रां नामना मेळोवन आसलीं. देशांतच न्हय तर देशाभायर लेगीत तांच्या चित्रांचीं जायतीं प्रदर्शनां सोबयिल्लीं.

रातीं उसरांमेरेन काम करूनय तो सकाळीं बेगीन उठिल्लो. उमेदीन सगळें आटपून गॅलरींत येवन उबो आसलो, विमलाची वाट पळेत. आयज अख्खो आयतार विमलान ताका दितां म्हण सांगलां. तें म्हऱ्यांत आसतकीर एक परमळ, खुशाली आनी चैतन्य चोंयवटेन पातळटा. आयज अख्खो दीस तें म्हज्या सांगताक. मनू खोशयेन भुरकुटलो.

तें दरफावटी येतना एक नवी कविता घेवन येता. वेवस्तीत मोडून पोलक्यांत घालून. ल्हवूच पोलक्यांतल्यान काडटा आनी म्हजेकडेन दिता. एक दीस हांवच काडूंक गेल्यार तवनास पोरान म्हज्या मनगटाकच दांत लायलो. हांवें मगेर ताज्या पोल्याक घांस मारून म्हळें, फिटाफीट ! सामक्कें फुलगें. सदांच हांसकुरें. हांसल्यार खुशालेचीं किर्णां घरभर फांकिल्ल्यावरी दिसतात.

एक दीस अशेंच म्हाका सोदीत आयिल्लें. 'तुज्या चित्रांतलो सामाजिक

संदर्भ हाजेर एक पुस्तक बरोवंक सोदतां म्हणटालें. म्हर्जी चित्रां पळेता पळेता आर्दी चित्रांच्या मोगांत पडलें, मगेर म्हज्या.

इतल्यांत विमल येताना दिश्टीक पडलें. सोपणां चडून म्हऱ्यांत येत ताणें म्हळें, कसल्या चिंतनांत घुसपला रे तूं? म्हज्या माथ्यांतल्या जुयांचो वास येवंक ना तुका?'

'फुलां र्ती? तूं सकयल्यान येताना तुजे तकलेर हीमच सांचला अशें दिसलें म्हाका !'

'कितें?'

'विमल, आतांच हांवें तुका हिमान भरिल्लो दोंगोर भेटयलो.'

विमलाक अजापच. मगेर ताणें बरो सांपडलो असो भाव तोंडार हाडीत म्हळें, 'येतानाच हांव चिंततालें, मनूक घेवन खंयतरी पयस हिमालयांत भोंवडेर वचूंक जाय. बर्फाच्या दोंगरावेल्यान दोगांय निसरून निसरून पडूंक जाय.'

'हय. हांव मगेर बर्फाच्या दोंगुल्लेच्या तेंमकार देवदाराच्या झाडाखाला तुका उबो दवरतलों आनी तुज्या उकत्या आंगाची एक पोर्ट्रेट काडटलो. तुज्या उकत्या देहाची शिरानशीर म्हाका म्हज्या रिशीत आनी रंगांत रंगोवचेली आसा. तुजें न्यूड पोर्ट्रेट.'

'ए मगेर म्हाका शींय खांवचें ना?'

मनूलें तागेल्या उलोवपाकडेन लक्षच नाशिल्लें. संवसारांतलें तें एक अप्रतीम सोबीत चित्र थारतलें. जितलें तूं सोबीत, तुगेले कुडिची अलौकीक रचणूक सोबीत तितलेंच तें चित्र सोबीत आसतलें. जशी शास्त्रीय संगीतांतल्या रागाक शास्त्रोक्त लय आसता तशी तुजे कुडीचे रचणुकेंतय सुंदर लय आसा. मगेर तें चित्र संवसाराक दाखोवन हांव म्हणटलों, 'पळेयात, अस्तुरेचे कुडिचे सोबितकायेचें सैमीक विजमीत! ह्या सोबीत देहांत एक परमळाचें मनय आसा. तो परमळ मात फक्कत म्हजेच खातीर!'

'पूण एक अट आसतली हां मनू. म्हाका तुजी लज दिसतकीर हांव म्हजे केंस आंगार पातळावन घेतलें. मगेर धोंपरामेरेन हांव तुका नाच जातलें.'

'पूण तुका लज दिस सारकें हांव कांयच करचों ना. रूशीवरी समाधी लावन बसतलों. फुलांनी भरिल्ल्या झाडाचें चित्र काडिल्लेवरी तुजें चित्र काडटलों.'

'फट. म्हाका तर दिसता तूं तें चित्र काडूंकच तांकचो ना. वोगीच रूशीच्यो

खबरी सांगू नाका. म्हाका बेठें पळेलें म्हणटकीर चळपी, भुलपी मनीस तूं, म्हज्या उकत्या आंगाचें चित्र काडूंक ताकतलो? तुजेमुखार तशें तासानतास उबें रावप म्हळ्यार जाणां जावन वागाल्या भुंयेरांत रिगिल्ली खबर.'

'म्हज्यांतलो मोगी आनी कलाकार हाची सरमिसळ करता तूं विमल. म्हज्यांतलो कलाकार सदांच बळीश्ट.'

'हाजेय परस आनीक कोणतरी आसा तुज्यांत चड बळीश्ट.'

'कोण?'

'भोगी.'

मनू आड्डलो. 'विमल!'

'पूण म्हाका भिरांत दिसना मनू. जण एके बायल दादल्याच्या मोगाचें तें मुळावण अशें हांव मानतां.'

मनूल्या तोंडार हयन्हयशें हांशें उदेलें. हातांतले सिगारेटीचो ताणें एक खोल झूर घेयलो.

'तरीय विमल हांव तुका दाखोवन दितलों, म्हज्यांतलो मोगी, भोगी हांचे परस म्हज्यांतलो आर्टिस्ट श्रेश्ठ!'

विमल हांसलें. भितर वचून 'अरे, हो कितें पसारो माणून दवरला तुवें' म्हणत भितल्लें आवरूंक लागलें. खाटीर पडिल्ल्या कांबरूणाची ताणें नीट घडी घाली. चोंयवटेन फासपून पडिल्ले कपडे घडी घालून आलमारींत उडयले.

मनू ताका सांगतालो, 'यमूनमावशी फाटले चार दीस आयलीच ना. म्हजे हाल. कोणाकडेन तरी सांगणें धाडलां, बरी ना म्हण. पळोवंक वचूंक जाय आशिल्लें. सदांच धोपरां दुखतात तिगेलीं. हीं सोपणां चडून येतना लेगीत धोंपरां धरून ल्हवल्हव चडटा.

'हांव म्हणटा, तूं बेगीनच लग्न कित्याक करिना.'

'कोणा वांगडा?'

'म्हजे वांगडा. वा तुका जाय जाल्यार आनीक कोणाय वांगडा.'

'लग्न तर तुजेवांगडाच जावपाचें आसा. पूण दर एके बाबीक एक मुळवण आसता. म्हज्या मनाचें मुळवणच तयार जाल्लें ना. म्हजे सार्वभौम स्वतंत्रतायेक येद्दोसो धपको लागता अशें दिसल्यार हांव खासावीस जातां. आयजवेर सगळे संबंद हांवें फेसलेस, नेमलेस् अशेंच घेयले.'

'म्हाका लेगीत?'

'तुजी तराच वेगळी. एक फावट हांवें दोंगरा माथ्यार तेंकिल्ल्या उदेंत्या सूर्याचें आनी मावळटे पसयेचें एक व्हड चित्र काडिल्लें, तांतलों तो सात रंगाचो सुवाळो म्हळ्यार तूं!'

"अरे, तुवें सकाळीं कितें खालां काय तसोच बसून आसा? थांब. हांव काफी करून हाडटां तुका.'

विमलान भितर वचून एक तार्ती भाजलें. बशयेंत चार ब्रेड स्लायस, दोन काफिचीं कोपां घेवन तें भायर आयलें. ताणें एक कोप मनूल्या हातांत दिलें.

'राती तूं चड वेळ काम करीत आसलो?'

'दोन अडेच मेरेन काम करतालों. झेम लागल्यार सपनांत तूं. मगेर कसली न्हीद. केन्ना हळडुव्या वोतांत उबें रावन पोशांत भांगरा वर्णाचें वोत पुंजायता; तर केन्ना हातांत फुलांची दाली घेवन बडयेन सुरंगाचीं फुलां काडटा. मगेर तुज्या आंगावेलें एकेक वस्त्र पांखावरी वाऱ्यार ल्हाराल्हारान उडून वता. मगेर तुजी जिवी तट्टतटीत कूड एक सोबीत चित्र जावन म्हज्या अर्दकुट्या चित्रांत येवन जुस्त बसता. ए, तुज्यान म्हज्या सपना भायर एकय दीस रावंक येना?'

हातांतलें कोप तिपायचेर दवरीत विमलान म्हळें, 'तूं म्हाका सपनांत पळेता आनी म्हाका भिरांत दिसता. सपना सदांच खिणयाळी आसतात. तो एक भास! सारक्को आपलो मनीस चड करून सपनांत येयना.'

'पूण हांवें एक आर्टिस्ट म्हण आयजवेर म्हजीं सगळीं चित्रां आदीं सपनांत पळयलीं आनी मगेर तीं कॅनव्हसाचेर खऱ्यांनी रंगयलीं. एकाद्रया विशयाचें चित्र काडचें हांवें थारायलें म्हणटकीर हांव तें जागेपणांतच सपनेतां. तातूंत रंग भरलेबगर म्हाका समादान मेळना. म्हाका सदांच दिसता, आदीं तुवें म्हज्या कलेच्या माध्यमांतल्यान म्हज्या जिवितांत येवचें. म्हज्या बोटांच्या, ब्रशाच्या रिशींच्या आनी रंगाच्या माध्यमांतल्यान काळजांत रिगचें. एका कलाकारावरींच हांवें तुका येवकार दिवंचो.'

विमल दोळ्यांत खोशयेचीं दुक्कां हाडीत हांसलें. तें म्हऱ्यांत सरकलें. ताजो हात आपल्या हातांत घेवन ताज्या बोटांचो ताणें ल्हवूच उमो घेयलो. मगेर मनून तीं बोटां तार छेडिल्ले भशेन ताज्या पाकळ्यांवरी ओंठांर भोंवडायलीं.

विमल आयज कवाशा रंगाचें हळडुवें पातळ न्हेशिल्लें, वयर धवो पोलको.

तें सदांच धवोच पोलको घालता. रंगरंगाचें पातळ आनी वयर धवो पोलको घालतकीर तें फुलूंक लागिल्ल्या फुलावरी दिसता. मनूक सदांच दिसता, ह्या हागेल्या वस्त्राआड एक मोलादीक खजिनो लिपिल्लो आसा आनी विमल सदांच ताजेर नागीण कशें फाडें काडून आसा.

'विमल, कित्याक नकळं, अस्तुरेचे उकते कुडीविशी म्हाका अतोनात उमळशीक.'

'केन्ना ती चवंक ना?'

'तू जाणां विमल, म्हजो तसो अस्तुरेकडेन शरीरसंबंद आयिल्लो आसा. पूण वासनेन कुड्डो जावन वळखदेख नाशिल्लें फेसलेस शरीर पिसडून उडोवप हें खेरीज आनी कलाकाराचे रशीकतेन तें पारखून ताजो कलात्मक आनंद घेवप हें खेरीज.'

'पूण तसो आनंद घेवप खऱ्यांनीच शक्य आसा? एके अस्तुरेच्या उकत्या देहाचो खंयचोय दादलो कलात्मक आनंद घेवंक तांकत व्हय?'

'हांव घेन!'

'निखालस शक्य ना तें?'

'लागली पैज?'

'लागली!'

'विमल, ह्या बोटांनी एक सासणाक नांव घेवन उरचेली कलाकृती घडची अशें दिसना तुका?'

'दिसता तर. अस्तुरेच्या उकत्या देहांत इतली खंयची सोबितकाय मेळटली तुका, जाची तूं अजरंवर कलाकृती निर्मूक भायर सरला?'

'एक आर्टिस्ट म्हण म्हाका दिसता, झाडार फुलपी फूल आनी अस्तुरेचो देह ह्यो परमेश्वराल्यो दोन सोबीत, मोलादीक निर्मण्यो. दोनांतय फाल्यांचें फळ निर्मुवपाची अंतरशक्त भरिल्ली आसता. ही अंतरशक्त तोंडार, देहाच्या कणाकणार फांकिल्ली दिसता. अस्तुरेली योनी ही केन्नाच हळशीक, लजेची न्हय. हें सर्जनशीलतायेंतली गर्भकणी ती. ह्या सगळ्यांक म्हाका एक आगळीच सोबितकाय दिवची आसा.'

'तर हांव अशें करतां, एक सोबीत चली तुजेमुखार हाडून उक्ती उबी करतां. तिका पयशे दिवंचे पडटले इतलेंच.'

'पूण फेसलेस अस्तुरी ही फक्कत एक मादी. निर्मणेच्या प्रोसेसांत आपणाक त्या शरिराविशीं मोग, आदर आसूंक जाय. त्या शरिराचो ध्यास लागिल्लो आसूंक जाय.'

'म्हणजे हांवच!'

'हय!'

'पूण पयलींचेंच पर्थे सांगतां तुका. तूं अवसानखत जातलो, झिडपतलो आनी चित्र अद्‌र्यार उडयतलो वा तें कलाहीण जातलें.'

'ना. हांव तें पुरायेन काडटलों. म्हजो म्हज्यांतल्या कलाकाराचेर पूर्ण विस्वास आसा. म्हज्या बोटांतल्या रंग-रंगयाळ्या किर्णांनी तुजे कुडिची शिरानशीर हांव जिवी करतलों. फुलांनी भरिल्ल्या सोनचाफयांच्या पोनांत बसून ताज्या खांद्याताळयांचें चित्र काडचें तेच सहजतायेन हांव तुजें चित्र काडीन.'

'हें चित्र काडूंक आनीक एक माण्णी आसा. आनीक एके भशेन हें चित्र काडूं येता.'

'कसली विमल?'

'आसूं'

'सांग मुगो.'

'नाका. कशेंय काडलें तरी म्हाका आंगावेलीं वस्त्रां देंवयचें काय चुकना. चल, तुका जाय तशें. हांव तयार आसां!'

'आतां?'

'खंयच्याय खिणांक.'

'पूण ह्या त्यागाचें कारण आदीं तुवें सांगूंक जाय.'

'ही बरी बळजबरी तुजी. आदी तूंच विनयता आनी आतां कारण जाय तुका.'

'हांवें तुजेर चेंपण घालें म्हण फाल्यां म्हजें मन धोंगशींतलें म्हाका.'

'फक्त तुजेवेलो, तुज्यांतल्या आर्टिस्टावेलो मोग ! हांव जाणां, आमचें जो मेरेन लग्न जायना तो मेरेन म्हजे कुडीचेर तुजो अधिकार ना. पूण एक मोगी म्हूण, फाल्यां जावंचो घोव म्हण म्हजे कुडिची सोबितकाय तुज्यान पारखूंक येता.'

तो हांसलो. 'म्हणजे लग्नाआदीं चेडूं उकतें पळोवप.'

'एक नामनेचो कलाकार म्हण तुजें सगळेंच आगळें आसुंये.'

मनूलें काळीज सवण्यान पांखां हालयिल्लेवर कलकल्लें.

'आमी कामाक आरंभ करूया?'

'कितलीं वरां लागतलीं?'

'स सात वरां!'

'बरें आसा. आयचो सगळो दीस तुका ओंपलो.'

'म्हाका न्हय. म्हगेले कलेक.'

'कितेंय समज.'

तीं दोगांय भितल्लेवटेन आशिल्ल्या तागेल्या स्टुडियोंत गेलीं. मनून स्टँडार नवो कॅनव्हस चडयलो. रंगाचे वाडगे म्हऱ्यांत स्टुलार घेयलें आनी हातांत ब्रश धरून तयार जालो.

विमलान केळीचो गबो सोलिल्लेवरी एकेक करून आपल्या आंगावेलीं वस्त्रां देंवयलीं. तांची नीट घडी करून कुशिच्च्या मांचार दवरलीं. शांत, थंड मनान. मनूल्या दोळ्यांमुखार कांय खीण उजवाडाची लीपदीप फांकली. ताका दिसलें, उजवाडाचे कितलेशेच तेजिश्ट रसरशीत कुडके धाय दिकांतल्यान येवन थंय एकठांय जावन ताणें ती चैतन्यमूर्त घडयल्या. निकतेंच उक्तावण केल्ल्या निर्मळ चकचकीत पुतळ्यावरी तें खडद्दर उबें आशिल्लें! कुडिचो आकार एकशिवडी आनी पातळांगी! धोंगापोंगा जुस्ताजुस्त घोटून घोटून घडयिल्लेवरी. खंय येद्दी फूग ना, घडी ना, मिरी ना. सगळ्या आंगाक केसरी हळडुवोसो रंग परमळटालो. शितळ पेटपी एक शांत तटस्थ चनरजोत. तरीय जाळ सोंसना असली. झोंपय घेयल्यार जळोवन खाक करतली असली. ताजे दोळे उदेंत्या चंद्रबिंबार थीर जाल्लेवरी शांत आशिल्ले. तातूंत कसली लज ना, संकोच ना, उचंबळाय ना. कुडिच्च्या एक्कय शिरेंतल्यान थरथरसाण होलमनासली. इतलें कशें हें तटस्थ चेडूं! कसली शक्त घेवन हें म्हजे मुखार उबें आसा? भायर खंयूच मातसो हात हातांत घेवन पोशेल्यार भिरभिर नदरेन चोंयवटेन पळोवपी भित्रें विमल आनी हें निगंद उकतें धीट विमल...

....सोबितकायेच्च्यो सगळ्यो सिमो तें हुपून गेल्लें. शा, हें आनीक खंय म्हज्यान रंगांत बांदू येता!

मनू ताणिल्ले नदरेन ताजेकडेन पळेतालो. ल्हवल्हव ताज्या रगतांतल्यान विज्ज व्हावंक लागली. तकलेंत रगताचो एक दरया उसळ्ळो. विमलान ताका जागयिल्लेवरी म्हळें, 'तूं असो पळोवं नाका हां. तुजे कावळ्याचे दोळे फोडटलें

हांव ! हातांत आर्दी ब्रश घे.'

ताणें हातांत ब्रश धरलो आनी आऊट लायनीच्यो कांय रिशी ओडल्यो. मगेर तो ताजे सोबितकायेर्ची तासां फुलोवंक लागलो. पूण श्वास वाडून पर्थीपर्थी धांप लागताली. हात कडकडटालो. विमलाकडेन पळेतकीर चटको बशिल्लेवरी तो अवसानखत जातालो. पूण तो नेट लावन हातांतलो ब्रश घुंवडायत रावलो. 'ना हांव असो झिडपूंक फावना, हातांत ब्रश घेवन कॅनव्हसा मुखार उबो आसताना तरी. तो म्हजो अध:पात थारतलो.'

ते उचंबळायेंतच तो ब्रश ओडीत रावता, नवनवे रंग भरता. ताका दिसता, चित्र खऱ्यांनीच सोबीत जावंक लागलां. एक अव्वांवर कलाकृतीच तो निर्मूक लागला.

मर्दीच विमलान थंडपणान म्हळें, 'मनू, कितले भडक रंग भरता तूं चित्रांत.'

'हे पोट्रेटीक हेच रंग फाव. अशेच उठून दिसूंक जाय ते. पळेतल्याली नदर थीर जावंक जाय ताजेर.'

'म्हाका दिसना मनू.'

'सांगलें न्हय म्हजे नदरेंत तें सारकें आसा म्हण.'

'तुजी नदर म्हणजे कोणाची? आर्टिस्टाची काय निखट्या मनोहराची.'

'कितें म्हणपाचें आसा तुका विमल?'

'कांय ना. लाग तूं कामाक.'

'पोट्रेट वळखूंक पारखूंक आर्टिस्टाचीय नदर जाय. तुजें काम न्हय तें.'

विमल व्हडान खळखळ घालीत हांसलें. मनून ताका बारीक पळेलें. हांसताना ताज्या तोंडावेल्या शिरावांगडां अख्खेय कुडीवेल्यो शिरोय लयदार हालताल्यो आनी तातूंतल्यानय हांसो फुट्टा अशें दिस.

पर्थो तो झुटासून कामाक लागलो. दोळ्यांत रगत देंवन आयिल्लें आनी तकली जड जाल्ली. तरीय चित्र पुरें करची जिद्दच ताणें बांदिल्ली.

मर्दीच थकिल्लेवरी तो थांबलो. कांय वेळ विमलाक पळेत रावलो. मगेर म्हऱ्यांत वचून ताका कशी नीट पोज दिवंची तें सांगूंक लागलो. हात लावंक गेल्यार विमलान शिटकायलें. 'पयसच उबो राव, मनू. आर्टिस्टान आपल्या चित्रावांगडा खेळ करचो न्हय. तुजे नदरेचो स्पर्शच आर्दी सोंसना जाला. तातूंत तुगेल्या ब्रशार्ची तवनासपणां.'

सारक्के स तास काम करतालो तो. मदीं तार्णी दोगांनीय उदकाबगर कांयच घेयलें ना. भायर आतां वोताचीं किर्णां तामशीं जावन मोव पडिल्लीं. कांय तामशीं किर्णां स्टुडियोच्या हारशाच्या बंद दारार लिकलीक खेळटालीं.

चित्रावेल्यान निमाणो ब्रश भोंवडायलो आनी मनू सुपूर समादानान हांसलो. मातसो कुशीक उबो रावन ताणें तें पर्थे नियाळ्ळें आनी तो खोशयेन आड्डलो, 'अप्रतीम, भोव सोबीत! संवसारांतलें एक सोबीत चित्र हांवें आयज जल्माक घालां!'

'त्या चित्रामुखार एक उकतें जनेल काडल्यार चड सोबपाचें!'

'कितें म्हळें तुवें विमल?'

कुशीक दवरिल्लें पातळ चादरावरी आंगार ओडून घेत विमलान म्हटलें, "मनू तुजे तकलेक चडिल्लें रगत अजून देवंक ना. तें आदी पुरायेन देंवंक जाय. मगेरच तुजे दोळे उक्ते जातले. तुका बरें वायट ओळखूंक येतलें. हें चित्र भव वायट जालां मनू. भडक, बुरशें, कलाहीण!'

मनू उसळ्ळो, "तुका चित्रकलेतलें कितें कळटा. अरवळ तूं. चित्रकला म्हटल्यार कविता करची इतलें सोंपे न्हय.'

'अशें, राव मातसो राव. निवळायता तुका. 'मगेर ताणें ताका दोळ्यानच म्हऱ्यान आफयलो. ताजे कमरे भोंवतणी हात घालून विमल ताका बेडरूमांत घेवन गेलें. आंगावेलें पातळ कुशीक मोखून ताका घश्टून उबे रावलें. खिणांत मनू एक उज्याचे केण जालो. आता हांव हाका कापरावरी पागळोवन उडयतलों अशा हावेसान ताणें विमलाक गोपांत घेतलें. वेंग घट करीत ताणें ताच्या कानांत म्हटलें, "आनीक आनी हो त्याग कित्याक विमल?"

"तुका चित्रकला बरी शिकोवची म्हण. आमचो क्रियेटिव्ह प्रोसेस् अर्दकुटो उरचो न्ही म्हण." तें ताच्या कानांत खातकुल्यो केल्लेवरी हांसलें. "म्हजें नग्न पोट्रेट काडटा, फुकट न्हय. ताजें पुराय मोल वसूल करतलें हांव."

"विमल, हाची खरीच गरज आसली?"

"कसलो पिशावरी प्रस्न विचारता तूं? इतलो वेळ पांच स वरां कामखेळ खेळ्ळो. आतां हें घडचेलेंच."

"खेळ?"

'आनीक फटाश्यो नाकात मनू!'

भायर सूर्या अस्तमतेक तेंकिल्लो. कवळ्या किर्णांचो सात रंगाचो लिपदिप खेळ चलतालो. कांय वेळान सगळें थंड शितळ जालें, दरयो गाजोवचो थांबिल्लेवरी.

मनून विमलाक कापरावरी जळून, जळोवन उडयतलो ह्या हावेसान वेंगेंत घेतिल्लें. पूण ताका उपरांत दिसलें, आपुणूच कापरावरी पागळून वचूंक लागलां. तें मात रसमाचे लडीवरी जशाचें तशें नकसूद हांथरूणार पडून आसा. आनी तृप्ततायेचें हांशें हांसता. मनूक अजाप. साळकाच्या देठावरी नाजूक चलयेंत ही शक्त खंयची?

तो कुशीन सरतकीर विमल उठलें. सकल पडिल्ली साडी तशीच आंगार ओडून घेवन आनी हेर वस्त्रां हातांत घेवन तें टॉयलेटीत गेलें. वयता वयता तेणें म्हटलें, "घडये हांवय आता एक बेसबरें नग्न चित्र काडून दाखयत तुका म्हज्या कॅनव्हसार. पूण तें चित्र आसतलें आमचें दोगांचेंय."

तें न्हेसून परतें येयल्यार मनू चित्रामुखार तकलेर हात मारून घेवन भोव खंती जावन बसला. तें फुलाचें पायतण घातिल्लेवरी ल्हवच पावलान ताच्यामुखार येयलें आनी ताचें माथें आपल्या हड्ड्यार तेंकोवन घेवन उबें रावलें.

"चित्र इतलें बाबत, इतलें हळशीक कशें जालें विमल?"

"तुवें तुजो चवंचाळ काम त्या चित्रांत देंवयलां पळय. म्हजें हड्डें कशें पुतनेच्या हड्ड्यावरी चितारलां तुवें. ये म्हजें कमर इतलें जाड आसा रे? आनी शी, ती... तिका कितली जाड उबारी दिल्या तुवें!"

पिनिल्ल्या, रडकुऱ्या आवाजांत मनून म्हटलें, 'तूं कितली वरां तिस्टत रावलें, तुका तशें उबें करून अपमान केलो तुजो हांवें. तातूंत हें बाश्कळ चित्र ! म्हजो अध:पात कित्याक जालो विमल?"

विमल आंग घुसळायत हांसलें, "हांवें पयलींच सुनशा दिल्ली तुका. पूण तूं अरवळावरी हातांत चाबकावरी ब्रश घेवन बशिल्लो. आता हें कामसुत्री चित्र."

मनू एकदम तिडकीन उठलो. "पिनूनच उडयतां तें चित्र!"

विमलान ताका आडायलो, "हो तुगेल्या विकारी मनाचो हारसो. तो तसोच राखून दवरूया आमी."

"म्हणजे सगळे यत्न फुकट गेले तर!"

“अशें कित्याक म्हणटा तूं मनू? ह्या चित्रान केद्दी व्हडली देख दिली तुका. म्हाका आता एक होलमलें. आर्टिस्ट म्हण तूं आनीक परजळटलो जाल्यार तुवें बेगीनच लग्न करूंक जाय!”

***

तुळस

पांयां पोंदा चाळीस मैलांची वाट आनी हातांत एक पयसो ना. आई म्हण, तूं अजून ल्हान आसा असले दगदगे तुका सोसचे नात. अजून इल्लो व्हड जा. मनाकुडीन घट जा. मोव हाडांचो तूं झगडटलो कितें!

"पूण आई, म्हगेलो भाव रमेश. पोटाक अन्न ना जावन मरूंक तेंकला मुगे? फाल्यां सट्ट करून तेका कितेंय जाल्यार? पयर तर तो घुंवळ येवन पडिल्लो चंव ना तुवें? आनी तुज्या पांयाच्यो बडयो चय."

आईचें कितें, आपलें हड्डें कितलेंय सुकिल्लें आसूं, पदर कितलोय पिनिल्लो आसूं. आपलीं पिलां आपल्या पदराखाला येवचीं होच कुड्डो हट. आमची आई तातूंत आनी वेगळी. हे दुकळाक, हे झगड्यांत ती इल्लीय सोबनासलीं. चोंयवटेन भुकेल्ली, कळमेल्ली दरिद्र अवतिकाय आनी तातूंत आई बरीच गोरी आनी कुडीन सोबीत, नाजूक. म्हणूनच घडये तिका चड हुस्को, चड भिरांत लागिल्ली आसताली.

आवयच्या दुकांनी म्हजें मळब व्यापिल्लें. सगळे रस्ते आडायल्ले. पूण गुरव गुरूजी सदांच सांगतालो, जो सीम हुपूंक शकता तोच आपलें साम्राज्य जोडटा! एक दीस आवयक सांगिनासतना घरांतल्यान धांव मारली. पयली मोख आसली कशेंय करून रमेशाक दुकळांतल्यान वाचोवचें.

तरीय फाटल्यान सोडून आयिल्ले आवयखातीर, अबुद्द भावाखातीर, बेबद्या घोवालो मार खावपी म्हज्या भयणीखातीर मन-काळीज तुट्टालें. पूण हांव तर

तांच्याच मुक्ततायेखातीर गांवदेश सोडून येयल्लो. हांव फाटल्यान एक मायेचें कुळार सोडून येयलां ही हूब कितली सुखदेणी, कितली भावार्थी आसता ! मुळाचो आदारच शेवटाक खरो.

निमाणे हांव म्हजे भयणीक मेळूंक गेल्लों तेन्ना ती रित्या हातान भणंग उपाशी बशिल्ली. म्हज्या हातार कितें तरी उडोवंचें म्हण तिणें पुराय घर धुंडाळ्ळें. सोदून सोदून तिका पुरो जालें. तरीय तिणें बुडकुल्यांत इल्ली पेज केली. मागिलदारांतल्या पोपायची एक तन्नी पोपाय शिनून पातळ भाजी केली.

हांव अर्दच जेविल्लों. भावजी खंयच्यान तरी अचकीत येयलो. "रांड भावाक भरयता, घोवाक उपाशीं उडयता" म्हणत ताणें म्हजें पेजेताट खोंट मारून उडोवन दिलें.

हांव येवंक सुटिल्लों तेन्ना म्हजी भयण देवळामळार उबें रावन म्हाका मोन्यांनीच निरोप दिताली. हांव तो येद्दो व्हडलो एक मैलाचो वाठार बळादून वयल्या रस्त्यार पावलों तरीय ती थंयच उबी आसली. इतल्या पयसुल्ल्यान तें येद्देशें एकमुळें तुळशी झाड कशें दिसतालें. तें तिचें रूपणें म्हज्या दोळ्यांत बिंबले तें सासणाचेंच. जण एकल्याक अशी एक भयण आसूंक जाय !

हांवें जिवाच्या आकांतान हात करून त्या फातरट रस्त्यार तो ट्रक रावयलो. पूण मागीर म्हजेकडेन पयशे नात म्हणटकीर म्हाका भर दनपरां रानातल्या रस्त्यार तो सोडून गेलो. येद्दो व्हडलो तो रथ फिशालकायेन चलोवपी त्या मनशालें तें पाड कर्तूप पळोवन हांव खूपच दुखावलों.

चाळीस मैलाची वाट चलून येवन हांव सामको थकिल्लों. तानेन, भुकेन दर एक पावलाक हांव लकतालो. पायांचो एकेक सांद निखळूक पडटलो अशें दिसतालें. पोटाक दावखुलां मारपी भूक आनी मुखार पळयल्यार अनवळख गिचमीड शार. हांगासर म्हजे कोण वळखिचोय ना. वळखिचो आसलो म्हण उपकारता, वळख दाखयतलो आसूंक जाय न्ही. वळख देख नासताना शारांत येवप चूकच जाल्ली म्हजी.

शार जालें म्हण कितें जालें. गांवावरींच हांगाय भुकेचो प्रस्न आशिल्लोच. पूण हांवें थारायल्लें, जीव गेलो तरीय उपकारता, पूण भीक मागप ना भूक आनी भीक, भूक आनी चोरी हाची कांय जाण फिशालपणान सांगड घालताले आनी म्हणटाले, संवसारांत जितें रावप हें सगळ्यांत व्हडलीं पुण्यकाम. हांव मॅट्रीक पास

जावन अकरावेक गेल्लों म्हण कितें जालें, ह्या प्रस्नाची नीट जाप हांवय दिवंक शकनासलों. तरीय भीक मागप ना म्हळ्यार ना !

बळाबळ चलून वचून हांव एका पानपट्टे दुकानामुखार सोप्यार बसलों. पानपपट्टीवाल्यान विचारलें, "खंयचें पान दिवं?"

हांवें पान मागलें ना आनी म्हजेसरीं पयशेय नांत म्हण सांगलें ना. म्हाका भिरांत दिसली, म्हजेसरी पयशे नांत म्हण सांगल्यार हो म्हाका धांवडावन घालतलो. सोप्यार बसूंक दिवंचो ना. हांवें म्हटलें, "पानाचें मागीर पळोवंया. आर्दी म्हाका इल्लें उदक दी."

ताणें एका चकचकीत चेंबुतल्यान म्हाका उदक दिलें. उदक पुराय पोटांत रकोवन चेंबू परत करताना हांवें सट् करून म्हटलें, "म्हाका कितेंय खावंक दिता? दुकळांतल्यान येयला!"

तो म्हजेसरी बारीक पळोवंक लागलो. म्हाका भितरल्यान घुंविल्लेवरी जालें. हांवें तर भीक मागल्या, भिकेक हात मुखार केला! म्हज्यान आनी ताज्या मुखार रावंक नज जालें. लजेन हांव मरूंक पावलों. म्हाका पोले फोडून घेवचे अशें दिसलें. उठून ताका फाट करूच चलूंक लागलों. ताणें फाटल्यान म्हटलें, "थंय मुखार हॉटेल आसा. कितेंय खावन घे. हांगा पयशांबगर कांय मेयना."

गांवांत शेतांत घोळटल्या शेतकारान म्हाका कांय बऱ्यो तत्वाच्यो गजाली शिकयल्ल्यो. पूण बाराय म्हयने शेतांत घोळून पोट भरना म्हण ताणें एक दीस वीख खावन जीव दिलो. तेन्नासावन म्हजो संभ्रम खूब वाडिल्लो. गांवांत मथूर आजी, सुभद्र काकी सदांच म्हण्टाल्यो - बऱ्याक बरें मेळना. वायटांचेंच बरें जाता. पाप-पुण्य भाजून खाल्लोच सर्गार पावता. तर उलटें हातपांय, कंबर धरून हांथरूणार पडिल्ली काशी आजी सदां म्हणटाली, गेल्ल्या जल्माचीं पातकां भोगतां हांव. ह्या गोंधळांत म्हाका म्हजी दिकाच मेळनासली. केन्ना म्हाका दिसतालें, एक-दोन भाकरेखातीर हांव कोणालो जीवय घेन. केन्ना एकदम मोव-मोवाळ जावन रडूंक बसतालों.

हांव हॉटेल मालका मुखार वचून उबो रावलों. म्हटलें, "म्हाका खूब भूक लागल्या. तरीय तुजें काम केलेबगर हांव कांयच खावंचो ना. बदलाक म्हाका कितेंय काम दी. हांव मेट्रीक पास जालां खरो, पूण ही चांडाळ भूक काय खरी न्ही."

मध्यम पिरायेचो मालक खूबच गोरो आसलो आनी ताणें भांगरा काडयांचें वक्ल लायिल्लें. मुखावयल्या बरण्यांत सोबीत चाकलेटी, बिस्किटां पुडे आसले. म्हजें भुकेचें पुराण ताका मजेशीर लागलें जावंये. म्हाका ताणें म्हऱ्यांत आपयलो. हांव थकलां, म्हजे दोळे फोणांत गेल्यात हें पळोवन ताणें म्हज्या फाटीर एक धुमको घातलो. तरीय हांव हाल्लों ना. तो हय न्ही सो हांसलो. तो म्हाका मजेनच घेतालो. तेणे म्हटलें, "भूकच भागोवंक पळोवपी, भुकेचीच रड रडपी तूं एक बाबत भुरगो. कांय जावचें ना तुजे कडेन."

हांवें सांगलें, "भूक भागल्यार हांव एक पारय लावन ही धरतरी ओमथी उडयन. भूक आदी. दूद दितले आवयवरीच पवित्र ती."

मालक आता इल्लो चड हांसलो. "हांव तुका काम दितां. भुकेक जेवण दिवन वयल्यान पगारय दितलों. खरें म्हटल्यार लागिंची वळख मेळ्ळे बगर हांव कोणाक कामाक दवरिना. पूण तुज्या चेहऱ्यार म्हाका वळख मेळ्ळया. ती खरी करून दाखय. तूं मेट्रीक जाला म्हण तुका हांव मेनेजर करचों ना. सांगता तें काम करचें पडटलें."

"बरें जावं तुमचें."

ताणें वेटराक सांगून पाव भाजी, उप्पीट, उदक, पोटभर खावंक पिवंक दिलें. उपरांत भितर वचून बेसीनांतल्यो बशयो धुवंक फर्मायलें. हांव भितर वयताना तो वेटराक सांगतालो "तो तुमचेवरी न्ही. बरो मेट्रीक पास जाला तो. इंग्लीश बरयतलो, उलयतलो."

अजाप म्हळ्यार म्हाका म्हजें नांव कोणेच विचारूंक नासलें. म्हाका सगळें मॅट्रीक म्हणच वळखताले. मॅट्रीक म्हणच आफयताले. "मॅट्रीक हें कर, मॅट्रीक हिंगा यो."

म्हाका तो म्हजो अपमान कसो दिसतालो. तरीय म्हाका नोकरी जाय आसली. रमेशाल्या जेवणाखाणाची व्यवस्था पळोवंक जाय आसली. भयणीक बेबद्या घोवा पसून सोडोवंक जाय आसलें. भूक भागतकीर म्हाका दिसूंक लागिल्लें, मालकाकडल्यान पगार तर वसूल करतलोंच हांव. सोडचो ना.

म्हजो कामाचो आटाप मोटो आसलो. शेपन्नास बशयो, कोपां, ग्लास कांय न्ही करून धुवन उडयतालों. परत भायर येवन मेजावयलीं आयदनां बेगीबेगीन उखलून व्हरतालों.

हॉटेलांतल्या हेर कामदारांनी म्हाका शिटकायलें. "पळय, चड काम करूं नाका. तें आमचेर येतलें. आमच्या पोटार तूं मारतलो. फुकेसवाय काम करून घेतात आनी वेळ वक्तार खोंट मारून धांवडायतात. आळसायेन दीस काडचे."

हांवें चड कानामनार घेतलें ना. म्हजे हात जशे रवंरवंताले. भाव, भयणिची अवतिकाय न्ही जाल्यार घडये म्हज्या हाताक मोनेळ पडपाची ! हांव आळसायेन रावचेलों!

आमी हॉटेलांतले वेटर आनी हेर कामदार मेळून साताठ जाण फाटल्यान एके कुडींत रावताले. तांणी एक दीस म्हज्या आंगाखालची साकाची गोदड ओडून व्हरून उदकांत उडयली. म्हाका थंड फरशेर उक्त्यांत न्हिदचें पडलें. एक फावट न्हिदिल्लों आसतना केंसाक येद्दें व्हडलें खाप काडून दवरलें. मगेर म्हाका तकलेवयले सगळे केंस बारीक करचे पडले. हांव विद्रूप दिसूंक लागलों. मालकान म्हटलें, बऱ्या हॉटेलाचो कामदार तूं. हीं असलीं अवचिन्नपणां करून घेतल्यांत.

तांणी तर म्हाका धमकायल्लो, मालकाक कितेंय सांगल्यार मुततामेरेन मार पडटलो म्हण. तेच सांगताले, पयलीं असोच एक मेस हेल्पर आशिल्लो. चड शाणो. ताका ट्रेनीपोनाक हुडी मारून जीव दिवंचो पडिल्लो.

म्हाका आतां कळ्ळें, पाड अवतिकायेन कळमेल्लीं, बेजारिल्लीं हीं मनशां निर्शेवन राग काडटात.

हांवें बरीं टबभर आयदनां धुवन त्या व्हडल्या बेसीनाच्या कट्यार दवरिल्लीं. हांव भायर गेल्लों आसताना कोणेतरी मुद्दम तीं हात लावन सकल उडयली. टबांतल्या कांचेच्या आयदनांचो चुरो! हांवें सारको टब दवरूंक नाशिल्ल्यान तें पडलें म्हण तांणी मालकाक सांगलें. मालकाचो जबर मार आनी मुखाल्ले दोन म्हयने पगार कापून घेवंचेली धमकी. सगळें तत्वज्ञान चुलींत.

तेच रातीक हांवें थंयसान फुज्यो काडल्यो. सत्तावीस दिसांचो पगार उल्लो मालकाकडेन. भायर वोत खूबच तापिल्लें. रस्त्यावयलो दांबर जसो कडून व्हांवतालो. खंय वयचें, खंय सावळेक रावचें कांयच कळनासलें. तातूंत परत पोटाक भूक आनी तान! खंयूय इल्लें काम मेळटलें, पोटाक अन्न मेळटलें म्हण रस्त्यावयल्यान वणवण हेडटालों. उंच उंच इमारतींच्या माल्यांतल्यान अचकीत एकादऱ्या गरीब बारीक गल्लींत ना तर झोपडपट्टींत वचून पावतालों. दिका कळची, खंयचो वाठार तो कळचो हाची गरजच म्हाका लागनासली. फकत काम मागत

भोंवप. भूक चड खर जाली म्हणटकीर म्हाका दिसतालें, भीक ना मागचो, पूण हांव सट् करून मोडून बसतलों.

एके जाण्ट्या सोबीत गिरेस्त बायलेच्या दारांत वचून हांवें म्हटलें, “म्हाका कसलेंय काम दी. चुकून पावलों हांव शारांत. भूकय लागल्या.” ते बायलेन म्हाका बारीक पळोवन म्हटलें, “कामाच्या, भुकेच्या नांवान येतात मवाली आनी चोरी करून वयतात. वाटेवयल्या वळखदेख नाशिल्ल्याक घरांत ठेयनात आमी.”

भुकेच्या वोगार म्हाका तिचो राग येयलो. तिच्या गुबगुबीत आंगाचो घांस मारून कुडको काडचो अशें दिसलें.

एकेकडेन एक व्हड शेड आसली. भितर घडघड घालीत काम चलतालें. ते शेडींत कसलें काम करतात म्हाका कळनासलें. शेडीच्या तोंडासरीं एक तेलकटशां मेजासरी तेलकट आंगाचो एकलो बशिल्लो. हांवें ताचेसरीं वचून मागलें, “हांव गांवगिऱ्या वाठारांतल्यान येयलां. म्हाका कसलेंतरी काम दी. चार दीस जाले भोंवता हांव काम मेळटलें म्हण.”

ताणें फाफुडिल्लेवरी म्हटलें, “गांवांतल्यान कित्याक येतात रे तुमी शारांत मरूंक. हांगा पयलींच लोकांची खेटाखेट. पांय दवरूंक सुवात ना. बंदी घालूंक जाय भायल्यान येतल्यांचेर. शार शारांतल्या लोकांखातीर राखून दवरूंक जाय. उठ्ठात आनी येतात झोपडपट्टी वाडोवंक.”

हांव वोगी फाटीं फिरलों. फाटल्यान ताणें म्हटलें, “हेल्पर्स जाय हांगा. कोणय वळखिचो घेवन यो.” हांव थाल्लों ना.

दिसभर हेडटालों आनी रातची भुकेच्या वोगार न्हीद लागनासली. दर एक घरांत दिवे पेट्टाले, फॅन घुंवताले, संगीत वाजतालें आनी हांव खंयतरी काळ्या कोनशांत फुटपाथार पडिल्लों आसतालों. तुजे खातीर हांव कांयच करूंक तांकना म्हणपी म्हजे भयणीची म्हाका खूप याद येताली.

चवथ्या दिसाक सकाळीं उठ्ठकीर म्हाका दिसलें, हांवें आज भिकेक हात मुखार केले नात तर हांव रस्त्यार पडून मरतलों. धाकल्या भावाक वाटोवंक, भयणीक आदार दिवंक भायर सरिल्लों हांव सोताच मरतलों. तरीय भिकेक हात उठनात. तोंडांत उतरां फुटनात. कसले हे संस्कार मरणाच्या दारांतय सुटना जाले! हांव म्हजेरच तिडकलों.

परत सांज जावंक लागिल्ली. खंयतरी आशिकुशीन बैठीं घरां, धड घरां

न्हींत, झोपडपट्टी न्हीं. बकाल असो वाठार. बारीक बारीक रस्ते. भोंवतणी बैठीं घरां. एक चक्रव्यूवच. धड उजवाड ना, वारो व्हांव ना. एक आगळीच भिरांत म्हज्या पोटांत पातळ्ळी. मनशां दिसतालीं, पूण पुसट उजवाडांत तांचीं तोंडां मात दिसनासलीं. खंयच्च्या मसणगांवांत चुकून पावलों हांव!

खंयच्च्यान तरी एक आवाज येयलो, "ये खंय वयता, यो असो यो." म्हाका दिसलें, म्हाका आनी कोण आपयतलो ह्या अनवळखी अरण्यांत. हांव तसोच चलूंक लागलों. "ये आयकना, हांव आफयता तुका."

हांवें आवाजावटेन पळयलें, क्षीण उजवाडांत एके झोपडीकशा घरामुखार एक बायल उबी आसली. घराचें दार तांबड्या रंगान रंगयल्लें. हांव ओगी तिचेसरीं गेलों. ती "यो भितर यो" म्हणत दार उक्तें करून भितर गेली. हांव तिचे फाटल्यान गेलों. तिणें म्हाका थंयच्च्या बाज्जेर बसूंक सांगलें. एकच कूड. तातूंत एक बाज्ज. कुडिचे एके कुशीक एक म्हेळ पड्डो उबो केल्लो. ताचे आडसराक तिची रांदन, रांदर्ची आयदनां आशिल्लीं जावंये.

हांव बाज्जेर अरवळ कसो बशिल्लों. ती म्हाका जोखत कांय वेळ कुशीन उबी रावली. हांवें तिका बारीक पळयलें आनी म्हगेलें काळीज कलकल्लें. म्हाका पोटाक भूक लागिल्ली, हांव निर्शेल्लों, म्हाका उठचो त्राण नाशिल्लो म्हणच हांव थंय बसून रावलों. हांव हॉटेलांत काम करतालों थंयचे वेटर शारांतल्या वेश्यांविशीं खूब उलयताले. कोणय थंय वचून येवन मोठ्यो बढायो मारतालो. हांव तिचेसरीं अबुद्द बाळकावरी पळयलें. ती दिसूंक वायट नासली. काळी-सावळी, पूण नीट नाक दोळ्यांची. चेहऱ्यार इल्ली रंगरंगोटीय केल्ली. पूण बरोच वेळ ती कांय उलयली ना. म्हजी अवतिकाय पळोवन तिका इल्लो दुबाव येयल्लो जावंये.

हांवें म्हटलें, "कित्याक आफयला म्हाका?"

"बेठेंच पिशें कांबरून घेवं नाका."

"खरेंच म्हजेसरीं कांय ना. एक पयसो ना."

"हेवटेन रातचो कित्याक मरच्याक भोंवतालो तर?"

"चार दीस जाले, खंयूय इल्लें काम मेळत काय म्हण सोदत भोंवतां हांव. पूण कोण दारांत उबो करून घेयना."

तिणें रागान म्हळें, "तुजें रडगाणें नाका म्हाका. होसमार तूं हिंगसल्लो बेगीन."

हांव उठलों. उठ्ठना मातसो लकलों. म्हाका उठिल्लो पळोवन ती बेगीबेगीन दारासरीं गेली. बंद दाराक फाट लावन उबी रावली. "केन्ना जेविल्लो?"

"खरें सांगू? चार दीस जाले म्हज्या पोटांत अन्नाचो कण गेलो ना." ती एकदम मोठ्यान हांसली. तिचें उद्धट हांशें पळोवन म्हाका तिडक माल्ली. हांवें म्हटलें, "हांव वयतां. दार सोड तूं. आफोवन फकाणां केलीं म्हजी."

"कसो वयतलो, पांय पळय लडबडटात. भायर पावसर लकून पडटलो." जरबेनशें तिणें म्हटलें, "मरचें आसा? बस थंय वोगी."

हांव बसलों. "म्हाका इल्लें उदक दिता?" तिणें नितळ स्टीला तांबयांतल्यान ग्लास भरून म्हाका उदक दिलें. कुडींत जीव ओयिल्लेवरी जालो. हांवें विचाल्लें, "हेदोळ व्हडान हांशिल्ली कित्याक तूं?"

"भिकाऱ्यागेर भिकारो गेलो आनी हागतामेरेन मार पडलो. तीन दीस म्हाका गिरायक मेळ्ळें ना. हांवय सकाळपसून उपाशीं आसां. म्हज्यान तर भूक सोसूंकच जायना. आमकां रांडांक पोटाचीच फक्कत भूक आसता न्ही!"

हांव ओगीच बसून आसलों. तिणेंच परत म्हटलें, "तुज्या पोटांत आतां अन्न पडलें ना जाल्यार तूं राती भितर मरून पडटलो अशें दिसता."

हांव हय न्ही सो हांसलों.

"तूं तर म्हजो म्हालगडो घोव कसो म्हजे बाज्जेर येवन बसला. म्हाका आनी आतां गिरायक खंयचें."

"हांव वयतां तर. तुवेंच बस म्हणिल्लें" हांव वचूंक उठलों. तिणें जरबेन धपकायलें "बस थंय वोगी."

तितल्यान तिचें दार वाजलें. तीन फावट ल्हव ल्हव कुटकूट जालें. तिणें बेगीबेगीन म्हज्या दंडाक धरून उठयलो. म्हाका धुकलून पड्ड्याच्या कुडव्यात व्हयलो आनी अडसराक बसयलो. मुखाल्लें लाटणें उखलून धपकायत म्हाका ओगी बसूंक सांगलें. उपरांत वचून तिणें दार उक्तें केलें. भायर उबो आशिल्ल्याक पळोवन ती एकदम ताणशेली. "तूं मसण्या, तुका कितले फावट सांगलें, म्हजेसरीं येच नाका म्हण. बुरसो घोंगो. तुका पळयल्यार वीट येता म्हाका."

तो चलूंक लागिल्लो जावंये. तिणें ताका परतो आपयलो. "यो तूं. यो आज." ती ताका घेवन भितर आयली आनी बाज्जेर बसयलो. हुमेचो, कुसडचो घाण वास कुडींत पातळ्ळो. तिणें आदींच ताचे कडच्यान पयशे काडून घेतले.

कितले रूपये घेतले कांय कळ्ळें ना. भायलें म्हाका दिसनासलें. तिणें मागीर व्हडलो बल्ब पालयलो आनी ती ताचे सरीं गेली. देवाकडचो झिरो बल्ब तसोच पेटिल्लो आसलो.

तिणें आंगावेली साडी सोडोवन मदल्या कुडव्यार उडयली. ताचो एक पदर जुस्त म्हज्या माथ्यार येवन पडलो.

हांव पड्ड्या आड श्वास लेगीत दामून घेवन वोग्गी बशिल्लों. म्हाका सगळें अजाप अजापशें दिसतालें. मर्दी मर्दी बाज्ज करकरताली. ती मर्दीच ताचेर धेंगशेताली. 'वास मारता चड, आंगाक लागूं नाका...जालें ना..ना तर धुकलून वडयतलीं सकल...धा दिवप आनी मस्ती शंबराची.' तो मात कांयच उलयनासलो. जसो गूंग जावन गेल्लो.

मागीर कांय केळ मोन्यांनीच गेलो. मागीर तो कितें तरी चांचरिल्लेवरी उलोवंक पळयतालो. पूण तिणें ताका दार उक्तें करून जसो धांवडावन घातलो. म्हटले, "चल तूं आतां वोगी. भुकेक वखद ना. गरजेक अक्कल ना."

तो वतकीर तिणें आंगार साडी गुठलायली आनी व्हडलो बल्ब लायलो. हांव भोव थकिल्लेवरी लकतलकत भायर येयलों. म्हटलें "हांव वयतां आतां."

परत ती दाराक फाट लावन उबी रावली. तिणें थंडपणान म्हटलें, "वयतलो जाल्यार वच. तुजेखातीर त्या मसण्याक आंगार घेतलो हांवें. आनीक एक दीस उदक पिवन रावन तांकतासलें हांव.

हांवें आतां तिचेसरीं पळयलें. तिचें नाक, दोळे, चेहऱ्यावेली निर्शेणी, काकुयट सारक्की म्हजे भयणेवरी दिसली. तिणें निमाणे म्हणिल्लें, "हांव तुजेखातीर कांय करूं शकना म्हण म्हाका वायट दिसता."

पूण ही तुळा म्हाका मानवली ना. म्हाका म्हजेच पोले फोडून घेवंचे अशें दिसलें. वचूंक उठिल्लों हांव जाग्यारच थीर उबो आसलों. तिणें म्हटलें ,"बस तूं. हांव भायर वचून कितेंय खावंक जेवंक घेवन येतां. भितरल्यान खिळी घालून घे. कोणूय येयल्यार दार उक्तें करूं नाका. हांव भायल्यानय खिळी मारतां."

तिणें वचून एक व्हडलो पाव, तांदूळ, बटाट आनी दाळ हाडली. येयल्लीच तिणें स्टोव पेटयलो आनी ती रांदूक लागली. "आतां कांय वेळ तुका भूक सोंसचीच पडटली" म्हणत कामाक लागली.

ती फाट करून स्टोवासरीं बसून रांदतना, तांदूळ धुयतना, बटाट चिरतना

एक सामकी निश्कलंक अस्तुरी कशी दिसताली. परत भयणिचेंच सामकेपण म्हजे तकलेंत.

रांदून जातकीर एका ताटांत खुबशें गरम गरम जेवण वाडून तिणें म्हजेमुखार दवल्लें, "तुका म्हजे हातचें खावंक उणाकपण दिसता, बाट दिसता तर म्हजो फोर्स ना. वयल्या जातीचे लोक हरशीं आमकां उण्या जातिच्यांक आफडूंक फाटीं सरतात. पूण नागड्या बायलेल्या आंगाक लागूंक तेंका कांय दिसना. बाट, भश्ट सगळें फुकट. भूक खरी."

हांव बसलों आनी मोन्यांनीच जेवंक लागलों. पयलीं दोन उंडयो आडखळिल्ल्यावरी जाल्यो. पूण त्यो हेर कित्यान न्ही तर चार दीस अन्न नाशिल्ल्यान ताळो आंवळून येयल्ल्यान जालां अशें म्हाका दिसलें.

तिणें वाडटां वाडटां म्हाका हळूच विचारलें, "खंयच्यान येयला, घरा आनी कोण कोण आसात?"

हांव कांयच उलयलों ना. तिणें परत तोच प्रस्न विचारलो. तिच्या विचारपांत इतली माया, म्होंवपण भरिल्लें, म्हज्या दोळ्यांत दुकां उबी रावलीं. म्हटलें, "म्हजी एक भयण आसा. तिगेलो घोव सोरो पिवन तिका मारता."

ती पिसाय कशी हांसली. "म्हजेवरीच तर भोगणारे म्हणचे."

"कितें तुका घोव आसा?"

"घोव ना. घोवावयलो देंवचार. म्हजो बेबदो बापूय दर चार दिसांनी येता, आनी म्हजेकडेन आशिल्ले बुचाटून व्हरता. कांय मेळ्ळे ना तर म्हाका बडयता. पंदरा वर्सांचेर जाल्लें सुरू. आतां धा वर्सां जालीं. देवाक सोडिल्लें बापायन म्हगेली जोड खावंक. कसलो देव आनी कसलो बापूय ? दोगय देवचारच. तुका सांगू ह्या धा वर्सांत एक फावट हांवें देवाक हात जोडलें नांत."

ती वयर वण्टीर फोटवांत दिसता ती देवी, म्हारवा तोंडाची राक्षीण, तिच्याच पायांसरी सोडिल्लें म्हाका, तिचें तोंड धरून झोडचें अशें दिसता. जाणा, सातवी मेरेन शिकिल्लें हांव. तेन्ना दिसूंकय बरें आसलें. दादल्यांक आंगार घेवन घेवन म्हजे मन विटलां. ताचेन म्हगेलें रूपय मरूंक लागला.

ती एक शिंदळ म्हण आनी वांगडाच एक अस्तुरी म्हण तिगेली सीमरीस म्हाका स्पश्ट जाणवताली. ही वांगडाच दोन जीण जियेता. तिचे विशी म्हजें मन मायाळ मायाळ जावन येयलें. म्हटलें, म्हाका खंयूय इल्लें काम मेळ्ल्यार पुरो

आसलें. सगळे जण वळख मागतात.

ती काय वेळ वोगीच रावली. न्हीद तूं आता. फाल्यां पळोवचें.

“हिंगाच न्हिदू हांव?”

“कित्याक हांव खातलें तुका?”

हांव ते बाज्जेर न्हिदूंक गेल्यार तिणें आडयलें. म्हटलें, म्हेळ सारी कशी ती बाज्जी. सदां हांव तेचेर म्हाका लासून घेतां. मगेर तिणें तिगेल्या पत्र्याच्या ट्रकांतल्यान एक नवें जमखण आनी चादर काडून सकल हांथरूण घातलें. न्हीद तूं हिंगाच. हांव हांथरूणार बसतकीर तिगेलें लक्ष म्हज्या आंगावयल्या म्हेळ्या शर्टाचेर गेलें. तिणें लागीलागी तें म्हज्या आंगावयल्यान ओडूनच काडलें. एका कोनशांत ल्हान मोरी आसली. थंयच्या नळाक बारीक उदक येतालें. आंगावयली हूम सुकून सुकून म्हेळीन जाड जाल्लें तें शर्ट तिणें साबांव लावन परतें परतें घासून धुंवले आनी बरें पिळून सुकोवंक उडयलें. हो वावर करता करता ती उलयताली. पिसो जाल्लो म्हजेर. बरो गिरेस्तालो भुरगो. दर शेनवारा म्हाका हॉटेलार घेवन वयतालो. तेन्ना हांव सामकें जुवान. एक दीस म्हणूंक लागलो, आमी लग्न जावंया. पिशेपण तर. हांवेंय ताका पिशातच काडलो. खरें सांगू हांवय तेच्या मोगांत पडिल्लें. पूण आमचें हें अशें. राती एक घोव. लग्न थारतकीर पत्रिका घेवन येयल्लो. कांय वेळ बसलो. मागीर म्हणूंक लागलो न्हिदुया. हांवें ना म्हटलें. सामक्के ना म्हटलें. राग धरून आसा काय खबर ना. विचारूया फाल्या. गांधी रोडार दुकान आसा. लायटीचीं कॉंट्रक्टां घेता.’

मागीर इल्लें तेल घेवन तिणे म्हज्या ताळयेर घासलें. हांवें परतें म्हटलें, ‘म्हाका खंयतरी काम मेळल्यार पुरो आसलें.’

“न्हीद तूं न्हीद आता सुशेगाद. फाल्यां पळोवचें.”

हांवें सट्ट करून म्हटलें, “म्हजी भयण तुजेच पिरायेची आसा. तुजेवरीच दिसता. हातय तुजेवरीच”

***

जल्मांतर

'श्रीशैल मल्लिकार्जुन' कंपनीचे मेनेजर रघुपती चावडीकराचेर आज खुनी हल्लो जालो. कंपनीच्या पेटीसरी कोणेतरी पिस्तुलाच्यो गुळयो झाडल्यो आनी ते मोटर सायकलीवयल्यान पळोन गेले. पिस्तुलांच्यो दोन गुळयो कुडिचे आरपार गेल्ल्यो. मगेर रघुपती पडिल्लेसरी रगताचे खेळ, लोकांच्यो बोबो. गाडयांची धांवपळ. तेतून कंपनिचो वाठार कुशीन आडवाटेर.

खरें तर मारिल्ल्या मनशांक रघुपती वळखतालो. म्हण तो उक्तारच मरचो म्हण तेचेर पांच गुळयो मारिल्ल्यो. रघुपतीक तेतुंतले दोन लागले.

तेका कामदारांनी बेगोबेग हास्पितलांत व्हरून घातलो तेन्ना रघुपती पुराय कोमांत गेल्लो तरीय तेका इल्ली हुनसाण आशिल्ली. डाक्टराचे तेका वाटोवंक झुजाच्या पातळेर यत्न चलिल्ले. पूण आस्त नाशिल्ली. निमाणी धडपड म्हणच ते धडपडताले. ताणीं स्पश्टच सांगिल्लें, वाचची शक्यता सामकी उणी.

कंपनिच्या वाठारांत सगळ्या कामदारांमदी किण्ण निर्शेणी पातळिल्ली चोयवटेन दहशत, भिरांत आनी कांच. कोणे माल्ले, कोणाचें कर्तूब म्हण चिंतताना, आपसात फुतफुतताना सगळे एका नांवासरी येवन थारताले. कंपनीचो मालक हरीश्वराचेंच कर्तूब तें. तेचेच सांगणेर माल्ला.

पूण सगळें इतले शिस्तबद्ध रितीन जाल्लें, रघुपती मेल्यार कोणावटेन बोट दाखवपय शक्य नासलें. मारतल्याक दिसतालें, कसोय करून तो कोमांत

आसतानाच मरचो!

कंपनिचो मालक हरीश्वर सगळें फापडून उडयिल्लेवरी थंडपणान वावुरतालो. तो हॉस्पिटलांत गेलो. तेणे डाक्टरा वांगडाय भासाभास केली. पूण तेच्या चेहऱ्यावयलो ताण स्पश्ट दिसतालो. केन्ना चेहरो दुखेस्त जातालो, दोळे भिजिल्लेवरी जाताले. तर केन्ना पुराय चेहरो जसो तो रागान ताणून घेतालो दोळ्यांचे फातर जाताले. येताना तो दोनतीन फावट तरी सोतासरीच कितेतरी उलयलो. ड्रायव्हरान फार्टी वळोन पळयलें लेगीत.

मदी मोटर राबोवन तो एका देवळांतय वचून येयलो. येताना तेणे कपलार उबो तांबडो तिबो लायल्लो. येवन मोटारींत बससर 'हर हर परमेश्वर' म्हण तो तोंडानच जप करतालो.

मोटर मातसो मुखार वयतकीर मनावेलो तोल गेल्लेवरी तेणे सट्‌ करून म्हटलें, "आमी घरांतल्या भुरग्यावरी तेका वाडयल्लें. मुगेले बायलेन सोताचें दूद सोडल्यार तेचें सगळें केल्लें."

ड्रायव्हरान मोन्यानच तेचेसरी पळयलें. प्रस्न विचारिल्लेवरी "हय. आमगेरच ल्हानाचो व्हड जाल्लो तो. बापायन एक दीस अचकीत एक स सात वर्साचो भुरगो घरांत हाडलो. इतलेंच म्हटलें. तेगेली आवय कॅन्सरान मेली. आमचोच आदार तेका. तेगेल्या बापायविशी विचारल्यार कांय सांगलें ना. शेवटा मेरेन कांय सांगलें ना. म्हजी आवय पयलींच मेल्ली. ती आसल्यार कितें तरी कळचेलें. आमी तेका बरें शिकप दिलें. कंपनीतच दवरून घेतलो. मगेलो धाकलो भाव कसोच जाल्लो तो."

"पूण शेवटाक तुमचेरच उलटलो तो पात्रांव. कामदारांचीच बाजू घेतालो."

हरीश्वराक कच्‌ जालें. "ना. ना. बरो आसलो तो. आफीसात येतकीर पयलीं म्हजे पायें पडटालो. म्हाका खूप मानतालो."

***

मध्यानरातीचे बारांचे ठोके ढाणढाण व्हाजूंक लागले आनी हरीश्वरान कच्‌ करून आंग काडलें. वातावरणाचेर बडयो मारिल्लेवरी ते ठोके व्हाजत रावले. दर एक ठोक्या कणकणी तो अस्वस्थ, काचाबूल .... अजून मरणाची खबर येयली ना कशी! खंय गुळी उणी पडली, खंय चुकली.... खिणांत वर्मार बसूंक जाय आसली. कंपनीचो मॅनेजर आसून कामदारांक फुसलायता. परत परत तेचे

खातीर पगार वाढ मागता! घरभेदी, धंद्यात भेदी. म्हज्या बापायचो धंदो मुका खंयच्च्याय उपायान पन्नास पटीन, शंबर पटीन वाढोवचो आसलो. हो मर्दी. ह्या खिणाक तो मरूंक जाय. ना तर मुजेर केन्नाय घुरी पडटली! एका खोल भिरांतेचें कवंडाळें ताचे भोंवतणी आंवळीत रावता. एक अज्ञांवर पातकाचे जाणिवेत तो खोल खोल रीगत वयता.......

तो वचून जनेलांत उबो रावलो. भायर फक्कत गुपाट काळोख आनी थंड किरावं शांतताय. फक्कत रातकिड्यांची एकधारी किरकी र. मळबांतय एक नखेत्र दिश्टी पडना. जशें तें कोणेतरी धुंवटेच्च्या हातान पुसोवन उडयलां. चोयवटेन थंड किरावं बर्फाळ काळोख! तेका दिसता, त्या काळखांत आपणा आड कसलें तरी कारास्थान चल्लां. कोण तरी आपणाक फारावंक रावला....... तो जनेल बंद करून भितर येता. सोफार येवन बसता. इतल्यान घणूघणू टेलिफोन वाजता. ते घण तकलेर घेतच तो उठ्टा आनी फोन घेता, 'हॅलो अजून हुनसाण धाकधूक आसा. अजूनय काळीज हुडटा, शिरंतरात रगत पावता. डॉक्टर झलजत आसात.'

परत एक फावट खर निर्शेणी आनी वांगडाच भिरांत. तो गीता काडटा आनी श्लोक वाचूक पळयता, पूण मन लागना. पळयल्यार तो पुराय हुमेन बुडला. कपलावयल्यान बोट ओडटा आनी हूम पुसता. पूण मनाचो ताण इतलो वाढला, फेनाची घरघराय सोसना जाला.... तो बेगीन मरूंक जाय!

तो उठ्टा आनी फाटल्यान हात बांदून अस्वस्थ पासयो मारूंक लागता. खिणाखिणान ताच्या पावलाचो वेग वाडटा. चिंतनाची एक व्हड गुठली. एक शेवट हातात येयलार दुसरे वटेन घुसपता. गुठली वाढतच वयता. पळयता पळयता तेचें एक व्हड जाळें जाता आनी तातूंत तोच घुस्पता.

कुडीन थकून भागून तो सोफार बसता. प्रतिबिंब जाल्लेवरी एकधारी नदरेन खंयतरी पळयत रावता.

अचकीत दारार टकटक.... तो कच्कन् आंग काडटा. टकटक वाढत वयता..... तो उठून दार काड्टा काय आपशींच दार उक्तें जावन कोण भितर रिगता कांयच कळना..... कांयच अर्थ लागना.....मनाच्या पड्ड्यार फक्कत थापटां बसत आसात....

एकलो भितर येता. ताणें बोटबर जड मुंजीर एक पिनकी कास्टी माल्ल्या. खांदार कांबळीफटें उडयलां. म्हेळ, वोतान कसल्लें आंग उक्तेंच आसा.

"कोण, कोण तूं? कोण काय म्हणटां?"

"सावकारा, हांव तुजो पूर्वजल्म.... पूर्वजल्म! आनी तूं म्हजो पुनर्जल्म!"

"नां हांव तुका वळखना. हांव तुका केन्ना भेटिल्लो ना. असल्या गजालींचेर म्हाका भावार्त ना, विश्वास ना."

"हेंच चुकलें तुजें. तुवें भावार्त, श्रद्धा वगडायली आनी तुजो अध:पात जालो. तुजो म्हजेर विश्वास आशिल्लो जाल्यार तू असो रेब्यांत मुंगरचो नासलो. सत् फट कोणेतरी दिल्लें जल्म पुर्नजल्माचें हांयस तुवें न्हयकारूंक फावनासलें. म्हणच तूं असो घातमारो पातकी जाला."

"ना. हांव बरो आसां. सुखी समाधानी आसां."

"म्हाका तरी फटोवं नाका तूं सावकारा. तूं घातमारो आनी खुनी."

"ना हांवें कोणाचो खून केल्लो ना. खरेंच ना."

"तुवें केला खून! नाडपणा, खोटेपणा आनी खून करून तुवें म्हजो विश्वासघात केला. हांव तुजो पूर्वजल्म, हांवें कितलें भोगिल्लें कितलें सोडिल्लें, भोवभोव कस्ट सोसले, उपासतापास काडले पूण केन्ना कोणाले भाजयेच्या पानाक हात लायलो ना. नितीन, एकिनेन जियेलों. तुका मनशाचेर मोग करूंक जमलो ना. पूण हांये प्राण्या सुकण्याचेर, झाडा झोपाचेर, थाम कणसाचेर, मातयेचेर मोग केलो. हांवें सैमाची पुजा केली आनी सैमावांगडा रूतूचाकात घुंवलो. पुण्य म्हटल्यार कसलो पोटलो न्ही सावकारा, तर सोताच्या मनाकुडीक पवित्र, शुध्द करून घेवप, बावनकसी सुल्लाखी भांगर करून घेवप. एक शेतकार म्हण हांवें कितले कस्ट काडले, न्हेसणा कांबरूणाक, जेवणाखाणाक वळवळलों. पूण कोणाक दोश दिलो ना. कोणाचें वायट चिंतलेंना, वायट केलें ना, फुलाचें कांय घेयलें ना. एक दीस कितें जालें जाणां, मारिकांबा जात्रेंतल्यान परतो येताना वाटेर म्हाका अठरां पोवनां चें गाठुलें मेळ्ळें. तांबड्या रसमाचे दोरयेन वोविल्लीं अठरा पोवनां आनी आठरां पुतल्यो. त्या गाठुल्याचो धनी परतो येतलो म्हण तीन दीस हांव ते वाटेर वाट पळयत रावलों. पूण कोण येवंक ना. तें आता देवाल्या भांडाराक दिवंचें म्हण थारोवन हांव घरा येयल्लों. एक दीस कळ्ळें पयसुल्ल्या उदंगेरी गांवात एका अबुद्द सुनेक भांगराची वस्त शेणयली म्हण मांवान खूब माल्लें म्हण. तसोच उठउठी सोळा मैलाची वाट मांडयत हांव थंय गेलों. वस्तीची वळख पटोवन ती दिवन येयल्लों. तेन्ना ते नेणार सुनेच्या तोंडावेली खोशी पळोवन दिशिल्लें जावं

हीच म्हजी पुण्याय. मुखावेल्या जल्माक तरी सूख सामादान मेळटलें. पूण तुवें म्हजो घात माल्लो. म्हज्या पुण्यायेच्या बळग्यार तुका रायासारखें सोबीत रूप मेळ्ळें. पिडा नाशिल्लो घटमूट देह मेळ्ळो. तेतून तूं कितलो बुदवंत आनी शिटूक. पूण सगळें स्वार्थान, दुस्वासान तुवें भस्टायलें."

"ना. हांवें कांय इबाडूंक ना. हांव म्हजे परीन म्हजें जिवीत जियेलों. मुका मानवता तसलें सुखाचें, ऐशारामाचें."

"फट उलोवं नाका हरीश्वर. सूख समादान तुका केन्ना मेळलेंच ना. तूं सुखाच्या फाटल्यान रगत ओकसर धांव धांव धावलो, खर्शेलो, सूख हातांत येवंचें म्हण पातकां करीत रावलो. मागीर दर एक पातका कणकणी जिवाचे तळमळें. एक पातक लिपोवंक दुसरें पातक, पातकांच्यो हारी. सदांच भिरांत, दुबाव, तळमळें. म्हजी पूर्वजल्माची पुण्याय आनी तुजें अडेचें दुश्टपणा हाचो एक संघर्ष पेटिल्लो आसतालो तुजें भितर. कारण ह्या मनीस जिणेच्या प्रवाहांत रगतासयत पूर्वसंचिता सयत हांवेंच तुका घडयल्लो. त्या रगताचे उले तुका खिणाखिणाक साद घालीत आसले, शादूर करीत आसले. पूण तुवें कांय एक आयकोंक ना."

"खऱ्यानीच तूं आशिल्लो? खरोच हांव तुजो पूनर्जल्म?"

"हो प्रस्न म्हत्वाचो न्ही हरिश्वर सावकारा. इतलेंच जाणां जा, तुका तुज्या आवय बापायच्या बियांतल्यान, रगताच्या प्रवाहांतल्यान एक निश्कलंक पुर्वसंचिताचें भांडार मेळिल्लें."

"म्हणजे तूं नाशिल्लो तर?"

"हांव आशिल्लों, हांव आसतलों. मनशाल्या निमाण्या पिळगेंतल्या निमाण्या मनशांमेरेन हांव आसतलों. केन्ना पुर्वजल्म म्हण, केन्ना पुनर्जल्म म्हण. कारण दर एक मनीस ही सैमाची नवी आवृत्ती आसता."

"तर तुज्या पुण्याईचेर हांव इतलीं वर्सां तगलों, सलामत उरलों. आज एकच फावट तुजी पुण्यताय म्हाका पावं दी. तसो देवा भावार्थीच मनीस हांव."

"ना. तुज्या पातकाच्या चेपणाखाला हांव चेपलां. म्हजी सासाय नश्ट जाल्या. तुज्या भावार्थाविशी सांगना, भित्रो मनीसच केन्ना चड भावार्थी आसता."

"अशें म्हणूं नाका. हें निमाणे!"

"म्हजें तेजच नश्ट जालां. हांवच दीनहीण जालां. आतां तुजे आनी म्हजे ऋणानुबंध सोंपले. तूं आनी तुजें नशीब...दारावटेन सरकता सरकता नाच जाता..."

हरीश्वराचो उबो राविल्लेकडेनच फातरा पुतळो. कांय वेळ थीर पळेत रावता. मागीर मनाचो स्पोट जाल्लेवरी आड्डता. "मनीस आनी म्हारू, जल्म आनी पुनर्जल्म, स्वर्ग आनी नरक हाचो गुस्पागोंदळ, पाप पुण्याचें चेंपण, धर्म अधर्माची आडकाठी, कायद्याची, ख्यास्तीची भिरांत - फक्कत गोमटी आवळून उडोवपी पाश! कितें खरें आनी कितें खोटें! एक खीण सुखान श्वास घेवंक मेळना हिंगा!"

भायल्यान बायल येता. हरीशवर एकदम तिचेसरी धांवता. "कसो आसा तो आतां, कसो आसा?"

बायल तेका बारीक पळयता. "मरूंक ना अजून. हांव मरूंक दिवंचें ना तेका. हेर हॉस्पिटलांतल्यान आनीक बरें डॉक्टर आफयल्यात हांवें."

"इतलें हें सगळें कित्याक म्हण करता तू?"

"पुतावरीच पूत आशिल्लो तो म्हगेलो. तूं तेका तुगेलो भाव म्हणूंक कचरता जायत. पूण तो तुगेल्या बापायलो चेडो आसलो. तुजेपरस सोळा वर्सांनी ल्हान."

"हय. गांवावयलो जावनय ताची हांवें अर्थअपुर्बाय केली. बाणयल्या उतरांप्रमाणे कंपनीचो मॅनेजर म्हणच दवरलो. पूण तो म्हजेर फिरून पडलो. कंपनीक संप घडोन हाडटा. दुसरी कंपनी काडची धमकी दिता, म्हजेर चडफडटा!"

"खरें सांगू कामदार तेचेवटेन आसात. म्हण तुका दुस्वास जाल्लो."

"तूं हातूंत म्हजे वांगडा रावंचिना. म्हाका आदार दिवंचिना."

"हें कर्तूब कोणे कोणाक वाटावं सारकें नीच. हांवें धरिल्लें तूं मोहाक सट्ट करून बळी पडपी सादारणसो मनीस म्हण. हें असलें घातमारे कर्तूब करतलो अशें चिंतूंक नासलें. तुका आतां कोणाच्यानच वाटोवंक जावंचें ना."

"अशें तुकाय आतां दांत कशे फुटले कळनांत. तुकां लागून हांवें कितें केले ना. फकत तुमकां लागून उबे केले न्ही बंगले, ही मोटारगाडी, भांगर शिंगार आनी सगळ्यो सुखसोयीची वस्ती तुकाच लागून हाडल्यो हांवें."

"चुडटी लाय तेंका. आता आता म्हाका कितें दिसता जाणां, हें सगळे घरच पातकान रेंबडयलां. हें घर, हो संसार, आमचो घोवा बायलेचो संबंद, म्हजे शरीर, एक सुरक्षीतायेचें साधन, एक कोश म्हण तुवें वापरलें. म्हजें शरीर तुवें टेन्शन घालोवंचे एक साधन म्हण मुखार ओडलें. आनी तुका लोकांक नाडूंक पिडूंक चडच शक्त मेळ्ळी. म्हजें शरीरच पवित्र उरूंक ना. हांवूय तुमच्या पातकाचे

एक सहभागी.”

“आज अशें कडवट, निश्ठूर कशें जालां तूं? घोवाचे फाटीक रावच्या बदला...”

“जिवीतभर एका पाड भोंवऱ्यांत सापडून तूं हातपांय धाडायत रावलो. पूण हें निमाणे. तुजेर काकुळट कर सारकें न्ही हें.”

“एक विचारूं?”

“आतां ह्या घरांत कोणे कितें कोणाक विचारचें न्ही. कोणे कसली जाप दिवंची न्ही.”

“आतां मुगो हिंगा कोण तरी येयलो काळखांतल्यान. खरें खोटे, सपन काय मनाचो खेळ तें कांयच कळना. तुका पुर्वजल्माचेर, पुनर्जल्माचेर भावार्त आसा?”

“हय. सारको आसा. पूण दिसता मनशाक पुनर्जल्म आसचोच न्ही. ह्याच जल्मांत सगळे हिशोब चुकते करून ख्यास्त भोगून मेकळें जावन वचचें.” ती भितर वयता.

तो आता सामको गळसणता. फाटीचो कणो काडून घेतिल्लेवरी धपकन सकल बसता. तकलेर मणामणाची वोजी लकत रावतात. सोसूं नजो असो चिंतनाच स्पोट. काळजांत उतळताप आनी हुलोप. खरेंच कोणाखातीर म्हण ही गिरेस्तकाय उबी केली! आयज मेरेन म्हजेसरी एक निमित्त आसलें, हें सगळें हांव बायलेखातीर, भुरग्यांखातीर करतां म्हण समजतालों. पूण तें पाड पडिल्ले बेदिनवासी. खरें तर ताणीं म्हाका ह्या भ्रमांतल्यान मुक्त केला. आतां हांव सगळ्या जांजाळ्यातल्यान मुक्त जालां. तरी हे पाश तुटप कितले दुखदेणें...दोळ्यांमुखार सारको कांच...भिरांत!

बशिल्लेकडच्यान कुले घासत घासत सोफामेरेन वयता. सोफार तकली तेकोन पडटा. दारार टक्टक्. तो कांचवेता. तकलेर घण् बशिल्लेवरी अस्वस्थ जाता....तो उठटा, तोल सुटून लकता. दार धांपलां काय उकतें आसा कांयच खबर ना. एकलो कुले घाशीत आनी हाताचे तळवे झरयत भितर सरता. ताच्या पांयांच्यो वाकड्यो तिकड्यो बडयो जाल्यात. ते ताणें कमरेसरी गुठलावन घेतल्यात. कमरापासून लुळें सकल्लें आंग ताच्या कुल्यार कशें तरी थारावन घेतल्यांत. दोनय हातांच्या आदारान तो मुखार सरता. ताच्या काळ्या करपल्ल्या

चेहऱ्यार कसलीं कसलीं चवनां आसात. तोंडांतल्यान लाळ गळटा. आंगार आसात फक्कत बोतरां. तो येता आनी हरीश्वरामुखार बसून रडूंक लागता.

"कोण तूं बुरसो अनुळखो. कोण खंयच्यान आयला तूं दळदिरो?"

"हांव तुजो पुनर्जल्म. फाल्यां तूं मरतकीर जल्माक येवपी तो हांव!"

सामको कांचवेता. "ना. अशें जावंचें ना. हांव असो जावंचो ना. हांव तुका वळखनां!"

"हय ! म्हजी आनी तुजी वळख उरिल्ली जाल्यार कितलें बरें जावंचेलें. संवसारांत पातकां घडचींच नासलीं. अशी वळख घडोवंक जाय आसली. हांव तुजोच पुनर्जल्म म्हण म्हजेर शिक्को मारूंक जाय आसलो. देव चुकलो आनी तुजें फावलें."

हरीश्वर थीर ताका पळयत रावता. तो अपंगूळ अचकीत रागान झिडपता, थरथरता आनी आडुता, "पूण पातक्या, कर्मकट्या, तुका लागून कित्याक म्हाका हे दगदगे. हे गांडोळावरी अपंगूळपण. मांयझंया, तुज्या कर्माचें फळ हांवें भोगचें आनी तुवें पातकां करून सुखाची जीण जियोन मरचें!"

"ना, ना. हांव सुखाची जीण केन्ना जियेवंक ना. तळमळ्यांतच दीस काडले. हांव तुजेवरी जावंचो न्ही म्हण हांवें पुण्य जोडिल्लें. म्हज्या जेवणांतलें अर्द जेवण केन्ना कोणाक दिलें ना खरें. पूण देवळां बांदिल्लीं. थंय सहस्त्र भोजनां घातिल्लीं. तरी खंय कितें उणे पडलें, खंय पुण्याचो हिशोब चुकलो!"

"देवळां बांदून पुण्य मेळना दुश्टा. तें मेळटा फक्कत दिनदुबळ्यांचीं दुकां पुसून. देवळां बांदून देवाक चार वण्टीच्या घुस्मट्यांत घातलो तुवें, तेचो बाजार केलो आनी चडूच पातकांचो धनी जालो."

"आता आनीक संद मेळ्यार तूं सांगता तसलें पुण्य जोडून दाखयन हांव. तुजें रूप पळोवन हांव सामकोच भियेलां."

"आतां खूप उशीर जाला. म्हजो गर्भ केन्नाच रचला. एका पातक्याचें, घातमाऱ्याचें बीज म्हज्याखातीर फळ्ळां."

"तुजी ही मुर्खाची बडबड म्हाका कळना जाल्या. खरें सांगू तो तिट्यार भीक मागीत भोंवपी थोटो पांडू आनी तूं सारकेच म्हाका. तूं म्हजो पुनर्जल्म आसलो तरी म्हाकां दुख्ख ना. दुख्ख करचेलें कारण ना."

"म्हणजे हांव फट अशें तूं म्हणूंक सोदिता?"

"ना. तूं खरो आसतलोच. पूण तूं सोपूत घेवन सांग, तुज्या पयलीच्च्या जल्माचो तुका उगडास आसा? म्हाका म्हज्या पयलींच्या जल्माचो जसो उगडास ना तसो तुकाय ना. जल्म आनी पुनर्जल्म हाका जोडपी येद्दोय दुवो ना. आमी जल्माक येतातच संवसाराक नवे, अनळखे म्हण. तूं म्हजो पुनर्जल्म आसलो तरी म्हाका परको, अनळखो, याद उगडास नाशिल्लो. मगेर तुज्या दुख्खा कश्टाची खंत म्हाका कित्याक?"

"याद उगडासाचो, म्हज्या खऱ्या खोट्याचो प्रस्न न्ही हो नाड मनशां. संवसारांतल्या अख्ख्या मनशाल्या भावार्ताचो प्रस्न तो. त्या भावार्थी लोकांनी तुजे सारके पातकी दुश्ट संवसारांत उप्रासचे न्ही म्हण म्हाका निर्मिल्लो. मरणाक भितल्याक बऱ्या पुर्नजल्माचें हांयस दाखोवन थाकाय दिल्ली. तुवें जल्माचो असो हो रेबो केलो. म्हज्या देहाची ही बुरशी पोटली पळोवन लोक म्हणटात, हें म्हज्या पुर्वजल्माच्या पातकाचें फळ म्हण. जण एकलो म्हजेसरी बोट दाखोवन दुसऱ्याक सांगता, ह्या जल्माक पातकां केल्यार मुखावेलो जल्म असो मेळटलो! पूण तूं कांयच मानून घेवंक तयार ना. कित्याक म्हण तुज्या पातकाचें हें बुरशें वजें हांवें व्हांवचें?"

मर्दीच तो हात हेळत स्राप दिल्लेवरी म्हणटा, "ह्या जल्माक तुका तुज्या पातकाची ख्यास्त मेळूंक जाय. सडून कुसून तूं मरूंक जाय. चौकांत उबो करून तुका दांडे घालूंक जाय!" तो रडटा. रडत रडत कुले घांसत वयता. कांय खीण सगळें थंड, थीर.

"कोण येयल्लो, कोण गेलो, कसलें चक्रव्यूहांत, कसल्या मनाच्या उतळतापांत गावलां हांव...आतां हिंगा कोणतरी येयल्लो, बुरसो अपंगूळ. काकुळट बाबड्याची. पूण होच असो कित्याक जावंचो? हार्चीच हाडां अशीं वाकडीं कित्याक जावंचीं? हाच्याच शिरंतरांत कित्याक रगत ना? तो म्हणटा हांवूंच ताका कारण म्हण. कितें खरें कितें खोटें! मळबा पलतडचें गूढ कशें! पूण हांवें ख्यास्त घेवंक जाय ह्याच जल्मांत. मुखावेल्या अपंगूळ जल्माची वाट पळोवंक जायना!"

सकाळचे चार वाजल्यात. हरीश्वर टेलीफोनासरीं वयता. तो उखलता. तेन्नाच एकलो गडबडेन भितर सरता. तो भियोन थरथरता, तेका घाय लागल्या, "पात्रांव घात जालो. सगळें फुकट जालें. आतां मरण जातलें आमचें!"

"कितें जालें सुमेर?"

"रघुपती शुध्दीर आयलो. दोतोर सांगतात ताका आता भिरांत ना म्हण." हरीशवर व्हडाव्हडान हांसतां.

"फकाणार व्हरूं नाकात पात्रांव. फक्कत रघुपतीच जाणां ताचो खूनी कोण म्हण."

"तूं सदांच म्हणटालो न्ही रघुपती एक बरो मनीस म्हण. हय बरोच मनीस तो. बरें भोगूंक ह्याच जल्मांत पुनर्जल्म जाला ताचो. आनी म्हजोय पुनर्जल्म जाला ख्यास्त भोगूंक ! सगळें बरे वायट हिशोब ह्याच जल्मांत चुकते करून वचूंक जाय!"

***

सूर्यफूल

शार आतां ते दोंगुल्लेक येवन तेंकिल्लेंच म्हळ्यार जाता. चड उंचाय, तेंगशी नाशिल्ली. सपाटशी पूण व्हडल्या दोंगरा मेरेन बरीच पातळिल्ली ती दोंगुल्ली. सकल शेतां, तशे विस्कळ विस्कळ बंगले, घरां. शार लागीं पाविल्ल्यान शेतां पडींग पडिल्लीं. ताचेन मनशांली दोंगुल्लेंतली संवकळ उणी जाल्ली. तेचेन दोंगुल्लेंत बरेंच रान वाडिल्लें. तरीय दोंगुल्लेच्या चोंयवटांसान कांय पांय वाटो भितर सरिल्ल्यो. त्यो रानांत घुंवन घुंवन मगेर भलतेच कडच्यान भायर सरताल्यो.

दोंगुल्लेच्या मुळसांत एक खूब पोन्नो खूब व्हड पिंपळा रूख आसलो. तेका पुरूसभर उंचायेचेर खूब गच्च बारीक दांवां फुटिल्लीं. तीं दांवां रूशींल्या जटां वरी दिसतालीं. तो रूख पळोवंक शारांतल्यान केन्नाय लोक येताले. कोणय भोंवडेक म्हण येवन ओली सुकी पार्टी करून वयताले.

गौतमी निकतेंच धावेक पास जावन इकरावेक गेल्लें. तेगेलें सगळें शिकप विजापूरांत जाल्लें. पूण हालींच तेगेल्या बापायली बदली रांचींत जाल्ल्यान तेका मावशेगेर दवरून शाळेंत घातिल्लें. शाळेंत उसरां म्हटल्यार जुलयच्या शेवटाक येवन दाखल जाल्लें.

विजापूर हो भणंग उकतो वाठार. मर्दी मर्दी रंग हुडिल्लीं हळडुवशीं झाडां. पूण हो वाठार गच्च पांचवे शिरवंतकायेन भरिल्लो. तेगेले मावशेलें घर दोंगुल्ले सकल शेतांतशें आसलें. थंयसान ती ओली भरिल्ली पांचवीचार दोंगुल्ली, दोंगुल्ले

फाटली ती ऊंच पयस पयस जायत गेल्ली, मळबांत बुडिल्ली दोंगर माळ दिस्टी पडटाली. ती सगळी सैम सोबीतकाय तें आशेल्ले दिठयेन वरांवरां पळयत रावतालें आनी तेका पिशें लागिल्ले वरी जातालें. कानांत वारो भरिल्ले वरी तें ल्हवपीक जातालें. तेवटेन धांव मारची, त्या सैमसांभारांतल्यान भोंवचें, तें वेंगोवचें अशें दिसतालें. तें सगळें सोबीत आसा, निश्कळंक आसा, भंयभिरांते विरयत आसा अशें तेका दिसत रावतालें. भुरगेपणांत पुस्तकांतल्यान वाचिल्ल्यो वागाच्यो, नागाच्यो, अश्वलाच्यो खबरी ह्या पांचव्या सोबीत रानांत आसूंच शकनात. तें रान वेगळें, कांट्याकुट्यांचें आनी फातरांचें! ही देवबाग!

पावस ओतून ओतून पुरो जावन जसो सप्टेंबर सोंपलो. ह्या गांवचो हो आगळोच दडकांनी लकपी पावस झडूंक लागतकीर तें गूढ शिंयांत, ओल्या ओल्या काळखांत रिगिल्ले वरी जातालें. मगेर तें मावशेल्या गोपांत रिगिल्ले वरी तिचे म्हऱ्यांत वचून बसतालें. केन्ना तो घोगो सुरू जातकीर सगळे बंध सुटिल्ले वरी जाताले आनी तें पावळेंत धांव मारतालें.

मात सप्टेंबरांतलो वोत झडिल्ले वरी झडपी, चकचयाळ पावस तेका भोव मानवलो. कुपांचो आपालिपा, वोताचो खेळ आनी तेतुंतल्यान झडपी भांगराळ मोगा पावस! पाचवो सैम तर आतां फुल्लट गर्भार कसो चडच सोबीत जाल्लो.

आतां गौतमीक ताळणीच लागली. कानामनांत वारो भरिल्ले वरी मन फुला वरी हुबतालें. रान पळोवंक आशेतालें. एक दीस सकाळीं कुपां मळबा पार वचून नितळ मळबांतल्यान चकचकीत वोत पडटकीर तेच्यान रावं नज जालें. तकलेंत सैम पिशें भरून तें सैरभर जालें. भंयभिरांत विसल्लें. दोळ्यांमुखार एक फक्कत देवसोबीतकाय. ताचेर नितळ नितळ वत! भिरांत सारून आरपार गेल्लें. तें घरांतल्यान भायर सरलें आनी रानां वटेन वचूंक लागलें. एकलेंच. कोण्णाक सांगिनासतना.

फुलूंक लागिल्ली पंदरा सोळा वर्सांची परमळीत पिराय. खंयूय उबें रावल्यार वोगीच दिसतालें. खंयतरी एक फूल फुललां, उजवात पेट्टा. तेतूंत तें भोव भोव सोबीत, देवान आपल्या हातान रचून दिल्ले वरी सोबीत कांतयल्लें मुखामळ, नाक, दोळे, पोले हांचो एक जिस्त सुरमेळ. तें इतलें तांबशें गोरें आसलें, दिसतालें, इल्लो उजवाड घातल्यार हेच्या शिरांतलें रगत व्हांवतना दिसतलें. गोरी कात, काळे काळे दोळे, घसघसशीत काळे केंस, ताचेन दिसतालें, रात येवन

दिसाउजवाडांत उबी रावल्या.

मेळिल्ले एके पांयवटेन तें रानांत रिगलें. मागीर मेळटा त्या वांटांच्या चक्रव्यूव्हांतल्यान फिरत रावलें. थंयचो थंड शांत एकांत. सोबीत पांचवो रानसावळो सैम. शेवण्यांची किलबिल. हेतूंत तें शेणून गेलें. आवयच्या पोटांत रचतसान आयजवेर पयलो मेळिल्लो मुक्तीचो अमृत खीण! तो सोबीत एकांत खीण तें भंयभिरांते विरयत उपाट भोगतालें. सोबीतकायेन मन भरून वचतसान भिरांत मरून गेल्ली.

आवयबापायले आनी आज्जेले मोगाळ सावळेंत वाडिल्ल्या ताच्या मनार एक नाकटाची चीर नासली. सादो सडो नासलो. सामकें निरागस निश्कलंक मन. एके अबुद्द तरनाटेन अशें रानांत एकलें भोविल्ल्यान मरण संकश्टां येवं येतात हें तेच्या गांवातूच नासलें. सोबीत रानांत भुतां भिवयतात, पांयांपोंदा सोरपाचीं कवंडाळीं येतात, दादले धरून आवुळटात हेची तेका जशी जाणिवच नासली.

तेका इतलें सैम पिशें लागिल्लें, आपणाक रानांतल्यान भायर सरची वाट सोदूंक जाय हेंवय तें विसरून गेल्लें. एक धुंदी सैम सोबीतकायेची आनी आरपार नितळ एकांताची!

तें मदींच झाडां-झोपांनी घेरिल्ली एक घळ देंवोन गेलें आनी ती परतें चडूंक लागलें. तेच पांच जाण तरनाटे घळीकडे उबे आशिल्ले तेका दिसले. तेका तशी भिरांत दिसली ना. पूण तनरेंत रिगिल्लें मनचित्त विस्कटून गेलें. शारांतल्यान रस्त्यार मेळिल्ल्या लोकांसरी पळोवंचें तशें तें तेंका पळयतालें.

पांच जाण तरनाटे, पंचवीशेक वर्सां पिरायेचे. तेणी सगळ्यांनी म्हेळश्यो जीन पेन्टी, भरडसुती शर्टां घातिल्लीं. पांयांक सवायशें रबरी कापडी मोचे. ते सगळे पोन्ने तांबें कडोन तेच्यो कांडयो करच्या कारखान्यांत काम करताले. कारखान्यांतल्यान कसली तरी थकबाकी चड मेळिल्ल्यान ते मौजा करूंक म्हण हेवटेन येयल्ले. ते सगळे एकामेकाचे इश्ट आसले. म्हणच वांगडा मेळून येयल्ले.

गौतमी घळीधडयेर उबें आनी ते सगळे तेच्या पासून दोन हात अंतरार. त्या सगळ्यांक मोटें अजाप - इतलें सोबीत चेडूं, इतलें पिराय कंवळें चेडूं एकलें ह्या एकोड्या रानांत! तेंच्यो नदरो तेची सोबीत आंगां सासपिताल्यो. ह्या एकसुऱ्या रानांत एक आयतो म्हालवज गाविल्लेवरी ते भरकटून गेल्ले. तेंका सगळ्यांकूच खिणभर दिसलें, ही सोबीतकाय भायर भितर पुराय चोंयलेबगर सोडची न्ही! हात

तरी भोंवडावन चोयचो!

ताणीं तेका एकदम कितलेशेच प्रस्न विचारले. पूण गौतमीक तेंची भास साप्प कळना म्हण कळटकीर ते चडच भुरकुटले. हें भायलें कोणतरी. म्हणटकीर धपके दिवंक सोंपे. चड रिस्क ना! चड तर रडटलें आनी आपल्या ठिकाणार वतलें. शण्मुघ म्हणिल्ल्यान बेठेंच तिडायत म्हटलें, "मोग्याक सोदीत भोंवता कितें गो ह्या रानांत. चोय, ह्या रानांत वाग चड. मट करून खावन उडयतलो. पयलीं वस्त्रां पिनून काडटलो. मागीर एक एक आंग घोस्तान खातलो."

आतां त्या तरणाट्यांचो चोमो जसो तेच्या आंगारच येयल्लेवरी तेचे भोंवतणी उबो रावलो. आतां इल्ली इल्ली भिरांत गौतमीच्या पोटांत पातळूंक लागली. तरीय तेचे भिरांतेक एक शीम आसली. ती भिरांत ल्हान भुरग्याक दिसची ते तरेची आसली. बायलांच्या आंगा वयलीं पुराय वस्त्रां काडून दादले तेंच्या उताण्या आंगार कंबर हालयत नाच काडटात म्हण तेका कोणें सांगिल्लें जाल्यार तेका पिशें लागचेलें. म्हणच तें इल्लें बेफिकीर आसलें. हे म्हाका खावचे काय नात!

आतां शण्मुघ ताच्या एकदम म्हऱ्यांत गेलो. तेका तेकलो. तेणे तेच्या खांदार आदी हात दवरलो. मगेर तेणे तो हात सरकायत सकल हाडून तेच्या हड्ड्यार दवरून गच्च आंवुळ्ळो.

गौतमीचे कुडींतल्यान शिरंतरातल्यान वीज घोळिल्लेवरी जाली. मनाचेर कांट्यांचे चरकण भोंविल्लेवरी जालें. खिणांत ताचो भ्रम निवळ्ळो. तितली जाण नासूनय एक अस्तुरेच्या जाणविकायेंतल्यान विनयभंगाचें खर दुख्ख तेणें भोगलें. तेका काळजासावन दुखलें. तेणें एक किळांच मारली आनी तें झाडांनी धांवलें. शण्मुघान तेका धरून हाडून एका झाडाक तेंकून उबें केलें. तेचें हड्डें धापापतालें. तें आपले भाशेंत रडत व्हडाव्हडान उलयतालें. पूण कोणाक कांय कळनासलें. शण्मुघालीं बोटां तेच्या धापापत्या हड्ड्यावयलीं बटणां काडूंक मुखार मुखार वचत आसलीं. तेणे वयलें एक बटण काडलें लेगीत.

तातुंतलो सोमशेखर म्हणिल्लो तरनाटो मदीं येयलो. तेणें म्हटलें, "शण्मुघ, अशी बळजबरी करप समा न्ही. त्रासांत पडटले सगळे."

आता त्या इश्टांच्या चोम्यातलो दर एकलो शादूर जालो. आपणा भोंवतणी एक तटबंदी बांदूक लागलो. तेंच्या चिंतनाचेर तेंच्या सोभावाचो, संस्काराचो लेप

चडूंक लागलो. एक सोबीत अस्तुरी भोगची खर वानसा आनी सोताचो मुळावो सोभाव हांचें झगडें कांय वेळ मनांत चललें आनी मागीर जण एकलो आपले परीन तेचेर जैत व्हरच्या यत्नाक लागलो.

तातुंतलो एकलो सुरेश म्हणिल्लो, तेची खरें तर भिवून गुळी जाल्ली. तो ते सुवाते वयल्यान एकदम फाटीं सरलो. फाल्यां म्हजेर कितेंय बगलांट येत ! गुन्यांवकारी म्हणून पोलीस धरून व्हरीत! कोणाली कोण धूव कोण जाणां. भासय कळना. कितेंय चड उणें जाल्यार नोकरी वयतली, रस्त्यार पडटलों! लोक शी थू करतले. तो वचून झाडांत लिपलो. झाडांतल्यान तकली काडून पळोवंक लागलो. तो गौतमीचे सोबीतकायेक भियेतालो. तेचे जुवानीक भियेतालो. थापटाक हात वयर करून राविल्ल्या समाजाक, कायदे कानुनाक भियेतालो. गोरो, फुगऱ्या पोल्यांचो, गुबगुबीत आंगाचो, निकतोच हाणीभर दूद पियोन येवन धेकर दिवंक राविल्लेवरी फुगार जिवाचो सुरेश! मर्दी मर्दी तेची नदर झाडा आडसरांतल्यान गौतमीली सोबीतकाय तोखेताली. वस्त्रां पार तेच्या आंगानी रोमतार्ली. पूण इच्छा आसूनय कमरेखालचें ताचें दादले आंग थंड पडिल्लें. आपणाकडे आनी तें जावंचें ना हेची तेका एक राखण आसली. म्हण तो इल्लो सदळ जाल्लो. हरशीं तो भिंवकुरो आसलो तरी मनीस म्हण मोव मनाचो आनी गुणी आसलो. तो आतां भिवन थरथरत झाडांत लिपिल्लो.

तांतलो आनीक एकलो रामेश्वर म्हणिल्लो आपणाक कांयच लागना, हांव मर्दी पडना, म्हाका कांयच नाका, तुमचे तुमी झक मारून घेयात म्हणिल्लेवरी कुशीन गेलो आनी तोंड घुंवडावन घेवन एका फातरार बसलो. खरें तर तेच्या जिविताची तराच आगळी आसली. इतलो अलिप्त, इतलो बेउपकारी, बोटार मूत म्हटल्यार कांटयेर वचून मुतपी. कोणालें कोण चेडूं, कोण बळजबरी करतलो, कोण भोगतलो, म्हाका कित्याक पडलां. संवसारांत सगळें घडटा तें आपणापासून खूप पयस, आपल्या संसारांत न्हीच अशें. येवंदी मोड, जावंदी भुकंप, सगळें मोडून कोसळून वचूंदी, म्हाका कांय लागना. हांव, म्हजें घर, घराबो सुगूर उल्ल्यार पुरो! तेचे दोळे, तोंडावयली सावळी कात सुकिल्लेवरी दिसताली. तोंड लांबट, घोड्यावरी सकल, बारीक जायत गेल्लें. आनी तें घोड्यावरीच मानेसान मुखार सरिल्लें. तेचे मनाकुडीक शक्त नाशिल्ली अशें न्ही. खूब आशिल्ली. ती फकत सोताचें अस्तित्व सांबाळचें सादन आसली. वेळार झगडून सोताचे हितसंबंद

राखप. एकाद्रये भाजयेकान्नीन, 'पुता, पाटलो मातसो हात दिवन तकलेर उखलून दिता?' म्हटल्यार हो आयकलें ना शें करून मुखार सरतलो. एकल्यान एकटेपणान तो हेरांचो फायदो, गैरफायदो घेवपीच आसलो. आयज गौतमी चोम्याक गावलां म्हण. एकलें मेळिल्लें जाल्यार तो संद सोडटा आसलोच अशें म्हणूं नज.

सोमशेखर आनी शण्मुघ हांचें मदीं गौतमील्या मुखावेल्या एका खिणाउपरांतच्या फुडाराविशी हुज्जत चालूच आसली. पूण शण्मुघ आनी सोमशेखर हेंची खूप बरी इश्टागत आशिल्ल्यान तेतूंत व्हडली गंभीरताय नासली. शण्मुघ खंयच्याय खिणाक सोमशेखराक मानिनासतना गौतमीक ओडून व्हरून सकल पाडूं येतालो. शण्मुघ गण्या आंगाचो कसो बरोच धश्टपुश्ट आंगलोटाचो आसलो. मोटवो, कंबरेसरी गरगरीत वाटकुळो, सदांच संवसारांतलीं सगळीं सुखां खिणांत भोगूंक आशेल्लेवरी. सोमशेखर मात बारीक, लांब आनी सावळ्या रंगाचो आसलो. उबें नाक आनी मातशे भितर गेल्ले तेज दोळे. तो इल्लो भिंवकुरो, बरोचसो भावूक आनी हुशार आसलो. तेका शण्मुघालो भंय, भिरांतहीण हुसक्या मेकळो सभाव मानवतालो. म्हणून तेंची इश्टागत तिगून आसली. पूण आता तेचें चड जाल्लें. म्हण तो तेच्या आड उबो राविल्लो. तेतूंत निरागस, असहाय्य गौतमीविशी मन कळवळटालें. तेका गौतमीविशी, तेचे सोबीतकायेविशी आस नाशिल्ली अशें न्ही. पूण तेची सद्विवेक बुद्धी पुराय जागी आसली. तो गौतमीक वाटोंक सोदतालो. आपूण शेवटाक दुबळो पडत म्हण भियेतालो.

त्या इश्टांच्या चोम्यांत आनीक एकलो आसलो शिवकुमार म्हण. शिवकुमार वंयचेर उबो राविल्लो आनी सोलिल्ले केळें खावंक सोदतालो. शण्मुघ आनी सोमशेखर हांचें दोगांयचें हय न्हय म्हणटालो आनी चड उजो पेटयटालो. तो जाणां आसलो, शण्मुघा सामकार दुबळे कुडीचो सोमशेखर तिगचो ना. शेवटाक आपणाक चान्स आसाच. आयतो मेळ्यार घेवंचोच चान्स. खरें तर तो गौतमीक पळोवन आंवडो घोट्टालो आनी कमरेकडसान पेटूंक लागिल्लो. पूण पयलीं झूट झोंपय घालची धिटाय तेचेमदीं नासली. कुशीकुशीन रावन हात मारचो. वागान सावज मारून खावन उडोवन गेल्लें फाटल्यान कोलसुण्यांनी खावंचें तसो तो खावंक पळेतालो. तेका दिसतालें, कोणे तरी आदीं तेचीं वस्त्रां ओडचीं, सुरवात करची आनी मागीर फाटल्यान आपणे वचचें. तेचे वस्त्राक पयलीं हात घालप, पयलीं बळजबरी करप म्हज्यान जावंचें ना, तें पातक आदी कोणे तरी तकलेर

घेवंक जाय. सावज मारतल्याकच पातक. खातल्याक न्ही. त्या चेडवाचें रडप, हातपांय धाडावप आदी उणें जावंक जाय. ह्या पंचपक्वानाच्या ताटामुखार ह्यो उठाबशी! पिशें लागलां त्या सोमशेखराक. दामून आदी पिकयात म्हणचे बळजबरीचें पातक लागचें ना. तेतूंत कितें आसा, गानूल्यान मारलें ताळकुळ्यान पुसयलें. बायलो लेगीत वोगीच ताकाक येवन बुडकुलो लिपयतात. पिशें लागलां त्या सोमशेखराक. संवसार खंय पावला, कितलो सुदरला, मौजा मारूंक जाय, फोग पेटोंक जाय. तसो सोमशेखर बरो मनीस. मुळावे शाळेच्या मास्तरालो चेडो. तांबें कडोवंचे गरम भट्टे सामकार हेन्डलां दांबता. शण्मुघ म्हणटा तेंवूय खोटें न्ही. संवसारांत मेळटा तेन्नाच भोगून घेवंक जाय. ना तर फाटल्यान चुरचुरे. तेणे व्हडान म्हटलें, "शण्मुघ, तुका जाय जाल्यार सांडूं नाका. सोमाक वोगी तरी राव म्हण. हांव आसां तुजे फाटल्यान. एक फावट नागडें करतकीच धांवत येतले पळय सगळे सादोन घेवंक."

आतां झगडें शण्मुघ, सोमशेखर आनी गौतमी मदींच आसलें. शण्मुघ तकलेक रगत चडिल्लेवरी आनी कुडीक उजो पेटिल्लेवरी पावला पावलान गौतमीमुखार सरतालो. तेच्या वस्त्राक हात घालूंक राविल्लो. सोमशेखर आपली इश्टागत, आपलें दुबळेपण हाचेसयत मदीं उबो आसलो. इल्ली इल्ली शक्त एकठांवन घेत परत परत म्हणटालो, 'नेणार तें चेडूं. कोणाचें कोणूय आसत. अस्तुरेचेर अशी बळजबरी करची न्ही. काकुळट कर तेची.'

घळीचे कडेन एक मोडून पडिल्लें झाड आसलें. तेका तेंकून सोताक राखत शें गौतमी उबें आसलें. कितें घडटा, हे कितें करूंक सोदतात, कितें उलयतात कांयच कळ नासलें. म्हणच तें चड भियेल्लें. वचूंक म्हण पावल मारल्यार शण्मुघ धरून ओडून हाडटालो. आतां तें भिवून इतलें अबरगतेक पाविल्लें, हदोळ शण्मुघान काडिल्ले बटण उकते आसले आनी पोल्क एके कुशिच्यान लांबतालें. आदींच बरेंच चलिल्लें तें आतां घामान बुडिल्लें आनी केंस ओले चिकचिके जावन कपलाक, माथ्याक दशिल्ले. पोले, नाक चडूच तांबडे जाल्ले. आतां हें चेडूं चडच हाताक येतलें अशे शण्मुघाक, शिवकुमाराक दिसलें.

मदींच शण्मुघान सगळे तांकीन सोमशेखराक ओडून कुशीक धुकलून दिलो. तो गौतमीसरी गेलो आनी तेणे तेगेलीं कमरेवयली भायलीं भितरलीं वस्त्रां बळयां ओडून काडून झाडांनी मोखलीं. पोल्क ओडून हड्डेंय उकतें केलें. शिवकुमार

बेठोच सोमशेखराक घट धरून थातारतालो. तेचो विरोध मोडूंक पळयतालो.

गौतमी आतां पुराय नागडें! तें इतलें भिंवून भांबावन गेल्लें, तेका कितें म्हण सुचनासलें. आपलीं वस्त्रां गेल्यांत तीं सावरूंक जाय हाची मेरेन जाण कांय खीण मरून गेल्ली. न्हावंक राविल्लें गोरें गोमटें बाळक कशें थंय तें वोतांत उबें आसलें.

ते सगळे दोळे ताणून तेचेसरी पळयताले. सुर्यामुखार निरंजन पेटोवन दवरिल्लेवरी नितळ निश्कलंक एक देवसत्! ते सैम सोबीतकायेंत इतलें बेस बरे मिसळून गेल्लें, चेडूं खंयचें आनी झाडाचो फुलांताळो खंयचो तें कळनासलें. उक्त्यो गोऱ्यो मांडयो पुजेच्या मंडपाक उबे केल्ले दोन केळी गबे. मांयआंग काळ्या केंसरांचें एक सूर्यफूल. ह्या मांयआंगाक भोगाचेंच न्ही, आमच्या जल्माचें नातें आसा! उकतें पडिल्लें तेचें हड्डें, देवगायेची व्होंट ती! पाडूक कशे आमीय केन्ना त्या चिंवाक लागिल्ले. अमृत ओडून घेतिल्लें! ही नग्न जोगीणदेवी अक्क महादेवीय आसूं वा देहभान विसरिल्ली संत मीरा!

एक धर्तरी फोडून गेल्ली किंळाच. काळजां तळांतल्यान व्हांवपी दुकां, फातरार पडून दुखावल्लो सोमशेखर आनी मर्दी सासायेची देवी कशी देव आंकवार अस्तुरेची नागडी कूड! रानवाऱ्या वांगडा धूप जळिल्लो वास. देवळांत लिंग - योनीचें पवित्र सृजन! माटवांत देहमिलनाचो मंत्र घोश. तरी सूर्यफूल कुस्करावन उडोवंक उठिल्ले हात. कुडी कुडीचे रगत वारोवपी कदीम झगडें. तेतूंत जिखिल्ल्यांचो आनी हारिल्ल्यांचो रगताळ इतिहास. एक कुड्ड्या चोम्याचो जल्म - पुत्र कामेश्ठी यज्ञांतल्यान सैतान जल्मल्लेवरी! सामुहीक आतंकवाद, बळजबरी, मारधाड. अधर्म्यांनी धर्म सांगप. उदक खंय पावना हें पळय नासतना राट ओडीत रावप बैलांवरी. हेरांली तकली सोताच्या खांदार घेवन भोंवप सासणाची.

उदक तकले मेरेन येतकीर आनी कासाळेचो, जागांटेचो आवाज मळबामेरेन पावतकीर एक एकलो शादूर जालो. एकली खूब वळखिची आवयवासाची अस्तुरी भौसा कट्यार नागडी उबी आसा, भौसा सामकार. दोळ्यांत दुकां हाडून मांयआंग धांपूंक एके चिंधयेची भीक मागता. भुरग्याक निकतोच जल्म दिवन आपलें जखमी दुखरें मांयआंग धापूंक आवयन ताकतीक करची तशी. भिवून वचून झाडांत लिपून बशिल्लो सुरेश तेका हें पळोवन आदी थरथरो भरलो. मगेर कुडीर अवसर येयल्लेवरी जालो. तो मनाकाळजासान घट फातर कसो जालो. एकदम झाडांतल्यान भायर

येवन आड्डलो, ‘शण्मुघ, सोड ताका, नातर तुजें मडें घालतलों. तुका भुंयेर घालून मातयेंत मस्तितलों.’ हातांत एक फातर घेवन तो धांवलो. तो फातर तेणें शण्मुघाल्या हड्ड्यार धरून मारलो. मगेर झाडांत पडिल्लीं गौतमीलीं वस्त्रां ताच्या पांयासरीं उडयलीं. ताका धपकावन म्हटलें, “नागडे कित्याक रावलां निलाजरे? घाल तीं वस्त्रां.” मगेर तो तिजेसरी फाट करून तिका आडोसो दितसो उबो रावलो. दोनीय मुठी कवळिल्ल्यो.

ती धवी नागडी पाशाणमुर्ती बागवली. तेणें वस्त्रां हातांत घेवन आदी हड्ड्यासरी, कमरेसरी धरलीं. सगळे आता थाऱ्यार येयल्लेवरी जाले. सोमशेखर धांवन येवन सुरेशावांगडा तिका फाट करून उबो रावलो. शण्मुघाले कुडीचो खिणांत बर्फ जालो. म्हाका कांयच पडून गेल्लें ना म्हणपी रामेश्वर वयर उबो रावन, संद सोदपी शिवकुमार येवन देवामुखार हात जोडून उबे राविल्लेवरी उबे रावले.

गौतमीन थंडपणान आंगार वस्त्रां घातलीं. हड्ड्यावयलीं बटणां लायलीं. सोमशेखरान मुखार वचून तिचो दंड धरलो, ‘चल तुका आदीं रानांभायर पावोवन येतां.’ उतरां कळनासतना ताच्या स्पर्शाचो अर्थ गौतमीक कळ्ळो.

ताच्या फाटल्यान हेर सगळे चलूंक लागले. शण्मुघय तांचेफाटल्यान चलतालो. थंड फेंगड्या पांयानसो.

***

वोताची सावळी

लोक कितलो तेंप सांगतालो, 'आगो, ताका व्हरून हास्पितलांत घाल म्हण.' पूण ललिताक ताका पयस करच्या चिंतनानच थर्त भिरांत दिस. कसली कसली म्हण भिरांत, रित्या घराची भिरांत, घरांतल्यान भायर पडपाची भिरांत, दारांतल्यान येत्या वयत्या लोकांची भिरांत. आनी सोताच्या मनाचीय भिरांत. चोयवटेन दाणग्यादुणग्याचें राज्य आनी हांवें एकल्या अबुद्द भुरग्याक घेवन घरांत अशें रावप!

ताणें अचकीत कपलावेलो कुंकूम सांसपिलो. गळ्यांतली गळसरी ताणें हातांत धल्ली. ताका इल्लो धीर आयलो आनी तें सुखावलें. भितल्ल्यान इल्ली ओलसाण झिरपिल्लेवरी दिसली.

दोन वर्सां फाटी घोवाल्या दाव्या बोटाचेर एक धवशें तामशें खत दिश्टीक पडलें. ताचेवेल्यान केंस भोंवडायलो, व्हीर भोंवडायलो पूण घोवाक तें कळनासलें. ताचेर आकांत. तें घोवाक घेवन बेगीबेगीन हास्पितलांत गेलें. थंय दोतोरान सांगलें तो कुश्ट रोग म्हण! ताचें मळब थंयच ताचेर तुटून पडलें. आदींच कुकुल्ल्या काळजाचें ललित तांतूंत हें अरिश्ट!

दोतोरान सांगिल्लें ताका हास्पितलांत दवरचें पडटलें म्हण. पूण तें कशेंच आयकोंक तयार नासलें. दोतोरान समजायलें, बरें मागप्यान समजायलें पूण ताणें कांय एक आयकोंक ना. म्हटलें घरांतच दवरून घेवन हांव सगळें करतलें.

खरेंच तें तागेलें सगळें करतालें. हास्पितलांत वचून वखदां हाडटालें. ताका वेळार दितालें. भायर वचून मासळी, भाजी, साामनसुमान हाडटालें. वेळ आसल्यार खंयूय कामाक वचचेलीय तागेली तयारी आसली. सद्याक तरी, तो जंय काम करतालो त्या कंपनीतल्यान दर म्हैन्याक कांय पयशे मेळटाले. लोकांक एक अजाप दिसतालें. ह्या मोन्या मेंग्या चेडवाक ही घटसाण खंयच्यान आयली. हें पाड दुयेंस घरांत घेवन बसल्या. फाल्यां हें आसा. हागेलो चेडो आसा, ताका दुयेंस लागल्यार!

पूण तें खऱ्यांनीच खंबीर आसलें. कोणाक कांय पाचारी नासताना सगळें करतालें. आपणाक वेळ वकताक खंयूय कसलें काम मेळत काय म्हणणय खबर काडटालें.

पूण घोवाल्या उपचारांत खंय कितें चुकतालें नकळ, दुयेंस दिसानदीस वाडूंकच लागिल्लें. एक दीस उजव्या पांयाच्या एक बोटाच्या नाखटासरी धवी रगशेल्ली खाच शी पडली आनी तांतुतल्यान उदकशें व्हावंक लागलें. पूण तें घोवाक हास्पितलांत कांय घालूंक तयार नासलें.

हांव एक कुश्ट रोग्याची बायल आनी आंगार हें जुवानपण. आठ वर्सां जालीं लग्नाक, एक दीस तो नासताना हांव घरांत एकलें रावलें ना. घरांत म्हज्या भोंवतणीं ताचो वास, ताचो आवाज - ना तर हांव थतरवितर जातालें. तो घरांत नासताना फक्कत ताची वाट पळोवप. घरांत आसलो म्हणटकीर ताच्या भोंवतणी गणमणप. भाजी चिरूंक, सोय कातूंक, नुस्तें सुटें करूंक बसल्यार तो मुखार बशिल्लो जाय आसलो. ताका विचारले बगर, ताच्या पसंतीबगर केन्ना हाताक एक कांकण घालें ना.

कुळारा त्यो तीग भयण्यो. बापूय भुरग्यापणाकच भायर पडिल्लो. आवय तशी धडधाकड आसली पूण सदांच पिरंगत रावताली. रातचें कोणेंय दारार मारल्यार सगळी थरथरत भियेतालीं. मगेर एकेकलें उठून दारासरी येतालीं. आईक जागयतालीं आनी दारांत दाटी करून रावन ल्हवच विचारतालीं, 'कोण?' दार काडटाना सगळ्यांच्या काळजांत धाकधूग. घरांत भायर वावुरताना सदांच भिरांत, चेपण आनी ताण. व्हडान उलोवंक, हांसूकय भिरांत दिस. आई सदांच म्हण, दादलो नाशिल्लें घर म्हळ्यार गांव चावडी. कोणय येवन तेंकूक पळेता. केन्ना माम येतालो. चार आठ दीस रावतालो. तेन्ना आमी भयण्यों खूब बोवाळून घेताल्यो. थंय भिरांत

विरयत वावुरताल्यो. माम पर्थो गेलो म्हणटकीर पर्थी अवतीकाय.

दारांतल्यान वयताना शिळोणी घालतल्याक, आशीकुशीक गणमणटल्याक हटकुपी, विचारपी कोणच नासलो. आई सदांच दुयेंत शी आनी भयण्यो तर सामक्यो लजे व्हंकलो. सडसडीत घरांतल्यान भायर पडपाची धिटाय कोणांत नासली. सगळ्यांचेंच शिकप अर्दकुटें-पांचवी सातवी आठवी मेरेन. पूण वयार येतकीर एकएकल्याच्या आंगार सोबीतकाय इतली फुलून आयिल्ली, आईक राखूंक नाका पुरो जातालें. तांतूंत भोव गरिबी.

सांजचें 'रघुवीर कसो आसा गो?' म्हणत शेजारचें गोकूळ भितर सरलें. रघुवीर वोग्गी न्हिदिल्लो. उकत्या दोळ्यान वेल्या आड्याक पळेतालो. सांजची काळी साय भायर भितर पातळिल्ली. वयर पाख्याक हुमकळत एक धुंवरेल्लोसो विजेचो दिवो पेट्टालो. ताजो क्षीण उजवाड काळखावांगडा भरसून गेल्लो.

हें गोकूळ सकाळ सांज खबरेक येवन वयता. 'रघुवीर बरो आसा मुगो' म्हणत येद्देशें तोंड करून खंती उबें रावता, आपल्याच सावळेंत उबें राविल्लेवरी. आपलेंच दुख्ख पर्थे एक फावट भोगत राविल्लेवरी.

गोकूळ हें रांडाव. ताचें वय तीस चाळीस कांय ताचेपरस उणें कांय चड हें ललिताक केन्नाच कळ्ळेना. ललिताक केन्ना केन्ना दिसता खूप खूप दुक्कां भोगपी मनशां सगळीं एकाच सारखी आसतात काय कितें? कमर आंकुळिल्ली शी, पोट फाटीक लागिल्ली शी आनी हड्डें जिरिल्ली शी. तांचो चेरोय असो मक्क सपाट आसता, मनाचो थावच लागना. गोकूळ सारखींच तीं हांसच्या रडच्या पेल्यान गेल्लीं आसतात तरीय तीं कित्याक जियेतात. हो एक प्रस्न शिल्लक उरताच. सद्या गोकूळ येवन गेलें म्हणटकीर ललिताच्या मनाक हुस्को बादिल्लेवरी जाता आनी हुरूपच मरता.

गोकूळ घरच्या वांगडा झगडून हटान घरांतल्यान भायर पडून आपल्या मोग्यावांगडा लग्न जाल्लें. लग्न जाल्ल्या दोन वर्सांनच एका अपघातात घोव भायर पडलो. पूण गोकूळ पर्थे कुळारा गेलें ना. एकलेंच सगळें सोसत परिस्थिती वांगडा झगडत रावलें. पूण एक दीस भर दनपरा चोयवटेन लोकांचो राबितो आसताना घरांत ताजेर बलात्कार जालो. तेन्नासान ताची जिवितावेली वानसाच मेली. कूड भितरले भितर जर्जरत गेली आनी तें कांटये झोप कशें सुकत गेलें. आतां तें संसाराक स्राप दिल्लेवरी जियेता.

केन्ना सांज पडटकीर तें कोणाची तरी खर उमळशिकेन वाट पळेत बशिल्लेवरी दारांत बसता. केन्ना आपल्या थरथर सुरांत आपली एकाद्री मोगाची खबर ललिताक कानांत सांगिल्लेवरी सांगता. ललिताचें काळीज काकुटयेन भरून येता तर एकाद्रेवेळा ताची तिडक मारता. कित्याक हाणें म्हजे भोंवतणी फेर धल्ल्या! आतां तर घोव दुयेंत पडतसान तें चडच लार्गी आयलां. पूण त्या दुयेंसावरीच गोकुळाक पयस करचें ताच्या हातात उरूंक ना.

रघुवीराच्या फाटीवेलें तामशें चवन पुराय रगतान बळिल्लें. ताच्या पायांचीं बोटां कुसूंक लागलीं तेन्ना ललिताक दिसलें, आतां धर्तरी आनी मळब हांच्या पोकळेंत आपणाक इल्लोय मेकळो श्वास शिल्लक उरूंक ना. सगळें हाताभायर गेलां आनी रडटलो म्हळ्यार दुक्कांय ओलीं उरूंक नांत.

आतां तर अशें जावंक लागिल्लें, गोकूळाक एक सोडल्यार कोणच आपलोसो दिसनासलो. सगळे चोम्याचोम्यांनी पयस धांवंक लागल्यात आनी आपणाक एकल्याकच एका पडींग जुंव्यार सोडल्या. आमचो श्वास, आमचो स्पर्श, आमची वाट तांकां विखाळी जाल्या आनी ताणी आमकां एकल्याकच मरूंक सोडल्या. वेल्यान सगळ्यांचो एकच घोश, 'ताका हास्पितलांत व्हरून उडय.'

हालीं हालीं मेरेन ताका एक प्रस्न पडिल्लो. घोव मेल्या उपरांत झोपडेच्या दारांत बसून हड्डें बडोवन घेवन हुयेल्यांनी रडपी बायल आनी नवें ताल्ल, धवें फुल्ल पातळ न्हेंसून काळें वक्ल लावन घोवाल्या प्रेतयात्रेक वचपी बायल हांच्या दोगां मदल्या खंयच्या बायलेचो मोग खरो?

एक फावट शेजान्न लिलाक ताणें होच प्रस्न विचारिल्लो. तेन्ना ताणें सांगिल्लें, बायलो हुयेलानी रडटात तो घोवाचेर मोग आयिल्लो म्हणच न्हय तर आपलें फाल्यां कशें जातलें देवा, हें चिंतून. गिरेस्तांच्या बायलांक फाल्यांचो हुस्कोय नासता.

हें खरें न्ही गो पापया, घोव म्हणटा तें बायलेचें कवच, ताची उब. म्हज्या सारकिल्ल्या घोवारच पातेवन राविल्ल्या बायलांक तर घोव म्हणटा ती चोंयवटेची भक्कम वणत. तो आमची कूड घेता आनी आमकां भुरगें दिता. खांद तुटसर खांदाक मारून पोती हाडटा आनी आपणाक रांदून व्हाड म्हणटा. तरीय तुमी ताका पडमूर, सुवार्थी म्हणटात.

घोवाल्या पांयाचें एक बोट गळून पडचे कडेन पावलें आनी ललिताक दिसलें आतां घराचें पांखे सकल देवंक लागलां. केन्ना तें तकलेक आपटतलें. एक दीस ताणें ताची पोती भल्ली, ताच्या पांयांक फाडो गुठलायलो आनी चेड्याक हांडीक माल्लो. तें काळजार फातर दवरून घोवाक हास्पितलांत व्हरून पावोवन आयलें.

हास्पितलाच्या पाशाणी बागला भायर उबें रावन फाटी वळोन पळयताना दुक्काचो एक दरयो दोळ्यांतल्यान व्हावंक पळेतालो. पूण हटान थंड मनान चेड्याक खाकोळांत घेवन तें पर्थलें.

कितलो जीव आशिल्लो तागेलो चेड्याचेर. पूण गेल्लें वर्सभर ताणें चेड्याक हात लावचोय सोडिल्लो.

घरासरी येतना दारांतच बशिल्ल्या गोकुळान सुकिल्ल्या खरखरीत आवाजात म्हळें. 'आयलें पावोवन?'

ललितान ताजेसरी पळेलें आनी तें ताका सुकंड, पोंगड राक्षीणशें दिसलें. हाचे दोळे भायर लामतात काय कितें! ताका भियेल्लेवरी तें सडसडीत घरांत गेलें.

सकाळपसून ताणें सगळें थंड मनान, काळजार फातर दवरून घेवन अशें आटपिल्लें. सांजेचेंय तें तशेंच डोळे उदक व्हावन बशिल्लेवरी वोग्गी बसलें. तोंड लिपोवन घोव मेल्याचें दुक्क भोगत बशिल्लेवरी बसलें. इतलें हल्लक, इतलें दारिद्र, इतले पडींग -ताका दिसलें आनीक आनी हांव घोवाविशीं चिंतूक लागल्यार पिशांतूर जावन आंगावेलीं वस्त्रां बुड्डीत रस्त्यान धांवंक लागतलें.

आतां एकएकलो दारांत वासपुसेक म्हण येवंक लागलो. पळेता पळेता दारांत लोकांची दाटी जाली. ललित चिंततालें इतलो तेंप हो लोक खंय फासपल्लो! म्हज्या घोवाक भिवन खंय गेल्लो! आजच शी हांकां उसरपत मेळ्ळ्या. ताणें उठून वोग्गी दार लावन घेयलें.

घोवाची आतां सामकीच नोकरी सुटिल्ली. कसलो तरी वावर उद्योग आतां ललिताकच करूंक जाय आसलो. घोवाल्या फॅक्टरीतय विनयल्यार कसलेंय काम मेळू येतालें. कमल आपणा वांगडा कामाक यो म्हणटालें. पूण ललिताक कांयच सुचनासलें. कसलोच निर्णय घेवंक तें ताकनासलें. चार वण्टीची उब सुटून सुटनासली आनी चार चौगांत वचचें जिवार येतालें. आयज कितें खांवचें, कितें जेवंचें, चेड्याक व्हांवोवचे कांय ना, कसलोच निर्णय जायनासलो. ताका अचकीत दिस

आपूण अपंगूळ काय कितें! म्हजे हांत पांय धड आसात मू! हात पांय धड आसले तरी म्हज्यान कांयच करूंक जावचें ना.

घरांत रिगतना, भोंवताना ताची बाज्ज रिती दिस्टीक पडटाली आनी हड्डयार धस्स जातालें. मर्दीच गोकूळ दारांत येयल्यार ताका ताची तिडक मारताली. हें आनी कित्याक आयलां हातांत चूड धरिल्लो म्हारू कसो. पूण दीस वयता तशें ताका ल्हव ल्हव दिसूंक लागलें, आतां ही एकलीच म्हजी जिवाभावाची इस्टीण. म्हर्जी दुक्कां ताका एकल्याकच कळटात.

ललिताक दिस चोंयभोंवतणचे लोक म्हज्या घरांत भितर बागवोन पळोवंक आशेतात. दर एकलो दारांतल्यान वयताना भितर नदर मारता. कोणय काकुटयेन उलयता ते म्हाका फटोवंक.

एक दीस शिवदास भितर आयलो. वैनी रघुची खबर मेळिल्ली म्हणत बाज्जेर येवन बसलो. तो तसो बाज्जेर बशिल्लो ललिताक मात्तूय मानवलें ना. पूण नाका म्हणटलें कशें. रघुविरालो जिवाचो इस्ट. तशी इश्टागत भायलेभायर चलताली. आतां हो घरांत कित्याक सो आयला? आनीक म्हण घरांत आयल्यार हाका भायर वच म्हणटलें हांव?

हेवटेचे तेवटेचे खबरो उलयतकीर ताणें म्हळें, 'वैनी चाव इल्ली करता.'

ते दीस ताणें ताका चाव करून दिली.

पूण दुसरे दीस तो पर्थो आयलो. ललिताक कितें उलोवंचेंच सुचना जालें. हड्ड्यांत बेठोच कलकल. हाजी नदरय बरी दिसना म्हाका! कितें आसा देवा हाच्या मनांत?

'वैनी चाव इल्ली करता गे?'

'साकर सोंपल्या घरांत. आतांच हाडूंक वतलें म्हण चिंततालें.'

शिवदास सडसडीत उठलो आनी भायर गेलो. वचून येद्दे व्हडले साकरेचे आनी चावेपाल्याचे पोटल्यो तो घेवन आयलो. वांगडा कांय खाणां.

'कित्याक म्हण हाडलें हें सगळें. नाका आसलें म्हाका.'

'आसूं गे वैनी. तुजेखातीर हाडलें. त्रासांत पडलां तूं. आमी आलाशिरो दिवंचो न्हय तर कोणे दिवंचो. आमचीय केन्ना चावेची सोय.'

ललिताक दिसलें हाका हांगाचो धांवडावचो. हाज्यो पोटल्यो काडून भायर मोखच्यो. पूण ताज्यान कोणाक विरोध करचो त्राणच नासलो. खिणभर दिसलें

घरांत दूद ना म्हण सांगचें. पूण दुसऱ्याच खिणाक भिरांत दिसली, हो असोच वचत आनी दुदाचो दबो घेवन येत.

तें मेल्ल्या मनान ताणें हाडिल्ल्यो पोटल्यो पळेत रावलें. मगेर ल्हव उठलें आनी ताणें चावेचें भोगुणें चुलीर दवरलें. तें चाव करतालें आनी एक दोळो सामको ताजेर आसलो. तो खंयच्याय खिणाक बशिल्लेकडच्यान उठत अशी भिरांत दिसताली. ताच्या हातांत चाव दितना तर ताका दिसलें हो आपणाक पळोवन वेगळेंच हांशें हांसला.

महेश्वराली तरा तर वेगळीच आसली. मर्दीच धडधड दारार मारतालो आनी व्हडान मुर्वत नाशिल्लेवरी विचारतालो, 'कशें आसा गो ललिता तूं आनी तुजो चेडो?' मगेर दार उक्तें करपाची वाट पळेनासतना तसोच मुखार वयतालो. पूण ललिताक वेगीच दिस हो दार धाडावन तसोच भायर दपून बसला. दार काडिनाफुडें घरांत घुसतलो आनी म्हाका पिडटलो. एक दीस लोकांच्या मर्दीच संद घेवन ताणें म्हज्या पोटासरी उक्त्या आंगाक हात लायिल्लो. पयलीं पसूनच ताचो म्हजेर दोळो. बरो न्ही तो मनीस. हांगाचे लोकय विटल्यात ताच्या तवनासपणाक. दोळे सदांच तामडे रगशेल्ले शे आनी गव्यावरी केंसान भरिल्लें उक्तें हडदें. देवा हाची घुरी म्हजेर पडना जाल्यार पुरो.

पेल्यान नरशिंवाल्या घरांत हो बोवाळ चलतालो. हो गाळयांचो शिंवर आनी धडधड. सद्दा सांजचो नरशिंव सोरो पिवन तर्र जावन घरा येता आनी बोवाळ घालता. केन्ना बायलेक मारता लेगीत. पूण बायल सुलोचना ताका सांजचो पर्थूक मात्सो कळाव जाल्यार त्या गल्लीच्या मोण्णार येवन ताची वाट पळयत उबें रावता. रातचीं धा धा अकरा वरां मेरेन तें ताची वाट पळयत थंय उबें रावता, सामकें अधीर, दोळ्यांत जीव हाडून वाट पळयता.

ललिताक ताजीं हीं पिशेपणाचीं कर्तुबां अशें दिस. पूण आतां ताका दिसता बाय सुलोचना तूंच खरें आसलें गो, तूंच खरें आसलें!

एकाद्रया सांजच्या काळोख सावळेच्या आडसराक बसलें म्हणटकीर तें मनान इतलें सदळ जातालें. चेड्याक खाकोळांत घेवन मोठ्यानच रडूंक लागतालें. मगेर दिसतालें. आत्ता आत्ता तो भायल्यान येतलो आनी घरांमदीं पाख्यामेरेन उबो रावतलो. ताच्या सावळेंत सगळें झाकून वयतलें.

केन्ना तें चिंततालें, कित्याक म्हण ताजेखातीर हे म्हजे जिवाचे तळमळे!

ताजेर म्हजो भोव मोग आशिल्लो म्हण? तसो मोग असो काळीच चरांटून केन्ना जाणवलोच ना. एक दुसऱ्याची गरज तर आमी भागयत आशिल्लीं. मगेर हाणें इतली कशी म्हज्या जिविताचेर सावळी धल्ली!

शिवदास आत्र्यापयऱ्यान येतच आसलो. महेश्वरय दार धाडावन वयतालो. येतल्या वयतल्याक तर इतली उमळशीक लागिल्ली, जण एकलो घरांत तकली बागवोन वयतालो.

पोटाखातीर कितेंय तरी करूंक जाय आसलें. ना तर शिवदास आनीक केन्ना पोटल्यो घेवन घरांत रिगत म्हण भिरांत आसली. पूण घरांतल्यान भायर सरचें म्हळ्यार पांय गळसणताले. आपणाक आनी घरा भायलें खंयचेंच काम नीट करूंक येवचें ना अशें दिसतालें.

ल्हव ल्हव ताका होलमूक लागलें, आपूण तर इतलो तेंप आपल्या घोवाच्याच पांयांर उबें आसलें. ताचे पांय म्हळ्यारच म्हजे पांय. ताची बुद्द म्हळ्यारच म्हजी चिंतना आनी म्हजो हावेस. ताजेबगर हांव अपंगूळ! ताका आतां कळ्ळें घोव मेल्ल्यो बायलो इतल्यो तकली धाडावन घेवन कित्याक रडटात!

एक दीस तें भुरग्याक हांडीर मारून वीस मैलांचेर घोव आशिल्ल्या हास्पितलांत पावलें.

'दोतोर हांव म्हज्या घोवाक घरा व्हरतां.'

'कितें पिशें लागलां तुकां? ताचो रोग बळावला. नीट वखद विर्शद करिना जाल्यार हाताभायर वतलें.'

'पूण हांव ताका घरा दवरूनच सगळे उपचार करतलें. तुमी सांगता तें आयकतलें. दिसा आड हांगा येवन वखदां व्हरतलें, ताका दितलें. धुंवन पुसून काडटलें.'

'नीट करूंक जावचें ना तें तुज्यान.'

'ना. हांव करतलें दोतोर.'

दोतोरान रघुवीराक आफोवन हाडलो. खरेंच तागेलीं तीन बोटां कुसून झडूंक पाविल्लीं. तीं भोव बुरशीं, हळशीक दिसतालीं. ललितान बेगोबेग ताचेर आपल्या हातांतलो तुवालो उडयलो.

दोतोरान विचारलें, 'ह्या असल्या अवतिकायेंत तूं ताका कित्याक व्हरूंक मागता?'

‘ हांव ताका व्हरतलेंच दोतोर.’ ताका दोतोराकच आनीक सांगचेशें दिसलें,’ पिसो, पांगळो, बेबदो ना तर म्हारोगान असो कुशिल्लो, कसलोय आसलो तरी अस्तुरेक एक घोव जाय! घोवा बगर उपाय ना! जिवीत ना! ‘ हांव जाणां ही सावळी वोताची तरीय ती म्हज्या माथ्यार जाय!

***

उजवाडाचें पावल

घोवालें प्रेत हास्पिटलांतल्यान घरा पावतकीर सभ्य, सुशिक्षित बायलांवरी तें रडिल्लें. हड्डें बडोवन घेवन न्ही तरी तकली गच्च आंवळून घेवन. मागीर मात मन, तकली थंड शांत. कितलें येवजून येवजून दुख्ख करून रडटलें म्हणटल्यार ताका रडूकच येना जालें. हांव तशें घट काळजाचें काय न्ही! फाटीं लग्गा पयलीं शिवाली नांवाची चली हिमालयांत वांगडा हायकिंगाक गेल्लीं तेन्ना बर्फाच्या मोडांत घुस्पून धेंगणांत पडून मेली. तेन्ना कितलें रडलें तें. आठ दीस ताच्या मरणाचें सांवट दोळ्यांमुखावेल्यान हालनासलें.

घोव तसो ताका वायट करतालो, मारतालो असो कांय ना. मदीं मदीं मात चड सोरो पितालो. पितकीर मनान चडूच सदळ जातालो. रडटालो. आपणाक थापटीय म्हणटालो. केन्ना वैशाली ताका थापटीतालेंय. ताचें पिवप हें ताच्या बिजूड सभावांतल्यान उपराशिल्लें हें वैशाली जाणां जाल्लें. इतलो बुदवंत, हुशार इंजिनीयर तो. ताचें मन सामकेंच विळविळीत आसलें. एक गूढ, भिरांत ताच्या मनांत दड मारून बशिल्ली. आज त्याच सोऱ्याचे घुंवळेत ताणें जीप एका कट्याक मारून तेतून तो सोंपिल्लो. पूण ताचो सोरो हें कांय ताका रडूंक ना येवचें कारण नासलें.

पूण तकली आनीक थंड जातकीर ताका होलमलें, ताचें शिकप म्हजें शिकप; ताची नोकरी, म्हजी नोकरी; आमी दोन दिकेतल्यान आयल्लीं दोन स्वतंत्र

मनशां. शेवटा मेरेन स्वतंत्रच उल्लीं. कामभोगाबगर आमचेमदीं कसली भागेदारी नासली. स वर्सां कुडीसुखाचो थातोमातो भौव केलो. आता तर सगळें निवळून गेलां.

प्रेतासामकार तागेल्या आंगावेलो सगळो अयाव शिरंगार देंवोवन प्रेत उखलतकीर ताका कोणेतरी हाताक धरून भितरले कुडींत हाडून बसयल्लें. सांज जायत आयिल्ली. कांय वेळान मरणाक आयिल्ले शेजारी पाजारी, सोयरे धायरे फासपले. तांचें रडप, याद काडून काडून रडकुरें उलोवप बंद जालें. सांजचो मदले कुडींत एकच दिवो. घरभरचे विजेचे दिवे कोण लावंक विसरिल्लो काय जाय म्हण पेटयनासतना राविल्लो, खबर ना. मांव, धाकलो देर अमेय, आत्ती आपआपले सुवातेर वोगी बशिल्लीं. आत्ती मात मदींच दुख्ख सोसूंक नज जाल्लेवरी व्हडान देवाक उलो मारताली आनी पिरंगताली. वावराडी शांती मदल्या दारांत देड पांयांन उबें आसलें. ह्या घरच्या दुख्खांत आपूण पुराय मेळिल्लें आसां म्हणिल्लेवरी ताचें तोंड बाविल्लें, खंती जाल्लें. फाटले आठ दीस मरण घरार भंवर काडटालें. तातूंत चड दैना जाल्ली ती शांतीची.

येदोळ वैशालीक हाताक धरून भितर घेवन आयिल्ले बायलेन ताचो पदर तकलेवेल्यान ओडून तोंडार हाडून घातिल्लो. ताणें तो पुराय कुशीक काडलो आनी खांदार उडयलो. ताणें घरभर पळयलें, लग्न जावन आयिल्ल्या गेल्ल्या स वर्सांत पयलेच फावट तें त्या घरांत इतली शांतताय, इतलो एकांत, इतली ल्हवपीक मुक्तताय अणभवतालें. चिंतनान मनाचो तळ घेतिल्लो. मन एकदम नितळ पारदर्शी ल्हवपीक जाल्लें. मनांत दुख्खाचीं चिंतनां नाशिल्लीं तर फुडाराची मुक्त उर्बा उफेताली. वर्सांसंकिनचे मुक्ततायेचे तळमळे आयज सोंपल्लिेवरी दिसताले. ताका दिसलें, आपली इतल्या वर्सांची वाटचाल मुक्ततायेचे दिशेनच चलिल्ली काय कितें! मगेर म्हजें लग्न, म्हजो अयाव शिरंगार, संस्कार, संवसार हांचें कितें! मनांत तर धोल ताशे वाजिल्लेवरी मुक्ततायेच्यो सुंवारी झडटात! सगळे संस्कार, सगळीं बंधनां बेडयो तोडिल्लेवरी गळून पडूंक लागल्यात. मुक्त श्वासाचे लोट आंगार व्हांवन येतात आनी वाऱ्यार उबिल्लेवरी दिसता. येदोळ इतलो म्हजो अयाव शिरंगार ताणी देंवयलो ताचीय खंत ना. इतलीं वर्सां खंय दड मारून बशिल्ली ही मुक्ततायेची खर वान्सा!

अचकीत लग्ना पयलिंच्यो यादी भोंवतणी फेर धरूंक लागतात.

हिमालयांतल्या कपिलगिरी दोंगराची तेंगशी चडून आयिल्लें तेन्ना टिमासयत पेपरांत आयिल्लो फोटो, ट्रॅकिंगाक गेल्लें तेन्ना आठ आठ दीस घराभायर रावन केल्ली मौजमस्ती, टेनिस खेळटाना कोर्टा भोंवतणी पळोवप्यांचो जल्लोस, सगळें दोळ्यांमुखार उबें रावता.

एक फावट तें रानांनी ट्रॅकिंगाक गेल्लें तेन्ना वाट चुकून पडिल्लें. झाडांझिलींतल्यान गेल्ली वाट, सवण्यासुकण्यांचे उले, मुखार एक अकराळ खोल घळ. फाटल्यान निकतोच उदेल्लो सुर्या. रानपिशें लागिल्लेवरी जालें ताका. तेन्ना असोच मुक्ततायेच्यो सुंवारी ताच्या मनांत उठिल्ल्यो. हांगाच सासणाचो एकांत घडचो, हाच्या सांगातानच जियेवचें, हातुंतूच भरसून मरून वचूचें! ताचो इश्ट अशोक जो केन्ना हांव तुजेर मोग करतां म्हण सांगतालो तो ताका सोदत थंय पावलो. ताणें अशोकाक म्हटलें, "अशोक आमी दोगांय मेळून हे अकराळ खोल घळींत उडी घेवंया. मगेर जाल्यार हांव तुजे वांगडा लग्न जातां"

अशोक अरवळावरी ताचेसरीं पळयत राविल्लो. मगेर वैशालीन थंयच फतकल मारून म्हणिल्लें, "म्हाका मुरे ह्या सोबीत मुक्त एकांतांत सासणाचें पडून रावचें अशें दिसता. ना तर हांगाच मरण आपणावन हे आकांताचे सोबितकायेंत भरसून वचचें. अशोक, म्हाका हे घळिची ओड लागिल्लेवरी जालां. म्हाका आफयता ती तोंड उक्तें करून."

"पिशें तूं वैशाली. चल ऊठ. बाकिचे बरेच मुखार पावल्यात." अशोक ताका ओडूनच घेवन आयिल्लो.

उपरांत कितलेशेच दीस ताका ते घळिची ताळणी लागिल्लेवरी जाल्ली. तरीय ताका दिसतालें, ही म्हजी मनाची दुबळकाय न्ही. एका मुक्त, धीट, सोबीत मरणाची ताळणी लागल्या म्हाका!

पूण आज जीन्स घालपी, वेल्यान टी शर्ट सोडपी, पोस्ट ग्रेज्युवेट चलयेक रांडावपण आयलां! शुद्ध हिंदू रांडावपण! तें मनांतच हांसलें, एकविसाव्या शेंकड्याच्या हुंबरावेली हांव एक विधवा!

दारांत शांती तशेंच उबें आसलें. कोणाले तरी आज्ञेची वाट पळयत राविल्लेवरी. वैशालीन निबर आवाजांत म्हटलें, "उबें कित्याक तूं वोगी अशें? रांद कितेंय. तांकां वाडूं नाकां? सकाळपसून उपाशीं आसात. चडच रांद इल्लें."

खरें म्हटल्यार वैशालीच्या पोटांत भुकेचें होमखण पेटिल्लें. बरें कितें तरी

गोड तिखट खावंक मेळचें आनी पोट भरून खावचें अशें दिसतालें. वैशालीलो मूड पळोवन शांतीक मात्शें बरें दिसलें. तें ताचे म्हऱ्यांत आयलें आनी ताणें ल्हवूच चिरक्या आवाजांत विचारलें, "बाय, सगळे सोयरे बीन भायले भायर उठून कित्याक गेले?"

"तांणी आज रातीचें ह्या घरांत वस्तेक रावंक फावना."

"कित्याक म्हण?"

"तशें शास्त्र आसा. शास्त्र म्हटलें की शास्त्र. कित्याक काय विचारचें ना. विचारल्यार पातक. आतां कांय दीस हें घर भश्टांत. बारा दीस भुतांखेतांचें हें घर." तें हांसलें. दिव्याच्या तामसार उजवाडांत रित्या चेऱ्यावेलें ताचें हाशें शांतीक विचित्र, अवलातिणिलें कशें दिसलें. तें थाऱ्यार आसा काय ना हाचो कांय वेळ ताणें अदमास घेतलो. मगेर तें रांदचे कुडींत वचून रांदूंक लागलें. मांव, आत्ती ताच्या आवाजाची किणकीण आयकतालें. एकेवटेन तांकां अजाप दिसतालें, तर दुसरे वटेन वैशालीचो रागय येतालो.

परतें एक फावट शांत थंड. शांती रांदचे कुडींत आयदनांय भिवनशें ल्हवच उखलतालें. मावालें, देरालें अस्तित्व तर जाणवच नासलें. एकच फावट घर दुख्खांत आनी काळखांत शेणून गेल्लें. ह्या लोकान घरातल्यो सगळ्यो लायटीय कित्याक बंद केल्यात! ताका दिसलें, सगळीं लायटिंचीं बटणां सटसट करून दामचीं आनी घरभर उजवाडाचो झगझग घालचो.

...... तरीय पूण एक खर निश्ठूर सत्, एक आव्हान म्हजे सामकार उबें आसा - तांचें नदरेन विधवा म्हटल्यार भश्टपण, अवचिन्नपण आनी अपशरण. हांसत्या खेळट्या जिविताक केदो व्हडलो शाप हो, केदी व्हडली ख्यास्त! मरतलो मरून गेलो आनी ही ख्यास्त आमकां कित्याक! शप्पत हांव तर ही ख्यास्त निखालस घेवचें ना!

पूण मनाभितर गाळ घातिल्लेवरी कदीम संस्कारी आवाज उठलो, तुजेसारकी रांड बायल अजून पळयली ना हांवें! अवचिन्न, कलागत तूं. ही रांड खोशी तुजी! इतलें कशें फातरा काळीज तुजें?

आतां ताच्या मनांतलें हांशें चेऱ्यामेरेन पातळ्ळें. कोणे केल्ली म्हाका सवाशीण, कोणे केली रांड! हांव तर सैमाच्या नेमान जल्माक आयिल्लें आनी सैमाच्या नेमानच मरतलें. ह्या सैमीक स्वरूपाक खोंटावप म्हटल्यार गुलामपण

आपणावप, गुलामपण फटकिऱ्या संस्काराचें. सैम तुजेर बळजबरी करिना. पूण संस्कार करता. तुवें तकलेर पदर घेवंक जाय, घोवाक देव मानूंक जाय, ताच्या मरणाची ख्यास्त घेवंक जाय, कित्याक म्हण संस्काराची ही दादागिरी! मनशाक गुलामपणांत धुकलचेले हे संस्कार जाय कित्याक? आयचो मनीस संस्कार विखारी. म्हणच तो चड मोटवो. चड घुस्मटिल्लो.

मगेर ताका सट्‌ करून होलमलें, घोव मरतकीर बायलांक 'विधवा' करप हांतुंतच सगळें दुख्ख लिपिल्लें आसा. तांकां 'विधवा' ना करप हे सादे गजालीन तांची दैना पयसावंक येता. तांच्या सोळा शिरंगारांसैत तांकां सोडून दिवंचें, चलात परत एक फावट. तुमचें नशीब पारखून पळयात. ताणें सट्‌करून आपल्या आंगावेल्यान हात भोंवडायलो. तें सामकें रितें आशिल्लें. सगळो शिरंगार तांणी देंवोवन घेतिल्लो. आपलो शिरंगार गेलो म्हण खरेंच आतां ताका दुख्ख भोगलें.

अचकीत मनाच्या तळांतल्यान सोरपान फोंस्स केल्लेवरी संस्कारी आवाज आयलो. 'तूं पडमूर बेदिनवाशी अवचिन्न. तुजो घोवाचेर मोगच ना!'

ताणें तितल्याच प्रामाणिकपणान मनाक म्हटलें, 'दिशाहीण मोग तो. म्हाका त्या मोगाची जात कळ्ळी ना. पूण निस्वार्थ मोग मात नासलो तो. मोगापरस गरजच चड आसली. गरज, खाज आनी परत संस्कार! म्हजी एक इश्टीण शीला मोगान लग्न जाल्लें. कांय काळ मोगाची ताळणी लागून पिशांतूर जाल्लें तें. पूण उपरांत कितें जालें, कितें फिसकटलें नकळ. एक दुसऱ्याक पळयल्यार तीं दांत किल्लावंक लागलीं. आतां तीन वर्सां जालीं एक दुसऱ्यापसून सोडवणूक मेळची म्हण तीं कोर्टाचीं मेटलां झरयतात.'

तरीय मनाचो कोनसो मानूंक तयार नासलो. जसो झगडूंकच राविल्लो तिचे वांगडा: 'मनशाक मनिसपण दिनवासीपण, काकूयट म्हण आसताच'

आतां तर तें चडच हांसलें. तें हांशें फुटून ताचो आवाज इल्लो भायर पडलो. 'म्हजी एक मावसभयण आशिल्ली. इतली नाजूक, फुलिल्ली सुरंगाची ताळी अशी. इतली नितळ गोरी, दिस, पुनवेचें चान्नें पुंजावन ताची कूड घडयल्या. मनान इतलें म्हींवाळ मोगाळ, झाडावेलें फूल बावल्यारय ताच्या दोळ्यांत दुकां उबीं रावतालीं. ताका एक दीस घोवान आनी घोवाघरच्या मनशांनी लासून मारलें. कित्याक तर ताणें हुंड्याक स्कूटर हाडली ना म्हण. कसली ती लोखणाची आनी पत्र्याची स्कूटर. तिचे खातीर हरणा पाडकासारके म्हजे भयणीक लासून मारप!

फार्टी तागेलो घोव मार झेतान कपडे न्हेसून, तकलेक वासा तेल घालून मेकळो भोंवतना हांवें पळयलो. तेन्नासावन मनशावेली, मनीसपणावेली श्रद्धा, जेवणावेली वान्साच गेल्लेवरी उठून गेल्या.

मगेर ताका होलमलें, घोवाचेर सगळो भार घालून ताचेर पातयेन रावप, हेंच बायलांचें सगळे अवतिकायेचें, दुख्खाचें मूळ कारण! ताका लागूनच हुंडाबळी आनी ताका लागूनच अवचिन्न रांडांवपण! चडान चड तो 'कामभोगाचो वांटेकार' इतलोच जावं येता. ताका कोणे हुंवाळिल्ल्यान 'परमेश्वर' म्हटलो आनी तेन्नासावन बायलांचे तापत्रय सुरू जाले.

आतां ताका आगळीच स्फूर्त मेळिल्लेवरी जाली. ताणें अचकीत न कळटांच शांतीक उलो मारलो, "शांती, जालें जेवण?"

भायले कुडींत बशिल्ल्या मांवान, आपले कुडींत हांथरूणार पडिल्ले आत्तीन ताचेवटेन कान दिले. अशें पिशांतुरावरी कसलें उलयता हें! तकली बीन घुंवली ना मू हाची?

परत ताचो शांतीक उलो. "शांती, रांदून जाल्यार ताटां दवर आनी पपाक, अमेयाक जेवंक आफय. आत्तीक तिचे कुडींतच व्हरून दी ताट."

परत एक फावट घराक अजाप आनी हुस्को. आशीकुशिचो काळोखय कांय वेळ खवदळिल्लेवरी जालो आनी मगेर थंड गोठेलो. शांतीन ताटां वाडून मांवाक आनी देराक उठोवंक गेल्यार ते कशेच जेवंक उठना जाले. आत्तीन आपले कुडींतल्यान म्हटलें, "जेवन घेयात रे इल्लें. उपाशीं रावन मरचें केलां? मगेर आमी दोन बोडकांनी कित्याक जियेवंचें? दोगांय वचून वांगडाच जीव दितात."

वैशालीक आत्तीचीं हीं उतरां मात्तूय मानवलीं नांत. ही मोगाळ सभावाची आत्ती अशी कशी उलयली? निकतेंच लग्न जावन आयिल्लें तेन्ना ती म्हजी कितली अपुरबाय करताली! म्हाका नाकूट धरून केंस मेरेन सोबयताली. म्हाका पुराय शिरंगारासयत अयाव रूपांत पळोवन धादोशी जाताली. आनी आतां अशी कशी उलयली ती! पूण हांव ना जावंची बोडकी तिचेवरी. बायलांक चितेर लासून मारताले, तिचे केंस काडटाले, ताका आतां कितलीं वर्सां जाल्यांत. कितें उरलां आतां? आतां तर मुक्ततायेचें वारें व्हांवता.

मांव आनी देर चाबडायलेंशें करून इल्लें जेवन परत वोगी वचून न्हिदले. शांती जेवणाचें ताट घेवन गेल्यार आत्तीन जेवचेंलें साप्प न्हयकारलें. "आंगाखांदार

खेळिल्लो धडधाकट पोर उठून गेलो. आतां आमी उपासतपास करून मरून वचचें."

वैशालीक मरणाची भूक लागिल्ली. ताणें कुरू करूनच शांतीक आपणाक वाड म्हण सांगलें. तें उठलें आनी न्हाणयेंत गेलें. शांती वाडूंक लागलें. आत्ती हाची सुलूस घेताली जावंये. वैशाली येवन ताटार बसलें. ताणें तोपलेंच उल्टें करून ताटांत आनीक शीत घालून घेतलें. ताचेर आनीक कडी रखयली. तें आतां जेवंक म्हण शीत कालोवंक लागलें. आत्ती अचकीत सामकार आयली. "ऊठ त्या ताटावेलें. घोव मेल्ले बायलेन बाराव्या मेरेन रातचें जेवंक जायना."

वैशाली वोगी शीत कालयत रावलें. आत्तीन मर्दींच ताचें ताट ओडलें आनी तें व्हरून बेशिनांत रखयलें. ताट थंयच उडोवन ती आपले कुडींत गेली. वयताना ल्हवू आवाजांत ती म्हणटाली "रांडावपणाचे नेम भोव खर. इल्लें चड उणें जाल्यार पातक. ह्या जल्माक हें अशें. मुखावेल्या जल्माक तरी बरें मेळूंक जाय."

मुखावेल्या तांबयांतलें तांबयो भर उदक वैशाली घटघट करून एकेच धारेन पियेलें आनी मदल्याच सालांत आंगापोनाक एक चादर घेवन न्हिदलें. सदचे न्हिदचे कुडींत वचूंक मनच माननासलें. थंय फकत सोऱ्याचो वास घुंवता अशें दिसतालें. आनीक कसली म्हण याद, कसलो प्रभाव जाणवनासलो. फकत मनांत, चिंतनांत सोऱ्याचो वास पातळिल्लो.

न्हिदिल्लेकडेन तें चिंततालें, हांव हिमालयांत वचून हायकिंग करून आयिल्लें, टेनिस खेळांत तस्त्रिपो जोडिल्लें मनीस. हांच्या संस्कारामुखार, शास्त्रां आनी परंपरे मुखार मान बागयतलें काय कितें! तें भियेल्लेवरी जालें. मगेर ताणें चिंतलें, हें येद्देशें घर. तांतूत आत्ती आनी भोवतर मांव. हांचेभायर संवसार अजून व्हड, मुक्त आनी संतोशान भरिल्लो आसा! म्हजी नोकरी, म्हजें वाचन, म्हजें संगीत हातूंत गुल्ल जावन रावंक येता.

तेराव्या दिसा आवय आनी बापूय आयिल्लो ताका दोन दिसांखातीर कुळारा व्हरूंक म्हण. एक बरी साडी न्हेसची म्हण तें आल्मारिसरीं गेलें. आल्मार उक्ती करून चयल्यार भितर एक्कय रंगाची, फुलांची साडी नासली. ताणें एकदम मोट्यान म्हटलें, "म्हज्यो साडयो खंय?"

आत्ती म्हऱ्यांतच खंयतरी आसली. तिणें येवन म्हटलें, "पोटली बांदून माळ्यार उडयल्यो सगळ्यो. तुवें कांय न्हेसूंक फावना आनी कित्याक त्यो

दोळ्यांमुखार?"

"आनी हांवें कितें न्हेंसचें तर आतां?"

"काल भटान शास्त्र करून उदक सोडून देराल्या हातान दोन धव्यो साडयो दिल्ल्यो तुका. त्योच न्हेसच्यो."

आईनूय म्हटलें, "आतां रंगाच्यो, चितारिल्ल्यो बीन साडयो न्हेसूंक फावना. लोक कितें म्हणटलो?"

सैनीक अधिकारी बापूय. तोवूय 'हय, खरेंच' म्हणिल्लेवरी वोगीच रावलो.

वैशाली खप्पकरून फतकल मारून सकल बसलें आनी रडूंक लागलें. आनी रडटांरडटांच म्हणूंक लागलें, "हांव न्हेसचें ना धवी साडी. तुमी म्हाका म्हजी रंगाची साडी दियात."

"ना. मेळची ना तुका आतां ती."

"पांय पडटां, म्हाका म्हजी रंगाची साडी दियात." तें सान भुरग्यावरीं रडूंक लागलें.

बापूय मुखार आयलो. ताणें ताचो खांदो धरून म्हटलें, "दरेक घराब्याच्यो आपल्यो कांय परंपरा आसतात बाय. आमची सैन्यांत जशी शिस्त तशीं हांचीं शास्त्रां आनी परंपरा. तूं इश्कोलांत वयताना समवस्त्रां घालतालें न्ही, तशेंच हें. तांतूत आनी धवीं वस्त्रां. म्हळ्यार नितळ, पवित्र."

"बायलानीच कित्याक राखूंक जाय ही पवित्रताय, पपा?"

"ही एक लडाय म्हजे धुवे. केन्ना केन्ना तोंड धांपून बळी वचचें पडटा. घडये तातुंतच धर्माचें, समाजाचें हीत आसा."

"पपा, तुमी म्हजे भितर ट्रेकिंगाची, हायकिंगाची आवड निर्माण केल्ली. केन्ना केन्ना 'जय जवान' म्हण तुमी म्हाका उलो मारताले. आनी आतां तुमी म्हजेर हें बुरशें रांडावपण घालूंक सोदतात?"

"म्हज्या हातांत कांय ना बाय. समाजपुरूशाचें बळगें मोटें. समाज म्हटल्यार एक दोन मनशां न्ही. हजारांनी मनशांचो तो पिसावल्लो चोमो."

मांव एकदम भितर आयलो. ताणें म्हटलें, "फकत धवी साडीच न्हेसूंक सांगलां. चितेर चडून सती वच म्हण सांगलें ना मू? आमच्या घराब्याची परंपरा ती. मानचीच पडटली. घोवच उठून गेलो. आनी बऱ्याबऱ्या वस्त्रांचो मोह कित्याक? न्हेसचीं पडटलीं धवीं वस्त्रां."

आवयन ताका हाताक धरून उठयलें. ताका ती भितर घेवन गेली. भितर व्हरून धवीं वस्त्रां न्हेसयलीं.

वैशालीन मनांतच म्हटलें, मरतकीर ताच्याय आंगार अशेंच धवें कफन आशिल्लें. आतां म्हज्या आंगार हें मरचे पयलींच. ताचें मरण हें म्हजे गांठीक कित्याक म्हण? म्हजे वांगडा लग्न ना जाल्लो जाल्यार तो कितें मरचोच नासलो? आमी दोगां सामकीं स्वतंत्र मनशां. मरतकीरय कित्याक आमकां बांदून दवरप?

बापायगेर वचून दोन दिसांनी परत आयल्यार ताचे कुडींतलो कॅसेट प्लेयर ना जाल्लो. ताणें देराक विचाल्लें, "हंयचो कॅसेट प्लेयर खंय?"

"आत्तीन काडून दवर म्हण सांगलो वयनी."

आत्ती लागींच आसली. तिणें म्हटलें, "तुजे कुडींतल्यान संगीत वाजता तें आयकूंक आयल्यार लोक कितें म्हणटलो?"

मुखावेले चार दीस घरांत जीव अंदल्लेवरी जाल्लो. उबगण, निर्शेणी हांचेन जीव गोळाक लागिल्लो. कसो तरी हातुंतल्यान सुटावो करून घेवंक जीव तळमळटालो. एक दीस सकाळीं बेगीनच तें तयार जालें, आपले सिर्विसेक वचूंक. तांचे आज्ञेप्रमाण आंगार धवींच वस्त्रां.

धव्या वस्त्रांतल्या ताका आत्तीन तोखणायेन पळयलें. मांवय सुलूस घेवन गेलो. आत्तीन म्हटलें, 'वच तूं सिर्विसेक. मनाक इल्ली थाकाय मेळटली. विसरूंक जातलें इल्लें.'

वैशालीन मनांत म्हटलें, "सिर्विसेक वतां म्हणटकीर भुल्लुसलीं सगळीं. पुताची जोड बंद जाल्या. आतां म्हज्या नाड्यार. मांवाली पेन्शन खंय पावता हांकां?"

तें रिक्शा करून ताचे आफिसांत आयलें. आफीसांत ताका पळोवन अजाप दिससारकें नासलें. सगळे जाण हॉस्पिटलांत, घरा फावटी मारून गेल्लेच. तें नीट मॅनेजर अरविंद रावाल्या कॅबिनांत गेलें. राव ताका पळोवन एकदम उठून उबो रावलो आनी ताका 'बस बस' म्हटलें. तें वोगी रावा सामकार खुर्चेंत बसलें. ताचीं धवीं वस्त्रां, रितो चेहरो पळोवन रावाक कशेंशेंच जालें. ताची सोबितकाय, ताची तडफ, ताचें हांशें गोठेवन गेल्लेवरी दिसतालें. हें काय पयलिंचें पिआरओ वैशाली सारखें न्हीच. पयलीं तें आफीसांत पांय दवरिना फुडें जशें चैतन्य सळसळटालें. कांय वेळ थंड थंड शांतताय पातळ्ळी. संकोचान भरिल्ली.

“सर, हांव जॉयन जावंक आयलां. क्लायंट कंप्लेंट रजिस्टर कोणाकडेन आसा? पळयता मात्शें.”

रावान संकोचानच ल्हवच विचाल्लें, “हे फुडें तूं धर्वी वस्त्रांच न्हेसतलें?”

वैशालीन तकली हालोवन ‘हय’ म्हटलें. चेऱ्यावेल्या मेकअपविशींय विचारचें अशें रावाक दिशिल्लें. पूण ताणें तें विचारलें ना. म्हटलें, “पिआरओ ची नोकरी म्हटल्यार कशी तें तूं जाणांच. विमानतळार वच, कॉन्फरन्स अरेंज कर, क्लायन्ट रिलेशन्स बरें दवर, असलीं हुशारेचीं कामां. तातूंत आनी वेलोवेलो चकचकच चड जाय. असल्या हातूंत कशें जातलें तें? पिआरओ म्हण तूं आदीं खरेंच बरें आसलें. पूण आतां....”

वैशाली कांचवेल्लेवरी जालें. देवा कितें सांगूंक सोदता हो? ताणें भियेल्ल्या आवाजांत म्हटलें, “हां कितें करूं सर, हें अशें जालां तर खरें!”

“दर एके नोकरेचें स्वरूप वेगळें आसता, तिची मागणीय वेगळी आसता. तूं जाणा, तुगेले नोकरीची जायरात दिल्ली तेन्ना म्हणिल्लें, ‘सोबीत, आकर्शक व्यक्तिमत्वाची चली पिआर्ओ जाय’ म्हण. आतां तुजें हें अशें. बरो शिरंगार तर तुका करूंक जावचो ना.”

“पूण हांव कितें करूं सर?” तें हुस्क्यान रडूक पावलें.

“आमी अशें करूंया, तूं अकावन्ट्स सॅक्शनांत काम कर, सिनियर क्लार्क म्हण. देट ईज सुटेबल टू यू.”

वैशालीक खप्प जालें. “म्हज्यान ती किचकीट आकडे मोड करूंक जावची ना सर. म्हाका बेजाराचें काम तें.”

“आनीक उपावं ना. तुज्या बऱ्याचेंच सांगता हांव. ना तर तुका सिर्विस सोडची पडटली.”

वैशाली कांय वेळ वोगीच रावलें. मगेर ल्हवल्हव भितरल्यान घट कडक जायत गेलें - ना सोंसचें ना हांव हो येद्दो व्हडलो अपमान! खोटायतलें हांव सगळो राग, तिडक, स्वाभिमान. अशें कितें कितें आळीपाळीन ताच्या मनांत उदेत रावलें. मगेर सडसडीत आवाजांत ताणें रावाक म्हटलें. “सर तुमी म्हाका फक्कत एक देड वराचो वेळ दियात.”

“कित्याक म्हण म्हणटा?”

“उपरांतच तुमी कितें तें थारायात सर. एक वरच रावात.”

रावान नाखोशयेनच म्हटलें, “बरें आसा.”

वैशाली सडसडीत भायर सल्लें आनी टॅक्सी धरून घरा आयलें. ताच्या रंगारंगाच्या साडयांची सुटकेस आत्तीन खंय काडून दवरल्या तें तें जाणां आसलें. ती ताणें उखलून हाडली. तांतली बऱ्यांतली बरी रस्माची तांबडी साडी काडून चाप्पून आंगा बराबर न्हेसलें. हारशामुखार उबें रावन ताणें नाखूट धरून केंसमेरेन सगळो साजशिरंगार नीट केलो. गळ्यांत एक मंगळसूत्र सोडल्यार बाकिचो सगळो साज शिरंगार. केंस नव्या मोदीन वोळयिल्ले, कपलार बदामी आकाराची तांबडी तिकली, हाताक भांगराचीं आनी कंवचेचीं सरभरशीं कांकणां, कानाक लांबचे डूल - आंकवारपणांतलो सगळो शिरंगार!

उपरांत आपलो उंच खुळ्यांचो जोत्यां जोड काडून तो ताणें घातलो आनी टक्टक् खुळयो वाजयत तें सालांत आयलें.

आत्ती आनी मांव मार अजापान दोळे येद्दे व्हडले करून ताका पळयताले. पूण ताचेर असो सांवार आयिल्लो, तांकां कितें उलोवंचें सुचनासलें. ताचो तो सांवार पळोवन तांकां दिसलें ह्या खिणाक कितेंय उलयल्यार तें कितेंय उखलून आमचे तकलेर घालतलें. आत्तीन “वैशाली.....” इतलेंच म्हटलें तर ताणें रागान व्हडलें बोट वयर करून वोग्ग राव म्हटलें.

तें तेच टॅक्सीतल्यान परत आफीसांत आयलें. वाटेत थांबून ताणें बरींच फुलां घेतलीं आनी तीं केंसांवेल्यान लांबमेरेन माळ्ळीं.

मॅनेजर रावाल्या आफीसांत येवन ताचे मुखार उबें रावन ताणें हासत म्हटलें, “सर, हांव वैशाली कदम, युवर पि.आर्.ओ. जॉयन जावंक आयलां.”

रावान कांय वेळ ताका अजापान, तोखणायेन पळयलें. मगेर घोग्यांनी हांसत ताणें म्हटलें, “वेलकम्, वेलकम्, अवर पि.आर्.ओ वैशाली.”

***

अपशरण

लग्न जावन तीन वर्सांय जावंक नासलीं. तोच आकांत येयलो. भुरगें ना बाळ, फाटीं ना फुडें. मनाकुडिची हौसय भागूंक नासली. नवेंपणय मावळूंक नासलें. सुनितालें भाग्यच नासलें. दोनतीन दीस जोर येयलो. मगेर अचकीत मान घट जाली. हालना धोलना. जोराचो तर सांवार. हॉस्पिटलांत व्हरून घालसर सुनितालो घोव रामचंद्र सोंपलो.

कितें करतलें, उदक-उजो लागीं करतलें, गळफास घेतलें म्हटल्यार ताचेर रातदीस सगळ्यांचो खडद्दार पारो. तातूंत दुख्खी मांव खंय तरी कोनशांत वण्टीक तेंकून बशिल्लो आसतालो, नदरेन सुनेक राखतालो. बरो धिराचो मनीस आसूनय पूत वचत सावन ताचीय दैना जाल्ली.

सुनिताक दिसलें, दुख्खाच्या खर वोगान, उपास तपासान ना तर एकादऱ्या घातकी खिणाक जिवाचें बरें वायट करून घेवन हांव मरतलेंच. ह्या क्राळख्या एकसुरेपणांत हांव आनी जितें रावतां!

पूण तें मरून मरना जावन उरलें. इल्लें इल्लें वीख पिवन कुडच विखाळी जातकीच मनीस विखानय मरना तशें दुख्खां सोंसून सोंसून तें दुख्खानच मरना जालें. आपूण ल्हवल्हव मनान घट जावंक लागलां म्हण कळटकीर ताचे उतळताप चडच वाडले.

कित्याखातीर जियेवंचें, कोणाखातीर जियेवंचें हो काळ-प्रस्न मुखार

आसलोच. चार वर्सां फार्टींच सरकारी नोकरेंतल्यान निवृत्त जाल्लो मांव दुख्खान हातपांय झरयतसो घरांत वावुरतालो. आंगाकुडीन तसो तो घटमूट आसलो. पूण एकल्याच पुताच्या मरणान सामकोच गळसणिल्लो. घरांत मांवाभायर आनीक कोण नासलो. एक असहाय्य जाण्टेलो, कोणाचो तरी आदार सोदतसो तो वण्टी सांसपीत चलतालो. सुनिताक दिसतालें, तो कोण म्हजो, तो परकी हेर दादलो. ताचे खातीर हांवें कित्याक उठूंक जाय, ताचें कित्याक करूंक जाय?

तरी मांवाविशीं एक आपलेपण सुरवेक पसून आसलें. सुनितालो बापूय भुरगेपणांतच भायर पडिल्लो. कोणाचोय बापूय आंगलेक लुगट काडूंक, तें शिवंक दिवंक शिंप्यागेर आपले धुवेक घेवन वयतना पळयतकीर ताका बापूय जाय जायसो दिसतालो. बापायच्या वासाक, सावळेक तें आशेल्लेवरी आसतालें. लग्न जावन ह्या घरांत येतकीर बापायले पिरायेचो एकलो घरांत आसा म्हणटकीर ताका बरें दिशिल्लें. मांवाविशीं एक आदर-आस्था सदांच मनांत आशिल्ली.

तेन्ना कोण जाणा आसलो अचकीत घोव मरून मांवावांगडा दीस सारचे पडटले म्हण. पूण घोव मेलो आनी मांवाविशीं वोगीच परकेपण वाडलें. तो परको दादलो दिसूंक लागलो. ताचे पसून ताणें आंग कवळून घेतिल्लेवरी केलें. घोव मरतकीर आतां सगळें मांवाल्याच पेनशनाचेर आदारून आसतलें म्हण होलमतकीर तें चडूच कचरलें. हातुंतल्यान कशें तरी भायर पडूंक जाय!

पूण भायर पडून खंय वचचें कांयच कळनासलें. खंयूय एक इल्ली सिर्वीस मेळत काय? पूण तिवूय मांवानच पळोवंक जाय. आनीक कोणच धिराचो मनीस फाटबळाक ना.

मांव आदीं सरकारी कॉलेजींत हेडक्लार्क आसलो. ताका बरी पेन्शन मेळटाली. तातूंत मांव आनी सुनेले दीस बरे वचूं येताले. मांवान जिवितांत व्हडली हुडी मारिल्ली अशें न्हय. पयलीं बरींच वर्सां तो सादो क्लार्कच आसलो. निवृत्तीक दोनतीन वर्सां आदींच हेडक्लार्क जाल्लो. आतां तीं रावतात तें घर पयलीं भाड्याचेंच. पूण भाडें इतलें उणें आसलें उपरांत भाडें घेतिल्लोय कोण येयना जालो. कांय तेंपान कळ्ळें, घरमालक गांव सोडून मुंबयंत रावंक गेलो म्हण. घर आपशींच तांचें जाल्लें. दोग धुवांचीं लग्नां मात ताणें वेवस्थीत केल्लीं. दुसरे धुवेचें लग्न निवृत्त जावंचे आदल्या वर्साकच जाल्लें. निवृत्त जातकीर रोखडीच बायल भायर पडली. तिका गर्भपिशवेचे नाळयेचो कांक्र जाल्लो. बायलेच्या

शिकपणांत तर ताणें आपली आशिल्ली सगळी पुंजी अर्पिल्ली.

एकलोच पूत. तो बी.ए. फायनलीक नापास जातकीर परत परिक्षेक बसूंकच तयार ना जालो. हांगा थंय ल्हान-मोठ्यो नोकऱ्यो करीत रावलो. जम बसूंक नासलो. तातूंतच आवय भायर पडिल्ल्यान लग्न करचें पडलें.

तिगा भयणांत सुनिता मदलें. बापूय मरतकीर आवय भांबाविल्ले वरी जाल्ली. बापूय रस्ते बांदची बीन ल्हान मोटीं कंत्राटां घेतालो. तो भायर पडटकीर सगळें बशिल्ले वरी जालें. पूण आवयन तागेली शिल्लक जोड पोटाक चिमटे काडून म्हणटा तशी राखून दवरली. धुवो लग्नाच्यो जातकीर ताकतिकेन तिणें तांचीं लग्नां करून उडयलीं. सुनिता धावी मेरेन शिकिल्लें पूण धावेक पास काय तें जावंक ना. आवय केन्ना म्हणटाली, "तकलेन जडच तूं. तुजेर पयसो वारवचो म्हटल्यार उदकांत उडयल्ली खबर."

लग्न जावन तें ह्या घरांत येयलें तेन्ना घरांत बापायवरीच एक दादलो आसा म्हण सुखाविल्लें खरें पूण तें केन्ना ताचेसरीं मेकळेपणान वागूंक शकलें ना. व्हड जाण्टेलो दादलो म्हण, घोवालो बापूय म्हण, आनी तो इल्लो करारी मनीस म्हण शेवट मेरेन पयसुल्लेपणानच उरलें. ताणें कसलेंय काम सांगल्यार बरी सून कशी धांवन धांवन करतालें. मनांतल्यान ताका बापायवरी म्हणटालें खरें, पूण बापाय मुखारचें आपलेपण, मेकळेपण लाबलें ना.

मांव भुरगेपणांत खूब धपके खायल्ल्या मनशावरी इल्लो निबर. तुसडो असोच आसलो. उलोवपय उणें आसलें. एकादऱ्या वेळार हाका राग येयला काय हाचें उलोवपच उणें म्हण हो घुम्म मोनो आसा, कांयच कळनासलें. हेरांलें दुख्ख आयकतना तें हेरांक सांगतना ताचो आवाज ओलो घोगरो जाल्लो, दोळ्यांच्यो पातयो भिजिल्ल्यो कळटाल्यो. पूण दुसऱ्याच खिणाक तो जशें सगळें फापडून उडयतालो. सुनिताक ताच्या मनाचो अंत अदमास लागनासलो. केन्ना राग येतालो ताचो. मनांत म्हणटालें, भितरले गांठिचो हो मनीस म्हाका केन्ना घरदार ना करीत सांगूं नज. ताची ताका पेन्शन आसा. तागेल्या पेन्शनाच्या आदाराचेरच हांवें रावंक फावना.

आपणें हातपांय हालोवंचे, ल्हान तरी नोकरी धरची, अशें ताका दिसतालें, ताणें एक दीस मांवाक म्हटलें, 'अशें बसून रावल्यार कशें जातलें म्हजें? तुमचेर भार कितलो तेंप? मरता तेन्ना मरता. एक ल्हानशी नोकरी पळयात म्हाका.'

मांव जाणा आसलो, हो नोकरेचो प्रस्ताव मुखार येतलोच म्हण.

पूण ताका भिरांत दिसताली, एक फावट हें घरांतल्यान भायर गेलें म्हणटकीर कायमचें भायर वचूं येता. भायर कोणूय मेळूं येता. भाळोवन घरांतल्यान भायर काडूं येता. हांव तुजेसरीं लग्न जातां अशें म्हणूं येता.

मागीर हांव एकटो पडटलों. घराची मसणवट जातली. बऱ्याचें वारें लागचें ना. ही अस्तुरी एक धूव कशी घरांत वावुरता. फाल्यांचो म्हातारपणाचो म्हजो आदार. ताका घरांतल्यान भायर काडूंक फावना. तें म्हाका सोडून पयस वचूंक फावना!

ताणें ताचे नोकरेचें कानामनार घेतलें ना. आपूण आपलो सुवार्त सादतां हें ताका कळटालें पूण सुनेन ह्या घरांतल्यान भायर वचचें न्ही अशें ताका दिसतालें. एक दीस सुनितान म्हटलें, "पुंडलीकभाऊ सांगतालो, हांगाच्या पोस्ट आफिसांत स्टॅम्प विकची एक नोकरी आसा म्हण'

मांवान एकदम फांपुडिल्लेवरी केलें. 'स्टॅम्प विकची कसली दळदिरी नोकरी ती. ही लायन लागता स्टॅम्पांक. तो बारीक हिशोब सांबाळूंक नाकापुरो जातलें तुकां. पयशे उणे जाल्यार वयल्यान खिशांतल्यान भर. पिशें लागची वेळ. कित्याक तकलेर वजें घेता तूं? पेन्शन आसा मगेलें. पुरो दोगांक.'

सुनितान रडट्या सुरांत म्हटलें, ' पूण फाल्यांचें कशें जातलें म्हजें?'

मांवाक कळ्ळें, फाल्यांचें म्हटल्यार हांव मरतकीर कशें जातलें आपलें अशें म्हणूंक सोदता तें. तरीय तो हटी-सुवार्ती मनीस कसो ओगीच रावलो. वयल्यान आनी तो मनाक समजायतालो, म्हजी एक बाळरांडाव धूव आसल्यार ती रावची नासली म्हजे वांगडा? ताका सामकें मनांतल्यान दिसतालें, कशेंय करून सुनेक घरांतल्यान काडचें न्ही, तिणें म्हाका सोडून वचचें न्ही. केन्ना जिवाचे उबगणेन हांव उपाशीं न्हिदल्यार म्हऱ्यांत घेवन म्हणटलें, 'बाबा, अशे उपाशीं न्हिदून कितें घडून गेल्लें पराततलें? आमी भोगूंक जाय न्ही एक दुसऱ्याच्या आधारान. उठ तूं जेवंक.'

ऐन पिरायेचेरच बायल मेल्लो सोमण तांच्या घरासरींच गणमणटालो. वासरेंत येवन बसतालो. सुनिताय रांदचे कुडींतल्यान केन्ना मान घुंवडावन ताका पळयतालें. एक दीस सोमणान वासरेर बसून विडी पेटयली. ती फुसकायली. इतलेंच निमित्त करून मांव ताचेर आकांताचो तापलो. ताका घरांतल्यान धांवडावन घातलो ताणें.

म्हटलें, 'मडें केन्नाय कोणाल्याय घरांत घुसता, वोगीच उजो सोदता.'

वर्सां गेलीं. वर्सांर वर्सां. अठरा - वीस वर्सां गेलीं. पूण मरण काय फाव जायनासलें. इतल्या वर्सांच्या अणभवान ती एक बेस बरी जाणा जाल्ली, बऱ्याक मरण इतलें सोंपे नासता! आतां सुनितान पंचेचाळीशी हुपिल्ली. मांवाक ऐशीं वर्सां जाल्लीं. इतलीं वर्सां ती एकदुसऱ्याच्या आदारान बरीं जियेत आयिल्लीं. सगळीं सुखां सोडिल्ल्यान मांवाचें पेन्शन दोगांकय पावतालें. कसली वानसा नासली, हाव नासली, धांवपळ नासली. भायर भितर भरून आशिल्ली पोकळी. घरांत किण्ण एकसुरेपण !

सुनितान सोताचें मन माल्लें, कूड माल्ली, सुखाची आस्तय सोडली. पूण वेळावेळार पोटाक भूक लागतालीच. ताका दिसतालें, पोटाची भूक म्हणटा ती अन्नांवर राक्षीण. फक्कत भूक भागोवंक जगप म्हटल्यार सोताक घाणाक घातिल्ली खबर. पूण हे अवतिकायेंत तें एक समादान सोदतालें, आपूण मांवाची सेवा चाकरी करता म्हण ताका इल्लें समादान भोगतालें. तशी मांवाची चाकरी ताणें बेस बरी केल्ली. ताचीं दुयेसां राखलीं. तो निर्शेवन धर्तरीक लागतालो तेन्ना तें उबें आसतालें. इतलो धिराचो मांव केन्ना साप्प कोसळटालो. जीव गेल्लेवरी दिसभर न्हिदून रावतालो. जेवंक उठयल्यारय हालनासलो. मगेर तें किंवाट्यान म्हणटालें, 'म्हाका आनीक कित्याक आडावन दवरिल्लें तुवें? वयता आसलें कोणाय फाटल्यान. घोव मरतकीर हांव कोण आसलें तुजें? तूं कोण न्ही, हांव कोण न्ही. तरीय रावलीं वांगडा. नशिबाचो खेळ.'

मांवाचें मन मांवाक खातालें. आपणें ताची घराभायली वाट बंद करून ताका घराभितर आपले सेवेकच दवरली म्हण. इतलीं वर्सां गेलीं म्हजे पेन्शनीचेर. म्हजे फाटल्यान कशें जातलें रे देवा ताचें! चिंतल्यारच खप्प जातालें. आतां आतां ताका सोताचो रागच येवंक लागिल्लो. तो पयलीं सुनिताचेर केन्ना तापनासलो. पूण आतां आतां सोताकच गाळ घातिल्ले वरी ताचेर तापतालो. तें सदां कामांतच उरता, रांदता - वाडटा तें पळोवन म्हणटालो, 'कोणाचें मडें कुसता म्हण घरांत परती परती सान्न मारता? कोणाच्या बोडार घालूंक सारकें रांदता? सोड, कांय एक करूं नाका कोणाखातीर.'

चड फावट तें ओगी रावतालें. ताचो तो धर्म जाल्लो. ताका दिसतालें, अशें वावरांत गुंथून रावलें ना तर म्हाका पिशें लागतलें. तरीय तें मांवा सरीं झगडूंक

उठिल्ले वरी केन्ना म्हणटालें, 'कोणाखातीर हांव कांय करिना. म्हजे खातीरच करतां. म्हाका पोट आसा. भूक आसा. भुकेक इंगळे लेगीत खायन हांव.'

मांव चिंतनांत पडटालो. हाका भूक आसा...हाचें म्हजे फाटल्यान कशें जातलें? आपल्या फाल्यांचें तें चिंतता काय? हांव मरतकीर ताची चूल कशी पेट्टली? दाणो गोटो खंयसान येतलो? म्हजी पेन्शन म्हज्या मरणावांगडाच सोंपतली. तें म्हजी सून, बायल न्ही म्हजो पेन्शन फाव जावंक! म्हजे हयातींत तें केन्ना हुंबरो बलांटून खंय गेलें ना आनी फाल्यां हेरांगेर वावर करूंक वावराडी म्हण वयतलें? फाल्यां हांव मरतकीर कशें जातलें ताचें...

जाण्टेपण जाल्लें. दुयेसां फाटीक लागिल्लीं. मदींच काळीज धडधडतालें आनी घुंवळ तकलेक पावताली. आत्ता लकून पडटा अशें जातालें. तातूंत आनी म्हज्या फाटल्यान सुनेचें कशें जातलें हो घोर लागिल्लो जिवाक. केन्ना बंद सोडून रडत सुनेक म्हणटालो, 'हांव मरतकीर कशें जातलें गो बाय तुजें! हांव आता चड दीस जगतलों अशें दिसना! मरण दारांत रावलां!'

ताचो प्रस्न आयकोन सून घुम्म मोनी जाताली. ताका कांयच सुचनासलें. इतल्या वर्सांत तें एक जाणां जाल्लें, हांव एक साप्प भिजूड बायल. जीव दिवचेली धिटाय, तो सांवार म्हज्यांत ना. मरणाक रावलें इतलीं वर्सां पूण तें कांय बेगीन येत शें दिसना. म्हणच चड हुसको फुडाराचो!

मांव तर सुनेल्या हुसक्यान सारको वयर सकयल जातालो. चपाती लाटटना हाचे खांदे दुखतात, मेटलां चडटना धोंपरां धरतात आनी हें हेरांगेर वावराक वयतलें? एका निवृत्त हेडक्लार्काचे सुनेन वावराडी म्हण काम करचें? घोव मरून रांडाव जाली म्हण कितें जालें, पाड भोग हाच्या वांट्याक येवंक फावनांत!

एका आकांताच्या खिणाक ताणें धीटपणान एक वायट निश्ठूर निर्णय घेतलो. त्या निर्णयार तो आठ दीस सारक्को चिंततालो. चिंतून चिंतून ताचे तकलेचें सूंब जाल्लें. तकलेंत पिसोळीं घुंविल्ले वरी जातालीं.

एक दीस तो सकाळीं उठलो आनी तालुक्याच्या ठिकाणार वचूंक सुटलो. सुनितान 'खंय वयता बाबा' म्हण विचारल्यार ताणें सांगलें, 'जुने इश्ट. कांय उरल्यात आतां. सगल्यांक येयलीं मरणां. आमकांच नात! निमणे एक फावट भेटून येतां. विचारतां अशें अशें केल्यार कशें जायत काय म्हण?'

'कितें तें बाबा?'

'कांय ना.' तो लखतसो चलूंक लागलो. सुनेन फाटल्यान 'हातांत बडी तरी घेवन वच' म्हण बडी हाडून दिली.

त्या दिसा दिसभर तो भायरच आसलो. सांजचो उसरां घरा येयलो. खूप्प पुरो जावन हुश्श करीत आराम खुर्चेंत बसलो. कांय वेळान आपणासरींच उलोवंक लागलो. 'देड शाणे एकेक. लोक हांसतले खंय. नीत अनीत म्हाका शिकयतात. जिवीतांत केन्ना वाकडे वाटेर पांय दवरलो ना हांवें. तो दत्तात्रय घरांत गोरी, स्वरूप सुंदर बायल आसतना ते काळे मास्तन्नीक घेवन आसलो. रिटायर जातकीरय शेंकर फुलोवन भोंवतालो. तो म्हाका नीत शिकयता. पूण शेवटाक जाले सगळे राजी.'

सुनिता ताचें उलोवप आयकोन भियेल्लेवरी जालें. हाची तकली घुंवूंक लागल्या कांय कितें? 'कितें उलयता तूं? खंय कोणाकडेन वचून येयला?'

'सुने, म्हजी पेन्शन तुका मेळची म्हण लागलां हांव तजविजेक. तुका दिवंची चुकची ना ती सरकाराक.'

'म्हाका कशी मेळटली? हांव कोण तरी तुगेली? कोणी न्ही हांव.'

मांव सट् करून तापलो. 'कोण न्ही खंय म्हगेली. मागीर वीस वर्सां कित्याक पडून आसली वांगडा. कोण न्ही म्हणटा. सुर्वेक ह्याच गांवचो लोक मांवान सुनेक दवरून घेतल्या म्हण उलयताले. आमची चेश्टा करताले. जनेलाक नदर लायताले. आतां जाल्यार सांगपी हांव, हय, आमी घोव बायलच. तुमी जातात तें करात.'

आयकून सुनिताक कशेंशेंच जालें. ताचो रागय येयलो. पूण हो चड जाण्टो जाला. तकलेनय घुंवक लागला दिसतलो म्हण तें वोगीच रावलें.

मांवान आतां मोव आवाजांत म्हळें, 'सुने, हांव तुका सुने कित्याक म्हणटां खबर आसा? तुगेलें नांव सुनिता म्हण हांव धुवेबशेन सुने म्हणटा तुका. आनीक कांयच न्ही. पयलीं सोबीत आसलें तूं. सोबीत आनी गुणांचेंय. केली ना इतलीं वर्सां मांवाची सेवा. तर हांव कितें सांगतालों, सुने, एक दीस आमी तालुक्यांत रामपुरा वयचे. एका सायबा मुखार म्हज्या वांगडा बसून तुका सयो करच्यो पडटल्यो. मातशें सांबाळून घे. वोगीच रागरूस करूं नाका. फाटीं घेवं नाका. ह्या जाण्टेल्यार तितली कुरपा कर. फाल्यां मेल्यार परवां गेलो.'

'कित्याक म्हण तें बाबा!'

'सांगलें न्ही, तुगेल्या पेन्शनीचें जाग्यार उडोवया म्हण.'

'पूण बाबा, हांव तुगेली सून न्ही? सुनेक कोण दितलो पेन्शन?'

'पूत आसल्यार सून आनी बीन. कोण न्ही तूं म्हगेली. घरांत एक अस्तुरी.'

सुनिता ओगीच रावलें. पूण तें गोंदळांत पडिल्लेवरी जाल्लें. शेर्त हाची तकली पाड जाल्या.

परत तो दोन फावट तालुक्यांत रामपुरा वचून आयलो. बरोच थकिल्लो. तरी जिवाच्या आकांतानसो धडपडटालो. वयतना नेमको हातांतली बडी विसरतालो. ती सुनिता हाडून दितालें.

एक दीस सांजचें ताणें सांगलें, 'फाल्यां या आमी तालुक्यांत. मामलेदार ऑफिसांत म्हज्या एका इश्टाचो चो शिरेस्तेदार आसा. आनीक एकल्याचो अव्वल कारकून आसा. तो रजिस्ट्रारय वळखिचोच. सुने, सगळें तालुका हेडक्वार्टर म्हजें वळखिचें. जातलें आमचें काम. या आमी फाल्यां.'

'कसलें काम? खंय या म्हणटा? हांव येवंचें ना.'

'येयना जाल्यार फाल्यां खातलें कितें? म्हजे चड उणे म्हयनो दोन म्हयने. अश्यान फाल्यां रस्त्यार पडटलें तूं. दशा जातली तुजी.'

'हांव येयना म्हण सांगलें न्हू. ना म्हटल्यार ना.'

'तूं फाल्यां सकाळी घरांतल्यान भायर सरलें ना जाल्यार हांव हेच बांयत उडी घेवन जीव दितलों. बांयचें घोटभर उदक पियेवंक मेळचें ना. घरांत भूत जावन बसतलों.'

कांय वेळ दोगांय वोगीच रावलीं. मांवान मागीर एकदम काकुळटेक येवन म्हटलें, 'तूं मन घट कर. जाग्यार उडोवंचें तें. म्हजे इश्ट आसतलेच थंय. तुवें सायबा मुखार बसून सय करची आनी तशेंच भायर वयचें.'

हो कितें उलयता, कसल्या गोंदळात घालता? ताची तकली चलना जाली. तें हयकार दिल्लेवरी वोगी रावलें.

दुसऱ्या दिसा सकाळींच उठून तीं रामपुराक बसीन गेलीं. सुनितान वोळणे वयलीच पोन्नी विटिल्ली शी साडी न्हेशिल्ली. वळोवन घेतिल्ल्या केंसाच्यो जटाय नीट सुटूंक नासल्यो. घैरांव पुसून उडोवन भायर काडिल्लेवरी तें दिसतालें. निकतीच पिरायेचीं शेचाळीस ताका लागिल्लीं पूण आंगार तेज नासलें, हुरूप, उत्साह नासलो. इतलो गोरो रंग ताका देवान दिल्लो पूण तातुंतली सगळी लाली, सगळें तेज ओडून काडिल्लेवरी जाल्लें.

सारकी धा वरांचेर तीं सिव्हील रजिस्ट्राराच्या ऑफिसामुखार पावलीं. मांवाले तिगय इश्ट आदींच येवन वाट पळयताले. मांव तांकां इश्ट म्हणटालो खरो पूण ते मांवा परस बरेच उणे पिरायेचे दिसताले. दोग तर आदीं क्लार्क म्हण सिर्विस करताले तेच कॉलेजींत प्राध्यापक आसले. तिसरो ताणें जाचेकडेन हेडक्लार्काचो ताबो दिल्लो तो आसलो. ते तिगय आतां निवृत्त जाल्ले. आपणावरींच ते निवृत्त जाल्ले म्हणच मांवान तांकां इश्ट म्हणचेले. ते आयल्ले पळोवन मांवाक खरोच धीर येयल्लेवरी जालो.

पूण ऑफिसांत भितर व्हरचे पयलीं सुनेक सगळें सांगूंक जाय आसलें. सांगल्यार तें घरांतल्यान भायर सरचें ना म्हण भिरांत आसली. आता सांगल्यार तें ऑफिसांत भितर येवंचे ना ही भिरांत आसली. तरी ताका आदी तें सांगूंक जाय. भितर व्हरतकीर कोफुसांव नाका. म्हजे इश्ट आसात, घेतले सांबाळून.

मांवान तेका कुशीन आफयलें. थंय एक फळसाचें झाड आसलें. ताच्या पोंदाक ताका व्हेलें आनी सांगलें, ‘बाय गो, हांवें तुका कांय एक सांगिनासतना हांगा मेरेन हाडलें. पूण आतां सांगूंकच जाय. धर्म न्ही आनी अधर्मय न्ही. मनशाक आपलो गिरास व्हडलो. हांवें लग्न जावंचें थारायला तुजेसरीं. तूं कायद्यान म्हगेली बायल जाल्यारच म्हगेली पेन्शन तुका मेळटली. जावंया आमी लग्न!’

सुनिता तकलेर दांडो बशिल्लेवरी, ‘कितेंऽऽ’ म्हण किंचाळ्ळें.

‘बेठो करूया खेळ. ताका पुरतें पुराण. सायबा मुखार बसून सय करची, भायर येवंचें. भायर येतकीर हांव तुगेलो कोण न्ही, तूं म्हगेली कोण न्ही.’

सुनिता कासावीस जाल्लेवरी सट् करून सकयल बसलें आनी रडूंक लागलें. ‘जिवाची सुण्या पाश्ट दशा जाली. कितलें भोगलें. आतां हे अपशरण उरिल्लें! कांय नाका म्हाका. हांव अशेंच वयतां आनी जीव दितां.’

मांव सुस्कारलो. ‘गेल्लीं वीस वर्सां जीवच दितां आमी. आमचें भिजुटांचें काम न्ही तें. सुने, म्हजें आयक. वांकडे बोट घातले बगर तूप येयना. हातांत भिकेची कट्टी येवचे परस हें वायट न्ही.’

सुनिता बसून रडटा तें पळोवन ते तिगय जाण्टेले इश्ट म्हऱ्यांत येयले. ते तर ह्या ‘कटा’चे वांटेकारूच आसले. ताणीं सुनिताक नानापरीन समजायलें. एकल्यान ताच्या फुडाराचें अशें भिरांकूळ चित्र उबें केलें तें आयकून सुनिताक दिसलें, आपूण महारोगी कशें मुखार आलेमीनाचो कट्टो दवरून भिकेक बसलां.

दुसऱ्यान तर्कशास्त्र आनी पाप-पुण्याचो मेळ घालून तें करता तें सहज कर्म अशें भासयलें. तिसऱ्याचो भर आसलो, मांवाली पेन्शन फुकट वचचे परस हें वायट न्ही. पयसो जनतेचो, सरकाराचो न्ही.'

तें बळाबळ उठलें आनी भितर रजिस्ट्राराल्या ऑफिसांत गेलें. आदींच सगळें तयार आसलें जावंये. रजिस्ट्रारान अजापान, दुबावान तांकां कांय वेळ पळयलें. पूण ताका पडून वचूंक नासलें आनी ताच्यान आडोवंक जावचें नासलें. कायदो तर लग्न जातल्यांच्या फावरार. लग्नाक म्हण पिरायेचें बंधन आसा? जाची ताची मर्जी. नेणार भुरगीं कांय न्ही तीं.

ताणें दाखयल्लेकडेन सुनितान सरसरीत सयो केल्यो. उपरांत मांवांनूय केल्यो. साक्षीदार तर तयारच आसले. सयो जातकीर रजिस्ट्रारान पाट जाल्लीं वाक्यां म्हटलीं, 'राज्याच्या कायद्यान तुमचें लग्न जालां. एक दुसऱ्याक एकनिश्ठ रावन विश्वासान लग्न तुमी तिगोवन दवरचें. तुमचें बरें जावंचें.'

तीं भायर येयलीं. सुनिताक परत एक फावट शिटकावलें. हाणी म्हाका बेठेंच घुस्पायलां. वांगडच्या एका प्राध्यापकान मांवाक शिनाळ केली. मांव सामको सुनिता म्हऱ्यांत येवन उबो रावलो. ताणें सपासप दोन तांचे वांगडाचे फोटे काडले. वांगडा फोटो काडटात तें सुनिताक कळिल्लें पूण तें कुशीन सरलें ना.

तकलेन वजें पडिल्लेवरी जाल्लें. काळीज अंदल्लें. एके वटेन आपल्या दैव्य भोगाक तें रडटालें. दुसरे वटेन आपणें अस्तुरी म्हण कुळा शिळाक चुडटी लायली म्हण तळमळे भोगतालें. तें इतलें घुम्म मोनें जाल्लें, तें मोनेपण ताच्या चेहऱ्यार काजळी कशें पातळिल्लें. तो मोनो चेहरो पळोवन मांवाक आपूण गुन्यावी कशें दिसतालें.

बसीन परत घरा येतना तें मदींच बसींतल्यान देंवलें. मांवान 'आगो, खंय वयता?' म्हण विचारल्यार ताणें सांगलें, 'गंगा सरी वचून येता. वचूंक जाय म्हाका. मावस भयण ती म्हगेली.'

मांवाक सकयल देंवन ताका आडावचेलो धीर नासलो. तो वोगीच रावलो. तो घरा येयलो आनी ग्लासभर उदक घटाघट पिवन तसोच उपाशीच न्हिदलो. पूण त्या दिसा तें सांज मेरेन येयलें ना.

एक दीस गेलो, दोन दीस गेले, चार दीस गेले, तें कांय येयलें ना. हुसक्यान मांवाचो जीव मरूंक तेकलो. ताणें शेजारच्या महादेवाल्या चेड्याक कांतूक गंगागेर

धाडून दिलो. कांतू रोकडोच सायकलीर वचून येयलो.

'कितें सांगतालें रे तें? आसा बरें?'

'आसा. कांय दीस रावता म्हटलां.'

'तुजेसरी उलयलें बरें?'

'ना. चड उलोवंक ना. दारांतल्यान उलयलें आनी भितर गेलें.'

गांवांत कांतूसरींच तें चड मेकळेपणान उलयतालें. आतां कांतूसरीय उलयलें ना म्हणटकीर मांव चडच हुसक्यान, चिंतनान घुस्पलो. म्हजें कितें चुकलें देवा! कसलें पातक केलें हांवें! आदी केल्ली चूक निवळावंक हें नाटक केल्लें. पूण तें बरें वयचें ना अशें दिसता! म्हाका आता आनीक जगचें उरलें ना.

तो सारके दीस मेजतालो. तीस दिसांनी लग्नाक कायदेशीर शिक्को बसतलो आसलो. ह्या दिसांनी ताणें जेवण खाण सोडिल्लेंच म्हटल्यार जाता. मनाक मारल्यार कितें शिजोवप नातर ना. इतल्या वर्सांची जाल्ली सुनेची संवकळ. सारकी ताची पावलां वाजिल्लो, सावळी हालिल्लो भास जातालो. तें घर रितें उडोवन गेलां म्हण होलमतकीर मनाचे उतळताप वाडटाले. तें आतां हांव आसासर ह्या घरांत येत शें दिसना. म्हज्या मरणाक रावता तें!

तीन दीस सरतकीर तो एक दीस रामपुरा तालुक्यांत वचून येयलो. लग्नाचें प्रमाणपत्र, तेन्ना इश्टान काडिल्लो फोटो, पेन्शनाक करच्या अर्जाचो नमुनो घेवन येयलो. पूण सून कांय परत येवंक नासली. सुनेचे वथरणेन जीव हांथरूणाक लागिल्लो. सगळी शक्त हातापांयांतल्यान गळून गेल्ली. काळीज मोव पडूंक लागिल्लें. आपणाच्यान हे मुखार सुने फुड्यान उबें रावंक जावचें ना अशें दिसतालें.

सुनिता आपली मांवसभयण गंगासरी एक म्हयनो रावलें. गंगाक ताणें सगळें सांगलें. पूण तें थंड. बरें म्हणना, वायटय म्हणना. वचय म्हणना, रावय म्हणना.

गंगाल्या घोवान मात निमाणें सांगलें, 'बरो मनीस तो. मनान काळजान व्हड. ताचीं लाकडां मसणवटींत पावल्यां. नातर ताका कित्याक पडिल्लें? सुनेचोच हुसको म्हण ताणें हें सगळें केला. इतलीं वर्सां केली तुवें तागेली सेवा. आता निमाणो असो वाऱ्यार सोडून दिवं नाका.'

आंगावेलीच साडी फाफुडली शी करून सुनिता नीट न्हेसलें. गंगाक म्हटलें, 'हांव वयतां घरा.'

गंगा, 'राव, च्याव पिवन वच' म्हण भितर गेलें. च्याव करून च्यावे कप हाडून दितकीर ती पिवन सुनितान सट् करून म्हटलें, 'बाय, म्हज्या कपलाक इल्लो कुंकुम लायता?'

गंगा, 'ना, हांव लायना' म्हण भितर गेलें. सुनिताक आपलोच भारी राग येयलो. कित्याक म्हण हांवें अशें म्हटलें. म्हजी तकली पाड जाल्या काय कितें!

तें घरा पावलें तेन्ना सकाळचीं धा वरा जावन गेल्लीं. पूण घरांत भायर भितर सगळें सामसूम. घरांतलें मांजर आंगाची पोटली करून दारांत पडिल्लें. तेंवूय बशिल्लेकडचें उठलें ना. ताणें म्यांव केलें ना. अशें कशें हें. सद्दां पांयांत घुस्पतालें तें आतां पळोवन उठय ना!

दार बेठेंच आड केल्लें आसलें. घरांत काळोखसो शेळावसो भरून आसलो. सगळें घर जबर शियांत गोठेवन उबें आसा अशें दिसतालें. 'बाबा, खंय तूं' म्हणिल्लीं उतरां ताच्या ओंठार येयल्लीं पूण बेगीबेगीन ताणें तीं फाटीं घेतलीं.

तें चोर पावलानशें भितर गेलें. सालांत कांय वेळ वोगी उबें रावलें. मगेर ल्हवच मांवाले कुडींत भितर सरलें. मांव खाटीर हात पांय पसरोन पडिल्लो. जनेलांतल्यान येयल्लो उजवाड सारको ताचे कुडीर पडटालो. उशासरींच कागदपत्राचो एक लाखाटो आसलो. कूड मात सामकी थंड. मातशीय हालना. ताका दुबाव येयलो. तें मुखार गेलें. ताचे पांय, ताचें हड्डें, ताचें कपल ताणें सांसपून पळयलें. ताका कळ्ळें. मांव मरणा सुवादीन जाला. तेन्ना ताणें पळयलें, मांवाल्या तोंडाच्या एका कोनशांतल्यान उग्र वासाचें कसलें तरी वखद व्हांवता. खाटीसकयल एका तश्याच वासाची बाटली पडिल्ली आसा.

पूण ताणें किंळाच बी मारली ना. रोकडेच लोकांक आपयले ना. तें मांवाचो पांय धरून रडूंक लागलें. बरोच वेळ एकलेंच रडत आसलें. जशें ताच्या मरणाचें दुख्ख आतां एकल्यानच भोगचेलें ह्या चिंतनांत.

***

अस्तित्व

“दोतोर, म्हाका कशेंय करून ताचेकडच्यान एक भुरगें जाय!”

“तुमच्या लग्नाक पांच वर्सां जालीं. इतलो तेंप एक तरी भुरगें जावंक दिवंक जाय आसलें तुमी. आतां परिस्थिती इल्लीय अनुकूल ना. केन्ना कितें जायत सांगू नज.”

“कितें जालें जाणां दोतोर, आर्दीच आमचें लग्न इल्लें उसरां जाल्लें. हांव तेन्ना अठ्ठावीस वर्सांचें आनी तो पस्तीस वर्सांचो. तरीय दोन वर्सां भुरगीं नाकात म्हण आमी थारायल्लें. पयस पयस भोंवन येवंचें, लग्न बरें ॲन्जॉय करचें आमच्या मनांत आसलें. उपरांत देडेक वर्स ताका असायनमेंटाचेर जम्मू वचचें पडलें. म्हजें हांगां कॉलेज. परत येतकीच स म्हयन्यातच ह्यो प्रकृतीच्यो कटकटी सुरू जाल्यो.”

“इतलें कशें आंगार काडलें हें दुयेंस? तेन्नाच कितें उपाय करूं येतालो.”

“कितले दोतोर केले? पयलीं लिव्हराचो त्रास म्हण सांगलें. हेपटायटीसची ट्रिटमेंट दिली. आता निमाणें हें अशें म्हण कळ्ळां.”

“लिव्हर कॅन्सर हो असोच. व्हडल्या व्हडल्या दोतोरांक गोंदळांत घालता. सदांच चुकीची ट्रिटमेंट जाता. आतां ह्या स्टेजार कांयच करूंक जावंचें ना. तो ऑरगनच असो, ताचेर दोतोराक जाय तशीं शस्त्रां चलोवप शक्य नासता. हेर ट्रिटमेंटांय तितलीं फळादीक जावंचीं नांत.”

तें कांयच उलयलें ना. दोळ्यांत दुकां घेवन दोतोराक हताश पळयत रावलें.

"पूण तूं आता भुरग्याचो हट घेवन कित्याक बसलां. तूं इतलें शिकिल्लें, कॉलेजांत शिकोवपी तूं."

"दोतोर हांव तशें वांज न्ही. तरी कित्याक नकळो, संवसारांत अस्तुरेचें सगळ्यांत व्हड दुख्ख भुरगी जायनासतना वांज जावन रावचेलें. हे भावनेचें मूळ खंय आसा नकळो. म्हाका दिसता सैमानच हें मूळ अस्तुरेच्या मनांत रिगोवन दवरलां. आतां होच निमाणो खीण म्हज्या हातांत आसा. ताकतीक जावंक जाय. ह्या दुयेसांत ताचे कडच्यान जाल्लें भुरगें मनाकुडीन दुबळें, पिडेस्त जातलें दोतोर?"

"ना. ती शक्यताय सामकी उणी. ह्या दुयेसां भायर आनीक कितेंय कारण आसले बगर भुरगें दुबळें जावचें ना."

"जालें तर. जाता तितले बेगीन भुरगें जावंचेली माण्णी करात तुमी."

तें सैमीक पध्दतीनच जाल्लें चड बरें. तो आता मनान खूप भावूक जाल्लो, निर्शेल्लो आसतलो. तुवें भोव हुशारकायेन ताका शरिरसंबंदाक तयार करूंक जाय. तुजी कसोटीच ती.

"बरें दोतोर, उपकारी आसां." तें उठलें. पूण ताच्या गात्रांत उमेद नासली. हेदोळ ओले जाल्ले दोळे आजून तशेच आसले.

दोळे पुसून तोंड बळयां हांसकुरें करून ताणें वाटेंत एक जायेचो सर घेतलो आनी तो केंसांत माळ्ळो. घरा येयल्यार घोव वारांदांत आरामखुर्चेचेर मान उडोवन बशिल्लो. ताच्या चेहऱ्यावयलें निर्शेणेचें, चिंतेचें सावट इतलें जाड आसलें, निर्मलाक दिसलें, हें सावट म्हज्यान कशेंच पयस करूंक जावंचें ना. जावं निर्मलाल्या पावलाच्या आवाजान, जावं ताणें माळिल्ल्या जायेच्या सराच्या सुवासान ताणें दोळे उकते केले. निर्मल फुलां माळून येयलां हाचें ताका आदीं बरेंच अजाप दिसलें. तरी ताणें फुलां माळ्ळ्यात, तें इतलें आनंदी आसा म्हण होलमतकीर ताका बरें दिसलें.

ताचे कुशीन खुर्चीत बसत निर्मलान विचारलें, "दिनेश, तुका कसलो त्रास बी जाल्लो. प्रेमान वखदां दिल्लीं न्ही."

"ना. आसां हांव बरो. घेतिल्लीं वखदां."

आवाजांत हुनसाण नाशिल्ली. "पळय, हांवें फुलां माळ्ळ्यात. येता न्ही वास?" ताणें आपलें माथें ताच्या हड्ड्यार दवरलें. ताणें माळिल्लीं फुलां ताच्या नाका मुखार आयलीं. तरीय तो थंड.

"म्हज्या केंसांतल्यान हात भोंवडायनां?"

ताणें ल्हव ल्हव निर्मलाचें माथें पुराय आपल्या हड्ड्यार घेतलें आनी ताच्या केंसांतल्यान तो हात भोंवडावंक लागलो. निर्मलाचें दोळे दुकांनी भरून आयले. दुकां पोल्यार देंवलीं. पूण ताचें तोंड दिनेशाचें आड दिकेक आसलें म्हण तीं दिनेशाक दिसलीं ना. आता तें बेगीबेगीन उठलें. "वॉश घेवन येतां आनी च्याव करतां" म्हण भितर गेलें.

वॉश घेवन ताणें सदांचीं घरांतलीं वस्त्रां न्हेसलीं नांत. पोन्ने पूण बरें लॅव गुलाबी रंगाचें फुलाफुलांचें पातळ तें न्हेसलें. आंगाक पोल्क घालिनासतना पदरच हड्ड्यावयल्यान घेतलो. नितळ धुविल्ल्या तोंडार मातसो पावडरी हात भोंवडायलो. पदरार इल्लें अत्तरय मारून घेतलें. जायांचो सर परतो माळ्ळो.

पूण हें सगळें करतना, इतलें सगळें चिंततना, तें इल्लेंय उत्तेजीत जावंक ना. भायल्यान भितल्ल्यान सामकें थंड. तें चिंतताले, म्हजेंच अशें बर्फ तर ताका कितें हुनसाण दितलें हांव! तरी ताणें थारायलें, आतां एक्कय संद सोडप ना. आतां कशेंय केन्नाय ताका आंगार ओडून घेवंचें. रावप ना. ताका सांगतलें हांव म्हजी भुरग्याची इत्सा! ही एक इत्सा कशीय करून पुराय कर म्हणटलें!

प्रेमा रातचे रांदून दवरून गेल्लें. तो हुसको नासलो. निर्मल येवन दिनेशाचे कुशीक बसलें. ताच्या खांदार, ताचे छातयेर पडटां पडटां दोनय मांडयांर आडवें जालें. अशें करतना ताचो पदर हड्ड्यावयलो पुराय कुशीक सरलो. मांडयेर पडिल्लेकडेन ताणें म्हळें, "लग्न जाल्लीं तेन्ना तूं म्हाका उखलून घेतालो आनी भिरभिरें कशें कूडभर नाचयतालो. उखलून घेवंचें आदीं कितें म्हणटालो याद आसा?"

"हें आज तुका कितें जालां निर्मल?"

"तूं कितें म्हणटालो जाणां, तुजे परस तुज्या आंगावेल्या वस्त्रांचोच भार चड म्हाका. लग्नाचीं पयलीं दोन वर्सां खूब ॲन्जॉय केलीं न्ही?"

"आज तुका कितें जालां निर्मल?"

"यो, बेडरूमांत या. कितें जालां तें सांगतां." तें ताका ओडून घेवनच गेलें.

एके वटेन दुकां गळयत तरीय फिशालकायेन ताका उमेद हाडून तांणी नीट शरिरसंबंद केलो.

परत तीं भायर येवन बशिल्ले कडेन दिनेश ताका दुबावानसो पळयत रावलो. "निर्मल, हांव असो मरणाक तेंकिल्लों दुयेंत. म्हाका हें तांकचें ना तरीय म्हजी चेश्टा केल्ले वरी हें तुवें कितें आडायलां? म्हजे फाटल्यान कशें रावतलें तूं?"

निर्मल आतां दुखावलें. ताका मिठी मारून ताका रडचें अशें दिसलें. ताणें म्हटलें, "तुजे उपरांत म्हाका तशेंच व्रतस्थ, पवित्र रावंक मेळचें म्हणच हो म्हजो यत्न. भुरगें जाल्ली बायल एक आवय म्हण सगळ्यो मर्यादा पाळटा असो म्हजो भावार्थ. म्हाका असो एकसुरो सोडून वतलो?"

"कसलीं कुवाडीं घालता तूं? आदींच म्हज्या मॅडिकल रिपोर्टाचीं कुवाडीं सोडयतां सोडयतां हांव तेंकलां."

"कुवाडीं न्ही दिनेश. म्हाका तुजे कडच्यान एक भुरगें जाय. तूं जाणां, जाता तितले बेगीन तें जावंक जाय."

"निर्मल, पिशेपणां करूं नाका ! कशें शक्य आसा तें? हांव आतां मरणाक तेंकिल्लो पेशंट. म्हज्यान जावचें ना गो. म्हजी इत्सा मेल्या. कितलें सोबीत, कितलें फिशाल तूं. पूण हांवच कर्मकट्टो."

"अशें म्हणूं नाका तूं. निमण्या खिणा मेरेन जिवीत तर जगूंक जाय न्ही. ते तितल्याच आनंदान जियेवचें आनी एक सांगूं, मरणां उपरांतूय जिवे उरची एक संजीवनी सैमान आमकां दिल्या."

"कसली म्हणटा?" ताणें भोव थकिल्ले वरी विचारलें.

"भुरगें आशिल्ल्या मनशाक मरणच नासता. खरें म्हटल्यार आमच्या रगताचो प्रवाह, आमचो श्वास, आमची काळजाची हुडी आमी भुरग्याक दिवन मरतात. आमच्याच बिजा पासून वाडिल्लीं तीं आमचीच जीण मुखार व्हरतात. फाल्यां तुजें भुरगें तुजेंच रूप घेवन म्हजे सामकार आसतलें."

"अशें म्हणटा?"

"दिनेश, असो पुरो जाल्ले वरीं कितें करता तूं?"

"खरें सांगूं, असाध्य पिडेचो पेशंट निर्शेणेन, मरणाच्या भंयानच अर्दो मरता. फुडार चिंतुकूच भियेता."

"पांयें पडटां. उपकार मागतां. इल्ली उबारी धर दिनेश!"

"ना म्हणना. तुजो हक्क तो घोवा कडेन भोग मागचेलो, भुरगें मागचेलो. पूण म्हजी शक्त पावतली?"

"मनाची तयारी कर दिनेश."

"हांव यत्न करतलों. निमाण्या खिणा मेरेन यत्न करतलों निर्मल!"

ताणें ताका एकदम वेंगेंत घेयलें आनी तें रडूंक लागलें.

तो अन्न वचना जावन खूब भागिल्लो. कुडिची शक्त शेणोवन बशिल्लो. पूण निर्मलान ताका खूब धीर दिलो, उबारी दिली. वकतार चेतयलें, पेटयलें.

निर्मलाक दर फावट एक कळटालें, कुडिचें सूख खऱ्यांनीच पूर्ण आनंद दिवपी खरें, पूण मरणाच्या दारांत निर्शेणेन, हुसक्यान मन मेल्लें आसता, मनीस दुभंगिल्लो आसता तेन्ना ती ख्यास्तच थारता.

शेवटाक निर्मलाली जिद्द, ताचे यत्न, ताची चतुरसाण फळाक येयली आनी ताका दीस गेले! ताका दीस गेले आनी घरांतलें वातावरण बदललें. लिव्हरांत कॅन्सराचीं पाळांमुळां खोल गेल्लीं आसुनय दिनेशाचें मन ल्हव जाल्लें. तो आतां निर्मला सरीं भुरग्या विशीं उलोवंक लागिल्लो. केन्ना पडिल्ले कडेन निर्मलालें फुलतें पोट आपल्या पोशांत घेतिल्ले वरी करून ताका आपलें तोंड लावन बसतालो. म्हणटालो, "आतां म्हाका मरणाचें भंय दिसना जावंक लागला निर्मल! येवं दी मरण!"

निर्मल मागीर उल्हासीत जावन म्हणटालें, "मरणच ना तर मरणाचें भंय कसलें?"

"अशें कशें म्हणटा तूं?"

"तुज्या बिंयाचो कोंबच वाडटा न्ही हांगा. फाल्यां तो पुराय मळब व्यापतलो. तुका आनी मरण खंयचें? आतां अजरामर तूं!"

कुडिचे ते अवतिकायेंत दिनेश हांसलो.

"हांव जाणां निर्मल, म्हज्या कुडिच्या मरणाचें, उलटें मेजप सुरू जालां. तरीय हांव आतां मर मेरेन म्हजे कुडिची एकेक क्रिया तुज्या पोटांतल्यान म्हज्या भुरग्याक भेटयत रावतलों. म्हजें चिंतप, पळोवप, आयकुवप, श्वास घेवप, रगताचें व्हांवप, तुजे विर्शिचो म्हजो मोग एकेक करून ताका भेटयत रावतलों. शेवटाक कुडिचो काथो उरतलो मरणाचे सुवादीन करूंक."

निर्मलान ताका वेंगेंत घेयलें आनी ताचो जिवाच्या आकांतान एक लांब उमो घेयलो. हांसत म्हटलें, "अर्दो पावलो तूं ताका आनी म्हाका."

कणा कणान कूड पागळूंक लागिल्ली. मरण एकेक पावल मुखार घालीत

आसलें. मरणाच्यो सांवळ्यो दोळ्यां मुखार हालूंक लागल्यात म्हण होलमतकीर एक दीस दिनेशान म्हटलें, "निर्मल, तुजो हो सातवो म्हयनो. फायचे णव तारकेक सातवो सरून आठवो लागतलो. उणे म्हणटा ते अजून सव्वा दोन म्हयने. तो मेरेन हांव वांचनसो दिसना."

ताची सामकी थकिल्ली कूड, खोल खोल गेल्लो आवाज पळोवन निर्मलाक खूब वायट दिसलें. ताका दिसलें, आपणें कितल्योय पळवाटो काडल्यो तरीय घोवालें मरण आपणाच्यान आंगार घेवंक जावचें ना. भुरगें पोटांत आसतानाच तो गेल्यार हांव दुख्खान मरतलें. आतां ताका राखूंक जाय. तें ताका बेठेंच थापटीत रावलें. ताणें खोल उस्वास घेत म्हटलें, "निर्मल, म्हाका भुरग्याक पळोवपाची खूब इत्सा आसली. फाल्यांचें म्हजें अस्तित्व कशें आसतलें हें पळोवंची म्हाका उमळशीक लागल्या."

"तुका कांयच जावंचें ना दिनेश. फकत अजून देड म्हयनो."

"देड म्हयन्यांची खबर सांगता तूं. म्हाका दिसना देड म्हयनो काडीन म्हण हांव."

निर्मल वोगीच रावलें. मदीं एक दीस ताका दुखिचो खर ॲटेक येवन गेलो. तो सारको वयर सकयल जायत दुखीन सोंशेतालो. कुडीक पिळे दितालो. डॉक्टराक आफोवन हाडून मागीर मोर्फीनचें इंजेक्शन दिलें. बळाबळ आनीक एक म्हयनो गेलो. तो हांतरूणार आसलो.

"निर्मल, म्हाका म्हजें मरण आतां कळून आयलां. आठ दिसांत सगळें आटापतलें. भुरग्याक पळोवची खूब इत्सा आसली. आपलें अस्तित्व कशें मुखार सरलां तें म्हाका पळोवंक जाय आसलें. तुवेंच आस्त लायिल्ली." उलयतां उलयतां ताका घरघरी लागिल्ले वरी जाली.

"तूं मातसो घट राव दिनेश. असो एकदमच धीर सोडूं नाका."

"ना. आनीक कशेंच जावंचें ना. मरण खूब लागीं पावलां. निर्मल, सिझेरीयन करून भुरग्याक जल्माक घालूंक जावचें ना? बेगीन जाता तितलें बेगीन."

निर्मलान सामकें अजापान ताचे वटेन पळयलें. पूण तें ओंटां चाबून वोगीच रावलें. बरोच वेळ ताणें जायतें चिंतलें. मागीर आपलो जड देह राखत तें उठलें. दिनेशालो धाकलो भाव आयल्लो आसलो. ताका दिनेशासरीं दवरून तें प्रेमाक घेवन डॉक्टराक मेळूंक हॉस्पिटलांत येयलें. आपलो घोवय आपले वटेनच येयलो

म्हण ताका इल्लें बरें दिसतालें.

डॉक्टर खूब कामांत आशिल्लो. भायर कितलेशेच पेशंट बशिल्ले. भितर वॉर्डांनी धांदळशी चलताली. तें आयलें आनी मुर्वत सोडून सरळ डॉक्टरा मुखार वचून बसलें. डॉक्टरान ताका नाखोशयेनच पळयलें. मगेर ताणें विचारलें, “इतली ताकतीक कसली लागल्या? नंबर नासतानाच भितर येयलें तूं?”

“ताकतीकच आसा दोतोर. भुरग्याल्या बापायची खिणाची शाश्वती ना. ताका भुरगें पळोवची इच्छा आसा.”

दोतोर सगळें जाणां आसलो. “मागीर, कितें करूया म्हणटा? कितें उपाव आसा ताका?”

“दोतोर म्हाका प्रीमॅच्युअर डिलिव्हरी जाय. तुमी दिल्ले तारकेक एकतीस दीस उणे आसात. हांव सिझेरीयन करून घेवंक सोदता!”

“कितें?” डॉक्टर कांय वेळ गोंदळांत पडलो.

“दोतोर, हातूंत कितली रिस्क आसा?”

“म्हयन्या आदींच डिलिव्हरी. तशी इल्ली रिस्क आसाच.”

“कितले टक्के?”

“भुरग्याक पांच ते धा टक्के. आवयक तशी रिस्क ना.”

निर्मल आदी मातशें कांचवेले वरी जालें. मगेर कांय खिणांतच ताणें सांगलें, “हांव आज सांजचेंच ॲडमीट जातां. फाल्यां सकाळीं सिझेरीयनाची व्यवस्था करात. प्लीज दोतोर.”

“अजूनय विचार कर तूं.”

“हांवें विचार केलो दोतोर. ताणें खूब सोंसलें. म्हजें सगळें मानलें. ताची ही निमाणी इत्सा पुरी केली ना जाल्यार जल्मभर म्हज्या मनाक लागून उरतलें. ताचे खातीर कितेंय करूंक हांव तयार आसा. ना तर ताका फटयल्लेवरी जातलें.”

“तुमची दोगांचीय लिखीत मान्यताय जाय पडटली.”

“आमी ती दिवंक तयार आसात. उपकार करात दोतोर.”

“तशें जाल्यार यो तूं. येवन ॲडमीट जा. तपासून सगळे रिपोर्टस सांजचेच तयार करूंया.”

तें उठलें. “उपकारी आसां दोतोर.”

दुसऱ्या दिसा, भितर सिझेरीयन चलतालें तेन्ना दिनेश बळाबळ येवन भायर

आरामखुर्चेंत पडून आसलो. ताच्याच हटा वयल्यान ताका हांगा हाडिल्लो. तो मान उडोवन पडिल्ले कडेन चिंततालो, "हांवें कित्याक हो हट धरलो? कित्याक निर्मलाक फोर्सार केलें? हांव एक इलेक्ट्रॉनीक इंजिनीयर. इतलो कसो मोहाक बळी पडलों! मनशाली दर पिळगेची, जल्म जल्माची इच्छा, म्हजो वंश वाडचो, म्हजो वंश वाडिल्लो हांवें दोळ्यांनी पळोवंचो! काय सैमाची ही वेठबिगारी ! सैमाचें सातत्य राखुंकूच आमी आमकां गोळाक लायतात काय किर्ते! आमी राखचें सैमाचें सातत्य, आनी ह्या निश्ठूर सैमानच म्हजेर हें अरिश्ट घातलें ना! सैमान कसल्या जंजाळांत सापडायलां आमकां! ताका अचकीत उबगण आयली जिविताची.

भितर बारीक चीं चीं सो रडिल्लो आवाज येयलो. सगळीं चिंतनां विसरून दिनेशान कान फुलयले. तो उमळशिकेन वयर सकयल जावंक लागलो.

कांय वेळान भावान आनी एके नर्सीन धरून ताका भितर व्हयलो. चलोच आसलो. भुरगें अजूनय आवयल्या पोटांतल्या जीवनरसान तशेंच लेपडायल्लें आसलें. पूण तें तितलें दुबळें नासलें. तो कोणावरी दिसता, म्हजे वरी काय निर्मला वरी काय आनीक कोणा वरीं, दिनेशाक कांयच कळ्ळें ना. ती आपली आपली एक स्वतंत्र निर्मणी अशें दिनेशाक दिसलें. आमी वोगीच थुळेवचें आपलें आपलें म्हण. खरें म्हटल्यार हें सैम संभोगांतल्यान जल्मल्लें सैमाचेंच भुरगें. पूण निर्मलाल्या चेहऱ्या वयलो उपाट व्हांवन वचपी आनंद, हांसो पळोवन तो आदीं मातसो कचरलो आनी मागीर ताकाय बरें दिसलें. ह्या नव्या जल्मांत तें म्हजें मरण विसरलां म्हण कळटकीर ताका सोताचें मरण इल्लें सुखाचें दिसलें. शेवटाक जल्मानच मरणाक भरून काडचें आसता न्ही!

***

पेट्टी सावळी

शकुंतलाक राती मध्यान रातमेरेन गरमेच्या उज्यान झेमच पडूंक नासली. सकाळच्या पाराक मातसो दोळो लागिल्लो. सकाळीं जाग येतकीर जनेलांतल्यान भायर पळयल्यार सूर्य उदेंवचोच आशिल्लो. पूण दोंगरामाथ्यार आतांच उजो पेट्टूंक लागिल्लो. आनी अख्खें क्षितीज पेट्टा अशें दिस. तें भियेल्लेवरी जालें. ताणें मनांत म्हळें, अजून एक पेट्टो दीस. आनीक एक फावट सोताक ह्या रखरखांत हुलपावन घेवंचें. अचकीत ताजो हात ओटीपोटार गेलो आनी तें ल्हवल्हव सासपूंक लागलें. निकतोच कोंबेल्लो एक माणकुलो रोप हांगा मूळ धरता आनी भायर रणरण वोतांत मळबाक तेंकून गेल्ले रूख लेगीत हुलपावंक लागल्यात. पाळांमुळान उदक ओडून घेवंचेंच बंद केलां आनी तांचीं शिरंतरां रिर्ती पडल्यांत. धर्तरेचो पानोच सुकला थंय कोण कितें करतलो?

गेल्लें अख्खें वर्स पावस पडूंक ना आनी हे वर्साकय श्रावण सोंपलो तरी उदकाचो थेंब ना. धाळेल्लीं शेतां, रित्यो बांयो आनी तळीं करपूंक लागिल्लीं. झाडांझोपां, तानेल्लीं मनशां आनी तानेभुकेन चोंयवाठारांनी धांवपी गोरवांवासरां! मळबाक तर पर्डीग तिठ्यावरी उजो पेटला. दिसानदीस दोळो लावन बसल्यार एक सुपायेदें कूप लेगीत दिस्टी पडना. मळबांत फक्त ह्या दिसांनी गिदां भोंवतात. रानांवनांत पडिल्ल्या गोरवांचो घास घेवंक.

फांतोडेर उठून किटकिटपी ह्या आंब्यारूखावेलीं सवणीय खंय गेलीं?

खंयच्या दिगंतराक! कित्याक म्हण हीं इतलीं बेदिनवासी जालीं. तांची तरी कितें चूक. तांच्या घोंटेराकय उजो बादला.

शकुंतलाचो घोव नंदा म्हऱ्यान आयलो. ताणें म्हळें, "सकाळी सकाळींच हुमेन बुडलां मुगो तूं. बरें दिसना गो जिवाक?" शकुंतल बेठेंच सुसकारलें.

"उठ मुगो, मातशें भायर वारांदांत वच. बरें दिसतलें."

"नंदा आमी पर्थे या आमच्या कारवारा!"

"इतले बेगीनच रजा मेळची ना गो. सरकारान आमकां ज्या कामांखातीर ह्या गांवगिऱ्या वाठारांत धाडलां तें काम निकतेंच सुरू जालां. हांव तुका पयलींच सांगतालों, तूं येवं नाका. तुज्या जिवाक मानवचें ना हें. पूण तूं म्हाका सोडून रावंक तयार ना जालें आनी हट्ट करून आयलें. आतां वर्स सवा वर्सांतच उबगलें."

"म्हणजे आतां हातुंतल्यान सुटकाच ना?"

"अजून एक म्हयनो तरी रावचें पडटलें."

"आनीक एक म्हयनो ह्या फुफाट्यांत पडून रावचें म्हज्यान जातलें! आमच्या कारवारा ह्या दिसांनी घोग्यांनी पावस पडटा दिसतलो. व्हाळ, न्हंयो घोग्यांनी भरून व्हांवतात दिसतल्यो. पावळ्यो धार तोडी नासतना रकतात दिसतलो आनी ओल्या धर्तरेवेलो पाचवोचार सैम पावस आंगार घेत थुळेता दिसतलो आनी आमी हांगा शेकड्यांनी मैलाभायर वोताच्या रखरख्यांत!"

"आर्दीच तूं मनान मोंव, सामकें सोशा काळजाचें आनी तातूंत हें कितें कितें चिंतीत रावता."

"तूं जाणां नंदा, गुरवार बायलांक दुवाळे लागतात म्हण जाणां?"

"तुका कसले दुवाळे लागल्यात व्हय." नंदा ताज्या म्हऱ्यान गेलो. ताका मोगान पोशेवंक लागलो. "सांग गो कसले दुवाळे लागल्यात ते. तुका जाय तें खंयच्यानय हाडून दीन हांव."

"नाका, सांगल्यार तूं हांसतलो म्हाका."

"सांग तरी मुगो."

"नाकाच."

"सांग गो शकुंतल!"

"म्हाका पावळी गळटना पळोवंचें अशें दिसता. खूप खूप पावस पडचो. पावळेंतल्यान घोग्यांनी उदक देंवचें आनी तें वारांदांत बसून पळेत रावचें!"

“पिशें तूं, पिसाय!”

“हांव सांगूंक नाशिल्लें तूं म्हर्जी फकाणां करतलो म्हण.”

इतल्यान नंदान जनेलांतल्यान पळेलें, एक जीप पयसुल्ल्यान येताली. जिपी फाटल्यान तांबडो धुल्ल राशीनी हुडटालो. धर्तरी धरून मळबमेरेन सगळें धुळीनच भरून गेल्लें. नंदान म्हळें, खात्याची जीप येता दिसतली म्हाका व्हरूंक. तो बेगीबेगीन भायर गेलो.

शकुंतला उठून भायर आयलें. जीप पेल्यान गेटीभायर उबी आशिल्ली. ताजेर सगळो तांबडो धुल्ल माणिल्लो. चलोवपी जिवाक उबगल्लेवरी स्टेअरींगाचेर ओणोव घालून वोग्गी बशिल्लो. ताणें नंदाक शिटकावंक म्हण लांब हॉर्न माल्लो. शकुंतलाक ताजी तिडक माल्ली. पूण ताणें चिंतलें, पयलीं हो असो नाशिल्लो, जीप थांबोवन नमळकायेन दारांत येतालो. ‘सायब, जीप घेवन आयलां’ म्हण सांगतालो जाल्यार शकुंतलाक भाभी म्हण पाचारतालो. आतां ताजी अशी अवतिकाय कित्याक जाल्या!

कामाक आशिल्लो मनीस म्हादेव टेंकर येवची वेळ जालो म्हणीत दोन बालद्यो घेवन गेलो. इतल्यान भायर कसलो तरी बोवाळ जालो. लोक घे हातांत मेळत तीं आयदनां घेवन धांवतालो. लोकांचो कुलकुलाट, धांवपी पावलांचो धप्पधप्प आवाज, आयदनां हापटिल्ल्यांचो खडखड, हाजेन तो वाठार भरून गेलो. शकुंतलान मनांत म्हळें, चौकांत उदकाचो टेंकर आयला दिसतलो. ताज्या मनांत एकच फावट तिडक आनी निर्शेवणी भरून आयली. पोटांत कलकलूंक लागलें. शी कसलें हें अवचिन्नपण. उदकाक लागून मनशार हो सांवार!

तें मान्यांत आयलें. हाणयेची तळ बरगून ताणें तांबयो भरून घेयलो. आनी कंटाळलेशें करून तोंड धुलें. त्या शेळ्या उदकाच्या स्पर्शान ताका नाकाच दिसलें.

घोव घरांतल्यान गेलो आनी घर सुन्न जालें. आतां ताका भोवच उदकाची ताळणी लागली, दिसूंक लागलें, दोडी भरून भरून बांयच्यान उदक हाणीर मारून हाडचें. सगळे हाणयों, तोप, तोपली उप्पट भरून दवरच्यो. बांयतल्यान उदक काडून न्हांवन्हांव न्हांवचें. सामकें बुडून वचचें. ओल्या केंसानच घरभर वावुरचें!

तें रांदचे कुडींत गेलें आनी मोन्यानीच कामाक लागलें. म्हादेव दोन व्हडल्यो बालद्यो घेवन आयलो. बालद्यो दवरून सामकें पुरो जावन धापेवंक लागलो.

ताणें म्हळें, ‘बाय, बालद्यो रित्यो करून दिशी जाल्यार आनीक एक बालदी तरी भरून मेळटा काय चयतां. टेंकरासरी लूट पडल्या.”

शकुंतलाक ताजी काकुळट दिसली. ताजे मनशेवेणे अचकीत हुडून तागेल्या गांवच्या पाण्ट्यार पावलें, पाण्ट्यार धिमीबर उदकांत उबें रावून ताणें घसघस घालीत कपडे उमळ्ळे, शेवयले, पिळ्ळे, पर्थे उदकांत बुडयले. उदकांत पडिल्ल्या भोवऱ्या वांगडा तें गिरगिर गिरगिरलें. तें गळोभर उदकांत बुडलें.

आमच्या कारवारा कितलें उदक! ह्या दिसांनी न्हंय, व्हाळ, तळय, तळी, बांय, बायकुलां गडगंज भरून ओततात दिसतलीं. शेतांनी तर धिमीभर उदक! शेतांतलें उदक घसघस्स भाणयत वचूंक कितलें बरें दिसता!

सांजचें वोत मोव जातकीर तें घरांतल्यान भायर सरून भोंवतणच्या बागात भोवंक लागलें. पूण बागाची रयाच गेल्ली. पोनांत हुलपल्ली माती आनी वेल्यान वोताचो रखरख. पानांचो हरवो रंगच हुडून गेल्लो आनी झाडां हांथरूणाक लागिल्ल्या वायटकारावरी दिसतालीं.

हो राजआंवाळो तें आयिल्लें तेन्ना येद्दो धोंपरायेदो आशिल्लो आनी उस्तवारी नाशिल्ल्यान सामको मर्णाक तेकिल्लो. पूण शकुंतलान मायेन ताका वाडयलो. नेमान उदक सारें दिलें. पळेता पळेता तो रथ कसो वाडूंक लागलो. बेस बरो हरवो ताल्ल दिसूंक लागलो आनी शकुंतल ताजेर जीव लावन बसलें. सद्दा सकाळीं उठटकीर तें ताज्या मोरपाखांवरीं पानावेल्यान हात भोंवडायतालें. नेमान तुळशीक उदक घाल्लेवरी ताज्या मुळांत एक बिदूल रकयतालें.

ताज्या मामागेर असोच एक राजआंवाळो आशिल्लो, बांयच्या धडयेर. मामागेर गेलें की तें ताजे आंवाळे बडयेन कोंचून काडटालें आनी मिठावांगडा खातालें. खावनखावन दांत आमट करून घेतालें. भुरगीं बांयधडयेर मिरयतात, बांयत पानां पडटात म्हण मामान एक दीस तो आंवाळो माल्लो. तेन्ना शकुंतल भोव रडिल्लें. जायते दीस ताज्या सपनांत आवाळ्याचे घोसच घोस येताले. ताजी मोरपाखांवरी पानां दोळ्यांमुखार हालतालीं.

आनी हें जीव लावन वाडयिल्लें झाडय सुकून वचूंक लागलां. सकयल्लीं पानां सुकल्यांत आनी वेलो तुरो तितलोच जिवो आसा. ताका थर्त भिरांत दिसताली, हाच्या तुऱ्याक खंयच्याय खिणाक उजो बादतलो आनी तो सुकून वतलो!

तें बांयकडेन आयलें आनी ती खोल रिती बांय पळोवन ताच्या पोटांत

सरसरून एक पोकळी रिगत गेली. ताणें भिये भियेत मान बागोवन सकला पळयलें. ताका ती मनीस खायरी बुरशी राक्षीण कशी दिसली. पोनांत फक्कत सुको चिखोल आनी वाकडी तिकडी व्हड व्हड बिळां. हातूनच एके काळाक उदक भरिल्लें आनी तें ह्या घरच्या लोकांची, झाडामाडांची पोसवण करतालें हें खरेंच दिसनाशिल्लें. आता परतें ह्या वशाड बांयक उदक भरल्यार म्हज्यान तें खावंक म्हण जावचें ना. त्या बांयचें तें भिरांकूळ दळदिरें रूप ताज्यान पळोवं नज जालें. तें बेगीबेगीन कुशीक सरलें. तरी वयर बांयच्या आड्यार हुमकळपी रितो गाडो कोणाची तरी गोवटी आंवळून आयिल्लेवरी दोळ्यांमुखार येत रावलो.

तें कुशिच्या आंब्यारूखापोंदाक बसलें, भोव थकिल्लेवरी. गांवचो रंगा सावकार काळो कोट आनी धवी तोपी घालून मुखावयल्या रस्त्यान वयतालो. शकुंतलाक कच् जालें. हो ह्या दिसांनी परतो परतो गांवच्या रस्त्यांतल्यान पासयो मारता. फटींग मनीस तो. सामको घातमारो! अडिल्ल्या नडिल्ल्याचो कसोय घात मारीत! शा, ह्या वक्ताक हो अवचिन्न दिस्टी पडूंक फावनाशिल्लो.

आता धर्तरी धरिल्लें मळबामेरेनचें सगळें दळदिरपण, सगळो हुलाताप ताजेर लखून आयिल्लेवरी जालो. ताणें ल्हवल्हव आपल्या ओटीपोटावयल्यान हात भोंवडायलो. आनी तें थर्त भियेलें. ताका दिसलें भितर कसली ओलसाण म्हण फुलली ना. सगळो जीवनरसच उडून गेल्लेवरी पोट सुकूंक लागलां. आपुणूय ह्या पडींग सैमाचो एक भाग जावन गेलां काय कितें! जीव असो रितो रितो कसो दिसूंक लागला. गर्भ वाडोवपाची शक्त आनी तेज सोंकून गेल्लेवरी कित्याक दिसता!

ताणें एक फावट भोव आस्तेन भोव विनवणेच्या असहाय्य नदरेन मळबाक पळयलें. तूंच आतां तारूंक शकता ह्या सैमाक आनी म्हाका. एकान एक बियांतलो गर्भ कोंबेवंक आशेता, तुकाच रावता. ना तर होच निमाणे सांवार थरतलो!

पूण खंयच ओलसाणेची कुरू ना. मळब तशेंच पडींग पडिल्लें. चोंयभोंवतणी पेटट्या क्षितीजाचें कंवडाळें आनी वयर तापिल्ली कायल कशें मळब. एक कूप ना. इल्लो शितळ वारो ना. मळबाची ती खोल निळी निळाय ताज्यान पळोवं नज जाली. ताणें नदर काडून घेयली. एक दीस हेच निळायेचें मुका पिशें लागतालें!

आमच्या कारवारा कितलो आनी कितल्या तरांनी पावस पडटा. मोगापावस

पांयांक चाळ बांदिल्ल्या कलवंतावरी सळसळ नाचत येता. आनी ताका वोताची आरास. आरधरा पावस म्हळ्यार फक्कत उदकाचो धुंवर. मळब धरिल्ले धर्तरी मेरेन उदकाचे पड्डे वाऱ्यावांगडा नाचत येता. आश्लेशा पावसार शेंकरे पडिल्लेवरी थेंब्याचे अटामे डबडब पडटात. एका दिशेच्यान येतात आनी दुसरे दिशेक घोऽऽ करीत झडत वयतात. केन्ना केन्ना आपणापासून धा हाताचेर पावस पडटा आनी आपूण हिंगा सुकोच उबो अशी गत. पुशा पावसाक आई पिसो पावस म्हणटाली. पडल्यार धार तोडी नासतना पड आनी दड मारून गेल्यार आठ आठ दीस नाच् जातालो. वोतांत पावस पडूंक लागलो कि आमी भुरगीं 'वोतांत पावस पडटा माकडाले लग्न' अशें ताळयो मारीत गायत गांवभर नाचतालीं. आई म्हण तसल्या पावसांत भिजल्यार उयो पडटात. पूण म्हाका उयो केन्ना पडल्योच नांत. दिस, खरेंच म्हाका उयो पडच्यो आनी त्यो आईल्या खाकोळांत बसून उस् उस् करून मारून घेवंच्यो.

तें उठलें आनी घरांत आयलें. येताना ताणें राजआंवाळ्यावेल्यान नदर भोंवडायली. ताची अवतिकाय पळोवन तें दुखावलें. ताजी निमाणी तुरीय मान उडोवंक पळेताली. देवा हाका वाटय! सगळे संवसाराक तानेचो सोस लागला आनी हें कितें आडायलां तुवें?

सांज जात आयिल्ली. घोव सालांत कसल्यातरी रिपोर्टाचेर खात्यांतल्या सहकाऱ्यावांगडा भासाभास करतालो. शकुंतला जनेलांत येवन उबें रावलें. बागाच्या दुरगाभायर पांच स भाकड गोरवां उबीं आशिल्लीं. तीं इतलीं भागिल्लीं खंयच्याय खिणाक कोसळून धर्तरेचेर पडटलीं अशें दिस. सांजच्या देंवत्या उजवाडांत फक्त तेंगेलीं शिंगां आनी वयर सरिल्लीं हाडां दिस्टी पडटालीं. फक्कत जिते सांगाडे मरणाची वाट पळय उबे राविल्ले. एक साप्प भागिल्लें वासूर गायच्या होटयेक परतें परतें तोंड घालूंक पळेतालें. गाय दर फावटी शिंगा हालोवन हेंस्स करीत कुशीक सरताली. निमाणी गायेन त्या वासराचे सोंडयेर अशी लात मारली वासूर बेंऽऽ करीत कुशीक वचून पडलें. शकुंतलाच्यान तें पळोवं नज जालें.

तें सालांत येवन घोवासरी मातशें बसलें. घोवालो इश्ट उठून गेल्लो.

'तुमचें काम खंय पावलां नंदा?"

"काम खूप आसा. ह्या वाठारांतल्या धर्तरेच्या पोटांतल्यान उदकाची पातळी कशी वाडोवंक येत हाजेविशींचे रिपोर्टस सरकाराक दिवंचे आसा."

"मळबांत उदकाचो थेंबो ना आनी धर्तरेच्या पोटांतल्या उदकाचो हुसको तुमकां."

पावस पडटलो शकुंतला, पावस पडटलो. एक वर्सान पडिल्लो पावस एक थेंबो लेगीत व्हांवन वचूंक दिनासतना आडोवन दवरलें जाल्यार तें उदक तीन वर्सां तरी पावंक येता. बांयो आनी तळीं अश्यो सुकून वचच्यो नांत.

शकुंतल वोगीच रावलें. इतल्यान तो रंगा सावकार घरामुखावयल्यान रस्त्यान वयतना दिश्टीक पडलो. ताणें तागेली तोपी काडून हातांत घेतिल्ली आनी बोडक्या बोडान तो चर्र चर्र व्हाणो वाजयत वयतालो.

नंदान ताका पळोवन म्हटलें, हो सावकार चार पांच पायली तांदूळ गोटो दिवन ह्या वाठारांतली गोरवां विकतीं घेता आनी तीं मुंबयच्या कत्तलखान्यांत पावयता. वयल्यान लोकांक सांगता, तुमचीं गोरवां उदक खावड आशिल्ल्या गांवांनी खावन पिवन मस्त उरतलीं. शकुंतलाच्या आंगार सर्रकन कांटो फुललो.

दुसरे दीस सकाळींच शेजारचें गीता दारांत उबें. गीतालो घोव नंदा वांगडाच अस्टिटंट म्हण काम करतालो. तीं शेजराकच रावतालीं. हालींच तें लग्न जावन घोवा वांगडा आयिल्लें.

गीताचें तोंड सामकें बाविल्लें आनी दोळ्यांत दुकां उबीं राविल्लीं. ताणीं रडकुऱ्या सुरांत म्हळें, 'आमी वयतात ताई!'

'वयतात? कित्याक गो?'

'एक फूल फुलनाशिल्ल्या ह्या पडींग गांवांत रावप म्हण उरलां!'

आयिल्लें तेन्ना गीता कशें निकतेंच फुलिल्ल्या शेवतें फुलांवरी टटतटीत दिस. आनी सद्दा माथ्याक माथेंभर फुलां. पूण आयज ताच्या माथ्याक एक फूल नाशिल्लें. गेल्ले दोन म्हयने ताच्या माथ्यान फूल चयलें ना. फुलां झाडां सुकून गेलीं आनी ताची अवतिकायच जाली.

"गीता, तुमगेलो गांव खंय म्हणिल्लो तुवें?"

"अनंतपूर, कावेरी न्हंयचे धडयेर."

"न्हंयचे धडयेर? म्हजोय गांव न्हंयच्या धडयेरच. कारवारा काळी म्हण एक गडगंज न्हंय आसा. सदा सर्वकाळ उदकान भरिल्ली." शकुंतल आपलेच तनरेंत ....

गीता ल्हवच म्हऱ्यांत गेलें. शकुंतलाच्या ओटीपोटावेल्यान ल्हवूच हात

भोंवडायत ताणें म्हळें, "ताई हो तुगेलो तिसरो म्हयनो सोंपला न्हय. पूण पोटाक मातशी उबारी आयिल्ली दिसना. कोणाक खरेंच दिसचेंना तूं दुवाळेचें म्हण."

"ना गीता. खऱ्यांनीच म्हाका दीस गेल्या. म्हज्या पोटांत गर्भय रचला. पूण आतां आतां सगळेंच रितें रितें दिसूंक लागलां. ताचें हुंकारय म्हज्या काळजामेरेन पावनांत.

गीतान कांय वेळ विचित्र नदरेन ताका पळयलें आनी "येतां हां ताई" म्हणत तें चलूंक लागलें.

गीता आयलें आनी जिवाक तळमळे लावन गेलें. मनाच्या तळाक बुडी मारून तें कांय वेळ वोग्गी मुंगरून रावलें.

नव्या अणभवाची ओढ, नंदाचो मोग हाजेन हांव हांगा पावलें. फाटीं घेनासतना हट्टान हांगा रावलें. म्हज्या सोशाकाळजाक हांवें घटाय दिवचेलो भोव यत्न केलो. आतां हो दयामायाहीण सैम म्हज्या पोटांतल्या जिवारच असो लखून येत तर म्हज्यान आनीक म्हण हांगा रावंक जावंचेंना.

एक दीस नंदान म्हटलें, "पांच स मैलाचेर महेशवराचें देऊळ आसा. भोवच जागरत क्षेत्र खंय. वचून येवया. सायबाक सांगून जीप मागयतां."

धुळीन भरिल्ल्या रस्त्यान जीप धांवताली आनी दोशीवटेचो तापिल्लो धुल्ल भक्भक् हुडटालो. झाडांझोपार कितलोसोच तामडो धुल्ल वचून बशिल्लो. दोशीवटेनचीं शेतां सुकून तांकां आडवे उबे चर पडिल्ले. शेताच्या बांदार, आशीकुशीक आयिल्ल्या झाडांची रयाच गेल्ली. पानां करपून गेल्लीं आनी बेठेच काडयो उब्यो आशिल्ल्यो. सकयल भिकेक राविल्लेवरी दरिद्र धर्तरी आनी वयर फटकिरें मळब. आता ही धर्तरी तग धरची ना. होच्च निमाणो सांवार! हाजेर आनीक बींय किल्लवंचें ना, पालवंचें ना! ताका अचकीत दारांतल्या राजआंवाळ्याचो उगडास जालो आनी तें थर्त भियेलें. ताजे सोशाकाळीज चडच इल्लें इल्लें जालें. ल्हवल्हव चोयवेटनचो वोताचो भग ताज्या पोटांत रिगत गेलो. ओटीपोटामेरेन पावलो. सगळो सैम असो वांजपणाचो श्राप भोगताना हांवच कशें गुरवार उल्लें!

देवळेमुखावेली तळय सुकिल्ली आनी पोनांत खोल रेबो तितलोच आशिल्लो आनी ताका कुसड वास मारतालो. त्या रेब्याचेर घाणीचो शेळो माणिल्लो. देवळामुखावेली ती रिती तळय पळयली आनी देवळांत वचचेली शकुंतलाची उमेदच मेली.

शंकराचे पिंडीचेर वयल्या पात्रांतल्यान थेंबो थेंबो उदक गळटालें. शंकराची मूर्त निकतीच अभिषेकाच्या उदकान धुंवन काडून ताजेर तार्जी तार्जी फुलां घातल्यांत अशें दिस. वट्ट थंय बरीच थंडाय आशिल्ली. शकुंतलाक मातशें बरें दिसलें. पूण ताणें नाका जाल्लोच प्रस्न पुजाऱ्याक विचारलो, "तुमकां हांगा उदक खंयच्यान मेळटा?"

पुजाऱ्यान भोव उमेदीन सांगलें, "टेंकरांतल्यान येता न्ही बाय आमकां देवळाक म्हण इल्लें चडूच उदक मेळटां."

'हे पिंडीवयलें अभिषेक पात्रांतलें उदकय टेंकरातलेंच?'

"आनीक खंयचें आसतलें बाय? तळयो आनी बांयो सुकून गेल्यात. महेश्वराल्या कृपेनच त्यो परत्यो भरूंक जाय."

शकुंतल कांय वेळ गर्भ कुडीमुखार वोगी बसलें. देवा विशीं श्रध्दाच आटून गेल्लेवरी जाल्ली. देवाक भक्तेन नमस्कार करचें अशें दिसनाशिल्लें. हरशीं ताचो देवाचेर कितलो भावार्त. आठवड्यांतल्यान दोन दीस तरी ताचो उपवास आसतालो. देव भक्तीचीं कितलीं तरी गायनां ताका पाठ आशिल्लीं.

"नंदा आमी या."

"देवळाक प्रदक्षणां तरी घालुया मुगो."

"नाका रे, म्हाका कांयच नाका जालां." तें उठलें. अचकीत ताजी नदर शंकराच्या माथ्यार घातिल्ल्या फुलांचेर गेली. केन्ना पळोवंक नाशिल्लीं वेगळींच सोबीत तांबडीं फुलां. ताणें पुजाऱ्याक विचारलें, "हीं फुलां कसलीं? आमच्या गांवांत केन्ना चवंक नाच."

"हीं धिवऱ्याचीं फुलां. हांगा रानानी धिवरो म्हण एक झाड आसता. मोठें घट चिवट झाड. कितलोय खर दुकळ पडूं हाका फुलां फुलतात. परमळ ना. पूण सोबीत तांबडें फूल. उजो खावन फुलता न्हय तें."

आता ताका जाता तितले बेगीन थंयच्यान भायर पडचें अशें दिसलें. तें घोवालो हात धरून ताका भायर ओडून घेवन आयलें. नंदान ताका पळयल्यार कोणेतरी भोव अपमान केल्लेवरी ताचो चेरो पडिल्लो. परतें येताना वाटभर तें मोनेंच आशिल्लें. नंदा कितें कितें उलोवन ताका फुलोंक पळेतालो. पूण तें वोगीच. ताच्या दोळ्यांमुखार उज्याच्या रखरखान लेगीत फुलपी धिवऱ्याची तांबडी फुलां! परमळ नाशिल्ली तांबडी रानफुलां!

दोनच दिसान सांजचो नंदा उमेदीन घरा आयलो. ताणें म्हळें, "शकुंतल, म्हाका रजा मेळ्ळी. परवां आमी बसीन धरमपूर मेरेन या. मगेर रेल्वेन....

"म्हाका जिवाक बरे दिसना नंदा."

"कितें जालें शकुंतल?"

"दारातलो राजआंवाळो मेलो म्हण जाणां तूं? ताजी निमाणी तुरी सुकली."

"पिशें तूं. नाका जाल्लेंच तकलेंत घेवन बसता."

"मागीलदारांतल्या आंब्याची सावळी पेटूंक लागल्या. सवणी हुडून गेलीं तेन्नासान ताची अवतिकायच जाल्ली."

"शकुंतल कितें जालां तुका?"

"नंदा म्हज्या पोटांत कलकलता! ओटीपोटांत तर भगभग पडल्या! म्हजो गर्भ वाचतसो दिसना. म्हाका कितें जाता!"

"आमी हॉस्पिटलांत या शकुंतल. हांव वचून खात्याची जीप घेवन येतां."

"बेगीन यो नंदा!"

नंदान बेगीबेगीन वचून जीप हाडली. जीप शकुंतलाक घेवन हॉस्पिटलाचे दिशेन धांवताली.

पूण शंकुतलाक कळून चुकिल्लें, आता कोणाच्या हातांत कांयच उरूंक ना. उज्याचें एक अख्खें मोड पोटांत रिगलां. तें म्हाकाच कशें सोडीत! हांव कितें धिवऱ्याचें फातरफूल. पेटिल्ल्या दुकळांतय उजो खावन फुलून येवंक.

***





महाबळेश्वर दत्ता सैल

- माजी सैनीक, भारतीय सेना
- केंद्रीय साहित्य अकादमी पुरस्कार
- सिनियर फेलो, भारत सरकार

ह्या मनशांचो अस्तित्वाचो आक्रोश कितलोय विकळापी जालो तरीय तो विकृतीच्या सीमेमेरेन क्वचितच पावता. ही अगड निश्ठा, श्रध्दाच जायते फावट कथांक उभारी दिता. पूण मनशालें झुजारीपण कितलेंय चितरायलें तरीय काळखाच्या कुवाड्यासरी, मरणाच्या गूढत्वासरीं ती खर्शेता न्हिञ्चाळटा. सावळ आनी मरण, जिद्द आनी जैत, वृत्ती आनी नियती हांचे फार कथांभर घुंवत आसतात.

विश्वाच्या बांदावळींत मनीस एकलो एकसुरो न्ही. मनशालो अस्तित्वाचो संघर्श म्हटल्यार कुड्डी मारधाड न्ही. मनीस विश्वाच्या, सैमाच्या आदिबंधातलो अपरूप अंश. ताचेंय एक पावल ब्रह्माडांच्या पांय वाटेर पडलां. ह्या आत्मविश्वासांतल्यान कथा रूपकारतात.

कथा फक्त काणी सांगीनांत. मनशाच्या मनाक, मुळाक हात घालतात. ताका कोच्चून रगतबंबाळ करतात. तडाखे दिवन अग्नीपरिक्षा घेतात म्हण कथा वाचून सोंपमेरेन वाचप्यांचो मेंदू घामेता!